पुंडलीक नायक
हांचें साहित्य

बांबर
अच्छेव
खण खण माती
मुठय
रानसुंदरी

मोल :

रुपया पंद्रा

अच्छेव

गांवगिरे जिणेची एक वास्तवकाणी

पुंडलीक नायक

जाग प्रकाशन



जाग प्रकाशन : २२

शणै गोंयबाय जल्मशताब्दी वर्स प्रकाशन : ६

जानेवारी १९७७

उजवाडावपी :

सुमन्त रामचंद्र केळेकार
जाग प्रकाशन
प्रियोळ, म्हाड्डोळ, गोंय
४०३ ४०४

छापपी :

य. गो. जोशी
आनंद मुद्रणालय
१५२३ सदाशिव,
पुणे ४११ ०३०

दोन उतरां

कोंकणी बरपावळिच्या मळार बाब पुंडलीक नायक देंवलो पयलीं कवी ह्या नात्यान. तोवूय ' बांगर बैला 'च्या आवेशान. शिंगां दाखोवन पुजा करून घेतलों ही शिटकावणी आनी दपकावणी दीत. आमी ताच्यो कविता चकीत जावन वाचतात, म्हणटा म्हणसर तो एक आगळेच जातिचो कथाकार म्हुण मुखार सल्लो. लक्ष्मणरावां सारकेले जाणटे आनी व्हड कथाकार ताच्यो कथा वाचून सद्गतीत ज़ाले आनी म्हणपाक लागले. ' येदे ल्हान पिरायेर येद्या तोलाच्यो कथा बरोवपी हो भुरगो एक दीस कोंकणी कथा—साइत्याकूच न्हय, तर भारतीय कथा-साइत्याक मोलाचो रत्नां-हार ओंपतलो '. पुंडलीकाच्या कथांचें पुस्तक अजून भायर सरपाचेंच आसा, म्हणटा म्हणसर तो एके नवलिकेच्या रुपान पयलो ' बांबर ' घेवन आयलो.

आनी आतां ही ' अच्छेव ' नवलकथा घेवन तो आयला...

पुंडलीकाची साइत्य-साधना वेगान आनी खोलायेन चलत आसा.

' अच्छेवां 'तल्या कोळंब गांवांत आमीं सगळे पावल्यात. थंय भोंवल्यात. पंडरीक, आबूक, येश्याक, रुक्मिणीक मेळ्ळयात. तांचेकडेन उलयल्यात. पुणून पुंडलीकाकडेन ते जितल्या मेकळेपणान उलयतात तितले आमचेकडेन केन्ना उलयल्यात व्हय ? तांणीं आपलीं सुखां-दुखां, निर्शेण्यो, खर्शेण्यो, हावेस, उत्फरके आमच्या मुखार इतले नितळसाणेन केन्ना मांडल्यात व्हय ? गोंयच्या खंयच्याच मराठी, पुर्तुगीज, इंग्लेज आनी कोंकणीय बी बरप्याकडेन ते अशे इतले नागडे-उगडे आनी धोंगां-पोंगां सयत उबे रावंक नाशिल्ले. पयलेच खेपे तांकां पुंडलीकाच्या रुपान कोण तरी आपलोसो मनीस मेळ्ळा आनी तांकां वाचा फुटल्या. ते जशे ' आसात ' तशेच हांगां दिश्टी पडटात.

पुंडलीकाचें हें सगळयांत व्हडलें येस.

' अच्छेव ' ही देवनागरी कोंकणींतली येद्या व्हडया आकाराची पयलीच नवलकथा. जाग प्रकाशनान ती उजवाडावंक मेळ्ळी हाचो आमकां संतोस आसा. ' मीन पिकलां खाणयांनीं ' ह्या नांवान ती जाग म्हयन्या-नेमाळयांत हाचे पयलीं कांय खिस्तींनी उजवाडा आयिल्ली.

पुंडलीका कडल्यान कोंकणी बरपावळिची दिशीं दिशीं खूब सेवा जावं अशें मागतांव.

प्रियोळ, २६–१–१९७७ उजवाडावपी

नागेशराव करमलीक—





माडांनीं आपल्यो सांवळ्यो उदकांतल्यान काडून घेतल्यो. सांजवेळचो वारो रेंदरासारको आयलो. दर माडाचेर झोपय घालून चुट्ट्यो मेजूंक लागलो. माड सदूच्या सारके आंग आंग शिरशिरले. कवाळ्यांतलीं सवणीं भिरभिरलीं. कोन्या कागदार रेगो ओडल्ल्यासारकीं झाडांभोंवतणयां गरगरूंक लागलीं. शेताबांदा वयली मुट्टुली भेडस वाऱ्याकडेन फुतफुतली. आनी शेळ्या आंगार फुगांव काडून घेतिल्ले खंतीन ती वग्गी रावली. भेडशीची करामत पळोवन किडकिडे पिटकोळेची केंसरी फुलां किटकिटलीं. तेसरशीं पिटकोळेचीं बोरांयेदीं तांबडीगुंज फळां तट्टटून आयलीं आनी भेडशीच्या खाकोळांत बशिल्ल्या साळोरे पिल्यांक दोळे घालूंक लागलीं.

धव्याफुल्ल बळारींची निमाणी हार वायंगणांतल्यान उडून गेली तेन्ना पंडरीन मान वयर केली. बाग पडिल्लें कंब्रर ताणें नीट केलें. चिखलांत दोनय पांय घट्ट रोमून तोल सांबाळ्ळो. ताच्या कंबरांत वाय भरिल्ल्या सारकी जाली. सवकासा-येन मान बागोवन ताणें वेदना जिरयली. खीणभर हातपांय वातडिल्लेवरी जावन तो शेतांतलें बावलें कसो उब्रो रावलो. एक थंड शितळ झोत ताज्या आंगा वयल्यान गेली आनी ताजे घामसाणेचो वास सगळ्या शेतांत भल्लो. पुण तेन्ना शेतांत पंडरीबगर आनीक कोणच नाशिल्लो. ताचे शिरकोणेंत तो एकलोच भेरो धरपाचें काम करतालो. सकाळीं जोतपण करून जाल्लें. सारकीं चार तासां

'नकळों हांव.'

'फाल्यां.'

'मागीर ?'

'तळ्या वयल्या देवस्पणा आदीं रोव वडयना न्हुरे शेतात....'

पंडरी वगीच रावलो. रोव दवरच्या आदीं ताका हे गजालिचो उगडास नाशिल्लो. न्हाल्ल्या आंगार पाल पडिल्ले भशेन ताका जालें.

'पुण हांवें रोव दवल्ला मरे.'

'रोवाक कितें, शेण मारून दवल्लयार आठदीस कांय एक जायना.'

'पुण सगळें....'

'रोयतलो जाल्यार रोयरे. पुण तळ्या वयलें देवस्पण तें. आदींपासून खर. पयल्या वरसाची वयल्या वाड्या वयली गजाल नकळो ?'

'कसली ?'

'जलम्यान चोरू घालचे आदीं जोत बांदलेलें. जोतपण करून बेस बरें घरां येयलां, पाण्याचो सणसणीत बांगर पाडो गोठयांत फडफडून मेलो ना !

'पुण त्या पाड्याक सर्पान....'

'तळ्या वयल्यान फुंकलो तेका.'

■ ■

'तळ्यावयल्या देवस्पणांक तूं रावों नाका.'

येशान पंडरीच्या खांदार हात दवल्लो. ताका तो समजावंक लागलो.

'आरे पंडरी, तळ्या वयल्या देवचाराक पंडरीचें वायट जाल्लें जाय ?'

ताणें फेणयेचें कोंप तोंडाक लायलें. कोडूक निवळी घोंटिल्ले भाशेन घटाघट घोटलें. आनी 'खाँक' करून चुट्टयांच्या कडल्यार कालवा येदें घेरकेल माल्लें.

'ये येसल्या, भायर थुकपाक जायना ?'

गल्ल्या वयलो दादा येशाचेर आड्डलो. आपले तांबशे दोळे ताणें येशाचेर

थिरायले. ' बुरशा कास्ताचो. '

' – तो सगळ्यांचेर सारकी किरपादृश्टी दवरता. '

एकल्याक उब्यान आनी दुसऱ्याक कातरेन दिना.' गल्ल्या वयल्या दादाचेर लक्ष दिना आसतना येसो पंडरीक समजावणी दीत रावलो.

दादाले सोऱ्याचे गादयेर ल्हवू ल्हवू पिवपी येवपाक लागले. एकामेकांत पडून झांकडी वाडूंक लागल्यो. गल्ल्या वयलो दादा लाटणाच्या उजवाडान मनशांक वळखून सोरो दिवंक लागलो. आरमारींतली एक एक बाटली काडून पाव, देड पाव कोपांत ओतूंक लागलो. मेजार कोपां एकामेकांक आदळूंक लागलीं. तशीं पिवप्यांचीं भुजां एकामेकांक घसटूंक लागलीं. मेजार वांटकुळेच कोपांचे दाग उठूंक लागले. दागार दाग पडून एकामेकांत घुस्पूंक लागले. गादये भायर येवन कांय जाणांनी पेळयेर थपकण माल्ली आनी खळांतल्यो तोराशिरो रूच काडून चोखूंक लागले. कोणें कास्टेचे व्होटयेंत घालून शेतांतले कोंगे हाडिल्ले. ताणीं धगाटो केलो. पणसाचीं भिकणां कशीं कोंगे भाजले. फातरार आदळून कल्लां फोडलीं आनी ' सू ' ' सू ' करीत हुनहुनीत खावपाक लागले. सोंपले तशे कास्टे शेवाक हात पुसून दुसरें कोपटयाल मारूंक भितर सल्ले.

येशान पंडरीक हाताक धरून पेळये वयलो उठयलो.

' कितें मेल्ले वारिचो कसो तूं. हांव सांगतां न्हू तुकां. रोय फाल्यां. हांव पळयतां तळ्यावयल्या राखणदाराक. '

ओडितूच येशान ताका भितर व्हेलो.

' दोन पाव दी. ' येशान झेतान दादाक फर्मायलें.

' सांजेक आसा मरे ? '

' आरे, येशाक तूं कितें समजलो ? '

' सांजेक नाशिल्लो. '

' हो धेयूय ना रे ? '

' तो कितें पावणेंर काडपाचो आसा ? '

दादान बाटलेक गुड्डी लायली. येशाचो स्वास अडलो.

' तुकां नागयला रे ? '

' चड जालें येशा. ' दादान मान वयर केली.

' वोत दोन पाव. '

'पयशे काड.'

'फाल्यां दितां.'

'फाल्यांच यो.'

'सांगलें न्हू, फाल्यां दितां.'

'तुकाय सांगलें न्हू फाल्यां दितां म्हण.'

'बापायच्यान तर दितां.'

'बापायन फाटल्यान कांय दवरुना म्हण बापायक लेगीत खायशी.'

'भात दितां मरे फुडल्या सर्दार.'

'फुडल्या सर्दार?' दादा ताका पिशांत काडून हांसलो.

'फुडलीं धा सर्दी येयलीं तरी म्हाका गोटो मेळचोना.'

'आतांच कशें कळ्ळें तुकां?'

'तूं खंयचें घालतलो भात म्हाकां? कोणाच्या भाटाक कुरू मारतलो? खंय बापायचें बेंस आसा तुकां?'

'म्हणटकच आमी मनीस न्हू मरे?' येसो निरशेलो.

'न्हू कित्याक, हाडां-मासां आसा तीं! तोंडाचीं बातां आनी भीक मागोन खातां.'

'वोत दोन पाव.' पंडरी गर्देतल्यान मुखार आयलो.

दोन कोणांक?' दादान मातशें अजापान पळयलें.

'वोत तूं.' पंडरीन ताका पळय नासतना परत फर्मायलें.

'घे.' पंडरीन उजव्या हातांतलें कोप येशाक दिलें आनी दाव्या हातांतलें आपल्या वोंठांक लायलें.

'आतां पियेंव मरे!' येशान कोप माथ्यावयर काडून दादाक दाखयलें आनी घटाघट घोटलें. दादान ताका दाद दिली ना. दुसऱ्या गिरायकांक तो निबावंक लागलो. पंडरी कोपां मेजार दवरून भायर गेलो. दादान जाप काडिनासतना मेजाचें गवेत उकतें केलें. पंडरीच्या व्हदळच्या बिलार आनीक दोन पाव लापसान बरयले. लाटणाच्या उजवाडांत धरून आंकडे सारके उठल्या काय ना तें पारखून घेतलें. जमिल्ली मोड कुशीक सारून हिसपाची पटी गवेतांत घोंगशिली.

पंडरी आनी येसो भायर येवन पेळयेर बसले. पुण येशाचो कुलो लागलो ना. तो उठलो.

'म्हणटकच फाल्यां रोवणी जातली.' येशान दोनय हात मेजार मारिल्लया सारके वावुडले. मातसो तोल वचून तो हाल्लो.

'हांयें थरयलांच रे.'

'मागीर जालें मरे, आतां मोडटें घालपाक कोणाच्या बापायची छाती आसा?' येशान आपल्या हड्डयार हात माल्लो. परतो मातसो तोल वचून तो झिडपलो.

'म्हाकांय याद नाशिल्ली रे देवस्पणाची.'

'केली कोणें?'

'आनी कोण? आमचो शाणू.'

'तरी म्हणटां हांव, हें सुचलें कोणांक! आरे, असलीं विघ्नां, अपशकुनां करपाचो हक्कच्च तेजो. सारको बापायची वारी चलयता. आरे, हेजो बापूय इतलो दुस्वाशी आशिल्लो— कोणाची ऊंच बरी तणाची कुडी हेजे नदरेन भल्ल्यार काडी लायनासतना उजो पेट्टालो. हांयें पळयला हेज्या बापायक. निमणे मरते घडयेक लेगीत तेजे भोवतणीं लोक वावुरता तें तेज्यान पळोंव नजो जातालें. अखेरेक दुसऱ्यांचें बरें सोंसूं नजो जावनच काबार जालो. आनी आतां शाणू तेजेंच कास्त. बीं तशें भात.'

'पुण तेजें तशें कांय चुकोना रे.'

'तेजें केन्नाच कांय चुकना. पुण फुडें बत्तीस दांतांचो पडलेलो दांत कसो उलयतलो.'

'तेजेर कोण आसा रे.' कुल्यार हात फापडीत पंडरी पेळये वयलो उठलो.

'पाडा पोडों तेज्या घराक. चल, फाल्यां कोणांक रोवणेक सांगपाचें आसल्यार सांग. हांव फांतोडेर येतां.'

'निवळो हाडटा मरे?'

'तूं कित्याक भियेला? हांव हाडटां निवळो.'

'तुजेकडेन आसा?'

'म्हाजेकडेन ना.'

'मागीर? नाकां. हांव हाड्क लायतां कोणाकय. तूं फांतोडेर यो.'

'तूं पर्वा करूं नाकां. हांव आत्तां पासून येयन.' पंडरीन गादयेर जमिल्ल्या आनीक दोगां मानायांक फायचे रोवणेक सांगलें. एकल्याक निवळो हाडपाक लायलो. दुसऱ्याक सकाळीं येतना केळिच्या पन्नास पानांचो येडो हाडपाक सांगलो.

परतो एकदां बोगांकय उगडास करून तो भायर आयलो.

' चल, या मरे ! ' पंडरीन येशाच्या हाताक धल्लो.

' आयक. '

यशान पंडरीच्या कानांकडेन व्हरपाचें तें तोंडाकडेन तोंड व्हेलें. गादी आपल्या बापायच्चीच अशा नेटान पंडरीक विचाल्लें : ' आनीक घेतलो ? '

' कोण हांव ? '

' घेतलो जाल्यार तुकां जाय तितलो दितां. ' येशान ताका भितर धुकलपाक हात लायलो.

' म्हाकां आनीक थेंब नाकां. '

' नाकां. आनीक कांयच घेव नाकां तूं. चल, फाल्यां रोवणी. सुस्सेगाद ताणून दी. बेश्टें जागरण करून घेंव नाका जिवाक. '

' चल तुंवय घरा. आनीक घेवं नाकां. ' दितलो कोण, हो प्रस्न येशाक पडलोना.

' शे ऽ ऽ बापायच्यान हांव आनीक घोंट मारिना. म्हाकां पितलो जाल्यार लुब्ब आसा. पानदुड्डू मोडिनासतना. तसो पयशाक पादिशेर म्हूण उतराक गू केन्नाच खावचोंना. '

■ ■

' आवय, हांयें फाल्यां मास्तराक रोंवणेक सांगलां. ' नानून आवय भोंवतणीं भॉवर माल्लो.

' रोवपाक सांगलां ? ' आवयन फकाण केलें.

' मास्तराक रोवंक कळटा ? तेका जेवपाक सांगला. '

' बरें केलें. '

' आयज सकाळीं बाप्पानूच सांगललें सांग म्हण. जाणां आवय ? '

' अं. '

' पयलीं मास्तरानय म्हाकां तशेंच विचाल्लें. '

‘ कितें ? ’

‘ जेवपाक काय रोवपाक म्हण. ’

‘ तुवें कितें सांगलें ? ’

‘ हांव वगीच रावलों. ’

‘ आरे, सांगपाचें न्हू जेवपाक म्हण. ’

‘ आमचो मास्तर शाणो आसा तसो. हातिचे किरंगळेचें एक बोट दाखयल्यार तेका ज्युस्त कळटा हेका मुतोंक जालां म्हण. ’

‘ आनीक कितें कळटा तुज्या मास्तराक ? ’ रुक्मीणीन ओणंब घातलो. रोवाची पोटली आडवी केली. मुगड्याचो वेठो सोडोवपाक लागली.

‘ मास्तराक सगळें कळटा. ’

‘ तूंच न्हुरे निकतो सांग रोवपाक कळना म्हण. ’

‘ मास्तराक रोवंक कळटलें; पुण शेतांत देंवल्यार तेजें धवें पुडयें चिखलांत लोळचें ना तर ? आनी बैलांच्यो शेंपड्यो बसून धवेलें खोमीस पसून लोयटलें. जोत आमुडटना माथ्याचो फेटो सुद्दां सुटून चिखलांत पडटलो. ’ नानू मास्तराचो पाखो घेवन मास्तराची व्हडविकाय गावंक लागलो.

‘ फाल्यां येतलो मरे मास्तर ? ’

‘ जेवपाक. ’ नानून बेगिबेगीन सांगून वडयलें.

‘ हय रे ’ रुक्मीण मुमख्यांनी हांसली आनी रोव सुपांत ओतून घेवंक लागली.

‘ आवय गे. ’ पडवेर नासणें दळीत बशिल्ल्या केंसरान किलांट मारिल्ले भाशेन माल्ली.

‘ कितें गो ? ’ रुक्मीणीन ओणव्यानीच विचाल्लें.

‘ हात वळ्ळे. ’ केंसर वाजेलें.

‘ आनीक मातशें बस बाय. चल रे नानू, तेका दात्याक पालव धर. ’

‘ वयतां आवय. मास्तर जेवपाक येतलो तेजो उगडास धर. ’

‘ भियेवं नाका रे. उपाशीं दवरिना तुज्या मास्तराक. ’

‘ आनी आवय, फाल्यां म्हाका सुटी. शाळेक येयना जाल्यार मास्तर कांय एक म्हणचोना. ’

‘ राव तूं घरा. ’

‘ फाल्यां शेण फापडूंक वयतलों हांव. पिनकेली चेड्डी आनी खोमीस काडून

दवल्लीं हांयें. ' भायले म्हेडी वटयां नानून बोट दाखयलें.

' आवय, फाल्यां केंसरान म्हाजेर शेण माल्ल्यार हांव वगी रावचोंना आं. पोरूं म्हाज्या दोळयांत शेण वडयल्लें तेणें ' नानून पोरुंच्या वरसाची कागाळी उस्तिली.

आनी तुयें म्हाज्या आंगार शेणांतलो रेटो वडयल्लो तो. ' केंसर पडवे वयलें दळप सोडून खळ्यांत आयलें.

' शेंण फांपुडटना पडलो तो. '

' आनी शेण फांपुडटना उसळ्ळें तुजेर. '

' आतां झगडों नाका रे. बाप्पा येवपाचो जालो. चला, दोगांय लागोन नासणें दळून सोंपयात. फाल्यां दोगांकय आख्खी एक एक भाकरी. '

आवयन तांकां समजायलीं आनी पडवेर व्हरून दांतें मांडिल्ल्या साकार दोशीं-वशीं बसयलीं. एकामेकांक हिसके मारीत भाव-भयणां नासणें दळूंक लागलीं. फायचे रोवणेचे यादीन धोलूंक लागलीं.

रुक्मीणीन साकाचे पोटलेंतलो रोव सुपांनीं उसपिलो. पडवेर शेण सारयल्ले जमनीर घातलो. दोनय हातांनी चाळ्ळो. चाळटना नेराचे गोटे तिज्या हाताक कुचकुच करून तोपूंक लागले. आज सांजेचें निमणें पाजण दितना पोतयेंतल्यान बियाचे कोंब भायर सरिल्ले. पोटलेंतल्यान मानो भायर काडिल्लेवरी ते दिसताले. शेण सारयल्ले ओले जमनीर कोंब तिकतिकूं लागले. एक गोड हरवस वास भायर पडलो. दांत्या वयल्या नासण्याचो वास आनी रोवाचो वास एक जालो. एक गोड सुरबुससाण घरभर भल्ली. चिमणेचो उजवाड खांची कोनशाक पावनासलो पुण ह्या वासान सगळें भरून आयलें.

पंडरीन घरांत पावल दवल्लें तेन्ना दळून जाल्लें. रुक्मीणीन पीठ लातांत भल्लें. दांत्याची खुंटी निखळ्ळी. दांत्याच्यो पांवो जोडून जागऱ्या जाग्यार दवल्ल्यो. साक फापुडलो आनी पडवेर कोनशाक पडिल्लीं पोपायेचीं गोळां ती सुपांत भरूंक लागली.

' फाल्यां खतखत्याक मीठमसालो आसा मूं ? '

' उणो आशिल्लो तो घेतला हाडून सकाळीं. '

' कोण गेल्लो पलतडीं ? ' पंडरीन रोव चाळीत विचाल्लें.

' शाणूलो चेडो गेल्लो मीठ हाडूंक.'

' नानूक बीन धाडूं नाकां पलतडीं. ते तारिचो इस्पार ना. '

' तो बऽरो वचत. हांव धाडूं नाकां ? '

' बाप्पो, हांयें कित्याक वचों जायना रे पलतडीं ? ' नानू झेमतालो तसोच उठून बापाय म्हऱ्यांत आयलो.

' हांयें कित्याक वचों जायना रे बाप्पो ? ' केंसरूय बगलेक येवन बसलें.

' तूं चेडूं. चेडवां पयस वचनात. ' नानून सांगलें.

' हेंकां आजून कित्याक वाडूं ना ? ' पंडरीन रांदचे कुडींत गेल्ले बायलेक विचाल्लें.

' तुकांच रावल्लीं. चलारे जेवंक. ' आवयन हुंबऱ्यार येवन सांगलें तशीं दोगांय भांवडां उठलीं.

' हात तरी धुया मरे. ' आवयन हुंबऱ्यार तांकां आडायलीं.

' हांयें धुयल्या व्हदळ. '

नानू दांगे पोंदच्यान रिगलो. दोगांय वचून म्हणयांर बसलीं. काश्याची वाटली भर शीत सुक्या सुंगटांचे कडयेन बकाबका करून जेवंक लागलीं. तीख लागतकूच सू सू करून निवळ घोटवंक लागलीं. दाव्या हाताचे चिमटेन धरून दोगांयनी एक एक सुको पेडवो तोंडाक लायलो.

' पांच जाण सांगल्या सकाळीं निवळपाक. ' पंडरीन बायलेक सांगलें.

' पांच जाणांक येतलें सगळें आळाबंदा ? '

' मागीर दोनपारच्या वेळार पावतले कोणय. म्हटलां हांयें दोगां-चौगांक. दादाक सोऱ्याचो एक कार्गो धाड म्हटला बांदार. '

' एक कार्गो ? ' तिका खर्च देमायज दिसलो.

' वरसाचो न्हूं तो.? ' ताणे समजायली.

' एक कार्गो पावतलो रे रोवणेक ? ' अकस्मात आंगणांतल्यान आवाज आयलो. पंडरीन भायर पळयलें. दरवट्या वयल्यान रुक्मीणीचोय ओणंव पडलो. काळखांत पंडरीक हयन्हयशी एक आकृताय दिश्टी पडली. पुण आवाजा वयल्यान ताणे ताडलें हो पलतडचो बाबुसो आसूंक जाय.

' यो. तुकां एक बल्ल तरी पावत मरे ? रावणाचो फोंड तुजें पोट. कसो पचतारे तुकां इतलो सोरो ? '

' फुकट मेळ्ळ्यार ईख पासून पचयन हांव.' बाबुशान काळखांतूच जाप दिली.

' आयज खंयच कालो जात्रा ना काय किते रे ? गडगडो, इस्पिको सोडून तूं रातचो हांगासो उदेला ? भितर सर मरे. '

पंडरीन ताका उजवाड दाखोवंक चिमणी सोपणाकडेन केली. चिमणेच्या धुंवश्या उजवाडांत धव्या मुस्ताकेंतलो एक मनीस ताणें पळयलो. तो काचाबूळ जालो. अजापान ताणें विचाल्लें :

' कोण रे ? '

' सांगता मरे, आव बाबुजी पडवेर आव. ' बाबुशान ताका हाताक धरून सोपणां चडयलीं.

' अच्छा—अच्छा ' धवे मुस्ताकेंतलो तो पडवेर आयलो.

' आगे, शेंदरी हाड. ' पंडरीन गडबडयां सांगलें.

रूक्मीणीन ल्हव्याची शेंदरी हाडून दिली. बाबुशान ती सोप्यार हांतुली. ताका बसयलो. आतां पंडरीन ताका बारीकसाणेन तेळ्ळो. गुबगुबीत पोले. साळकाच्यो पाकळ्यो कशे काळे कुळकुळीत मिश्यांजोड. आंगांत धिंपरा मेरेन खोमीस. ताजेर भांगराचे बुतांव. बोल्सांत जाडजूड पटी. वयर दोन लापीस. पावला मेरेन लुंगी कशें धवें पुडवें बांदिल्लें. पांयांत सोबीत बरे विणयेच्यो आनी दाट तळ-व्यांच्यो व्हाणो. केंस फाटल्यान वळयल्ले. ताणें लायिल्ल्या वासाच्या तेलाचो घमघम भितर सरतनाच पंडरीक आयिलो. शेतांत मेरेर बसता तसले धवेफुल्ल बळारी सारको तो सोप्यार बशिल्लो. बळारीवरीच आपल्या भोंवतणयां नदरो घुंवडायतालो. ताजे कुशीक बशिल्लो रिस्काद मुस्ताकेंतलो बाबुसो बळारी म्हऱ्यांत कावळो कसो दिसतालो.

' हो गुजीर प्रसादबाबू. ' बाबुशान वळख करून दिली.

' हां हां. ' गुजरान मान हालयली.

' थंय नावेले गोडबांयकडे खण मारून कसले तरी फातर उस्तिता, तो रे ? '

' कसले फातर ? मीन म्हणटात तेका. आरे, भांगर करता तेजें ! '

गुजरान मान हालयली.

' थोडें काम करिना थंय. सुमनाच्या सुमनाक पयशे. हांगा रोव शेतांत वडोवन स स म्हयने वाट पळयत बसप. गोरवा-वासरांच्या तोंडांतल्यान सुटलें जाल्यार कितेंय मेळप; नाजाल्यार भर पिकेरूय हातांत कट्टी. पिके जाल्यार पिके; ना-जाल्यार गुरू बसला भिकेक ! बाबुशान गुजरावटयां पळयलें पुण ताका तें व्हडलेंशें

समजलेंना. आपले भाशेंत कितेंतरी सांग म्हणपाची ताणें कुरू केली. आनी पंड-रीच्या तोंडाकडेन तो पळयत रावलो.

‘ खंय व्हरता रे तो मीन ? ’ पंडरीन सहजतायेन विचाल्लें.

‘ सांगलें न्हू भांगर करूंक. आनी मसणांत व्हरना ! आमकां कितें ? आमच्या हातीर रोक पांच रुपया दिसावडो पडटा न्हू ? ’

‘ पांच रुपया दिसावडो ? ’

‘ विचार ताका--’ बाबुशान गुजराकडे बोट दाखयलें.

‘ हां हां. जरूर. ’ गुजरान बक्यासारकी मान हालयली.

‘ फुडें आयक. पांज रुपया दिसावडो वयर खणीर फातर फोडटल्यांक.’

‘ फातर फोडप ? ’

‘ हातीर न्हूरे. सुरींग लावन. व्हडलें काम न्हू तें. आमी तळें सारकें करतना कसल्या कास्ताचीं खडपां फोडलेलीं ! पुण, पारय आनी दारू, जिलेटीन सगळें कंपनिचें. ’

‘ हां. हां. सामान कंपनीका. ’

‘ फुडली गजाल आयक. ’

बाबुसो पंडरीचे कुशीक आयलो. थपकण मारून बसलो. भायल्यान कोणाक आयकूंक वचचें ना इतल्या ल्हवू आवाजान सांगूंक लागलो.

‘ जाचेकडेन बैलांची गाडी आसा न्हू तेणें जोडले. ’

‘ बैलांगाडी ? ’ पंडरीक आपले गाडयेचो उगडास आयलो.

‘ गाडयेन घालून माल खणीवयल्यान सकयल हाडपाचो. टेप लावन गाडी मापपाची. जितको माल तितके पयशे. चड माल हाडशी, चड पयशे. ’

‘ माल खंय हाडपाचो ? ’

‘ घांटार न्हू. नावेल साकून हांगा शेनोरेर. थंय तेजो पराय केल्लो माल मागीर कोठयांनी भायर व्हरतात. ’

‘ फातर ओढूंक तरास मरे बैलांक. ’

‘ पंडरी, तरास कित्याक ना रे पापया ! ’

‘ हां. हां. वो तो करनाही पडता है.’ गुजराचें लक्ष बाबुशाच्या उलोवण्याचेर बारिकसाणेन आशिल्लें.

‘गाडयेन चिरे ओडटना तरास जायनारे बैलांक ? हांगा तरास आसाच. पुण

काम तसो दाम आसा.'

'करीब सत्तर रुपया—'

'ठैरो ठैरो.' बाबुशान गुजराक थांबयलो.

'पंडरी, सांग. नावेले साकून शेनोरेर एक चिऱ्यांची पावट मारची आसा. समज, हांयें तुजी गाडी थारायली. कितले पयशे घेयशी?'

'पयशांची गजाल न्हू रे.'

'न्हू कशी तर? फुकट कोण कोणाचेर उपकार करता? जणा एकल्याक पोट आसा न्हू? सांग रे, कितलें भाडें घेयशी?'

'कितलें दियशी?'

'तूंच सांग रे. दरेक कितें? कोंताक पडल्यार कोणय करतलो. पंदरा रुपया? वीस रुपया? तीस?

'तीस रुपया! पिशें लागलां काय कितें? आनी तीस रुपयांचीं भाडीं मेयटा कोणाचीं! पयर खणीवयल्यान तळयार चिरे व्हांवयतालों. धा रुपयांवयर पानदुडू दिवपाक कोण तयार ना.'

'जालें मरे? नावेलेच्यान शेनोरेर मीनाची गाडी व्हर. दोळे धांपून सत्तर रुपया दितां. तीन विसो आनी धा.'

'कितें सांगता रे?' पंडरीन मांडी आंबुळ्ळी.

'हांव दितां न्हू. नाजाल्यार तुजे गांडी पोंदच्यान वयतां.'

'दितल्याक परवडो नाकां?' पंडरी चांचल्लो.

'दिवपी हांगा बसला न्हू. तसलीं लफडयापणां आमचे कडेन ना. क्या बाबुजी?'

'क्यूं नहीं? जितना काम उतना पैसा.'

'मागीर थल्लें? वगत नाकां. फायच्यान सुरू. फाल्यो सकाळीं तुजी गाडी नावेले.'

बाबुसो उठलो. पंडरी म्हेडीक लवंडून बसलो. मितल्ल्यान सगळें आयकत बशिल्ली रुक्मीण दरवटयार रावली. पंडरीकडेन ती पळयत आशिल्ली. पुण पंडरीन तिजेकडेन लक्ष दिलेंना. आंचवून आयिल्लीं नानू आनी केंसर आवयक पिळां कशीं दशिल्लीं.

'चिंतपाचें कांय ना.' बाबुसो परतो पंडरी कुशीक बसलो. ताच्या कानांत

फुतफुतलो.

' फाल्यां गाडी बांद. मागीर फुडले दोन दीस पाराद दवल्ल्यार जाता. ना जाल्यार गुजीर आनीक कोणालीय पळयतलो. '

' उठो बाबुजी. वो फिक्स हुआ. '

गुजीर उठलो पुण ताणें पावल उखल्लेंना. रुक्मीणीवरी तोवूय आता पंडरीक पळेयत रावलो. मुमक्या पंडरीच्या तोंडा वयले कसलेच भाव ताका वळखूंक आयलेना. दरवट्या वयले रुक्मीणीची चुळबूळ वाडली. पुण पंडरीन तिजेकडेन हुंगोवन लेगीत पळयलेंना. गुजराच्या दोळ्यांक दोळे भिडयत ताणें वोंठ हाळयले.

' मातसो भितर यो. ' रुक्मीणीन उलो माल्लो. तातूंत पंडरीक आडावपाची निबरसाण आशिल्ली. पंडरी अनमनलोना.

' फाल्यां येतां. ' पंडरी तांकां पावोवपाक उठलो.

' अच्छा ! अच्छा ! ! '

' वा रे व्वा ! '

बाबुशान गुजराक हात दिलो. काळखांत सोपणां देंवून ते आयले तशे गेले.

' तुकां कोण तळ्या वयलो लागला ? ' रुक्मीणीचो बांद फुटलो.

' तुकां कळना. '

' किते कळना ? फाल्यां रोवणी हें म्हाकां कळना काय तुकां कळना ? ' काळखांतय तिजे तांबडेगुंज दोळे ताका स्पश्ट दिसले.

' किते जालें गे आवय ? ' नानू मुखार आयलो.

' फाल्यां रोवणी ना गे ? ' केंसरान विचाल्लें.

' विचारा तुमच्या बाप्पाक. '

' नारे बाप्पो फाल्यां रोवणी ? '

' आसा. फाल्यां न्हू परवां. '

' परवां ? परवां कित्याक ? पाड पोडों ते शेतवडीक. शेत रोवन किते पांच पांच रुपया सुमनाक दिसावडो हातीर पडपाचो आसा ?

' मातशी वगी राव. '

' कित्याक वगी रावों ? घोवान दिये लायल्या म्हणोन काय घराक उजो लावंक भायर सल्ला म्हणोन ! '

' संवसार तुज्याच माथ्यार उखल्ला ? '

‘ म्हाज्या कित्याक ? पयशाक लागोन देवधर्म सोडटल्या मनशांच्या माथ्यार उखल्ला. ’

‘ वगी राव गे आवय. ’ भाव–भयणां रडूंक लागलीं.

‘ कित्याक बोबो मारता ? शेजारी पाजारी आयकत. ’

‘ आयकों. शेण घालचेना कोण म्हाज्या तोंडांत. ’

‘ आतां सोंडार पडटलें. ’ पंडरीक घेतलेलो मातसो चडूंक लागलो.

‘ रोवार शेणाचें उदक फांपूड आनी दवर. ’

‘ आतां त्या रोवाचो कोड्डूक शिजयतां. ’

‘ किते ? ’

‘ हय. हय. कोड्डूक शिजयतां घोवाचो. ’

‘ रांणग्या ! ’

पंडरीच्या एकाच थापटान रुक्मीण वणटीर आदळ्ळी. न्हिन्नडली. घरवांशां सकट सगळें घर लेगीत हाल्लें.

* * *



हांडीर भरिल्लो कळसो तसो मांडवी न्हंयचे बगलेक कोळंब गांव. गांव म्हळयार फकत दोन वाडे. वयलो वाडो आनी सकयलो वाडो.

वाडयावयल्या पयल्या कोंब्याचो साद कानांर पडलो तेन्ना आबू हांतुणावयलो उठलो. उजा कुशीक पडिल्लो माथ्याचो रुमाल ताणें माथ्याक सारको वेटकाळायलो. कंबरा सकयल देंविल्ली रुप्याची मूज वयर ओडली. कास्टेचो तांबडो लेंस सारको केलो. फाटल्यान मुजीक खोवन गांठ माल्ली. उकत्या आंगार तुवालो भोंवडायलो आनी तसोच दाव्या खांदार वडयलो. दाव्या हाताची धिगी करून तो उठलो. कोनशाचो दांडो उजव्या हातांत घेतलो. दांडयानूच लहव्याची शेंदरी कवळ्ळी. आनी ओणव घालून घरांतल्या मदल्या अद्र्या पान्यार दवल्ली. पडवेर येवन तो आंगणांत थुंकलो. सामखारं‚नदर मारिनाफुडें ताका तळयाकडलो वाटार स्पश्ट दिसलो. तळया भोंवतणचीं काळीं कुळकुळीत सरपट खडपां. मदीं मदीं मोव सुवातेर केगदीचीं झोपां वाडिल्लीं. पोटकळेचीं लांबोडयीं झाडां आनी हेर कांटयारी रुखावळ मातिल्ली. तळयाचे घडेर कोंगऱ्या पानांची गाड पांचवी आमुल्ली उबी आशिल्ली. आमुल्लेच्या माथ्यांत खोप्यांत खोयिल्ल्या सारकी पांचवी बेनुल्ल नटिल्ली. आमुल्ले कुशीक धत्रे कातिचो सांतोण कंबराक मात बाग घालिनासतना खूंट कसो उबो राविल्लो. सांतोणाच्या गळ्यांत मुठीयेदी दाट कांगलीणीची वाल पडिल्ली.

आबू सकयल देंवलो. तळ्याचे सकयले सुवातेर वचून तो परसाकडेन बसलो.

मागीर वयर तळयार आयलो. खांचींत हात घालून ताणें आपणें दवल्लेली राखोणी काडली. तायटार चिड्डून किस्मुरली आनी दांत–दाडमणां घांसूंक लागलो. उदक भरता त्या बायकुलाघडेर तो बसलो. ताचीं जून हाडां कट्ट करून मोडिल्लेवरी आवाज जालो. उदकांत पिट्टोळयो, दाणयो, खोरवो स्वस्तकायेन भोंवताल्यो. आबून उदकांत हात बुडयनाफुडें त्यो बुजल्यो पुण खिणाभरांत संवकल्यावरी ताच्या हातांक घसटूंक लागल्यो.

तुवाल्याक तोंड पुशीत तो उठलो. उदेंतेक तोंड करून ताणें नमस्कार केलो. पांचवेचार दोंगुल्ले फाटल्यान रंगाची तांबसाण मारताली.

ल्हवू ल्हवू गोठ्यांतल्यान आवाज येवंक लागले. गोरवांच्या गळ्यांतलीं कोगळां कोळोंक कोळोंक जावंक लागलीं. वेळूचीं ठोकरीं खडखडूंक लागलीं. पितुळच्यो घांटी किणकिणूंक लागल्यो. धुंगूर धुंगुरले. मर्दीच ' हाम्मा ऽ ऽ ' अशे वासरां–पाडकांचे साद फुटूंक लागले. घरां–खोपींक जाग आयली. नळ्यांच्या पाख्यांतल्यान आनी खोपिंच्या कोलवांतल्यान धुंवराचे लोट येवंक लागले. फांतोडेर दर्याच्या उदकाक सुट्टिल्ले उबे वरी दिसपाक लागले. दांत्यांचो घरघर वाडलो. बायनांर तांदूळ सडपाक लागले. घराघरांतल्यान नासण्याचे आंबलिचो वास भायर सुटूंक लागलो. नासण्याच्यो काळयो कुळकुळीत भाकऱ्यो तव्यांर-कयलांर आरत्यो-परत्यो जावंक लागल्यो.

आबून सद्च्या सारको तळयाकडल्या आंब्यापोंदा धगाटो घातलो. पायांचें तिकटें करून तो बसलो. दांडयान एक एक खोली लागीं करून उजो तिगोवंक लागलो.

मार्गशिर्षांतलें शीं बरेंच पडटालें. पोल्याची चामडी वातडेताली. भुरग्यांचें आंग घवश्या पिठ्यान पिठेतालें. कात थंडावताली.

एकलो एकलो जाणटो–नेणटो तळयार देंवपाक लागलो. भुरगे फाटल्यान हात घट धरीत धांवपाक लागले.

' ए पोरा, सकयलेवटयां बस. ' तळयाकुशीक बसतल्या पोरांक आबू धपकांव लागलो. सकाळचे विधी सोंपोवन दर एकलो आबूच्या धगाक येवन बसूंक लागलो.

' चोरांनो, मांडिल्लया खोल्यार बाळंत जावंक येयल्या ? चला, खोल्यो हाडा. '

भुरग्यांनी बचक्यांनी–पोरयांनी खोलयो हाडल्यो. होमांत वडयल्लयावरी वडोवंक लागले. कात तापतां तापतां कडेक सरूंक लागले. एका हातान कारटी

सांबाळीत दुसऱ्या हातान पत्रो पुंजावंक लागले.

' तळयाकुशीक कोण बसलेलो रे परसाकडेन ? कोणाची मांतूक माल्ली थंय ? ' आबून दटावन विचाल्लें. कोणें जाप दिली ना.

' थंय हागशात जाल्यार किडे पडटले गाणीक. '

सगळे भुरगे खी खी करून पत्रो वाजिल्लेवरी हांसले.

' फकाणां धरूं नाका जाण्टयाचीं. तळया वयलें देवस्पण खबर ना तुमकां. ' भुरगे भियेवनच मातशे लागीं आयले.

' बरम्याची सुवात ती. निवळलिपेत आसपाक जाय. बरमो एकदां धल्ल्यार सोडूंक नकळो. एक गजाल सांगतां. '

भुरग्यांनी आबू भोंवतणयां कंवडाळें केलें.

' एकदां एका राणग्या भरटे बायलेन उमळ्ळें थंय. '

' मागीर ? '

' मागीर कितें ? जैपतीकूच येयलिना. '

' म्हटल्यार ? '

' म्हटल्यार कितें ? म्हयन्याच्या म्हयन्याक धुयत रावली. कितें धरच ना जालें. '

' कितें धरना जालें ? '

उमाणें कोणाकच सुटूंक नाशिल्लें.

' कोण रे तो फटींग, उस्तून उस्तून विचारता ? ' आबून सगळयांचेर नदर भोंवडायली. इतले झुंडींत तितलें समज सारको एकलोय नाशिल्लो. आबूक आपली पिशेपणां दिसलीं.

' मागीर फुडें कितें जालें ते भरटे बायलेचें ? '

' कर्म जालें पापयांनो, चला. शाळगडे मरे तुमी. उशीर जातलो. सावळो मास्तर रावतलो तुमकां. '

सगळे भुरगे गेले. आनी आबू चिंतूंक पडलो.

साठ वरसांची पिराय जाली तरी आपणांक कोणामुखार कितें उलोवचें हाचें मात लेगीत धंगण ना. कोळंबार तशें कोणाकच ना.

काळजांतल्यान तो दुखावलो. ताका दिसलें, हें ना जावपाक जाय. निदान फुडली पिळगी तरी सुदारूंक जाय.

ताणें एक लांब सुस्कार सोडलो. इतल्यान तळ्या वयल्यान येवपी सावळ्या मास्तराचेर ताची नदर पडली. ताचें प्रसन्न मुखामळ पळयना फुडें ताचे खंतीक समाधानाची धग मेळ्ळी.

'किते मास्तर, धुलें तोंड ?' आबून खांदा वयलो तुवालो कुशिच्या फातरार हांतुल्लो आनी मास्तराक बसपाक खुणायलें. पुण मास्तर बसलोना. खांदार वडयल्ल्या पुडव्याच्या शेवाक हात पुशीत तो उब्यानीच धग घेवंक लागलो.

'शीं बरेंच पडटा न्हू ?' मास्तरान आबूक म्हळें.

'मार्गशिर्श म्हटल्यार शियाचो कुडकुडो.'

'पुण आमच्या वळवय गांवापरस चड हांगा.'

'हांगा गांवा सकयल वांयगण. ते खातीर सुमारा भायर पडटा. तुमकां चड बादलें दिसता.'

'चे, च. म्हाकां पास्सो ना तसो. घरा लेगीत हांव फांत्यार उठपी. एक पुडवें कांमुल्ल्यार म्हाजें भागता.'

'आमचीं तर हाडां आनी कात सारकीच जाल्या.' आबून वातडेल्ले कातीर हात भोंवडायलो. मास्तरान आशिकुशीक नदर धुंवडायली. मास्तराची सुलूस लागना फुडें धगाकडेन गणयतल्या भुरग्यांनी पपा काडली.

'भुरगे आळशेपणां करतात ह्या दिसांनी.'

'आळशेपणां करतात ? फट्टीक पडलेले, सगळें तुमचेकडेन सोपयलां. तुमचे-बगर कोण अक्कल शिकोवपाचो ना तेंकां. शिकना जाल्यार झोडून काडात. कोण विचारचोना. विचाल्ल्यार हांव जापसालदार. भुरग्यांनी शिकोंक जाय. आमी अशे रेड्या गाणिनचे.' आबून आपलो तळमळो उकतायलो.

'शिकपांत म्हणना हांव. शिकपांत भुरगे खऱ्यांनीच हुशार आसात.'

'मागीर ?'

'ह्या दिसांनी शाळेक येवपाक उशीर करतात. शियाक लागून उठनात सकाळींफुडें.'

'उठनात कशे ? उठोवंक जाय भैझवऱ्यांक. सांगोंक जाय आवय बापायक. मास्तर, हांव सांगतां आयज सगळ्या वाड्यार. पयल्या कोंब्या सादार शेणकांक धरून उठोवपाक लायतां सगळ्यांक. फांतोडेर उठपाक शीं ? दांत कडकडच्या ह्या शियांत जात्रा चुकयना मादरचोद.'

' बेश्टे फांतोडेर उठून उपेग ना. रामप्रहर म्हणटा तो शांत वेळ. कोणाचो बोवाळ गजबज नाशिल्लो वगत. ह्या वगतार कितेंय वाचल्यार मतींत धरपाचें. '

' खऱ्यांनीच मास्तर, हांव सांगतां हें सगळयांक. मास्तर, भुरग्यांक तुमचे सुवादीन. तुमी माथें माल्लांच ह्या कार्याक. तुमी सांगता तशें करूंक लायतां. आयकना जाल्यार नाखयां दोरी घालून बळजबऱ्यां करून घेवचें. पुण वाडया वयलो भुरगो शिकोन—पळय मास्तर, दर एकल्याक हरिविजेय, रामविजेय वाचपाक येवंक जाय. सारऽऽको तुमी वाचून सांगलात तसो. चौखीभर बसलेल्या लोकांक धळधळयां रडपाक येता अशे तरेन सांगप जावपाक जाय. '

' तें पावलें म्हाजेर. तुमी भुरग्यांक मात शेगीत शाळेक धाडात. ' मास्तरान आत्मविश्वासान सांगलें.

' शाळेंत शेगीत वचपाक कसली धाड भरूं ना तेंकां. नाजाल्यार घरा तरी कितें दिये लायतात बेकारथवय. आंब्या-पणसां मुळांत हेडटा आनी आश्टया-खळयांनी केलदे कशे नाचतात वचून राणग्या-' तोंडा वयली गाळ अर्दकुटी दवरून आबू मास्तरा मुखार अपराध्याभाशेन लजेलो. मास्तर हांसलो.

' आमचें हें पाडपडल्यांचें अशें. गाळीविणें उलोवप ना गाळयाऱ्यांचें. सगळो कोळंब असो खोरोज कसो गाळिंनी भल्ला. आवय-बापायचें आयकोन मागीर भुरगे शिकतात. वीं तशें भात. मास्तर, नेये पिळगेचे जिबे वयलें हें गाळिचें चार-कण निवळ करात. कोणय परकी गांवांत येयल्यार शेण घालता आमच्या तोंणांत. उलोवपाक रीत नाजाल्यार पोटण्याच्याक जेवंक जायतें आसून उपेग कितें ? '

' भुरग्यांचो कसलो गुन्याव ? '

' गुन्याव खऱ्यांनिशीं आमचोच. ते कितें फातराक जल्मूना. आमच्या वोंठार अशी चोवीस वरां गाळिंची फोंत. '

' आतां मातशी मातशी तुमीय संवय करूंक जाय.'

' खऱ्यांनीच करूंक जाय मास्तर. '

' हांगें शाळेंत बऽरें शिकयलें आनी घरांत जर—'

' खरें आसा मास्तर. '

' खरें म्हणलें म्हण भागना. संवय करूंक जाय. '

' आवय ऋवऱ्याचें म्हाजें तोंड पयलीं फोडूंक जाय. '

आवून सपासप आपल्या पोल्यार थापटां मारून घेतलीं.

■ ■

‘ गु ऽऽ रुजी नमस्ते ! ’

‘ बसात. ’

चौखेचे पडवेचीं सोपणां चडत सावळो मास्तर वयर सल्लो. मास्तराच्या तोंडार नदरो भोंवडायत भुरगे आपणाल्या जाग्यांर बसले. शिंयान कुडकुडत एकामेकांक घसटूंक लागले. कोंबयेचीं पिलां कशीं एकामेकांची ऊब घेवंक लागले. काल पाटयेर घातिल्ले पाडे वोंठातल्या वोंठांत गुणगुणूंक लागले. तायटार तायट घांसून शेक घेवंक लागले.

सावळो मास्तर तामरेती म्हऱ्यांत आयलो. बंडेच्या सकयल्या बल्सांत हात घालून ताणें फस्क काडलें. वणटीर लायिल्ल्या सरस्वतीच्या पांयजेला फाटलो उजवातिचो पुडो काडलो. तातूंत एकूच उजवात उरिल्ली. ती पेटोवन ताणें सरस्वती भोंवतणी भोंवडायली आनी पांयजेलाचे फास्केंतूच खोयली. पोको पुडो कुशिच्या कोनशाक वडयलो.

‘ त्या पुड्याचे फोलिचें हांव वक्ल करतलों.’

‘ मास्तर दिवचोना. ’

‘ मदले सुटयेंत ल्हवूच फारायतलों. ’

‘ चोरून ? ’

‘ अं. ’

‘ काल न्हूरे शिकयलां, चोरप पाप म्हूण. ’

‘ पोको चोल्ल्यार कसलें पाप ? ’

‘ चोरतल्याचे हात—’

‘ हात जोडात. ’ मास्तरान फर्मायलें. सगळ्यांनी हात जोडले. मागीर प्रार्थना सुरू जाली.

‘ ये सरस्वती ऽ ऽ ऽ नमण तुज्या पदकमली. ’ उंचेल्या ताळयान सगळ्यांनी प्रार्थना गायली. मागीर काल दिल्लो अभ्यास पळोवपाक सुरवात जाली. दर एकलो पाळये पाळयेन पाटी घेवन मास्तरा मुखार वचूंक लागलो. मास्तर ध्यान दिवन तपासूंक लागलो. नवे पाडे घालूंक लागलो. चुकिल्ल्याक समजावन दिवंक लागलो. तपासतां तपासतां वक्लाच्या हारशांतल्यान बशिल्ल्यांचेर तिरशी नदर धुंवडावंक लागलो.

‘ थंय खांब्याक कोणाची फाट तेंकल्या रे ? ’

‘ भैझवऱ्या, सारको बस. ’

‘ गाळ कोणें माल्ली रे. उबो राव. ’

‘ हांयें तेका सारको बस म्हण सांगलां मास्तर. ’

‘ तुकां सारकें उलोवंक कळना ? ’

‘ हय मास्तर. ’

‘ कितें हय ? ’

‘ सारको उलयतां मास्तर. ’

मास्तर परतो तपासपाक लागलो.

‘ तुजे पाडे कशे चुकले रे ? सारके गोठ्यांत बांदूंक नासले ? ’

‘ तेंगेर पाडे ना मास्तर, रेडे आसात. ’

‘ तुकां मर्दी उलोवपाक कोणें सांगलें ? ’

‘ चुकलों मास्तर. उठाबशी काडूं ? ’

‘ नाका. जाग्यार बस. ’

‘ मास्त ऽ ऽ र ’

‘ कोण आड्डता रे फाटसून ? ’

‘ मास्तर, नानू हांगा—’

‘ शंकर उबो राव, कितें जालां ? ’

‘ नानू म्हाज्या जाग्यार बसला—’

‘ नानू , उबो राव. तुजो जागो खंय ? ’

‘ ’

बोट दाखयता ? मोनो तूं ? आजूच फाटीं कित्याक बसला ? चल बस खांब्याकडेन. ’

'मास्तर!'

'शंकर, आतां आनीक कोण बसला तुज्या जाग्यार?'

'कोण ना मास्तर.'

'मागीर?'

'नानून गणितां करुंना मास्तर.'

'बरें आसा, तूं चित्रां काडटा काय गणितां करता?'

'गणितां, मास्तर.'

'नानू,'

'मास्तर उलो करता मरे!'

'शंकर, तुवें सांगपाची गरज ना. तेका आयकोंक येता. तुजीं गणितां तूं कर. आज बेगीन सोडचोना तुमकां.'

'बरें मास्तर. णवांतले चार काडल्यार--'

'शंकर—'

'जावना मास्तर गणितां म्हाजीं.'

'मातसो ल्हवू. आवाज येवंक फावना. सारकी मांडी घाल.'

'हय मास्तर.'

'नानू, पाटी घेवन यो.'

नानू कोरी पाटी घेवन मास्तरा म्हऱ्यांत उबो रावलो.

'तुज्या सारक्या हुशार भुरग्यान अशी कोरी पाटी हाडप? लज मरे! यो, असो लागीं यो.' मास्तरान भुजाक धरून ताका लागीं ओडलो.

'तुका कळूं ना गणितां?'

'ना.' नानून फट मारली.

'काल शिकयल्लीं समजुंना?'

'ना.'

'मागीर काल तुवें कळ्ळयां म्हण कित्याक सांगलें?'

नानून मास्तराक पळयलो. तो फट उलयलो खरो पुण ताकाच तें मानवलेंना.

'हरकत ना. हांव परतून शिकयतां. आतां लक्ष दितलो मरे?'

'हय.'

'दी पाटी. पळय, एका मनशाक एका दिसाक दोन रुपया दिसावडो मेयटा–'

‘ पांच रुपया. ’ नानूक रातची याद आयली.

‘ बरें, पांच रुपया. ’

‘ हय. ’

‘ एका मनशाक दिसाक पांच रुपया जाल्यार चार मनशांचे एका दिसाचे कितले जाले ? ’

‘ चार मनशां ? ’

‘ हय. चार मनशां. ’

नानून येवजिलें. चार मनशां म्हटल्यार बाप्पा, आवय, केंसर आनी हांव. पुण बाप्पा आनी आवय दोगांयच जोडटात....हांव शाळा शिकतां....केंसर बेरटें वाडयार हेडटा....पुण, आवय पांच रुपया खंय जोडटा ? बाप्पा....बाप्पा आयच्यान पांच रुपया जोडूंक वयतलो....आमी चौगांय गेल्यार कितले पयशे जातले....बाप्पाचें बोल्स भरतलें. पांच रुपया बाप्पाचे...पांच रुपया आवयचे.... पांच रुपया म्हाजे...पांच रुपया केंसराचे.

‘ कितले रे ? ’

‘ वीस रुपया. ’

‘ शाब्बास ! ’

‘ आवयस, कितले ! ’

‘ समजलें मरे ? आतां दुसरें पळय. एक गाडी– ’

‘ कसली ? ’

‘ कसलीय. बैलांची समज– ’

‘ आमचे असली ? ’

‘ हय. समज, तुमगेली गाडी. तर ती गाडी सामानाची एक पावट व्हरपाक धा रुपया घेता– ’

‘ मास्तर ’

‘ समजूं ना ? ’

‘ मास्तर, तुकां समजूं ना. ’

‘ आं ? ’

‘ एक पावट मारपाक सत्तर रुपया घेता. ’

‘ जाणा हांव. तितकें कठीण कळचें ना तुका. ’

'मास्तर, तूं जाणां ?'

'हय.'

'नानू दुबावांत पडलो. मास्तराक रातची गजाल सांगली कोणें ? तरी मास्त. आयज असले हिशोब घालूंक लागला. ताका अकस्मात येवजलें....मास्तराक हेंवूय खबर आसतलें. आज रोवणी ना. मास्तराक आयज जेवपाक आपयल्लो. आतां ताका रोवणी ना म्हण कशें सांगप ?....'

नानूक खाल्ल्यासारकें जालें. ताका उमाळून आयलें. रातचे गजालिचो. उगडास जावन ताच्यो पातकडयो ओल्यो जाल्यो. बाप्पाचो तो अवतार.... आवयचे तांबडेगुंज दोळे....आनी बाप्पान तिजेर शेडायल्लें थापट....ताचें आंग शिरशिरलें.

'नानू, तुजें शीं वचोना आजून ?'

'गेलें मास्तर.'

'मागीर कडकडटा कित्याक ? पळय हें गणीत.'

'मास्तर–'

'कितें ?'

'म्हाजें लक्ष लागना आयज.'

'कित्याक रे ? आयज रोवणी म्हणोन !'

'आयज रोवणी ना आमगेर.'

'ना ? कित्याक ?'

'बाप्पान गाडी बांदल्या. नायेला गेला.'

'अशें.'

'फाल्यां दवल्ल्या रोवणी. तूं फाल्या यो जेवपाक.'

'पिसो मरे ! म्हाजी चिंता करूं नाका तूं.'

'मास्तर ?'

'सांग.'

'तुवें आयज रांदलां ?'

'आं....? हय.'

'तूं आयज आमगेर जेवपाक येवपाचो न्हू ?'

'हय.'

'मागीर ते खातीर तुयें रांदुना आयज.'

'एँ. हांवें रांदलां.'

'फट मारता तूं. तुयेंच सांगोना काल ?'

'कितें ?'

'फट उलयल्यार पाप....'

'शाळा सुट्टकच रांदतलों हांव.'

'शाळा आयज उसरां सुट्टकली.'

'कोण सांगऽ तुकां ?'

'व्हडळ तुयेंच शंकराक सांगलां.'

'चल बस तुज्या जाग्यार.'

'मास्तर, फाल्यां याद्दीन.'

'बरें बरें.'

आनी मास्तर खऱ्यांनीच चिंतूंक पडलो. आयज दोनपारच्या जेवणाची चिंता नाशिल्ली म्हूण ताणें सदच्या सारकें सकाळी शिजोवंक नाशिल्लें.

'मास्तर.'

'शंकराचें परतें कितें जालें रे ?'

'मास्तर, आंगणांत वचों !'

'कसलो पराक्रम करूंक ?'

'पावलांनी सांवळी मेजूंक. बारा जाल्यां जाल्यार पळोवंक.'

'गरज ना वचपाची.'

'मागीर वगत जालो म्हूण कसो कयटलो ?'

'शाळा सोडटां आतां- चला सगळे, सांजे बेगीन येयात.'

'ओ ऽऽ ओ ऽऽ

भुरग्यांनी चौखी माथ्यार घेतली. खिणाभितर सगळीं सवणीं कशीं उडून गेलीं. मास्तर एकलोच उल्लो. मंद मंद पावलांनी तो आपल्या बिराडाकडेन वळ्ळो. ताच्या दोळ्यांमुखार फकत नानूचें फांफशिल्लें चित्र आशिल्लें.

■ ■

तिनसांजचे कातरीर चिखलांतलीं पावलां वयर सल्लीं. शेतकाऱ्यांनी मुस्तायकी खांदार वडयली. बांदावयल्यो व्हाणो पायांत चडयल्यो. सगळे तळयार आयले. हात–पांय झंजळून ताणीं आंगाचो चिखोल देंवयलो. कानांचें विडये शेंवट पेटोवन वोंठ शेकयले. तांच्या आंगांत हुनसाण आयिल्लेवरी जाली. बरींच पावलां सदच्या नेमा प्रमाण दादाचे गादयेर वळपाचीं पुण तशें घडलेंना. जणा एकल्याक आजच्या सोमाराचो उगडास आशिल्लो. दर सोमाराक चौखेर ग्रामपुरसाचे देवळेंत भजन जातालें. कुल्यार पखवाजाचो ताल सोदीत आनी वोंठार अभंगाच्यो वळी जुळयत एकानएक पावल चौखेर वळ्ळें.

दोंगरार चरवाक गेल्लीं गोरवां मुसकां फापडीत तळयाच्या तिरान देंवलीं. घुंगर–घांटी वाजयत उदकाक तेकलीं. अधाशासारकीं घटाघट उदक घोटूंक लागलीं. बोरींचो सांपळो भरून आयलो. बांगर बैलांचे घेंकर आमोरी कापीत गेले. ते सरशीं घरांतल्या मनशांनी कायलींनीं पेंड–भड्डो कालोवपाक सुरवात केली. व्हियेल्ले गायचे पाने पाडकाक लुचोवपाक तट्टून आयले. पाडकाचे ‘ हाम्माऽऽ ’ कानांत पडनाफुडें गायो मेळटा तश्यो गोठयावटयां धांवूंक लागल्यो. तांचे फाटल्यान बांगर बैल लाळ गळयत लेंबडे कशे चवताळ्ळे राखणे आपापल्या गोरवांक गोठयाकडेन वळोवंक लागले. तरातरांच्या गाळिंनी तांचो उद्धार करूंक लागले. ह्या दिसांनी गोरवां फाटल्यान चडशीं धा–बारा वरसां पिरायेचीं चेडवांच वतालीं. चेडे सगळे सांज–सकाळ सावळया मास्तराले शाळेंत शिकताले. चेडवांक शाळेकुशीक झळकूंक मेळनासलें. सुट्टया घागऱ्याचे दशे सांबाळीत चेडवां गोरवां फाटल्यान धांवतालीं. मुस्तायकी नाशिल्लीं आवयांच्या जुनेरांचे कुडके लावन वतालीं. कंबराक कितेंय गुटलायल्यार गरज भागताली. तेला थेंबो नाशिल्लीं माथीं कणकिचीं झोपां कशीं दिसतालीं. रानांत गोरवांक चरवाक घालून सगळीं जाणां एकामेकांच्यो धोशी घालून उबो मारतालीं.

सांज उलगली. रात उदेली आनी आतां तळयार फकत उदक व्हरपी बायलांच उल्लीं. बायकुलांत कळसुल्यो बुडोवन ताणीं कळशे भल्ले. दावे हांडीर कळसो आनी उजव्या हातार कळसुली अशी दोड घेवन तीं चालीक लागलीं. कोण तळयांत बुचकळी मारूंक लागलीं. तळया वयल्यान दादले येताशे दिसले कि एकामेकांक शिटकावंक लागलीं. काळखांत मनशाक मनीस दिश्टी पडना तरी लेगीत हड्डयार हातभर पालव ओडूंक लागलीं. कांय जाणींनी मुस्तायकी उमळ्ळी.

झंजळ्ळी, पिळ्ळी आनी खांदारूच वाळगत दवल्ली.

‘ थंय बरम्याकडेन उमळशात. ’

काळखांतूच कोणा जाणट्याचो आवाज आयलो. तशीं उमळपी कुशीक वचून उमळूंक लागलीं. उमळप मोन्यांनी चल्लें ना. दीसभर गांवांत कितें घडलां, घडुंना ताचो कीस पडूंक लागलो. घालूनपाडून उलोवणीं चल्लीं. संद सादून एकामेकांचेर तोंडसुख घेवन जालें.

‘ रुक्मीणीली रोवणी आयज कित्याक उल्ली जाणां ? ’

‘ रोव येयल्लोना दिसता ! ’

‘ आंगूळभर येयला. म्हाज्या दोळयांनी पळयला. ’

‘ मानाय मेळ्ळेना जायत. ’

‘ एका कार्याक मानाय पायलेक पंचीस. ’

‘ मागीर खंयच्या आंबाडयाखातीर म्हाळ खळ्ळो ? ’

‘ रुक्मीणीचो घोव आयज खंय पावला जाणां ? ’

‘ खंयच्या तेर्‍याक गे बाये ? ’

‘ नायेले. मिनांक. ’

‘ मिणांक ? मीण सोदपाचे बायलेन. ’

‘ कोणें गे, रुक्मीणीन ? ’

‘ शू ऽऽ ’

‘ रुक्मीण उदकाक येता. ’

‘ चल गो दोड उचल. या बेगीन. आज रुक्मीणीलो सोमार न्हू चौखेर ! ’

‘ हय गे रुक्मीण ? ’

‘ हय बाये. ’

‘ बरी पंचाखाद आसतली. बाप्पान ब ऽऽ रें हाडलां जातलें. ’

‘ हय गे रुक्मीण ? ’

‘ उलयनासतना दोड खाक्यार मारून गेली. ’

‘ मिणाच्यो खबरी उलयनात. ’

‘ हीऽऽऽ ही ऽऽऽ ’

■ ■

चुडयो आनी लापयांवांच्या उजवाडान एकएकलो चौखेर भितर सरूंक लागलो. दिसा शाळा भरताली ते सुवातेर थंय आतां भजनाचे कार्यावळीक सुरवात जाली. आबून चौखेर शेकानशेक हातरपटो सोडलो. चौखे मुखावयले ग्राम-पुरसाचे देवळेंत वचून पांच वातिंचो दिवो लायलो. सावळो मास्तर पुडव्याचो शेंव खांदार वडोवन पेटयें म्हऱ्यांत बसलो. कुशीक बशिल्ल्या शंकराक ताणें बोट दाखोवन पेटयेचो सूर दामूंक सांगलें. शंकर झेतान भातो ओडीत रावलो. मास्त-रान पखवाज मेळोवन घेतलो. वाजयतल्याकडेन काडून दिलो. मर्दी मेकळी सुवात सोडून दोशींवशीं भजनी बसले. कुशीक कोनशाक येवन बायलां–भुरगीं चोम्यांत बसलीं. तिरश्या दोळ्यांनी आपापल्या बायलांक पळोवन भजनी आपले थारोवन बसयल्ले अभंग घोळोवंक लागले.

‘ भुरगे मुखार बसात रे. हरशीं शापोतां बरीं सांगतात. आतां गाणीन शेंपडयो कित्याक ओडटात ? ’

‘ करा रे सुरवात. रात कित्याक ? ’

‘ आज कोणालो सोमार रे ? ’

‘ पंडरीलो. ’

‘ मागीर पंडरी खंय ? येजमानीच ना मरे ! ’

‘ ए रुक्मीण, घोव खंय गे तुगेलो ? ’ बायलांक एकल्यान विचाल्लें.

‘ तिवूय ना. ’ बायलांच्या चोम्यांतल्यान जाप आयली आनी मागीर खूब खसखस पिकली.

‘ आरे, भजन सुरू करचे आदीं एक गजाल सांगतां. ’

‘ आबूचें सदांच कितें तरी आसता. ’

‘ थोडे उल्ल्या म्हाजे. दस सल्ल्या पांच उल्ल्या. ’

‘ शंबर वरसां कांय जायना तुकां. ’

‘ शंबर कित्याक ? तळ्याक उदक आसासर मरना हांव. ’

‘ सांग मरे बेगीन. ’

‘ सावळो मास्तर सांगता—’

झाडांतलो वारो काडून घेवचो तशे सगळे वगी रावले. मोन्यानी आयकूंक लागले.

‘ शाळेंत वचपी भुरगे ह्या दिसांनी सक्काळीं उठना. ’

' आमचे संततीचेर आनी धाम येवं, दीस उदेलो तरी उठना. ' बायलांत एकली फुतफुतली.

' तुमकां बायलांक सांगतां. भुरग्यांक आमच्या सारके रेडेच दवरपाचे आसात जाल्यार बारापासून न्हिदयात तेंकां शेजेर. मागीर लोळपाक खळयो आनी तळें आसाच केलदयांक ! फायच्यान सगळ्यांक फांतोडीर उठोन घालूंक जाय. '

खीणभर सगळे वगी रावले. मास्तरान पुडव्याच्या शेंवान तोंड पुसलें.

' आनीक एक गजाल–'

' ही दुसरी. '

' जाणां रे हांव. तुकां बेगीन घरा वचपाक जाय. भियेवं नाकां. तुजी बायलूय येयल्या हांगा. '

पिंपळ सळसळ्ळेवरी सगळे हांसले. बायलांचे गर्देंतल्यान एकलेन मान बागयली. आबू उलोवंक लागलो.

' सर्द लुंवोन जालें. मळून जालें. '

' खावन सोंपत येयलें. '

' अंदू वरसासारकें पिकलेंना. '

' वरसाची रड सांगों नाकां. फुक्याची घरवड तुमची. '

' बरें पिकलें रे अंदू. '

' हय मरे ? भटाक दिलें ? '

' तो सोडटा ? जळू कसो लागोन मळणेर येवन घेवन गेलो. '

' मडवळानूय हेलां जातलें. '

' भावणीन व्हरोना ? '

' कोळंबाक भावीण लागना. '

' तुमच्यो बायलो जांगां पांगांनी बऱ्यो आसतकूच भावणी कित्याक तुमकां ? '

' आबो, आतां तूंच फकाणां करूंक लागलो. '

' फकाणां करता तुमी. तिंवूय म्हाजीं न्हू. देवासमान मास्तराचीं. '

' मास्तराचीं ? '

सगळयांक अजाप जालें. सगळयांनी आबूचेर नदरो थिरायल्यो.

' आरे, मास्तराक भात दिलें तुमी ? भट, मडवळ मळणेर येवन घेवन गेले. मास्तरानूय साक फाटीर मारून मळणेर येवपाचें ? तेका पोट आसा मरे ? आपलो

संवसार थंय पलतडीं सोडून हांगा तो तुमच्या भुरग्यांच्या कपळांत चार अक्षरां रिगयता. तेणें तळयाचें उदक पियेवन रावपाचें ?'

'आमकां खंय खबर ?'

'खबर ? मास्तराक हांगा दवरतना थारोवंक नासलें ? दर पिकेर एका भुरग्या फाटल्यान एक कुडव भात दिवप म्हूण. आतां वल्लें तोण. भुरग्यांक शिकोवपाक, भजनां गावपाक, तालगडी नाचोवपाक मास्तर जाय झवतऱ्यांनो ?'

'आबू, आतां आसू तें. फाल्यां पळोवया.'

'मास्तर, तूं देवमनीस. तूं वगी राव.'

'फाल्यां पावतें करतां आमी सगळें.'

'हय ?'

'हय.'

सगळ्यांनी मानो घोलयल्यो. अपराधी नदरांनी मास्तराक तेळ्ळो. आबूच्या दोळयांत रसरसल्ले इंगळे ल्हवू ल्हवू पालोवंक लागले. स्वासांची गती आशिल्ली तशी जाली. कुडिचो थरथर थांबूंक लागलो. थरथरत्या पायांनी तो चौखे वयलो आंगणांत देंवलो. काना वयलें विडये शेंवट काडून पेटयतलो इतल्यांत धांपेत धांपेत पंडरी आंगणांत पावलो. आबून उल्ले सुक्के खोवले पंडरीचेर फापुडले.

'भैझवऱ्या, देवाच्या कामांक उशीर ? तो वयर बसोन पळयता मरे तुमचे पराक्रम, आवशीझवऱ्यांनो !'

'केली सुरवात ?'

'करतले ते. तूं असो पिसुडलेलो कोंब्रोसो कित्याक येयला ?'

'न्हावना आजून.'

'हात रेडया ! कुळम्या गावडयाच्या कास्ताचो काय कितें रे ? चल तळयार. बुचकळी मारून यो.'

'तेंका सांग सुरू करूंक.'

'तुवें सांगपाची गरज ना. मास्तर बसला थंय. तूं बेगीन यो. नाजाल्यार पासडी पडशी थंयच. आंबाडयां खातीर म्हाळ खळोंक नाका.'

पंडरी आयलो तसो तळयार धांवलो.

धूप, उजवाती परमळ्ळयो. झांजी झांजरल्यो. पखवाज तणतणलो. पेटयेच्या सुरार सूर भायर पडूंक लागले. मास्तराच्या म्होवाळ आवाजान भजन सुरू जालें.

भायर आंगणांत आबूची तनर लागली. पावसाच्या दडक्यां भाशेन अभंगार अभंग जाले. सगळो कोळंब भजनांत बुडून गेलो.

सोनियाचा दिवस आजी
अमृतें पाहिला
नाम आठवितां रूपी----

आबू आपणांक पुराय विसरून गेलो. आपली कूड ताका फुलावरी ल्हव भासूंक लागली. भजन रंगार आयलें. सगळ्यांचे अभंग गावन जाले. निमाणें-कडेन भैरवी जाली.

लई नाहीं लई मागणें
देवा ऽऽऽ

अश्टक म्हणून जातकच पंडरीन उमळें न्हेसून सगळ्यांक पंचखादय वांटली. सगळेजाण आपापल्या घरा परतले. शिजोवन दवरिल्ली भाकरी, पेज जेवंक लागले. साप्प नाशिल्ल्यांनी तिसऱ्याय पारा आंबील भुरकायली.

आबू आंगणातलो उठलो. तेन्ना चौखेर कोणच नाशिल्लो. सगळें शांत आशिल्लें. आबूच्या कानांत आजून झांज-पखवाजाचो आवाज घुमतालो. तो तसोच तळ्या वाटयां चलूंक लागलो. मुखा वयल्या काळ्याकिट्ट काळखांतल्यान अभंगाचीं उतरां उजवाडाचे सूर जावन येतात अशें ताका दिसूंक लागलें. ताणे दोनय हात जोडले. तळ्या वयल्याक नमस्कार केलो. तसोच दोनय हातांचो पोसो ताणे तळयांत बुडयलो. वोठांक लायलो. एक पोसो, दोन पोशे...पोश्यार पोशे....धंकर सुटसर.

सोनियाचा दिवस आजि
अमृतें पाहिला

थरथरत्या वोंठार गुणगुणत तो वळ्ळो. बायल भुरगीं नाशिल्ल्या आपल्या खोपटांत. खूब जाणांचो एकलो....खूब जाण आसून एकलो....एकसुरो...

* * *



मार्गशिर्श सोंपून पौश लागलो. कोळंबार बऱ्याच जाणांच्यो रोवण्यो जाल्यो. माथ्यावयलें वजें दवरन्यार दवल्ल्या सारकें जावन शेतकार बावरूंक लागले. कोळंबाच्या आयसपयस जावपी काल्या–जात्रांक रातीकार्तिचे मैल मैल रानवाट माडून वचूंक लागले. गरजेच्चें आयदन कादन घरांत आयलें. बायल–भुरग्यांची हौस भागूंक लागली. पयशांक लागून कांय शेतकाऱ्यांनी अर्दमोलाक भात लाटलें. भाताच्या पोटल्यांच्यो थडयो कुडींत रचणुकेक लागल्यो. तांदळाच्यो मुडयोय बांदपाक सुरवात जाली. एक एक दीस मुडयांच्यो थडयो नावेले आनी पलतडीं वळवयच्या बाजारांत वचपाक लागल्यो. परत्यो सामानाच्यो पोतयो भरून थेवपाक लागल्यो.

पौशाच्या शिंयार पणसां–आळींक कोंबऱ्यो फुटल्यो. पांचवे पत्रेंतल्यान कुकुलीं कवकत्रीत दामगां तकल्यो भायर काडूंक लागलीं. तळयावयली आमुल्ली वयार आयली. नव्या पानांनी तिजो पांचवो कोर बोतांत तिकतिकूं लागलो. काजींक कंवळयो आंकऱ्यो फुटल्यो. दिसनादीस वाडत, पानां ताळटा येदो आकार घेवंक लागलीं. खांदयांनी तेंगशा तेंगशांचेर चंवरां घोलूंक लागलीं. सकाळपारा दंवा वांगडा परमळूंक लागलीं. तळया वयलो खूंट उबो सांतोण फुल्लो. कोळंबाचेर शेकानशेक नदर मारून समाधानान घोलूंक लागलो. तळया खांचींतली रातराणीय परमळ्ळी. रातचो चोरयां सुंटीसारको वास पसरावक लागली. सगळो वांठार त्या वासान कणकणलो.

दोंगरा वयलें धवें करड आबूच्या खाडाच्या पिकिल्ल्या केंसां सारकें दिसूंक लागलें. लोकांनी करड कापून वण्णी बांदल्यो. कड्डाचो माच केलो. जाय ताणीं गोरवांक दवल्लें, नाका ताणीं विकूंक काडलें.

लजेच्या माध्यार बारीक बारीक केंसराचे तांबशे गुलाबी गोंडे फुल्ले. वाऱ्या झोतार धोलूंक लागले. आंसाळे पिकून काळशे निळशे जायत गेले. सवण्यांच्या चोंचीनी पोरांनी फळान फळ वेंचून काडलें. दाट पानांचो मुट्टुलो कुंबयो दांत किडिल्ले भाशेन पानांनी किडयाळ्ळो. वारो तांतूंत आपालिपाचो खेळ खेळूंक लागलो. वाटे वयले कड्डाचे भाले येत्या–वेत्याचे मुस्तायकेक तोपूंक लागले. रातचें कात वातडेवपी शीं आनी दिसाचो कात भाजपी वोताचो खरख जीव कश्टावंक लागलो. वोताच्या खरखान तायखिळयाच्यो सुकिल्ल्यो सांगो तट्टट्टून फुटूंक लागल्यो. धेंप धेंप भायर भिरकटूंक लागल्यो. बाम्नलां भुरग्यांनी रानांत वचून कुडयाचीं शेनतां खुटलीं. तळया वयल्या खडपांर सुकयलीं आनी मोवळ्यो बांदून माळ्यांनी दाळ्ळीं.

शेतकाऱ्यांनी सर्दाचे जमनींक ओल आसतना मेरो धरपाक सुरवात केली. वांयगणांत रोप लायतल्यांनी शेताबांदार तरवो घातलो. सर्दाचे जमनीर चवळी–अळसांदे रोवपाचे जाले. आडवीं उबीं दोन तासां वडयलीं. गोबोर–मळपी फापुडली आनी दाणे शिंपडायले. मिरसांगांची वारयीं करपाक आदीं मिरसांगाचीं बियां घालून तळयाधडेर माजे केले.

तिनसांजचे कातरीर बाबुसो सोपाणां चडून भितर आयलो. आंगणा कुशिच्या पोरसांत रुक्मीण न्हाताली. झिळमिळया काळखांत तिणें बाबुशाक वळखलो. ह्या दिसांनी ताच्यो दोन चार खेपो जाल्ल्यो. आनी त्यो लेगीत पंडरी घरा नासतना. रुक्मीणीक ताची सणसणीत तिडक मारताली. आपल्या घराकच न्हय तर सगळ्या कोळंबाक तो कीड लायतलो म्हण तिका दुबाव पडिल्लो. खरें म्हळ्यार पयल्याच दिसा रुक्मीणी कडसून ताका मेर्दामेर्द मेळपाचें पुण ताच्या सांगातच्या अनवळखी गुजराक पळोवन तिणें राग गिळिल्लो. बालदेंतलें उदक काडटना तांबयाचो 'सण्ण' अरून आवाज जालो.

'कोण थंय ?' पडवेर रावून बाबुशान विचाल्लें. रुक्मीण वगीच रावली. दार बंद आसा तें पळोवन तो सकल आंगणांत देंवलो. रुक्मीणीन काळखांतूय जुनेराचो पालव हड्ड्यार ओडून घेतलो.

'पँडरीप्पा.' ताणें उलो माल्लो.

'येवना आजून.'

'कोण गो, रुक्मीणआका?'

'पंडरीप्पा-रुक्मीणआका! चड लागला दिसता!' ती मनांतल्या मनांत गुणगुणली. तसो तो पोरसाचे वंयेकडेन आयलो. खुंटाक हात धरून ताणें पोरसांत ओणंव घातलो.

'न्हातां हांव.'

'न्हा, न्हा तूं. तशें लजपाचें कारण ना.'

'उजकाडो! लजपाचें कारण ना.' पुण उतरां वोंठांर आयलिंना. तिका दिसलें, व्हाणांनी हेचें तोंड फोडून काडचें.

'भयणी समान तूं म्हाकां.'

रुक्मीण वगीच रावली. तो उलयत रावलो.

'जाणां मुगो रुक्मीणआका, म्हाजे भयणीक न्हाताना हांव उदक काडून दितालों. पंडरी पावोंना म्हणटा आजून?'

'ना.'

'हांव आनी तो वांगडा खणीर साकून येयल्या. खंय चुकलो?'

'तुकां सद्दां चुकता.' रुक्मीणीन मोट्यान म्हळें ना.

'रुक्मीणआका, भुरगीं खंय दिसना!'

'मांडार गेल्यां. भुरग्यांल्यो धालो सुरू जाल्या.'

'वचोंनी. ल्हान भुरग्यांक खूब उमेद. म्हाजी भयण खूब नाचऽ.'

'खंय दिल्या?'

'दिवंच्या आदींच हेली तिका.' बाबूशान काळखांत खोमीस दोळ्यांकडेन ओडलें.

'कितें जालें?' रुक्मीणीचीं उतरां भिजलीं.

'न्हंयेंत खुबे काडपाक गेल्लें. बारा वरसांचें आशिल्लें. केंसरायेदें. बुडोन मेलें.'

'आनीक भयण ना.'

'ना रुक्मीणआका. रुक्मीणआका?'

'कितें?'

'तुकां रुक्मीणआका म्हटल्यार रागबीन येयना मुगो ? '

'नारे. म्हूण तूं. '

'रुक्मीणआका, भुरग्यांक हो बिस्कुत्यांचो पुडो हाडलेलो. '

'कित्याक तरास करून हाडलेलो ? '

'तरास कसलो ? मोग आसल्यार खंय हून वोडे बांटार पावतात. तुजीं तशीं म्हाजीं भुरगीं. '

'लगीन कित्याक जावंना ? '

'कोण दिता चेडूं आमच्यासारक्या मोवाल्याक ? '

'मोवाली कित्याक ? जोडटा तें न्हू ! '

'जोडटा तें मोडूंक पुरो. '

'मायेचें जाय कोणीतरी. '

'तुज्यासारकें आका आसा तें पुरो. आमोरेर येयलो. जाप दिली, गेलो. '

'बस. '

'वयतां हांव. '

'राव, इल्ली गंजणाची च्याव करून दितां. '

रुक्मीण ओल्या जुनेरार पोरसांतली आंगणांत आयली. धांवत्या पावलांनी सोपाणां हुपून पडवे वयल्यान घरांत गेली. चिमणेच्या उजवाडान तिज्या गोऱ्या पोंवटांक दशिल्लें जुनेर आनी सोपाणां चडटना पालवांतल्यान भायर पडिल्लीं तिचीं थवथवीत थानां ताजे तिरशे नदरेंतल्यान सुटलिंना.

■ ■

पौशांतली मालनी पुनव लागीं आयली. सांवरिचीं बोणां कशें चार्ने फुटलें. शियान धंयावरी धवळूंक लागलें. चान्न्यांत वयल्या वाड्यारसावन सकयलो वाडो स्पश्ट दिसूंक लागलो. भुरग्यांक मदले पायणींतल्यान जाय तशें किरोवंक मेळूंक लागलें. पुनवेकडेन विणयां–आंबाड्यांत पट्यो–फांतयो परमळूंक लागल्यो. पोरसांत

सोनयांळ्या पावळ्यांची शेंवतीं हळ्ळुर्वीताल जाली. लांबलांब दांड्यार पिशी आबोली घोसांनी फुल्ली. एकाएका घोसाचीं बचकभर आबोलीं खुंटून आयावांनी खोप्यांत खोयलीं. चलयां-बायलांच्या वोंठार आतां घालो घोळूंक लागल्यो. एका-मेकांकडेन वासपूस जावंक लागली. ल्हान ल्हान भुरगीं आवयांच्या जुनेरांक धरून 'केन्ना' 'केन्ना' म्हण सतावंक लागलीं.

आनी एका बुदवारा मांडार वेळ जाली. मांड चौखेमुखारूच आशिल्लो. दोंगां चौगां बायलांनी वचून आबूक आपोवन हाडलो. वरसावळी प्रमाण जाणटेल्याच्या हस्तुकीं तेल, काजळ, कुकूम, गंदाचो तिबो लावन मांडावयल्या देवाचो भौमान जालो. फूल- चामळ माथ्यार घालतकच आबून सांगणें केलें.

'पाव म्हाज्या माणाच्या गुरु....

वसापूर्सा...गांवापूर्सा....आकाऱ्या....जाणां....पूर्वचाऱ्या....पंचरामा....जाग्या देंवचारा....पीरबर्म्या....वरसावळीप्रमाण ही लेकरां तुजी शेवा करूंक येयल्यां... तुजे वालिचीं फळां ज्या ज्या थिकाणार आसा त्या त्या थिकाणार....येता वयताना ....वाटेतिटेक ल्हयेंक धोको बादूंक दिव नाकां....कोणाच्या मनांत येता तशीं येवजिल्लीं कामां साददय कर....पयशाक पांच पयशे लाबोवन दी....राखणरख-वाली घट्ट दवर....कसल्याच्च कामांक आडयेडखळ येवंक दिंव नाका....' अशे-रितीन विनंती करून लेकरां मागणें मागता....बरें कर सायबा....'

सांगणें जातकच नाल्ल उखलासून तुळशीपेडयेर दवल्लो. दुसरो नाल्ल फोडून सगळ्या तारापोरांक शिरन्यो वाटल्यो. तळयाकडल्या देंवचाराक नाल्ल उखलासून दवरपाक तो तळयार गेलो. वतना ताणें बायलांक धालो सुरू करा म्हण फर्मायलें.

बायलांनी एकामेकांच्या खांदार हात घालून दोन फांतयो केल्यो. भुरगीं कुशीक वचून फुगडी घालूंक लागलीं. फांतयांनी गीतांतलें देवस्पण गायलें. एका ताळार पावली मारून तीं एकासुरान गावंक लागलीं.

नाल्ल फोडूनी शिन्र्यो करूनी
वाटिल्यो तुळशी बिल्लावणी गे
वाटिल्यो जाल्यार बऱ्यो जाल्यो
तळया वयल्याक साद घाला गे

मागीर एकएकली कोंळबाच्या थळांतल्या देवादेवांची नांवां सुचयत रावली आनी पंगडान घोळयत घोळयत गायत रावलीं. मुरम्यांची फुगडी तिकडेन रंगार आयली. सवायशिर्णीच्या तोऱ्यांत तीं गावंक लागलीं.

सात संमिद्रां भायर एक कांदळीचें झाड ग
सवायशिणी नारी आमी कांदळां खुंटूं गेल्यो गे
हातांत फणी तेंझे फांटीर विणी गो
हुंबऱ्यार बसोन नार काय चिंता करी गो
म्हायेरा वयता नार वांगड सोदी गो

धालांचो सुवाळो पांच दीस चलपाचो आशिल्लो. पांचव्या दिसा निमाणी रात आनी ताजे दुसऱ्या दिसा सकाळीं मांड दवरपाचो दबाजो आशिल्लो. धालांच्या दिसांनी दिसाभराचो वावर केन्ना सोंपता आनी केन्ना मांडार धाल्न घेता अशें चलयांक दिसतालें. राती मध्यान्नेमेरेन कोणाल्या दोळयांची पातकडी बागवना आसली. जाणटेलीं तांकां मुद्दम थारोवन धालो बंद करून न्हिदूंक धाडटालीं.

केंसराचें पावल तर ह्या दिसांनी मात्तूय जमनीक लागनाशिल्लें. हातार उदक पडनाफुडें तें मांडार धांवतालें. पायणीच्या मोडणार लकत लकत तें एकूच धांव मारी आनी मांडार हाजीर जाय. धालांच्या दिसांनी पंडरीचो भाचो नरशिंव कोळंबा आयिल्लो. तो केंसराचे पिरायेचो आशिल्लो. दर वरसा धालांक येतालो. केंसरा वांगडा आनी नानू वांगडा नाचतालो. मांडार व्हडी रात मेरेन केंसरा सांगात रावतालो. नानू झेम येतकच घरा येवन न्हिदतालो पुण नरशिंव मात झामय काडिनासतना धालांची मजा पळयत पेळयेर बसून रावतालो. तो धालां-मांडार आसतकच केंसराकय फुगडयो म्हणूंक नेट चडटालो.

धालांचे पांचवे राती पिठ चान्नें मांडार पातळ्ळें. ल्हारां करयो फुगडयांर फुगडयो उसळूंक लागल्यो. घोग्या सारक्यो एका तालार ताळयो पडूंक लागल्यो. बांदार वाऱ्यान धोलिल्लया केळींसारक्यो बायलो कंबरांत बागूंक लागल्यो. सद्च्या सारकी पयली फुगडी देवाच्या नांवान सुरू जाली.

कां क्रिश्णा मागासी बाळा रडोनी
आई मला मळब दी गे हाडोनी
तेची मला गयडी दीगे करोनी

श्रीकृश्णाच्या सगळयां हट्टाचीं वर्णनां जालीं. हट्टांची जंद्री सोंपत आयली तेन्ना तेच ताळयेच्या तालार दुसरी फुगडी सुरू जाली.

कापीलां चंदन घडयलां तारुं
तारुं घडयला रे चंदन रुक्षाचें
तारुं लागलां रे कोळंबाच्या बंदराकू

सगळीं भुरगीं हांसलीं. नरशिवान झेमतल्या नानूक कोंपर मारून जागो केलो.

' आतां केंसर म्हण गो. '

' नानूची म्हण फुगडी. तो झेमता पळय. '

भाव आनी भयण चलतां मार्गान
सांग म्हाजे भयणी सासुरेची कथा
सासुरेची कथा आसा म्हाजे मनीं

भयणीन मागीर भावाकडेन दुकां गळयत घोवागेले वैदावास सांगले. नेणटेल्या केंसराची तोंडभरून तोखणाय जाली. जाणटयांनी ताजी फाट थापटिली.

नेण्टेली गे बाई सीता
सीता गेली गे न्हंयी व्हाळार

' तळ्यार म्हण गे. '

सीतेक मेळला धनुश्यबाण
सीतेन बाप्पाक साद केला
साद वाऱ्यान झिडपीला

' आतां एक उड्टे चालिन्ची म्हणा गे. पळोवया हीं भुरगीं कितलीं नाचता तीं.'

उड्डे उड्डे मोरा
मोरा आमी जावुंया आकाच्या घरा
मोर गेला गे गगनाला
सीतेबाईच्या लगनाला

मागीर सीतेची फुगडी जाली. सीतेचो वनवास आयकून बायलांच्यो पातकडयो ओल्यो जाल्यो. म्हणटलेचो ताळोय भरून आयलो. दीस गेल्ले सीतेक लक्ष्मणान वनांत व्हरून सोडली तेन्ना सीतेन देराक प्रस्न केलो.

एक सावळी म्हाजी गा दुसरी सावळी तुजी
तिसरी सावळी कोणा पुरुशाची

‘ आतां रडपाच्यो नाकां बाये. ’

‘ तुमचे घोव बीन सतायनात गो तुमकां ? ’

येयलां बाये वारें
हें गे फाटलां केळीपान
हटलां म्हाजें मन
उण्यां गे शब्दांनी
पतीच्या वैदासांनी
जीव दिवं समींदरा

‘ नाकां बाये भांगरा सारको जीव वोगडावंक. ’

‘घोव एकलो नाजाल्यार दुसरो. ’

‘ खोटलेक पांचशीं. ’

‘ खोटलेक पांचशीं ? कितें भावणी कांसाटो ? ’

‘ खंयच्यो भावणी ? म्हाड्डोळच्यो ? ’

‘ शेटी, शेटी खंय वयता ? ’

‘ म्हाड्डोळा. ’

पांच निम्मू पिकले वारीं
वास गेला लांब दूरीं
सक्काळचे पारी शेट येयला दारीं
शेट येवून माळयेर गेला
हात मारून रंग केला
बाप्पा म्हाजा गरीब भोला
बाजार मोटा पयसा खोटा
अदीक माया येयना त्याला

‘ पुरो बाये आतां फुगडयो. ’

‘ कंबरान चडोन येयलें ? ’

‘ भुरग्यांनो, आमी मातशीं बसतां ते म्हणसर कचे घाला कचे. ’

‘ इडी काड गे एक. ’
‘ घोव बायलां दोगांय लागलीं मगे इडी ओडूंक ? ’
‘ म्हाका फकत शिंयाची इडी लागता. ’
‘ आनी घोवाक फकत शिंयाची तूं लागता. ’
‘ आगो, तेंचें किते आयकता ? सुरू करा कचे. ’
‘ आरे, त्या भाच्याक नरशिंवाक सांडून तो नानू गेलो मरे. ’
‘ भाच्या, राव तूं केसराक. ’
‘ तुकांच तें. पळय कशें नाचता रातभर. ’
‘ मागीर व्हडलें जातकर तूंय नाचय तेका रातभर. ’

कचे बाये कचे
वल्लीभर कचे
आमच्या गणपती
भांगराचे मोचे

‘ कोणें गणपती पुजला गो चवथ येवचे आदीं ? ’
‘ चवथी आदीं तसले गणपती कोळंबार पुजू नाकां आं. ’
‘ आबू तळ्यांत बुचकळयतलो. ’
‘ गणपतींक ? ’
‘ वाडयतल्यांक.’

बोरां बाये बोरां
वल्लीभर बोरां
आमच्या बराबर खेळोंक येयल्यां
खारयांलीं पोरां

‘ पलतडसून वळवयचीं खारयां येतलीं धांवोन. ’
‘ खारयांल्यो ताण धालो ह्या दिसांनी. ’
‘ आमी न्हिददतकूच हांगा आयकोंक येता. ’
‘ खारव्यांच तीं. आवाज केदो ! ’

म्हाजे होंटयेंत शेंवटो शेंवटो

‘ उसळून खंय वचत बाये. ’

‘ म्हणूं दी गो तेंकां. म्हणा केंसर तुमी. ’

म्हाजे होंटयेंत शेंवटो शेंवटो
केंसराचो घोव ल्हेंवटो ल्हेंवटो
फू ऽऽ फू ऽऽ फू ऽऽ फू ऽऽ

‘ आगे बायें, थंय नरशिंव राखोंक बसला तेका. तेका ल्हेंवटो म्हणटा ? ’
‘ तो जीव कातरतलो तुजी. कितें रे नरशिंव ? ’
‘ केंसराचो घोव ल्हेंवटो कित्याक ? रुक्मीणीचो घोव म्हणा गे !’
‘ कित्याक गे बाये मर्दीच रुक्मीणीचो घोव ? ’
‘ आज येवना मांडार ती. ’
‘ घोवाचे पांय दामूक रावल्या दिसता. ’
‘ घोव खणीर वयता न्हू गे. पयशांचे आशेक. शेतभात वाऱ्यार सोडून. ’
‘ खाज्याचे गोडयेक खंय फोद्री घातली धाडीक. ’
‘ ल्हेंवटोच. ’
‘ केंसर आयकत. ’
‘ तेका कयटा माती ! गुमची इच्या गुम जाणां. भुरगीं बापडीं कांय जाणां ? ’
‘ केंसर, आतां तूं तेजो घोव ल्हेंवटो म्हण गो. ’
‘ म्हण गो. तेकाय लज कर. कितें रे नरशिंव ? ’
‘ पळय, नरशिंव कोंबो कसो फुल्लो. म्हण. नरशिंव सांगता म्हुण तरी म्हण. ’
‘ घोवाचें आयकना जाल्यार कितें मिणाचें आयकतलें गो ? ’

म्हाजे होंटयेंत शेंवटो शें ऽऽ व

‘ केंसर पापणी, घागरो सुटलो. ’
‘ व्होंटयेंतल्या शेंवट्या आदीं काळुन्नर दिश्टी पडत. ’
‘ पळय, सुटलो घागरो. ’
‘ शी बाये, लज काडली तुंयें. ’
‘ नरशिंवा हुजीर नागडें जालें मुगो ? ’
‘ कांय नजों. लजों नाकां. तेकाय संवय जातली. ’
‘ आगो, पळटा मुगो तें ! ’
‘ राव गो, भांग काडुंया आतां. ’

‘ आरे नरशिंव, धांव तेज्या फाटल्यान. ’

‘ घट धर धागऱ्याक. सोडूं नाकां. ’

‘ धांवलीं दोगांय काळखांत. ’

नरशिंव केंसरा फाटल्यान धांवलो. तें खुबच नेटान धांवलें. पायणींत एकदोन मोडणांनी वळटना नरशिंवान ताका धरपाचें पुण मातशें भुजांक हात आडखळून चुकलें. नरशिंवान नेटान चार धेंपां माल्लीं आनी ज्युस्त काळख्या मोडणार ताच्या भुजाक धल्लें. धागऱ्याचे दशे सांबाळीत तें रावलें. खरशेवन ताजें हड्डें वयर सकयल जावंक लागलें. खरशेंतां खरशेंतां दोगांयचे स्वास हून जाले. शीं खंयच्या खंय नाच्च जालें. ताजे कंवळे वोंठ आंकरी कशे थरथरले. कपला, वयले हुमेचे थेंबे चान्न्यांत तिकतिकले.

‘ तुंयें पळयलें ? ’

‘ कितें ? ’

तें वगीच रावलें.

‘ हांयें तुजो धागरो सुटलो तो पळयलो. ’

‘ आनी कितें ? ’

‘ आनी कांय ना. आनी—’

‘ सांग. ’

‘ तुजे कुले दिसले म्हाका. ’

‘ शी ! ’

‘ शी कित्याक ? हांयें तळथार कितल्या पावटीं पळयल्या. आमी खेळटना सुद्दां. ’

‘ आनीक कांयच दिसों ना तुकां ? ’

‘ ना. ’

‘ देवाच्यान ? ’

‘ तुज्यान तर. सोपूत तुजो. ’

‘ ए, हात काड हड्डयावयलो. ’

‘ कित्याक ? ’

‘ चेडवांच्या हड्ड्यार हात दवरिनात. ’

मांडार भांग घालपाक सुरवात जाली. ताळयांचो आनी सरांटून काडिल्या

ताळयांचो आवाज गाजतालो. तळयाकडल्या खडपार आदळून आवाजाचें पर्तावण जाल्लेवरी जातालें. रातराणयेचो घमघम सुटिल्लो. केंसराच्या माथ्यांतली कांदळांची पटी परमळटाली.

पयशाची हाडली भांग
किल्लत घातली भांग
....
दोन पानांची जाली भांग

'हात काड रे हड्डयावयलो.'
'तुजें हड्डें वयर सकयल जाता.'
'म्हाका भंय दिसता.'
'लज जाली म्हण ?'
'कांयच कळना.'
'यो. हांव तुका घट्ट धरतां.'
'कित्याक ?'
'भंय वयतलो तुजो.'
'शी !'
'कोण पळयता काळखांत ?'
'तूं म्हाजो घोव रे ?'
'हय. घोवान घट्ट धल्ल्यार जाता.'
'कोणें धरूंक जायना ?'
'मिणान.'
'मीण म्हटल्यार ?'
'मीण म्हटल्यार मीण गो.'
'आवयस ! सवकास रे.'
'बरेंऽऽ दिसता न्हू ?'

हातीर चोळ्ळी भांग
भुरं करून उडली भांग
जिवाक झोंबली भांग

रंगार येयळी भांग
भांगडी लागली
जिवा म्हाज्या झोंबली

'तोंड तेंकों नाका रे '
'कित्याक ?'
'घाण येता तुज्या तोंडाक.'
'ऊं.'
'पुरो रे. सोड आतां.'

निवळ म्हाजे भांगी
सोलांची कडी

'भांग निवळी मोडार.'
'आनीक ?'
'कितें ?'
'कांय न्हू.'
'हांव सांगतलें आवयक.'
'कितें ?'
'तूं कितें करता तें.'
'सांग.'
'चेडयेचो.'

'कोण ?'
'तूं.'

हो सोरो माडाचो
हो जांवय पाडाचो
हो सोरो माडयेचो
हो जांवय चेडयेचो

'सत् खरें.'

‘ कोण येता पळय. ’

‘ धांव मार. ’

■ ■

सावळो मास्तर आपणालें भात पावोवपाक पलतडीं वळवय आपणाल्या घरा गेलो. दोन दीस तेखातीर शाळेक सुटी आसली. भुरगे आपणांक जायतशे किरायताले. दीसभर गांवांत हेडटाले. किजिलीं करताले. वयल्या वाडयावयले आनी सकयल्या वाडयावयले असो भेदाभेद करून झगडटाले. दोशीं वशीं सैन्य उबारून पिराडयांच्या तरसाद्दिनी झुजताले. ताळ्यांनी एकामेकांक शेपलयताले. बडयांनी बडयताले. दीसभर आरटयांनी आनी तळयार गदेरेडे करो लोळटाले. भाटीवयले केलदे करो आंगभर चिखोल माखून घेताले.

नानू, केंसर आनी नरशिंव एकठांय आसलीं. पायणींत तांकां येशालो शंकर मेळ्ळो. चौगांयनी तळयार वचपाचें थारायलें. सदूचेवरी शंकरान मुजीक कोयतूल खोयिल्लें. तांणीं थारायलें. तळयाधडेर खोंप बांदपाची. तांतूंत फकाणांनी रांदपाचें. संवसार करपाचो. खूब दिसांनी परते एकदां ते असलो खेळ खेळटाले. शाळा जावंचे आदीं असल्या खेळांत ते दीसभर गुल्ल जावन आसताले. आवय बापूय सादयसर खेळ चलतालो. केन्ना केन्ना आवयो पिराडे नाजाल्यार शिट्टी घेवन सगळयांक शेपलायत घरा धाडटाल्यो. पुण दुसऱ्या दिसा मुयांच्या रोयणींवरी आसा तश्यो कंबरभर खोंपी उब्यो जाताल्यो.

शंकरान मुजिचें कोयतूल काडलें. मूज वयर ओडली. पांया पोंदच्या फातराचेर निसाणो करून ताणें कोयतुलाक पाजून धार काडली. धारेर आंगठो ओडून अदमास घेतलो. आनी तळयावयल्या जिन्याचे खूंट तो कचाकचा कापूंक लागलो. खुंटावयले हुमल्यांचे घोंटेर तोडून ताणें दाव्या हातान पयस भिरकटायले. केंसर, नानू आनी नरशिंवान खुंटाच्यो कवळयो करून दंडार घेतल्यो. धडेर एकठांय केल्यो. आंगावयले हुमले फापडीत शंकर भोन्या म्हऱ्यांत आयलो. ताज्या सगळया

आंगाक हुमले चाबिल्ले. केसांत, फाटीर, काश्टेंत, सगळयाक पाविल्ले. तिगांयनी ताजे हुमले काडले. नानून माथ्यांत हात घातलो. नरशिंवान फाटी वयले काडले. केंसर जांगे वयले फापडूंक लागलें.

' काश्टेंत गेल्या. ' जांगेवयले फापडून जातकच केंसरान सांगलें.

' तूं हात घालूं नाका थंय. '

शंकरान फाटल्यान हात घालून काश्टेची गांठ सोडली. केंसराक फाट करून तो काश्टी फापडूंक लागलो.

' शी! फुसक्यांची घाण. ' नरशिंवान नाखापुडयो घट धल्ल्यो.

' काश्टेचो वास रे तो. तूं घालिना घाणी ? ' शंकर परतलो.

' केन्नाच ना. '

' तुजे गाणीक गुड्डो माल्ला दिसता. '

शंकरान नरशिंवाचे गाणीक गुड्डो मारिल्ल्याचो अभिनय केलो. केंसर फिशी-फिशी करून हांसलें. नरशिंवाक लज जाली. नानू मुखार आयलो.

' शंकर, नरशिंव परकी मरे! तेका कायचे काय म्हणों नाका. '

' तेणें म्हाका म्हटल्यार जाता ? '

' हांव म्हणटलों. '

' हांवूय म्हणटलों. आमच्या तळयार येवन आमकां शापोतां शिकयता ? '

' तुज्या बापायचें तळें ? '

' तुज्या तरी बापायचें तळें ? तळयांत बुडयतलों भेंझवऱ्याक. '

' गाळयारो. '

' गाळयारो तुजो बापूय, आवयझवऱ्या. '

' ए झगडों नाका रे. '

' कोयतुलान चाचयतलों राणग्याच्याक. '

शंकरान मुजिचें कोयतूल काडलें. आतां मात नरशिंवाची म्हातारी कांपली. केंसरूय रडच्या दुकार पावलें. नानूक कितें करचें तें कांयच येवजना जालें. बरोच वगत जालो. कोण कोणाकडेन उलयलोना. नानू ओणंव घालून जिन्याचे खूंट मेजूंक लागलो.

' म्हाज्या खुंटांक कोणूच हात लायतलो न्हू. ' शंकरान थण्डसाणेन शिट-कावणी दिली.

'ह्यें तुकां गाळी सोवल्या रे?' नानू काकुळटेक आयलो. शंकर कांय उलयलोना.

'ह्यें माल्ह्या रे गाळी तुका?' केंसरान संवयेपरस लांब हेळ काडून विचाल्लें.

'ना.'

शंकरान नरशिंवाचेर नदर घुंवडायली. नरशिंवाक लज जाली. ताज्या तोंडार दमळ दाट्टन आयलें. केन्ना रडें फुटत सांगूंक जमनासलें. नरशिंवांक वगळावन तांणीं परत आपले भितर इश्टागत केली. आतां खोपिचे उबारणीक सुरवात जाली. लींपश्या जाग्यार च्यार फोणकुलां खणलीं. तांतूंत जिन्याचे खूंट उबे जाले. मर्दी जिन्याचेंच आडबर आयलें. चुड्ट्यां-पानांनी खोपिची शाकारणी जाली. कडवोय बांदून जालो. ओणयां भितर सरपाचें दार जालें. तिगांय वचून भितर बसलीं. खोपिच्या बुराकांतल्यान नरशिंवाची करामत पळोवंक लागलीं. नरशिंवाचें तोमेरेन रडून सोपलेलें. खोमसाच्या पोंतान ताणें दोळेय पुशिल्ले. खोप उबी जायसर तो वोतांत खडपाक तेंकून राविल्लो. बऱ्याच वेळान ताका खोपींत घेव पाक नानून आनी केंसरान शंकराकडेन उतर वडयलें. शंकर पयलीं अनमनलोना. पुण मागीर बुरमेंतूच ताणें हय म्हळें. पड्ट्या फळाची आज्ञा मानून नरशिंव मान बागोवन भितर आयलो.

'परक्या मनशान आमगेर येवन आमकां शाणेपणां सांगोंक जायना. न्हूं रे नानू?'

आतां तो तशें करचोना. हय मरे नरशिंव?' नरशिंवान मोन्याची मान हालयली.

'आतां रानुया मरे?' केंसरान याद केली.

'कोण रानतलो?'

'हांव. हांव चेडूं न्हू तर!'

'चेंडूं न्हू, बायल.' शंकरान सारकें केलें.

'कोणाची बायल?'

'आमची.'

'आमची म्हणचे? नरशिंवाची, नानूची काय तुजीं?'

'तिगांयची.'

'आंवय!'

' आंवय किते ? तेदूस मास्तरान काणी सांगों नासली, पांच पांडवाची धूरपती एकलीच बायल म्हणोन. '

' पुण त्या रामाक शिता एकूच बायल आशिल्ली ती ? ' केंसराक दुसरे काणयेचो उगडास जालो.

' केंसर म्हाजी भयण. भावभयणां केन्ना लगीन जाता ? '

' मागीर नरशिंव आनी हांव उल्लों. नरशिंव, आमी दोगूय व्हदळच्या सारके झगडोंया. कोण जिखता तेणें केंसरा बराबर लगीन जावपाचें. '

' नाका रे. ' नरशिंवान शेंपडी भितर ओडली. शंकराचो व्हदळचो अवतार ताज्या दोळ्यां सामखार तस्सो आशिल्लो. नरशिंवान सांगलें.

' हांव जातां केंसराचो घोव. '

' आनी हांव ? ' शंकरान प्रस्न केलो.

' हांव भाचो न्हूरे कोळंबाचो. व्हडलें जातकीर केंसर म्हाजी खऱ्यांनीच बायल जातलें. '

' कोण सांगऽ रे ? '

' घाला मांडार तेदुसा सगळीं बायलां उलयतालीं. आमच्या घरा सुद्दां अशाच म्हणटा न्हू गो केंसर ? '

केंसरान मान धोलयली. नरशिंवाक आनीक याद आयली.

' जाणा मरे ? '

' कितें ? '

' तेदुसा रातीं आमी पायणींत एकामेकांक—'

केंसरान नरशिंवाच्या तोंडार हात धल्लो. ताणें रागान गाल फुगयले तसो नरशिंव वगी रावलो.

' सांग रे, सांग नरशिंव. '

शंकर नरशिंवाल्या कुल्याकडेन आयलो. केंसरान बागऱ्यांत तोंड लिपयलें. नरशिंवाक शंकराकडेन इस्टागत जायच आशिल्ली. ताणें ल्हवू ताच्या कानांत पयरचे रातिचें गुपीत सांगलें तसो शंकर आड्डून खोपभर उसळ्ळो.

' आरे चोरांनो, पयरचे रातीं हांयें पळयल्लीं तुमकां पायणींतल्यान धांवतना. तुमी घोव बायलां, तुमी घोव बायलांच. '

शंकरान ताळयांर ताळयो वाजयल्यो. खोपीभायर येवन ओले मातयेर बोटांनी

रिस्को मारुन ताणें चित्र काडलें. दोन मनशां एकामेकांक घट धरतात अशें चितारलें. एको चित्रा कुशीक केंसर म्हूण बरयलें आनी दुसरे कुशीक नरशिंव म्हूण. तें चित्र पळोवन तिगांय खळखळून हांसलीं.

'आमी जोडूंक या आतां. नानू आनी हांव. नरशिंव आनी केंसर घरा. ए नरशिंव, पयरच्यासारकी तशी वेंग मारप ना आं केंसराक.'

'हांव घांस काडटलें म्हाका घट धल्ल्यार.'

केंसरान कट्ट्यांनी माती भल्ली. फातर हाडून चुली केल्यो. शेंकऱ्याचें शीत रांदलें. नानू आनी शंकर तळया घडेर गेले. घडेर पावतासर शंकराचे मतींत दुसरी कल्पना आयली.

'आमी शेताचो वावर करचो न्हू.'

'मागीर?'

'मिनाचो. चड पयशे मेळटा तसलो.'

'आमचो बाप्पा करता तसलो!'

'तसलोच.'

'तुका कळटा?'

'तेदुस हांव नायेले गेल्लों. मागीर शेनोरेरूय वचोन येयलों. हांयें पळयलां सगलें. चल, दाखयता तुका. शंकरान कोयतुलान एक पिडो कापलो. ताजो गोरोब खरपिलो. पेटे भाशेन आकार केलो. चुटडाचें वळें काडून दोर केलो. ताका बांदलो. एक पोंय घेवन ताजें व्हडें केलें.

'हो पिराडो कित्याक रे शंकर?'

'पिराडो न्हू. ही बैलांची गाडी.'

'आमचे गाडयेसारकी?'

'तुमचीच गाडी समज. आनी तूं बाप्पा.'

हांयें कितें करप?'

'तुजो बाप्पा करता तें. तुयें वयर साकून गाडयेन घालून फातर हाडप.'

'कसलें?'

'मिनाचे रे. मीन कसलें आसता जाणा मरे तूं? तांबशें. चड बरें हाडशी, तुका चड पयशे दितलों.'

'फकाणाचे रे. शिंपयांचे. तुयें माल नायेले साकून शेनोरेर हाडपाचो. शेनोरी

पळय, ही तळयाची घड म्हणचे शेनोरी. हांगा म्हजो कोठयो आसा.'

'कोठयो म्हटल्यार व्हडलें व्हडें रे. मागीर शेनोरेर व्हरोन दाखयतां तुकां. आमच्या शेतांत रावोन दर्यांत केन्नाय खुब शिडां दिसना रे ? तीं कोठयाचीं शिडां.'

'बरें, हांव फातर घेवन येतां.'

'फातर म्हणना रे. मीन म्हणटा तेका.'

'मीन.'

नानून मीन हाडून शंकराल्या कोठव्यांत भल्लो. कोठवो भरतकच शंकरान ल्हवू ल्हवू वल्हयत दुसरे तडीक धुकळ्ळो.

'तूं खंय व्हरता रे फातर—न्हू मीन ?'

'पयस. थंय एक व्हडलें फोणकूल पडलां तें पुरोवपाक.'

'फोणकूल पुरोवंक ?'

'हय. थंयचें फोणकूल पुरोवंक हांगासल्लो मीन. मागीर हांगासर फोणकूल पडटकूच थंयसल्ली माती हाडप.'

'शेनोरेर साकून व्हरता तो मीन फोणकूल पुरोवंक तर ?'

'मास्तराक विचारुंया. नाजाल्यार—'

'नाकां रे. मास्तराक तसलें इचारूं नाका.'

नानू परत मीन हाडपाच्या वावराक लागलो. फकाणांच्या गाडये—बैलांक आमडूंक लागलो.

खोपींत बशिल्लो नरशिंव उबगलो. केंसर ताजेकडेन तुसडेपणान वागूंक लागलें. तसो तो उठलो आनी नानू-शंकराच्या म्हऱ्यांत आयलो.

'तूं हांगा कित्याक येयलो ?'

'केंसरा वांगडा राव रे.'

'म्हाका वाज येता थंय. हांवूय कामांक येतां तुमचे वांगडा.'

'यो. तूं म्हणोन मरे, घरचो वावर सोडून मिनांक येयला. तुका हांगा घरचे परस चड जोड जातली. तूं घरा वचूं नाका.'

'केंसरा एकलेंच उरतलें खोपींत.' नरशिवान सांगलें. शंकरान खीणभर येवजिलें.

'आं, पळय. येवजलें म्हाका. तूं मरे हांगा काम कर. हांव ल्हवूच तुज्या घरा वयतां.'

‘ कित्याक ? ’

‘ केंसराक मेळूंक. त्या रावणान राम घरा नासतना शितेक व्हरोंक नासली ? ’

‘ तूं तेका व्हरतलो ? ’ नरशिंवाक भंय पडलो.

‘ हांव व्हरचोना रे. तूं तेजो घोव न्हू रे. तूं हांगा वावराक. हांव ल्हवूच तुज्या घरा वचून बसतां. ’

‘ कित्याक ? ’

‘ केंसराल्या कुल्याकडेन बसोन काणयो सांगोंक. ’

‘ त्या बाबुशामामा सारक्यो ? ’ नानूक उगडास आयलो.

‘ अय्यवय. तश्शी धेंपां वडयतां आनी तश्शें चेड्डेंत खरपितां. ’

‘ पुण तो घरा येतना आमकां खावपाक हाडटा. आनी–’

‘ हांव व्हरतां खावपाक. आनी केंसराक काश्टेची व्हट भरून दुद्द. ’

‘ मज्जा केंसराची. ’

आनी म्हाजीय. ’

‘ कसली मजा करता रे पोरांनो ? ’

‘ आबू येयलो. आबू येयलो. ’

‘ हात दळडिन्यांनो, कसलो खेळ खेळटा ? आवयच्या मिणाचो ? ’

* * *



सोंपल्या शिगम्यांत वायंगणांक चार म्हयने पुराय जाले. शेतांतल्या हरव्या कणशांक सोनयाळो रंग मारूंक लागलो. सकाळपारा दंवार कणश्यो लजिल्ले होंकले भाशेन मानो सकयल बागोंवंक लागल्यो. वोत चडटा तश्यो वाऱ्यावांगडा सळसळूंक लागल्यो. तोळ कणशे कणशे वयल्यान उडूणां मारूंक लागले. तांबशीं हळडुवीं पिसोळीं कणशां भोंवतणयां गरगरूंक लागलीं.

वेळार सारें आनी नेमान उदक पाविल्ल्या शिरांनी कणशांक भार आयलो. कंबरांत लकून तांणीं ओले जमनीर आंग लंवडलें. सकाळचे उबाळ जावंक लागले. दनपार रखरखूंक लागले. पिकिल्लीं हळडुवी शेतां भांगर कशीं रसरसूंक लागलीं. कणशो घुंगरां कश्यो वाऱ्यान वाजूंक लागल्यो. शेतांच्या मेरां वयल्यान बळारिंच्यो हारी तोळां फाटल्यान लांब थेंपां मारीत नाचूंक लागल्यो.

वरसा सारको जलमी वगतार आयलो. तळया वयल्याक सांगणें करून ताणें नाल्ल फोडलो. कोंबो कापलो. कोंब्याची गंवटी सामकी बाबसांकडेन कापली. रितीप्रमाण गंवटी आपणें दवल्ली. कोंबो शेतकाऱ्यांक दिलो. शेतांत देंवून ताणें कोयती घेवन एक कांतर माल्ली आनी मुठय केली. कोंब्याची गंवटी आनी नाल्लाचीं वळीं घेवन तो आयलो तसो गेलो. दोगां चौगांनी तळयार धगाटो पेटोवन कोंबो हुलपिलोसो केलो आनी दादाल्या तावेनीर व्हरून कोपा वांगडा चाबडायलो.

जलम्यान मुठय केल्ल्याचें कळनाफुडें दुसऱ्या दिसा शेतांत लुंवण्यो लागल्यो. बायलांनी कारोचो कांसाटो खोयलो. न्हेसणावयर कंबराक जुनेराचो कुडको बांदलो. तुवाल्याची खोळ करून माथ्यार वडयली. तशीच फाटीर ओढून कंबरांत खोयली. आंकाणेच्यो कोयत्यो काडल्यो. सकाळपारा कामेऱ्यांच्यो हारी शेतांत देवपाक लागल्यो, शेतांत रावून शेतकाऱ्यांनी जाय तितलीं कामेऱ्यां घेतलीं. कांय जाणां नाका म्हणटा आसतना बळयां लागलीं. बाकिच्यांनी दुसरेकडेन वाट धल्ली. एके हारीन ओणंव घालून कामेऱ्यांनी कांतरी माल्ल्यो. एकारएक दाळ्ळयो. फाटोफाट मानायांनी वेंगो केल्यो. केळिच्या गव्यांनी आनी गोडवालिंनी आडवां आंवुळ्ळीं. भराभर माथ्यार उखल्लीं. बांदार व्हरून वांटकुळींच दाळ्ळीं. देवळाचीं पेडां कशीं कुतल्लां सोबूंक लागलीं.

लुंवतां लुंवतां कामेऱ्यांच्या कंबरांत येवंक लागलें. आंगाक खोरजू खावन थोडीं उबगलीं. वोतान रखरखलीं. घामेलीं. लुंवणी मदीं पावतकच कामेऱ्यांक धनयान पेज घाडली. केळम्याच्या खोल्या-दोण्यांनीं निवोळ पियेलीं. सांजे लुंवणी सोंपतकच दिसावडयाचीं आडवां मानायांनी बांदलीं. दरएकल्या कामेऱ्यान लांकडाचो भोरो कसो आडंव घेतलें आनी तांच्यो हारी बांदावयल्यान घरचे वाटेक लागल्यो. घरच्या हुसक्यान जांवयो येवन कोणाचे तोंड वळ्ळें. कोणा आवयचे मोमे दुदाच्या भुरग्याच्या उगडासान तट्टून आयले.

■ ■

बांदार दोन चार मळण्यो लागल्यो. मानायांनी कुतल्लां कुशीक तण दाळ्ळें. ताजेर शेकानशेक लांबरूंद हांतोर पातळ्ळो. दोशींवशीं दोन म्हेडिंची तिकटीं उबाल्लीं. मदीं कोंडयाचें आडबर दवल्लें. व्हाणो कुशीक दवरून ताणीं खोमसां देंवयलीं. कानाचें विडये शेंवठ काडून खोमसाच्या बोल्सांत दवल्लें. खोमसां म्हेडिचे देखलेक खुंटयाळयांक कशीं हुमकाळायलीं. मुजिची काश्टी घट आंवुळ्ळी. उकत्या आंगान ते हातरार आयले. बांदावयल्या केळिच्या चावंटांर पड्डिल्लें

सकाळचें किर्रा-वोत तांचे काळे कातीर तिकतिकलें. आडबराक कणशी बांदून ताणीं रीत केली. कुतह्ला वयल्यो वेंगो हाडून पांयापोंदा घल्ल्यो. उजव्या-दाव्या पायांनी मस्तिल्यो . खोटांच्या नेटावांगडा घामाचे थेंब सळ्ळ करून तेन्याच्या पानार कशे घळसटूंक लागले. कणशांचे गोटे हातरार एकठावंक लागले.

बांदार पयलेकडेन शाणूली आनी आयलेकडेन पंडरीली मळणी लागिल्ली. दोगूय मळणेर आसले. शाणूली एक शिरकोणी आनी पंडरील्यो दोन शिरकोण्यो; पुण शाणूली कुतह्ल पंडरीचे कुतह्लीपरस वांवभर ऊंच दिसताली. तागेर मानांयूय चड आशिल्ले. पंडरीन आपणां वांगडा येसो आनी पलतडच्या बाबुशाक आपयिल्लो. पंडरी आनी येसो मन लावन मळटाले. येसो मुमकोच आशिल्लो. ताळ्यांत सोन्याचो घोंट देंवल्या बगर ताका केन्ना उतर फुटनासलें. मोन्यावरी तो काम करतालो. बाबुसो मात फोत कशी बडबडटालो. ताज्या लांब दांगांत आडंव घरंगळटालें. ताजेकडेन सारकें मळूंक जायनासलें. पंडरीचे मुर्वतीक लागून तो आयिल्लो. पुण कामापरस ताज्यो झांकड्योच चड जाताल्यो.

‘ ती शाणूली मळणी ? ’

‘ हय. ’

‘ कुतह्ल पळय केदें ! ’

‘ पिकलांय बरें तेका. ’

‘ पुण उदकाक मेलें म्हण पिरंगतालो मरे तो. ’

‘ कुथनोन कुथनोन भुरगीं काडपाची संवय तेका. ’

‘ कितलीं पोरां रे तेका ? ’

‘ एकलोच चेडो.’

‘ एकलोच ? भुरगीं काडूंक फोर्स ना जाल्यार बायलेक दिवची आमचेकडेन. कितें रे येशा ? ’

येशाक बाबुशाचें उलोवप मानवलेंना. पुण ताणें कांय म्हळें ना. मोन्यांनी मळण्यांक उरिल्ली कणशी तो खरसटूंक लागलो.

‘ येशा, तुकां कितलीं रे भुरगीं ? ’

‘ तेकाय एकलोच. शंकर. ’

‘ एकलोच ? ’

आतां येशाक बाबुशाचो राग आयलो. शाणूवरी आपल्यो वकच्छायो करतलो

अशें ताका दिसलें. पुण बाबुशान तशें कांय म्हळें ना. येसो तापलो तसोच न्हिवलो. बाबुसो पंडरीकडेन बडबडत रावलो.

'रुक्मीणआका आसा घराकडेन ?'

'आसा. येतलें पेज घेवन.'

'हालीं सामको हाडांचो सांपळो जाला.'

'आतां पिकलें.'

'खंय वयता कामांक ?'

'आतां कसलें काम ? वयता लुंवणेक.'

'लुंवणी म्हटल्यार वोताचो रखरख मरे. दिसावडो कितें ?'

'आडंव. कुडवाचें.'

'कुडवाच्या आडंवाक लागून दीसभर वोतांत करपप ? शीं ! त्या परस तूं—'

'कितें ?'

'नावेले मिनाचे हाजिरेक घे तेका.'

'घरा कोण आसा ?'

'घर कोण उखलून व्हरता ? नानू केंसर राखतलीं घर. खरें म्हटल्यार तेंकां सुद्दां--'

'छूत छूत. आबू येता.'

इतलो वेळ वग्गी आशिल्ल्या येशाक आतां उलोवन तांकां शिटकावणी दिवचीच पडली.

हातांत दांडो घेवन आबू बांदा वयल्यान येतालो. मळणेच्या दिसांनीं दिसाक दोन–चार खेपों ताज्यो आपशींच बांदार पडटाल्यो. शाणूचे मळणेवयल्यान तो आयलो. मळणे कुशीक आशिल्ल्या शाणूल्या पोराक ताणें दटायलो.

'मळणेर देड पायांर उबो रावलो भैझवऱ्या ? सारको राव. कित्याक येयला बोल खावंक ?

शाणूले मळणेर आबू रावलो. ताजी कुतल्ल पळोवन तो धादोसलो. कणशी हातांत घेवन ताणें गोटे मेजले आनी राशींत वडयले. शाणून ताचे वटयां पळयलें.

'तुज्या सारको दोळ्यां फुटको न्हू हांव शाणू !'

'कोणें म्हटलां ?'

'तिरशा दोळ्यांनी कित्याक पळयता ? आरे. आपणें कश्ट करचे, आपणें

खावचें. तें काय मळबांतल्यान करे कशें पडटा ? आरे, काश्टी सुकी दोवरून थिगूर खावंक कशें मेयटले ! चोटली भिजल्याबगर तोवलेक वास येना. देवाधर्मी सांगतां, बरें दिसलें पोरा पळोवन. '

' बस मरे, इडी घे. '

' राणग्याच्या, दिश्ट वचोंक जाय म्हूण इडी घे म्हणटा ? '

' पाड पडों तशें चित्तल्याचें. '

' फकाणां केलीं रे पोरा तुजीं. पांचाचे पंचवीस जावन कल्याण जावं तुजें. म्हाताऱ्याचे आशिर्वाद तुकां. '

' चल्लो ? '

' पंडरीन पळोवया कितें दिपरत्नां पेटयल्यां तीं. पयसुल्ल्यानूच दिसता. घराची कळा आंगण सांगता. आवशीझवरो मिनांकूच पेटला. '

आबू मुखार वळ्ळो. इतले म्हणसर मानायांच्या बायलांनी मळणेर पेज हाडली. माडामुळांत मातयेचे बुडकुले दवरून त्यो घरकाऱ्यांची वाट पळयत सांवळेक बसल्यो. रुक्मीण मळणेर आयली, तसो आबू थंय पावलो. पंडरीन बडबडपी बाबुशाक वगी रावपाचें शिनाल केलें. बाबुशाक तें विपरितूच दिसलें. तरी पुण पंडरीच्या तोंडाक पळोवन तो वगी रावलो. ताजें तोंड सामकेंच बंद जालें ना. वोंठ पिळून तो शिळोणी घालूंक लागलो.

' कोण दळद्रिरो शिळोणी घालता रे मयणेर ? '

बाबुशान तोंड धांपलें. ताका म्हाताऱ्याचो राग आयलो. सुको बांस कसो ताणें गिळ्ळो.

' खंयचें जनावर रे ? '

बाबुशाक सोंसलेंना. पंडरीन ताका वगी रावपाक दोळे मोडले.

' दोळे कोणाचेर वटरायता ? धरून हाडला रे पंडरी ? '

'पलतडचो. '

' फोणानचो आनी मसणानचो जायना. मळूंक हाडला मरे ? '

' हय. '

' मागीर हो कितें बांदाचो चिखोल कालयता ? '

' नवो आसा. '

' नव्या कांवळ्याक गू खावंक हांगा शिकयता ? '

‘ बाबुशा, मातशें सारकें मळ. ’

‘ बाबुसो तो हो ? तुजो सांगाती. हय गे रुक्मीण ? ’

‘ पेज जेय इल्ली. ’

‘ नाका. तुज्या घोवाक जेवय आनी ह्या बाबुशाक कुलेरांनी भरय. जाणां मगे, घरकान्न बरी जाशी, सान्न घराक झरता तशी झरशी. आनी घरकान्न गिन्याना-विणें घरकारालें जालें दिवाळें ! पुण तुकां कितें कयटलें? गाढवा मुखार वाचली गिता. ’

‘ खंय आसलो आबू ? ’

‘ खंय आसलो म्हण तोंड घेवन कितें इचारता? येल्लों तुजो पराक्रम पळोवंक. शी ! शी ! पंडरी, इटयलें रे तुयें. आरे, सगळयांत पयलीं रोवपी तूं. सगळयांत पयलीं लुंवपी, मळपी आनी सगळयांपरस चड पिकोवपी ! आनी अंदू हें कसलें दळडीर ? ’

‘ पिकलें ना सारकें. ’

‘ कशें पिकतलें ? आरे, दंवार आनी वोतार भात पिकल्यार मुडयांच्या थडयांर बसून भोकूंक मेयटलें आसलें. ’

‘ पिकों ना तेका हांव कितें करूं ? ’

‘ परतें तेंच. बाबा गांवसाली येट करून शेतां पिकता ? ’

‘ बाबा गांवसाली येट ? ’

‘ चल सांगतां. तुकां काणी सांगचीच पडली. कारण काणी आयकुपा इतको हागोवन गू खावपी पिरायेचो जालो तूं. बाबा गांवसाली काणी सांगतां तुका. ’

‘ पेज पिये इल्ली. ’

‘ नाका, नाका. तुमी जेया. जेयतना सांगतां तुमकां. इडी पेटयतां हांव. सांगों मरे ? ’

‘ सांग. ’

‘ गजाल घाटावयली न्हू. नायेलेची. चड शेंकडेय जावना. एके पिळगे फाटली गजाल. नायेले गांवांत सगळ्यांत व्हड भाटकार जावन गेलो तो बाबा गांवस. गांवधनी गांवकार. नायेलेंतल्यो अदर्योअदीक तक्षिमो तेज्या नांवार. तो करता ती पुर्वेदिशा. थाट सामको राजाचो. मुखव्याक सया मारताली राजाचीच. रावपाक राजवाडो. आजून पडलेल्यो वणटी गवाय दिता त्या वैभवाची. घरांत सगळें आयतें.

शेतांचो खंड वेळच्या वेळार पावतालो. खंडावांगडा नुसत्याच्यो गांथनी. बाबा गांवसाक भुरगे आशिल्ले. राजकुंवर कशे दिसताले. राजवैभवान नंदताले. बाबा गांवसाची इतली शेतवड आशिल्ली पुण शेतांत केन्नाच पावल दवल्लेंना. किर्तें उणें किर्तें अदीक हें खासा आपल्या दोळयांनी केन्ना देखलें ना. शेजाच्नीकडेन भुरगीं सांबाळपाक दिल्लेवरी शेत–भात दुसऱ्यांकडल्यान करून घेवंक लागलो. राजेशाय थाटांत रावपाक लागलो. लोकांनी ताडलें. तरातरांच्यो मांडण्यो काडून बाबा गांवसाक नाडपाचो. घराचे पडयेर बसोन बाबा गांवस शेतांत पळयतालो. कितलिशींच जोतां चलता.... मेजूंक येयना इतकीं जोतां चलतालीं. तांसां-आडासां जातालीं. खंय बारावतालें. पुण कोणांक पडलां कोणाचें ! दीस अस्तंतेक तेंकलो म्हूणटकूच दिसावड्याक हात मुकार. भुसाक सगळे वेळच्या वेळार. दीसभर आपणाल्या शेतांत वावर करून घरा परततना शेतकार बाबा गांवसाल्या शेतांतल्यान वयर सरताले. पडयेर पियेत बशिल्ल्या बाबा गांवसाक सांगताले : ‘ बाबा, तुगेर जोत बांदलेलें. ’ आनी भुसकें मारून दिसावडो घेवन घरा वयताले. निमाणीं निमाणीं तर बाबा गांवसाले ताळयेबयले केंस पासून बुडडून खावपाची शेतकाऱ्यांक पाडी बुद्द आयली. नांगर तोपचो न्हू म्हूण तेणीं फाळाच्या तेमकांक कट्टयो घालच्यो आनी बाबा गांवसाच्या दोळयांक उदक लावंक ‘ इरीरी‘‘प्पाऽऽ प्पाऽऽ ’’ करचें. बाबा गांवसाक आनीक एक नाद आशिल्लो. नायकिणिंचो. बायल कांतयल्ली बावली कशी आशिल्ली. गांवकाम्निचो साजशिणगार करतकूच पालखेंतली देवता कशी रसरसताली. पुण तेजें समाधान जायना आशिल्लें. केदेय राती नावेलेच्यान पनेळ करून तो माशेलांत वयतालो. माचुलांत बसोन नायकिणी-गेर पावतालो. परतो रातोरात परततालो. एके रातीक मानाय कानायांक आनी तारी–भाड्याक कितलो खर्च जातालो हेजो हिशोब तेणें केन्नाच थेयलोना. नायकिणींक भाटां दिलीं. पयशांक लागोन बेसां इकलीं. निमणेकडेन देशोघडीक लागलो. घरांतलें आशिनाशिल्लें लाटलें. पोरांक व्हाऱ्यार उबंत वडयलीं. आनी उदकाविणें एकदीस वळवळून वळवळून गांयडोळ कसो मेलो. सोंपली बाबा गांवसाची काणी. ’

‘ अं. ’

‘ घणसाबैलासारकी मान हालोवंनाकां. दुसरो बाबा गांवस जाला तूं शेतापण-याचे बाबतींत. बायल जांगापांगानी घट आसा म्हूण नाद ना तुका चेडयेपणाचो.

आंग काडटा कित्याक ? हांव नकळों नायेळ तूं कसलो गू खावंक वयता तो ? म्हण तुजे मयणेर हें अशें तण आनी पोल. आतां वगी कित्याक ? असली तुजी मयणी आनी असले दळडिऱ्या पावलांचे बाबुशे तुगेर मळूंक. घर मोडून माटोव घालपाच्यो पाडयो बुद्दी हयो !'

आबू थरथरत बांदावयल्यान गेलो. रुक्मीणीन पेजेचो बुडकुलो उखल्लो आनी मोन्यानी चालीक लागली. पंडरीच्या ताळया सकयल देंवल्ली पेज ताका परतून आयिल्ल्यासारकी दिसली. बाबुशाच्यान मात सोंसूंक जालें ना. म्हाताऱ्याच्यो झिणझिण्यो धरून दुणदुणें फोडचें ताका जालें. रुक्मीणी खातीर तो वगी राविल्लो. पंडरीनूय ताका एक्क उतर काडपाक मना केल्ली. ताजो घुसमटमार जाल्लो. आबू गेलो तशे ताजे वोंठ मेकळे जाले. पंडरीन मात जाप केली ना. येशाच कडेन तो उलोवंक लागलो.

'कसल्या कास्ताचो म्हातुड्डो ! सगळया गांवाचें आपल्या माथ्यार.'

'जाणटो आसा.'

'मनीसपण आसा तेका ?'

'पावसाळे पळयल्या तेणें.'

'तुका आनी पिशें लागलां येशा. असल्या मनशाक जाप काडूंक दिवप ना.'

'सगळो गांव मानता तेका.'

'पिशे सगळे.'

'जायत. पुण तो न्हू.'

'दारांत उबो करप ना.'

'तसो कोणाल्या दारांत वचना तो सुणो कसो !'

'आं ?'

■ ■

मळण्यो सोंपल्यो. खळ करता ते दीस. गादयेकार दादा खळ हेरून आयलो

आनी सोन्याच्या बदलाचें आपलें भात घेवन गेलो. भट खांदार पोती बडोवन आयलो. मडवळूय घेवन गेलो. वायंगणाचे पिकेर उगडासान सगळ्यांनी शिकपी भुरग्या कणकणी एक एक कुडव मास्तराक पावतो केलो. सर्दाचे पिकेर आबून सगळ्यांक उजरावन काडलेले ताजी सगळयांक बेस बरी याद उरिल्ली. खळां जालीं आनी आंगाच्यो खोरजू गेल्याच्या धादोसपणान सगळ्यांनी सोंप्याक कुले तेंकयले. आंगणांत चवळेच्यो आनी कुळदाच्यो सांगो सुकूंक लागल्यो. गुंजीयेदे काळे कुळकुळीत कुळीद आनी कपलाक काळी तिकली लायिल्ल्यो धव्यो चवळ्यो किटकिटूंक लागल्यो. मेळत थंय माकडावरी उडयो मारूंक लागल्यो. आंगणा-भायर मिरकटूंक लागल्यो.

सगळयांचीं मनां भुरकुटलीं. सगळयांचेंच पिकलेलें. मुखामळांर उदक हर्किल्ल्या सारकी ताजसाण मारूंक लागली. आनी शिगम्या म्हयनो दारांत आयलो. काजुचीं झाडां चंवल्लीं. तेंगशे तेंगशेर पांचवे बिबे तिकतिकूंक लागले. आंब्याचे कण झडूंक लागले. पणसांच्या आळिंचीं दामणां दिसानदीस आंग पातळावंक लागलीं. माडांच्यो पेंडी कळशायेदया नाल्लांनी कचकचल्यो आनी शिगम्याच्या पाडयाची रास जोरगतीवरी फुगून गेली. शिगम्याचे पुनवेची सुलूस लागून कोळंबाक चान्याचीं सपनां पडूंक लागलीं. खंयतरी पयसुल्ल्यान घोल वाजतात, ताशे तण-तणटात असो वगीच भास जावंक लागलो.

आनी शिगम्याचे धांदळीक सुरवात जाली. पोरूं वरसा खुंटयाळयाक हुम-काळायल्ले घोल ताशे भायर सल्ले. कासाळीं, जगाटीं सगळीं वाजपाचीं आयिद्यां एकठांय जालीं. नमी दिसा शेण सारयल्ल्या मांडार शितळ-नितळ चाबें सांडलें. सगळे चौखेर जमले. बायल भुरग्यांनी गर्दी केली. आबू तळयार न्हावन आयलो. सुक्या वाल्याक आंग पुशीत मांडार पावलो. ताणें चंदनाचे काणयेन सांडीर गंद झरयलें. वाती पेटयल्यो. मांडावयले म्हाल तुळशीमुखार सगल्यांनी हात जोडले. आबून वोठांत गुणगुणत सांगणें केलें. तुळशी पेडयेर दवल्लेले तळयेंतले सुरय तांदूळ सगळयांनी हातांत घेतले. वरसावळीप्रमाण पंडरी झाडो म्हणपाक मुखार आयलो. आबून फमांयनाफुडें ताणें सुरवात केली.

म्हाज्या गुरून काय रे केलां
सकाळीं उठला न्हाला धुला
अंगास काडल्या बावन चंदनउटी

 अच्छेव

सगळ्यांनी 'बले बले' करून तांदूळ शिंपडायले. खरस येसर पंडरीन झाडो म्हणून सोंपयलो आनी कुशीक वचून ताणें विडी पेटयली. मागीर खेळे जोती खेळूंक लागले. कांसाळयाच्या आनी जगाटिच्या तालार पावलां पडूंक लागलीं. पयली जोत नमनाची जाली. जोतीनूच देवांक होरावन होरावन नमन जालें.

पयलें नमन घालूं धर्तरे माते
दुसरें नमन घालूं चंद्रसूर्या देवा
तिसरें नमन घालूं माणाच्या गुरू
चौथें नमन घालूं देवचारा देवा
पांचवें नमन घालूं पांच पांडवा
सवें नमन घालूं पूर्वचाऱ्या देवा
सातवें नमन घालूं सातव्या अवतारा
आठवें नमन घालूं आठव्या अवतारा
णवें नमन घालूं नव्या अवतारा
धावें नमन घालूं तेत्तीसकोटी देवां
बारावें नमन घालूं बारशा गुणा

जोतिचे मोडीर पावलां बदलपाक लागलीं. वाऱ्यान धोलिल्ल्या सारकें कंबर बागोवन खेळे रंगार आयले. पोटांत दुखतकच आनी जांगोपांगो भरतकच 'अऽऽ अऽअ' करून जोती थांबोवंक लागले. जाणटेले खशेंले. जुवान खेळे नेट धरून खेळूंक लागले. जाणटेल्यांनी आंगणाचे पेळयेर बसून विडयो फुसकायल्यो.

'पंडरी, अंदू झाडो गायतना धांप लागली मरे!'

'जाणटेपण जालें न्हू रे?'

'जाणटेपण काय वावर चड पडलो रे आयज?'

'कसलो वावर रे?'

'मिनाचो.'

'हय रे पंडरी!'

पंडरी कांय एक उलयलोना. इतल्यांत थंय सावळो मास्तर आयलो. पंडरीन ताका विडी दिली. पुडव्याचो शेव वंडेच्या बोल्सांत खोवन मास्तरान विडी पेटयली.

‘ भुरगे बरे नाचता मरे ! ’

‘ मास्तर, हें नाचप आमचें हेंगाड्यांचें. ’

‘ कला आसा तितूंत. ’

‘ तसलें आमकां समजना. मास्तर, पोरूं वरसा तुंयें भुरग्यांक तालगडी शिकयली. ’

‘ तेज्या आदीं कोळंबार कोण केन्ना तालगडी खेळ्ळेच ना. ’

‘ मास्तर, अंदूय आसा मू ? ’

‘ आसा तर. ’

‘ आरे, सावळो मास्तर आसासर कोळंबार तालगडेच्यो तोणयो वाजतल्योच. कितें मास्तर ?

‘ सावळो मास्तर नासल्यार सुद्दां वाजूंक जाय. ’

‘ फायचें कोणें सांगलां ! कितें रे पंडरी ? ’

‘ अंदू तालगडी आनी त्या वांगडा दिवलेचो नाच आसतलो. ’

‘ दिवलेचो नाच ? ’

‘ माथ्यार पेट्टी दिवली दोवरून केल्लो नाच. ’

‘ दोळे दिपकावन वयतले सगळ्यांचे. ’

‘ केन्ना मास्तर ? ’

‘ पुनवेदिसा. ’

■ ■

हुस्के माथ्यार गोंडे फुल्ले. वाऱ्यार धोलूंक लागले. खेळ्यांनी हुस्केचे ताळे हातांत घेतले. आबोल्यांचे झेले गळ्यांत घातले. मनगटांक वळेसर बांदले. भुरग्यांनी माथ्यांक तरातरांच्या रंगांच्यो तोपयो घातल्यो. जाणटेले पुडवीं धोतरां न्हेसले. खोमसां ज्युदयो घातल्यो. फेंटे, शेले, रुमाल माथ्याक वेटकाळायले. घोल फाटींर माल्ले. ताशे गळ्यांत घातले. मेळांत जाणटे, नेणटे, जुवान, भुरगे

सगळे आयले. ' घणच्या कटर घूमऽऽ ' च्या तालार पावलां पडूंक लागलीं. तळया वयल्यान मेळ नावेलेचे वाटेक लागलो. ' ओ बले भय्या ' आनी ' शबै शबै ' करीत मेळ धुळ माडूडीत बेताळा देवळांत पावलो. खेळे नाचूंक लागले.

बेताळा देवाचीं उंचउंचा देवळां
भांगराच्या कळसा वयर
सोबती चंवरां

खेळे नाच नाच नाचले. वरसावळी प्रमाण थरिल्ल्या घरांनी वचून खळयांत तांणी जोती गायल्यो. भोंवर माल्ले. तळी म्हळी. पांच पांच नाल्लांची तळी उखलून घरा आयले. पुनवे आदल्या दिसा पासून कोळंबाच्या आशिकुशिच्या गांवांनी मेळ खेळून आयलो.

शिगम्याचे पुनवेराती तळ्यावयले आंबुल्ले आडसाक सुपायेदो चंद्रीम कोळंबाक दोळे घालूंक लागलो. तळ्याच्या बायकुलांत ताजें बेस बरें पडबिंब पडलें. उदकार ल्हारां उठनाफुडें चांन्ने उदकार चांदी करों चकचकूंक लागलें. तिनसांजचे कातरीर सगळ्यांच्या घरांतल्यान तेलसाणिचो सुरबूस वास सुटूंक लागलो. चंद्रीमाच्या रुपकारासारके वांटकुळेच वडे तापलेले कायलींत उतरूंक लागले. तांचो ' चळ्चुळ् ' आवाज माणकुल्या भुरग्यांचे जिबेक थार दिना जालो. भुरगीं चुलीकडेन येवन वडे तळटलेच्या कुल्यांक धोंगशे घालूंक लागलीं. रडून रडून धोसूंक लागलीं. देवाक दाखोवचे आदीं कोणें भुरग्यां हातार वडे दवल्लेना. चडूच रडटकच कोणाची दिश्ट जाल्या जायत म्हण आवयांनी दिश्ट काडली.

' ....गिऱ्या भुताची....लांवा लुताची....सुण्या माजराची....काण्णेवाशाची.... सोयऱ्या धायऱ्याची....आज्या पणज्याची...आवय बापायची....चुलींत पडों. '

मिठाची कणी तकले भोंवतणी तीन तीन खेपे हुंवाळून चुलींत वडयली आनी चुलीखुराची बिबूत भुरग्यांच्या कपलाक लायली.

चौखे वयल्या मांडार तालगडिची तयारी जाली. मास्तरान संवंग्यांक एके कुडींत घातलें. आलयेदे काडून तांचीं रुपडीं रंगयलीं. सगळ्यांक संवंगां थारोवन दिलीं. कोणाक कृश्ण, कोणाक पेंदो, कोणाक राधा आनी हेर सगळ्यांक कृश्णाचे वांगडी केल्ले. सगळ्यांच्या कपलाक धव्या गंदाचो चंद्रिमासारको तिबो लायिल्लो. मास्तरानय आपल्या कपलाक रेखून घेतिल्लो. कृश्ण, पेंदो आनी गोप-

गोपिका हांचें ल्हानशें नाटकुलें थारायल्लें. तें खासा मास्तरान बरोवन बसयल्लें. संबंध्यांक आपलें भाशण तोंडपाठ जावन दुसऱ्याचेंय जाल्लें. शंकर तर सबंद नाटकुलें एक चुकनासतना सडसडीत म्हणून दाखयतालो. नाटकुल्या उपरांत तालगडी आनी निमणेंकडेन दिवलेचो नाच आशिल्लो. दिवलेचो नाच नानूक दिल्लो. त्या नाचा खातीर मास्तरान कितलेशेच भुरगे वेंचिल्ले पुण ताजें समाधान जावंक नाशिल्लें. आनी अखेरेक नानू ताजे परिक्षेक उतरिल्लो. नानू काम सोळा आणेबरें करतलो हाजी ताका खात्री आशिल्ली. सात-आठ फावटीं ताणें येसायो घेतिल्ल्यो. एक्केय येसायेक नानूच्या माथ्यावयली पेट्टी दिवली केन्ना आंगळान फाटीफुडें जावंक नासली. सावळ्या मास्तरान दिवलेच्या नाचाविशीं खूबजाणांकडेन उलोवन दाखयल्लें.

आख्खो कोळंब मांडार एकवटलो. नावेले सावन कांय गांवकार मुद्दम दिवलेचो नाच पळोवंक आयिल्ले. पलतडच्यान वळवय सावन कांय सोयरे आयिल्ले. आबून सोयऱ्यांक आनी गांवकारांक बसपाक कांबळ सोडली. तुळशीमुखार कार्यावळीक सुवात सोडून लोक भोंवतणयां आसनमांडयो घालून बसले. बायलां एकेवटयां तर दादले दुसरेवटयां बसले. भुरगीं सरभरस बसलीं. सावळो मास्तर पेटयेक बसलो. दुसरो पखवाजाक. रंगयल्लीं भुरगीं एके हारीन उबी रावलीं. पटयेचे कळेशीं सोबलीं. नांदी जाली. मागीर कृश्णक्रिडेचें नाटकुलें जालें. पेंद्याचे करामतीक भुरगे हांस हांस हांसले. मर्दी मर्दी पदां जालीं. आवय-बापायनी आपापल्या भुरग्यांची तोखणाय केली. घरा वतकच कट्टी पेटोवन दिश्ट काडपाचें थारायलें. नाटकुलें सोंपतकच फाटोफाट तालगडी जाली. तालार पावली मारून गोपिकांनी तोंणयांर तोंणयो मारून भोंवर माल्ले. आनी आतां सगळ्यांचे दोळे दिवलेच्या नाचाकडेन लागले. येसाय पळयल्ले भुरगे फुडें कितें घडटलें ते आवयच्या कानांनी फुतफुतूंक लागले. नानूचे दोशीवशीं आनीक दोन भुरगे उबे रावले. नानूक बायलेचो भेस केल्लो. पांचवारी भगवें पुडवें काशेन न्हेसयल्लें. लिकलिकीत तांबडो पोलको घातिल्लो. पोलक्याक आनी पुडव्याक जरिची देग आशिल्ली. कानांनीं लांबोडकीं कानफुलां लांबतालीं. कपलाक सुर्याभाशेन तिबो कोरिल्लो. तो सोबून दिसतालो. बायलांनी आंवडे घोटून ताजें रूप तोखेलें. ताणे ओणंव घातलो. ताज्या पायांसरी देड वेंत उंचायेची पितुळची दिवली दवल्लेली. सातूय वाती जळटाल्यो. कांठभर तेल आशिल्लें. दोनय हातांनी ताणे दिवली उखल्ली.

सवकासायेन ताळयेर दवल्ली. सगल्यांच्यो नदरो वरश्यो जाल्यो. मास्तरान भातो ओढून सूर घल्लो. पद सुरू जालें. पावले बराबर प्रायांतल्यो घागऱ्यो झुमूक झुमूक वाजूंक लागल्यो. दिवलेचे हात सोडून हात ह्वेंत मोडूंक लागले. मागीर ओणव घालप जालें. दर एका अभिनयाचे पतीक बायलांच्या चोम्यांतल्यान ' आवयस ! आगेबाये ! ' अशीं उतरां येवंक लागलीं. निमाणे सावळ्या मास्तरान बोलसांत हात घातलो आनी तांब्याचो एक पयसो मुखार दवल्लो. जमनीर न्हिदून जिबेन तो पयसो काडटलो आसलो. मास्तरान अशें सांगनाफुडें सगळ्यांच्या काळजांत घस्स जालें. आपणांल्याच माथ्यार दिवली आसा अशेंच जणएकल्याक दिसूंक लागलें. आनी मानेच्यो शिरो तट्टटून आयल्यो. नानू सरपट जमनीर आडवो जालो. दोनय भुजांर ताणें कूड सांबाळ्ळी. सावळो मास्तर मुखार मान हालोवन हालोवन ताका उमेद हाडटालो. नानूची जिबली पयशाकडेन पावली. सगल्यांनी मानो बागोवन नदरो थिरायल्यो. पयशाक जीब लावपाच्या निमण्या खिणांक नानूचे मानेक गरये सारको हिसको बसलो. ताज्या दोळ्यांमुखार पयशावांटयाचो काळोखच काळोख जालो. फुडें कितें ते पळोवपाक तो सुद्दीर नाशिल्लो.

' दिवली पडली ! '

' आगे बाये, फाटीर पडली ! '

' पुता रे ऽऽ '

' फाट भाजतली पोरग्याची तापलेलें तेल पडोन. '

सगळ्यांनी नानू भोंवतणयां कंवडाळें केलें. रुक्मीण ' पुता ऽऽ पुता ऽऽ ' करीत झुंडींत रिगली. पंडरीय धांवून आयलो. सावळ्या मास्तराक खीणभर कितें घडलें तें कांयच कळ्ळें ना. नानूक मांडावयलो चौखेर व्हेलो. सावशीक करूंक लागले.

' इतक्या ल्हान भुरग्याक उपेग ना रे तें. '

' पेलूंक नाका त्या पोराक ? '

' मेळ्ळया पोर हातीक म्हण जायतशे झरोवप. '

' मास्तराक लागलां पिशें ! '

माबेलेचे गांवकार आनी पलतडचे वळवयकार सावळ्या मास्तराचेर शेरे मारीत गेले. मास्तरान मोन्यानी आयकून घेतलें. अशें विपरीत कशें घडलें ताज कुमार्ये ताकाय सुटूंक नाशिल्लें. ' येसायेक एकदांय घडलें ना तें आज कशें

घडचें ?' बेयभान विसरून तो चितूंक पडलो.

'मास्तर, असलो मरे दोळे दिपकावपी नाच ?'

'खतखतीत तेल दोळयांत गेल्यार दोळे फोडपाचो नाच.'

'बरें म्हूण बरें बाये. नाजाल्यार लासून वचपाचो भांगरा सारको पोर.'

'मास्तराचो कितें गुन्यांव रे ? येसायेक चुकोन लेगीत पडलिना.'

'देवस्पण पळया.'

'आबू, सगळें सारकें केल्लें मरे ?'

'जाणटेपण तेजें. कितेंय विसल्ला जायत.'

'आजून तकली आसा रे म्हाजी जाग्यार.'

'मागीर कशें घडलें तर हें अपशकुनी ?'

'आतां हांव जाणां ? तुमचीं भश्टीं बायलां तळयांत नाजाल्यार मांडार भोंवल्यां जायत. हांव राखतां तेंकां ?'

'हयवय. आमी बायलां येतां भश्टयांनी.'

भश्टयांनी न्हू. नागडयांनीसुद्दां येयद्यात तुमी. आतां कांय ताळतंत्र उरोना तुमच्या किरोवपाक.'

'धूप घालून घाडी बसल्यार कसो ?'

'शिगम्या म्हयन्यांत देवस्पण जायना रे.'

'सांगों येता ? ह्या अपशकुनान फुडें कितेंय अपशरणां येत–'

'रातदीस रानाकानांत आनी उदकापाण्यांत आसता पोरां–'

'पोरां खंय खंय वचत सांगों येता ?'

'पंडरी, खंय गेल्लो रे नानू ?'

'खंय ना. खंय ना.' –

'खंय ना ? घोल–ताशांच्या तालार भुताखेतांचो मेळ उठिल्लो आसता.'

'खंय वचोना तो.'

'खंय वचोना कितें रे ? शिगमो खेळूंक मेळाकूय वचोंक नाशिल्लो ?'

'गेल्लो गेल्लो.'

'नानू मेळाक नाशिल्लोच.'

सावळो मास्तर गर्देतल्यान भितर गेलो. नानू आतां सावशीक जाल्लो. मास्तरान सगळयांक भायर घाले. नानूच्या हड्ड्यार हात दवरीत विचाल्लें :

‘ आतां जालो सारको ? ’

‘ हय. ’

‘ भंय दिसना मरे ? ’

‘ ना. ’

‘ सांग कितें जालें तुकां ? ’

‘ कांय ना. ’

नानून हिकडेन तिकडेन पळयलें आनी आपले माने कडेन हात दाखयलो.

‘ अकस्मात कितें जालें मानेक ? ’

‘ हांव...हांव... ’

‘ सांग, भियेवं नाका. हांव कोणांक सांगना. ल्हवू सांग. ’

‘ हांव काल आनी पयर नायेले गेल्लों. ’

‘ येसायेक येयल्लो न्हूरे तिनसाना ? ’

‘ दिसाचो गेल्लों. कोणाक सांगों नाका म्हण सांगलेलें बाप्पान. ’

‘ कित्याक ? ’

‘ म्हाका कामाक व्हेल्लो. ’

‘ कामांक ? कसल्या ? ’

‘ मिनाच्या. खणीर माथ्यार फातर घेवन गाडयेंत घालपाक. मागीर चड पयशे मेयटाले खंय. गाडी आमची. मानांय आमचे आनी कामेऱ्यांय आमचीं. ’

‘ मागीर ? ’

‘ ते खातीर फातर घेवन म्हाजी मान कणली. तूं उलयत म्हण हांयें तुकां सांगलेंना. व्हदळ दिवली माथ्यार आसतना आपशींच कच्च करून वांकडी जाली. मास्तर ? तुकां म्हजो सोपूत आसा. कोणांक सांगों नाका. बाप्पा मारतलो. ’

मास्तर उबो रावलो. पिठ्ठ चान्न्यांत ताका काळ्या किट्ट काळखाची कीट खंयतरी दिसूंक लागली. गर्देतल्यान वाट काडीत तो मांडा भायर वळ्ळो. कुशीक उभ्या आशिल्ल्या पंडरीक ताणें दाव्या दोळ्यान हुंगोवन लेगीत पळयलोना. अशीर पायणींतल्यान तो नीट चलत रावलो. पायणींतल्या मोडणा मेरेन पावलो. सामकें आंगार लकिल्ल्या मोडणार ताका मोडचोच पडलो.

* * *



संवसार पाडव्या दुसरेदीस तळया वयली सत्यनारायणाची पुजा जाली. कोळंबार तकले फाटल्यान दोन आणे पटी काडली. तळया वयले माचयेर दोशीं-वशीं दोन केळमे उबे जाले. घडावलीं मानो बागोवन रावलीं. मर्दी सत्यनारायण सजयलो. वळवयचो जयदेव कोळंबाचो भावोजी लागतालो. ताका आनी ताजे बायलेक पुजेक रावयल्लीं. तांच्या वांगडा पूत नरशिंवूय आशिल्लो. पंडरी जयदेवाक हय नाका तें पळयतालो. पुजा जातकच भुरग्यांनी दोण्यांक गिट्टी घातल्यो. पयशे दोन पयशे ताटांत वडोवन भक्तांनी तिर्थ घेतलें. वोठांक लावन ओलो हात माथ्यांत भोंवडयलो. तिर्थ घालतना भटाची नदर ताटांतल्या पयशां-चेर खेळटाली. तिर्थप्रसाद जातकच पावण्यो वाजल्यो. माटवांत कोणें नाल्ल बांदिल्ले, कोणें पेंडी. कोणें दुदी, पोपाय आनी हेर फळफळावळ. फुलांचामळांय आशिल्लीं. लांसार लांस पडटले आशिल्ले. एकामेकांच्या तेमान पावण्यो वाड-टल्यो आसल्यो. बारिकसारीक पावण्यांक सुरवात जावंचे आदीं पयलीं विडया नाल्लाची पावणी जावपाची आशिल्ली. विडोनाल्ल म्हूरप म्हळयार आपलें गिरेस्तपण आनी व्हडपण सिद्द करपाचें काम आशिल्लें.

'पांच रुपयांक इडो–नाल्ल पावता ऽऽ'

पावणी वाजयतल्यान हात वयर करून सादयलें. जयदेव फळार लावन पुडल्याच्या शेवाक तोंड पुशीत पावणे म्हऱ्यांत आयलो. सगल्यांच्यो नदरो ताजेर थिरावल्यो. मिशांक पीळ भरीत ताणें हेवटेन तेवटेन पळयलें. ताजे दुसरे वटयां

नावेलेच्चे गांवकार बशिल्ले. तेवूय जयदेवाक तेळीत आशिल्ले. तांच्या म्हज्यांत पल्लडचो बाबुसो वशिल्लो.

' पांच रुपयांक इडो नाल्ल पावता. पयली खेप. '

आजून कोणें लांस घालूंक नाशिल्लो. विडया नाल्लाक लांस घालपी नावेलेच्चे गांवकार आनी जयदेव वळवयकार हें थरुनूच गेल्लें.

' पांच रुपयांक इडो नाल्ल. '

' धा रुपया. ' जयदेवाच्या घटमूट आवाजान तळयाकडलो वांठार चिरलो. सगळयाक थंडाय पसल्ली.

' पंद्रा रुपया. ' नावेलेच्या दोगां गांवकारांनी वांगडाच आवाज दिलो.

' दोन कडेन लांस वाजले. तिसरो कोण चडयता ? '

' वीस रुपया. ' जयदेवान पड्टया फळाची आज्ञा मानून संदेचो लाव घेतलो. नावेलकारांक मातशी लज जाली. कोणें एकल्यानूच लांस घालपाचें ताणीं थारायलें. लोकांत चुळबूळ जाली.

' नायेलकार कितले जाणा आसात ? '

' चड जाणा आसात म्हण घुस्पतात. '

' वळवयकार एकलो पुरो तेंकां. '

' आतां तेजोच लांस चलता. '

' तो सोडटा ? वरसाचो तेजो मान तो. '

' नावेलकारांक बाबुसो मेळ्ळा मरे. '

' बाबुसों हरशीं वळवयकार मरे. जयदेवा वटयां आसपाचो. '

' जयदेव असल्या घोशी लावण्यांक लागीं करता ? '

' तसल्यांक पंडरीनूच दारांत घेवपाचे. '

' इडो—नाल्ल वीस रुपया—पावता. दुसरी खेप. '

' कोण नाजाल्यार कर सा. '

आबून लांस वाजयतल्याक सांगलें. ताका आशा जाली. देवाक आनीक चड किर्तेय फायदो जाल्यार जालो. ताणें नावेलकारांवटयां पळयलें. तांकां बाबुसो कुंथनावन वळयां पिकयतालो.

' पंचीस रुपया. ' नावेलकारांवटसून खांचीतल्यान आवाज आयलो.

' पस्तीस रुपया. ' जयदेव पांचां वयरसून धांचेर चडलो. ताज्या आवाजांतय

चडटी धार आशिल्ली.

'चाळीस रुपया.' नावेलकारांचो आवाज सुकलो. ताळो खांकारून ताणें परतो आंकडो सांगलो.

'चाळीस रुपया.'

'एकावन्न रुपया.' नावेलकारांतलो एकलो एकलो गळव लागिल्लेवरी गळूंक लागलो. बाबुशानय कूस परतिली. व्हाण बशिल्ले सारकें तोंड करून तो जयदेवा म्हऱ्यांत आयलो.

'वळवयकार ते वळवयकार.'

'आतां म्हाका चण्या झाडार चडोवंक येयला? तेंकां वडयले मरे?'

'हांयें? हांयें सांगलेलें तेंकां. जयदेवाकडेन सर्त नाका म्हण. देवाऱ्यान तर.'

'तूं दोशीं वशीं. जाल्यारूय वडे, मेल्यारूय वडे.'

'शे! शे!!'

'बाबुशा, जेवपाक यो आं.' पंडरीन ताका सांगलें. बाबुशान हेवटेन तेवटेन पळयलें. पंडरीन ताका तोंडार पाडिल्ल्यान सगळेच ताज्यो बकऱ्छायो करताले. जयदेव तर आनीक एक उतर उलोवंक तयार नाशिल्लो. ताणें गणयलेशें केलें.

'वयशी आं जेयल्याबगर' पंडरीन ताजीं लक्षणां पळोवन परतें सांगलें. बाबुशान चिंतलें. जयदेवा वांगडा आपली दाळ शिजची ना. आपणांक जेवण म्हारक पडटलें. रुक्मीणीनूय ताका काळज्यान आग्रो करपाक सुरवात केल्ली. पुण जयदेवा मुखार ताका सगळ्याचेर उदक सोडचेंच पडलें.

'ना. ना. म्हाकां जेवपाक रावोंक फावना. नायेले वचपाक जाय.'

गुणगुणत तो नावेलकारांवटयां गेलो. ताजीं उतरां तशीं कोणाकूच आयकूंक आयलिंना. नावेलकारांक सोदीत तो तळ्यावटयां गेलो आनी काळखांत नाच्च जालो.

'इडो नाल्ल एकावन्न रुपयांक पावता, पयली खेप. इडो नाल्ल एकावन्न रुपयांक पावता, दुसरी खेप. इडो ऽऽ नाल्ल एकावन्न रुपयांक पावता, तिसरी खेप. सा ऽऽ वो ऽऽ सा.'

'नरशिंव, इडो नाल्ल घे तो.' जयदेवान खोमसाच्या बोलसांत हात घातलो. कच्च करून पयशांचें पाकीट भायर काडलें. धा रुपयांच्यो पांच नोटी ताणें मेजल्यो आनी एका रुपयाची मोड काडून वोट्ट दुड्डू ताटांत दवल्ले.

'वरसाचो मान मरे आमचो, किर्ते आबू?'

'जयदेव मरे तूं. तुका केन्ना हार आसा ?'


'आमी हक्कान इडो–नाल्ल व्हरोन मागीर हक्कान हांगासल्ली सून व्हरपी.'

नरशिंवान विडो–नाल्ल घेवन केंसराकडेन दिलो. मागीर तीं दोगांय तळयार भोंवलीं. केंसरान ताका कांय नविदादी दाखयल्यो. नरशिंवान आपल्या पयशांनी ताका गांच लिगां घेवन दिलीं. कागदांच्या फुलांची एक फांतीय घेतली.

पावणे उपरांत दोडया मार्गावयल्या मोच्यामाडकारांचें दशावतारी नाटक जालें. दित्ता थोम तत्ता थोम' करीत ताणीं सवन रात जागयली. लोक मात लेगीत हाल्लेना. भुरगीं पळयतां पळयतां झेमलीं. आवयांच्या आंगाखांदार लंवडलीं.

केंसर आनी नरशिंव एकेचकडेन बशिल्लीं. मदींच केंसर झेमलें. फाटफुडो पळयनासतना नरशिंवाचे मांडयेर तकली दवरून ताणें ताणून दिलें. नरशिंवान दुबावान वगीच हेवटेन तेवटेन पळयलें. सगळे मानो वयर करून नाटक पळोवपांत गुल्ल जाल्ले. नाटकांत कच देवयानी वांगडा उलयतालो. देवयानी ताच्या लागीं लागीं वताली. कच तिजेपासून पयस पयस सरतालो. नरशिंवाक येवजलें, कचान देवयानीक घट्ट धरूं येता, तिजो—

नरशिंवान केंसराच्या माथ्यांत कागदी फुलांची फांती माळ्ळी आनी ताजें तोंड आपले वटयां घुंवडावन न्हिदिल्लेकडेन ताच्या वोठांचो उमाव घेतलो.



मीर्गाचीं पावलां लागीं पावलीं. लोक काठी, मठी आनी मिठिच्या पुरुमेंताक लागले. घरांचें शिंवप–शाकारप जालें. लाकूड–बडी माळयार पडली, माचाक लागली. मिठाचीं दोणां भल्लीं. पावसाआदीं सगळ्यांनी गरजेचें सामान सुमान सतलासून दवल्लें. कोनशाच्यो बेबक्यो पावसाक सादोवंक लागल्यो.

पावसाची सुलूस लागनाफुडें सगळ्या सैमान आदींच साजशिणगार करून दवल्लो. झाडां–पेडांच्या आंगा खांदार एक एक पानां जोड फुटूंक लागलो. कोंबरी–आंकरी उदेवंक लागली. कोळंबाचे धवे चांफे उलगले. तांच्या माथ्यार पाचव्या-

चार पानांची रास मातली. मर्दी मर्दी दोन चार मागूस चाफ्याचे घोंस तकल्यो वयर काडूंक लागले. तांतुंतलीं धवीफुल्ल चांफीं चातकावरी पावसाच्या थेंब्यांक चोंची उकत्यो करून रावलीं. चानाड्ड्याचो रुपकार दोळ्यांत भरूंक लागलो. जात्रेंतल्या रथाक जश्यो रंगीत बुड्यो घोलतात ते भाशेन चानाड्ड्याच्या आंगार लांब देंटांची गाड पाचवीं पानां वाऱ्याच्या झोतार झेतान घोळूंक लागलीं. चमेलिच्या माथ्यार धवेताल्ल घोंस रसरसून फुल्ले. पुडचाफ्यांसारके परमळ्ळे. मीर्गाच्या वाऱ्यान केळिच्या चार्वटांचीं बोंदरां जालीं. एकाद्र्या कलावंतान मुद्दम कात्रीन कातरिल्ल्या सारकी दिसूंक लागलीं.

तिनसांजचे शांत–नितळ कातरीर धायदिकांनी काळोख गुपाट जालो. रुखावळ काळखांत भरसून गेली. झाडांचो पांचवो कोर एकामेकांत मिसळून काळ्या कोराक गाडपणा आयलो. थंड काळोख अणभवतना मनां उचंबळून आयलीं. नक्षत्रांनीं फुल्लून वचपी मळबांत नांवाक लेगीत एक नक्षत्र उल्लें ना. कुपांर कुपां दाटून आयलीं. तोवलेक लागिल्ले घशीसारको मळबाचो रुपकार जालो. मर्दींच काळ्या शार कापडाचो चर्र् करून पिंदिल्ल्या फाळ्या सारकी जोगलावणी जोगलुवपाक लागली.

काळोख चकचकतासो भासूंक लागलो. सगळो कोळंब कॅणांत उजळूंक लागलो. उकत्या आंगार वाऱ्याचो थंड शितळ झोत खेळ्ळो. आनी गोंदळीक थारायल्ल्या लगनासारको पयलो पावस झडलो.

माथ्यार पुडव्याचो शेंव वडोवन मास्तर धांवतूच पंडरीले पडवेर आयलो. दडकेर तो भिजिल्लो. पुडव्याच्या शेवान आंगावयले थेंबे ताणें पुसून काडले. घरांतली सुलूस घेत तो सोप्यार बसलो.

‘ पावस लागलो ? ’

रुक्मीणीन भायर येत विचाल्लें. रुक्मीणीच्या आवाजान केंसर आनी नानू हुंबऱ्यार आयलीं. आवयन तांकां थंयच थांबयलीं.

‘ मास्तर ? ’ नानून उलो माल्लो.

‘ किते रे नानू, जेयलो ? ’

‘ हय. ’

‘ अभ्यास केलो ? ’

‘ हय. ’

‘ बाप्पा खंय रे ? ’

‘ बाप्पा—’

‘ आजून येवना कामारसून. ’ रुक्मीणीन नानूक थांबयत सांगलें.

‘ आवय, बाप्पा घ—’

‘ केंसर, चल घरांत. तें भात मातशें चाळ. मास्तर, कित्याक येयल्ले तुमी ? ’

‘ पंडरी मेळपाक जाय आशिल्लो. ’

‘ कितें काम आशिल्लें ? ’

‘ तेकाच सांगपाचें. ’

‘ चड गरजेचें ? ’

‘ खरें म्हूटल्यार चड गरजेचें. तुमचेंच. ’

मास्तरान नानूक पळयलो. तो काकुळटायेन मास्तराक तेळटालो. ताजी पांखां तोडिल्ल्या सवण्यासारकी अवतिकाय जाल्ली. मास्तराच्यान तो देखाव सोसूं नजो जालो. पायांत व्हाणों चडोवन तो सोप्या वयलो उठलो.

‘ मास्तर, भायर काळोख आसा.’

‘ हय. ’

‘ उजवाडाक कितेंय व्हर. ’ नानून सांगलें. मास्तर सोपणां देंवून आंगणांत पावलो.

‘ वयता मास्तर ? ’

‘ हय. ’

‘ मास्तर, ’

‘ कितें ? ’

‘ फाल्यां-परवां दोन दीस नानू शाळेक पावचो ना आं. ’

‘ आवय, हांव वयचों ना कामांक. ’

‘ नानूक शाळेंतलो घरा दवरूं नाका. ’

रुक्मीणीन घडायंच करून दार ओडलें. मास्तराचीं उतरां काळखांतूच विरून गेलीं. खिणभर ताणें दार परतें उकतें जाता काय म्हण वाट पळयली. चिमणेच्या धुंगरिल्ल्या उजवाडान दाराकडेन पंडरीच्यो सदच्यो व्हाणो मात ताका स्पश्ट दिसल्यो.

■ ■

कोळंबार नड्णे–काड्णेक भार आयलो. माध्यार कण्णे घेवन कामेऱ्यां नड्णेक देंवलीं. शेतकाऱ्यांनी नडून काडलें. पंडरीन मात आपल्या शेताकडेन हुंगोवन लेगीत पळयलेंना. ताजे शिरकोणेंत भाता वांगडाच धिपरभर कुड्डे पिळयेचो नेर वाडलो. नेराच्यो सातूय तरा एकेच शिरकोणेंत नदरेक पडूंक लागल्यो. ताजे वांगडा घोडगिरो, पोल्लें, फोणयारें, बीम, फांकरी आळे सगळे तरेची नड्णी मातली. थामाचो नेट ताणीं उणो केलो. एका एका थामाक वीस–पंचवीस फागूर फुटले. नड्णी नासून तशेच उल्ले आनी पोटांत सामको अशक्त पोटूर धरूंक लागलो.

त्या दिसांनी पंडरीच्या पायांक थार नाशिल्लो. पावसाक लागून मिनाच्या कामाक नेट आयिलो. फकत हो म्हयनोभर मिनाचें काम मेळटलें आसलें. मागीर पावसांत शेनोरेर कोठवे घेवचे नासले. ते खातीर शेनोरेर दोन कोठवे चडच आयिल्ले. आसलो नासलो माल व्हांवोवपाचो आसलो. नावेल खणीर साकून शेनोरेर माल पराय करपाचें काम नेटान चलिल्लें. पंडरीची गाडी चलताली. गाडी भरपाक रुक्मीण, बाबुसो, नानू आनी केंसर आशिल्लीं. भुरगीं ल्हान ल्हान फातर व्हरून गाडयेंत भरतालीं. पंडरी गाडी आमुडटालो. कोळंबार आगमाग नाका म्हण एकदीस बळवय फावट मारून तो कामेऱ्यां घेवन आयिल्लो. धा–बारा कामेऱ्यांचो तो मुकादम जाल्लो. तांकां दिसावडो थारोवन कोंत्राटाक ताणें माल पराय करपाचें ओब्र घेतिल्लें. ताजेर ताका फायदोय बरो मेळटालो. ताणें हिशोब केल्लो ते प्रमाण पावसाभराची जोड ह्याच म्हयन्यांत जावं येताली. हे संदिचो लाव घेवपाक तो दीसरात घेयभान विसरून वावुरतालो. खाणाजेवणाचेर ताजी वानसा नाशिल्ली. मनाक आनी पायांकय थार नाशिल्लो.

सावण म्हयनो आयलो आनी पाचवोच्चार कोर सगळ्या सैमार विसरून गेलो. तळया मुखावयले दोंगुल्लेर शेरवडाची नितळ धवीं पामां धोल्लूंक लागलीं. तांबशे-केंसरी नागले मनांत भरूंक लागले. हरयाळी चरवो कशी लवलवली. म्हातारेच्चीं बोंदरां, वागपोचको, बोटां, दूदभळी सगळे तरेची पानपत्री रानांत रसरसली. सावणांतल्या चारूय आयतारांक कोळंबावयलीं भुरगीं रानांत धांवलीं. हुसहुशा-पणांनी पत्री तोडली, हरयाळी खुंटली, आयतार पुजले. आयतारांक आयेबांनी तेलकुकूम केलें, तशेंच तुळशीक केलें. भुरग्यांनी फुगडयो घातल्यो.

पयल्या आयताराक पणसा–खोल्यांच्या दोण्यांनीं उकडिल्ले तांदळा–पिठाचे

मुटके जाले. दुसऱ्या आयताराक उकड्या तांदळांची खिचडी शिजयली. तिसऱ्याक कचकचीत चुन्नाच्यो हळदिच्या पाना वयल्यो पातोळयो उकडल्यो; आनी निमणो आयतार म्हातारो मानून ताका आंगभर धव्या शेरवडांनी सजोवन पोळयांचो निवेद दाखयलो. तिनसांजचे कातरीर तिर्थाची पोळी तांबयांत वाजयत आयतार तुळशींत पायले.

स्रावण सोंपून भाद्रपद लागलो. भाद्रपदांतली विनायकी चवथीचे परबेचो सुवाळो जालो. देडदिसा खातीर गणपती येतलो म्हण कोळंबार बोवाळ पडलो. शेण-सारवण जालें. शेड, रेबो हाडून लोकांनी आपणाल्यां वणटींक सारायलो. वणटी धव्योफुल्ल आनी तांबड्योगुंज दिसपाक लागल्यो. भुरगे रानांत चंवकळे. कांगलां, माट्टां हाडून ताणीं पोरसांत हुमकाळायलीं आनी माटोळेची तयारी केली. आरत्यो गावपाक घुमटां, शामोळ ओडून दवल्लीं. ताळ, झांजी एकठांय जाल्यो. बायल-भुरग्यांचेर बोवाळ पडलो. चवथी दिसा रांदपाक कसले कसले नग करपाचे, कसल्यो फुगड्यो म्हणपाच्यो ताजो उगडास बायलां करूंक लागलीं. खंय खंय फुगोटयो पेटोवपाच्यो, गरंजेल खंय फोडपाचे हांच्यो गजाली भुरगे चोम्या चोम्यांनी जमून करूंक लागले. सैमाचे भायले पाचवेसाणेर घराघरांतल्यान सारयल्ल्या पाचव्या शेणाचो वास कोळंबार सुटपाक लागलो.

चवथ दोन दिसांचेर आयली. तळ्यार उमळप-पिळप नेटान जावपाक लागलें. उदकाक शाब्बाचो धवो कोर आयलो. एकदीस अकस्मात तळ्यार वास सुटलो. उमळटां उमळटां बायलां नाखाच्यो पुड्यो फुगोवन हुंगूंक लागलीं. तळ्यावयल्यान येवपी-वचपीय वासाक ' सुंक, सुंकऽऽ ' करूंक लागले.

' कसलो तरी वास येता. ' येतो-वेतो म्हणूंक लागलो.

येशालो शंकर तळ्यार न्हातालो. सदचे संवयेप्रमाण एका जाग्यार बसून न्हावप ताका जमलेंना. धिंपरभर उदकांत पेंवत पेंवत तो केगदीच्या झोपांत रिगलो.

' कोण रे तो केगदींनी ? ' आबून तळ्यावयल्यान साद घालो, ' केगदीचीं पातीं लागोन आणबीन कातरून वयतलो पोराचो. '

आबूची जाग आयकनाफुडें शंकर आंग खरचटयत भितर ओडलो. केगदीचे खांचींतल्यान आबू गेलो काय किते तें तो पळोवपाक लागलो. सारकें दिसना

म्हूण ताणें केगदेचें पातें कुशीक सारलें. कुच्च करून ताज्या तायटाक कांटो तोंपलो आनी ताजी नदर कवाळ्यांत गेली. कवाळयांत शिवडेपोंतार हळडुवोच्च हातो फुलिल्लो. ताजी कोंगरी तोंकां कांतयिल्लेवरी सोबतालीं. हातो पळयनाफुडें शंकराच्या नाखांत घमघम भल्लो. ताजी तकली कणकणली.

'आबू, आबू रेऽऽ' आंग खरचटयत तो भायर आयलो.

'कोणें खालो रे भैंझवऱ्याक ?'

'आबू, थंय....'

'कितें ? मानगें आसा ?'

'थंय हा ऽऽ हा ऽऽ'

'हा ऽऽ हा ऽऽऽ कितें रे ? आवयची गाण ?'

'थंय हातो फुल्ला.'

'हातो फुल्ला ?'

'हातो फुल्ला !'

आबू सयत तळ्या वयलीं बायलां दोगांतिगां जाणां धिंपरभर उदकांतल्यान केगदी कडेन गेलीं. शंकरान मुखार वचून सगल्यांक दाखयलो, तशे सगल्यांचे दोळे लख्ख जाले. बायलांचे दोळे वसवसले. खोपे तट्‌टटले.

'हात लावं नाका कोण.' आबून फर्मायलें आनी सगल्यांक कुशीक काडलीं. हात्याक आडोस करूंक ताणें बाकिचीं पातीं ओडून घेतलीं.

'पयलोच हातो हो. तळयार यान आदीं केन्ना फुलों ना. फाल्यां चवथ. फाल्यां चौखे वयल्या गणपतीक दाखोवन मागीर एकेक पाखळी पावता त्या घराच्या गणपतीक पावोंया.'

'सगल्या गणपतींक पावतल्यो ?'

'पावता थंय पावता. चौखे वयल्या म्हाल गणपतीक पावली म्हणटकच सगल्या गणपतिंचो भौमान जालो.'

'कितें घमघम सुटला ! आऽऽ'

'तरी म्हणटां हांव कालच्यान वास कसलो सुटला.'

'म्हाका दुवाव येयल्लोच.'

'हात्याचोच कसो वास गे !'

'आतां सगल्यांक येवजतलें. तरी बरें चवथी आदीं पळोवन.'

‘ शंकरान पळयलो. ’

‘ तळ्यावयल्यान गणपती खातिरूच फुलयल्लो तो. शंकर आपलो निमताक कारण. ’

‘ जावं, शंकर हरशीं कुस्कुटाक उपकारना कोणाक. पुण हातो सोदून काडलो. ’

‘ शंकराक खोसूय जाली आनी तो निरशेलोय बी. ’

‘ कोण हात लायशात रे थंय. काडोन चलात थंयचे. ’ आबून दटायलें आनी तो वळ्ळो.

‘ आबू, कोणय भायलो येवन हेलो जाल्यार ? ’

‘ भायलो चवथी दिसांनी कित्याक पासडी पडोंक येता ? ’

आबू गेलो. तळ्यार येरादारी वाडली. हां हां म्हणसर हात्याची खबर गांवभर वासासारकी फां फू जावन पातळ्ळी. तिनसांज मेरेन तळ्याकडलो वाठार कणकणून गेलो.

■ ■

पंडरीच्या दारांतल्या माटवार घोसाळेचीं हळडुवीं फुलां फुल्लीं. हळडुव्याच रंगाचीं पिसोळीं तांचेर भोंवर मारूंक लागलीं. झिळमिटे सांजेर खांक्याक पोती मारून बाबुसो सोपणां चडलो. हुंबऱ्याकडेन पंडरीचीं जोतीं ना तें ताणें पळयलें. तसोच तो भितर सल्लो.

‘ कोण रे ? बाबुसो ? ’ रुक्मीणीन विचाल्लें. बाबुशान खाक्यांतली पोती खुंटयाळयाक हुमकाळायली. रुक्मीणीवटयां ताणें नदर माल्ली. भितल्ले वणटी कुशीक बसून ती वणटीक शेण सारयताली. दाव्या हातान कवचेची चिमणी आशिल्ली. उजव्या हातान शेण काडटाली. मुखार शेणाचो तोप आशिल्लो. आंगार शेण उसळून कापड म्हेळें जायत म्हण तिणें जुनेर लायिल्लें. जुनेराचो इल्लोसो पालव खांदार वडयिल्लो. शेण सारोवन जायनाफुडें ती न्हावपाची आशिल्ली. चुलीर तोपल्यांत उदक तापतालें.

'रुक्मीणआका, भुरग्यांक फाल्यां चवथी खातीर माराण हाडल्या. घा आस. बाय तशी पेटों दी.'

'कित्याक नश्ट खर्च रे ?'

'कित्याक ?'

चिमणेच्या उजवाडान तिजें आंग तेळीत तो लागीं आयलो. तिज्या म्हन्यांत बसलो. शेणाच्याच हातीन तिगें पालव सारको केलो. तिज्या हडुयाक तो पावनां जालो.

'दोनय भोंगरा सारकीं !'

'कोण ?' तिणें परतो पालव सावल्लो.

'हीं तुजीं भुरगीं गो. केंसर आनी नानू.'

'चौखेर गेल्यां. थंय मखर रंगयता चौखेवयलें.'

'वचों, वचों.'

बाबुसो आंग सोडून बसलो.

'पंडरी खंय ?'

'पलतडीं वळवय गेला. फायचो चवथी वेपार हाडूंक.'

'जालो येवपाचो ?'

'आतांच आमोरेर भायर सल्ला.'

'सरों, सरों, येतलो सवकास. भिरांत ना.'

बाबुशान बशिल्लेकडेन पांय सोडले. ताजे चेड्डेंतल्यान काळो भाग सामको फुट्टून दिसूंक लागलो.

'कसलो वास येता ?'

'वास ? हें—'

'येता.'

'वास शेणाचो तो रुक्मीणआका. रुक्मीणआका ?'

'वयर बस रे.'

'वयर ? आसूं. वयर सुकयल सारकेंच. वयर उबार, सकयल सरपट.'

'चड घातला काय किते रे तुका कोणें ?'

'घातला ! खंय घातला ? रुक्मीणआका ?'

'अं.'

‘ राव. हांव तुकां उजवाड घालतां. दी ती चिमणी म्हाजेकडेन. हांव धरतां.’

‘ आसूं रे. ’

‘ पळय, आतां काय बरें दिसपाक लागलें. ’ चिमणेच्या उजवाडान बाबुसो तिजें हड्डूं तेळूंक लागलो. आंवडे घोंटीत रावलो.

‘ रुक्मीणआका ! ’

‘ कितें ? ’

‘ तूं भागलें ह्या दिसांनी. ’

‘ च्यॅं ! ’

‘ पळय, तुज्यो जांगो सुकल्यो मुगो ! ’

‘ असो कितें रें तूं ? ’

‘ हांसता कितें ? पळय मुगो. पयलीं कश्यो केळिचे गबे कश्यो आशिल्ल्यो ! ’

‘ शी बाबा ! दी चिमणी. ’

‘ उठटा कित्याक ? बस गो. ’

‘ राव मरे. शेण सोंपलें. हाडटां वचोन. चिमणी सोड. ’ बाबुशान चिमणी सोडलिना. रुक्मीणीन दाव्या हातान शेणाचो तोप धरिल्लो आनी उजव्या हातान चिमणी. भूज हालनाफुडें तिज्या हड्ड्या वयलो जुनेराचो पालव आपशींच गळ्ळो. तरी बाबुशान तिजो हात सोडलोना. तिजें उकतें हड्डूं दोळ्यांच्यो मळप्यो ताणून तो अधाशावरी पळोवंक लागलो. रुक्मीण वोंठ दामीत लजेली. बाबुसो तसोच उठलो. तिजे काशेक हात घालून ताणें तिजें जुनेर ओडलें. तशें तें भेंडावयलें गळसटलें. रुक्मीणीन बेगोबेग दिवो वाडयलो. हात वावुडटाना दिव्याचे कुंवचेर बसून तिज्या हातांतलें कांकण वाडवलें.

‘ शी बाबा, शेण गेलें तोंडांत. ’

‘ वचों रुक्मीणआका. ’

‘ आजुनूय आका ? ’

‘ उजवाडांत आका, काळखांत रुक्मीण. सांग. ’

‘ कितें ? ’

‘ पयरचें कापड कशें लागलें ? ’

‘ बरें ! बरेंऽ दिसता. ’

‘ च्यॅं. ’

‘ च्यॅ कितें ? ’

‘ कापडा परस तूं जुनेरांत बरें दिसता. ’

‘ आंवय ! ’

‘ आनी जुनेर नासतना तर विचारुंकूच नाका. ’

‘ शी ! वास येता तुज्या तोणाक. ’

‘ म्हाज्या तोणाक न्हू. खुंटयेवयले पोतयेंत. ’

‘ पोतयेंत ? ’

‘ तुका कितें हाडलां. पयली बोणी तुजी. तुज्या खोप्यांत माळूंक. ’

‘ शी ! केंसांत हात घालूं नाका. ’

‘ आनीक खंय घालूं ! ’

‘ कितें हाडलां ? ’

‘ तूं सांग. ’

‘ सांग रे. ’

‘ हातो. ’

‘ हातो ? ’

‘ हय. ’

‘ खंयचो ? ’

‘ सांग खंयचो ? ’

‘ पापया, खंयचो हाडला ? ’

‘ इतलें करून हांव पातकी मुगो ? तुजेखातीर पुण्य जोडलां. तळयार फुल्लेलो.’

‘ तळ्या वयलो ? ’

‘ कोणांक कळनासतना सुतलायला. आगो, आगो ! उठलें ! उठलेंशें ? ’

‘ दिवो लाय. दिवो लाय. ’

रुक्मीणीन तसोच दिवो पेटयलो. न्हेसणाची तिका सुदबूद नासली. बाबुसो चेडुी सारकी करीत उठलो. रुक्मीणीचें अचकीत कितें घडलें, ताका कांयच कळ्ळें ना. तो बुचकळ्यांत पडलो. ताका शेळो घाम सुटलो. रुक्मीण तर थरथरूंक लागली.

‘ पापया, तो हातो सगल्या कोळंबान पळयला. फाल्यां चौखेवयल्या गणपती

खातीर दवल्लेलो. आमगेर पावला म्हण कळत जाल्यार तुजेसकट सगळो गांव खातलो आमकां.'

'आतां....आतां....'

'काडला तसो कोळंबा भायर घेवन वच.'

'पुण....'

'पुणबीण कांय ना. खिणभर रावों नाका हांगा.'

बाबुसो पोटली खांकेक मारून आयलो तसो गेलो. मदल्या वेळांत कितें घडलें तांका कांयच येवजना जालें.

■ ■

चवथीच्या णव्या दिसा वसुंकी बारस जाली. गांवच्यो चार तक्षिमो आशिल्ल्या चौग जाणांच्या वांटयाक अंदुचो सगळो खर्च आयलो. नावेलेचे गांवकार आपणाल्या हक्कान आयले. नावेलेचे म्हार–चांबार वाडयेक आयले. आमोणेचो घाडी सांगण्याक आयलो. भावणी–कलंवतां रूळीप्रमाण आयलीं. बारशिचो सुवाळो पळोवंक वळवय साकून तारिच्यो तारी कोळंबाचे धडेक लागल्यो. पाळी, उजगांव, रुमड हांगा साकून लोक धुल्ल माड्‌यत आयले करंजाळ, आडपय, घोंगरें ह्या गांवांतसून कोळंबाचे जांवय आपणाल्या बायल भुरग्यांक घेवन एकदीस आदींच राताब्याक आयले.

कोळंबार वरसाचो बोवाळ पडलो. गोरवां–वासरां बुजूंक लागलीं. सुणीं अनवळख्यांक पोटकडी ताणून भोंकूंक लागलीं. कोंबयो–कुकडां पाखांटे फुलयत वाटेतिटेक नाचूंक लागलीं. कावळ्या-सवण्यांचेर हावळ आयली. चौखे वयर, तीं भोंवर मारूंक लागलीं. पाखांटे हुबयत व्हाऱ्यार ताणीं अच्छेव मांडलो.

सांजवेळा बारस जातकीच मागीर रातची सगळ्या भौसाक जेवणावळ पडची आशिल्ली. ते खातीर जेवणाची तयारी सकाळपासूनच चलताली. जेवणाच्या उगडासान कांय जाणांनी पोटार अचळय हात भोंवडायले.

कुडव कुडव उकडश्या शिताच्यो राशी हाथरपटयार पडटल्यो आसल्यो. वेलंगीचे रांदपी हूम वाल्याक पुशीत उसपितले आसले. धगमोडया उद्कांत कुळडांचें पीठ घालून रांदपी घवळटले आसले आनी मागीर गोड, सय घालून खीर कशी चिकचिकीत कुळडांची पिठी रांदतले आसले. धा-बारा आदोळ्यां वयलें आळूं एकठांय करून व्हडल्या तोपल्यांत शिजयतले आसले आनी दबदबीत जातकीच दवरतले आसले. उपरांत तासलेल्या आंबाडयांचो फोण्णी मारून हळडुवोच कुंवळ जातलो आसलो.

म्हाल म्हातारे देवदेवतांक नित्रेद दाखयतले आसले. मागीर पंगती बसतल्यो आसल्यो. नावेलकार गांवकार पयले पंगतींत बसतले आसले. मागीर घाडयांची पंगत जातली आसली. कोळंबाचे गांवकार, सोयरे-धायरे, कलवंतां-भावणी आप-आपणाल्या पंगतींक बसतलीं आसलीं. म्हार—चांबार:पयस कडेक बसतले आसले. ' हर....हर...' करून जेवणावळीक सुरवात जातली आसली. कर्मळांच्या पानां वयले पिठिच्या भुरक्यांचो 'भुर्रे....भुर्रे....' असो आवाज पंगती—पंगतीक जातलो आसलो. कांसाटो खोवन आनी वालो खांदार वडोवन वाडपी वाडटले आसले. मर्दीं उबो रावून आबू कोणाक हय नाका तें पळयतलो आसलो. परक्यांक आग्रो करून दवलो दवलो वाडपाक फर्मायतलो आसलो. सगले येतिश्ट ताव मारतले आसले. भुरग्यांक आचुंवपाक उठूंक कुस्तार जातलें आसलें. एकामेकाचो आधार घेत तीं उठटलीं आसलीं. कांय जाण उठच्या उठून तशेच काळखांतूच तळ्यार धांव मारतले आसले. सगल्यो पंगती उठटकीच व्हाऱ्यार कर्मळाच्या पानांची हीऽरास पडटली आसली. सुण्यामाजरांची बुरी थंय पडटली आसली.

सुर्या अस्तेंतेकडेन लकलो तेन्ना बारशीचे मुखेल कार्यावळीक सुरवात जाली. दादल्यांनी खोमसां, धोतरां फापडून चडयलीं. तोपयो, मुंडाशीं खुंटयांवयलीं काडून माथ्यार दवल्लीं. बायलांनी कापडांच्यो घडयो मोडल्यो. तारा-पोरांनी सद्चोंच पुण उमळिल्लीं धोलार चडयलीं. तळयार सगळे जमले. कितें कितें घडटा तें बारिकसाणेन पळोवंक लागले. जाणकार बायल-भुरग्यांक समजावन दिवंक लागले.

व्हडल्या घरच्यान म्हळयार म्हारान आपणालो नवो ताळ्ळ पाटलो सगल्यांमदीं दवल्लो. बायल-भुरगीं कुशीक सल्लीं. पाटल्यांत कितें दवरता तें मानो बागोवन पळोवंक लागलीं. गर्देतल्यान वाट काडीत आबू पाटले म्हऱ्यांत आयलो.

आपणाल्या दोनय हातांतली वस्त ताणें पाटल्यांत दवल्ली. सगळ्यांचे दोळे लकलकले. सोबीतबरें कांतयल्लेवरी शिताचें बावलें आसलें. निकतेंच जल्माक आयिल्लें माणकुलें बाळक कशें तिकतिकतालें. मागीर काळे, तांबशे पिंजरीन ताका माखयलें. ताज्या आंगा-पांगार काजळ शिंपडायलें. ताका सामकें विद्रूप केलें. पळयतल्यांक पळयनाफुडें भंयान काळजांत चर्र जावपाक लागलें.

तिनसांजचे कातरीर म्हाराचें धोलकें वाजलें. शेनाय लागली. वाजपाचो आवाज दोंगुल्लेचेर आदळून परतो कोळंबभर भल्लो. आनी मागीर आमोणेचो दत्ता घाडी मुखार आयलो. घाडयाच्या सांगण्यांक 'हय सायबा' करपाक सगल्यांनी कंवडाळें केलें. सगल्यांनी हुस्वास दामून धल्लो. एका एका देवाच्या नांवान घाडयान होरावपाक सुरवात करतकीच लोकांच्या आंगार शिरशिरी आयली. मोडभाशेच्या सांगण्यान खन्यांनिशीं देव सामखार उबो राविल्लेवरी जालो.

... देवा स्वामी समर्था,
'हय सायबा.'

....तूं देवधनी कोळंब सारकी भूमका, मूळमाया, मायभूमका मायेच्या आकान्या, गांवधड्याच्या अधिकान्या, ग्रामजोडत्या, ग्रामपुरुसा माज्या समर्था....
'हय सायबा.'

...श्रीशिवशक्ती अमृतेश्वरासारक्या कोळंब ग्रामजोडत्यां ग्रामपुरुसा माज्य समर्था....
'हय सायबा.'

...बेताळ, पुर्वस, लक्ष्मीम, रवळनाथ, रुप्याभगत, लिंग म्हादेव, नारायण देव, भूतनाथ घाडवस, तू बारा वंस कोळंब सारको देव तूं माज्या समर्था....
'हय सायबा.'

' ....आज कोणा वेळाक, कोणा काळाक तुयें कशे रितीन जागभाक दिल्ली, शब्द दिल्लो त्या शब्दाचो तूं आठव कर माज्या समर्था....

' हय सायबा. '

....आज तुयें कोणा वेळाक, कोणा काळाक घडना तें घडोवन, वठना ते वठोवन, मेळना तें मेळोवन दिवन आज तूं घाटाचो मस्तक, दर्याचो किनारो अशे कैक किर्तिचो तूं देव माज्या समर्था....

' हय सायबा. '

...त्या प्रमाण तुयें फळ मारून, थळ जोडलें. निराकाराक आकार करून मायेन मायेचे पंचिरटांचें एकचीत एक गणीत तुंयन केलें माज्या समर्था....

' हय सायबा. '

....अशे गोष्टीक आठ चौक बारा माने, पांचशी पिळगी व्हयव्हयावेळ हीं गांवग्रस्त प्रजा तुकां शरण येयल्ली आसा माज्या समर्था....

' हय सायबा. '

आज तूं काळाचो म्हाकाळ, खोड्याचो वस्ताद, रोगाचो धनमंतरी अशे कैक किर्तिचो देव तूं माज्या समर्था....

' हय सायबा. '

आज तूं काळाक शिक्षा करणारो, रोग्याक अम्रुत पाजणारो, तुटलेलें गाठय-णारो, शेणलेलें सोदून दिणारो अशे रितीचो देव तूं माज्या समर्था....

' हय सायबा. '

तशेच रितीन न्हिदल्ल्याक जागो करणारो, मोन्यांक उलोवंक लावणारो, तळपट्या सडयार रक्षण करणारो अशे रितिचो कैक किर्तिचो तूं देव माज्या समर्था....

' हय सायबा. '

त्या प्रमाण तुंयें कोणा वेळाक, कोणा काळाक, जाणां खुळयाक मेळयल्ले, पिशा खुळयांक सामील केल्ले तेणें करून पै-गातक फेडून भायर घाल,

अन्नवस्त्र दी,

तुज्या पायांची शेवा-चाकरी करून घे,

येस दी,

आनी बरें कर माज्या समर्था.

' हय सायबा. '

सांगणें सोंपलें. धाय वाटांनी काळोख भरून आयलो. म्हारांच्या वाजपाक नेट आयलो. शेनायेच्या सुरांनी वातावरण थरथरलें. घोलक्याच्या आवाजान वातावरणाचे कुडके कुडके निखळयल्लेवरी भासूंक लागले. बावल्यासयत पाटलो घाडयान माथ्यार घेतलो. वाजपा वांगडा सगळो मेळ तळया भायर पावलो. वायलों परतुवपाक लागलीं. मुखार वतल्या भुरग्यांक फाटीं येवपाक दटावंक लागलीं. चडसो लोक समाधानाचो सुस्कार सोडीत परतलो.

' तें बावलें आतां खंय दवरतले ? '

' पायतले. गणपती पायता तसो. '

' आतां सगळो पिडा रोग न्हंयेंत बुडटलो. '

' बारशीचें देवस्पण म्हणचे सगळें खोटें नाटें बावल्याच्या रुपान शिमेभायर दाळपाचें.

' म्हण बावल्याक विद्रूप करतात. '

' आतां गोरवा–वासराक भंय ना. '

' शेता–पाणयांक दगदग ना. '

' काजू–आंब्याक भिरांत ना. '

' ते खातीर सगळें पवित्रतायेन आनी नितळसाणेन जावंक जाय. '

' मात खंय भश्टकार जायत जाल्यार देवस्पण फसता. '

' चला आतां सगळे चौखेर भुसक्याक. '

बावलें घेवन पंचविशेक जाणांचो मेळ दर्याधडेकडेन पावलो. पेट्टे कवदे वयर

घल्ले. वाजंत्री बांदार रावून वाजोवपाक लागले. बाकिचे कुशीक रावले. फकत धाडी आनी आबू उदकाकडेन गेले. आबून पांटलो सकयल दवरपाक धाडयाच्या माथ्यार हात घातलो.

'कसली घाण येता?' धाडयान म्हळें. आबून लक्ष दिलेंना. तार्णी पांटलो सकयल दवल्लो. कवद्याच्या उजवाडान बावलें उखलपाक दोगांनी ओणंव घातलो आनी दोगांयचे दोळे धवशे जाले. ताळ्याक सुकताडो पडलो. म्हाल-म्हातारे आसून लेगीत दोगय आंग-पांग थरथरले.

'आवयस!'

आबून धाडयाच्या तोंडार हात धल्लो.

'कोणाक म्हणों नाका.'

'दोगांयनी मोन्यांनी दोळे धांपून पांटलो उदकांत उमथिलो. फाटोफाट एक ल्हार उसळ्ळें. गडगंज फातरांची धड खिळखिळायत गेलें.

* * *



पावस सोंपलो. तरी मर्दीं मर्दीं आडवेळ्या पावसाच्यो दडको शिताडो करयो शिपडूंक लागल्यो. वोत आनी पावसाचो कुटुऱ्यांचो खेळ सुरू जालो. ' वोत येता पावस येता माकडाचें लगीन जाता ' अशें आड्डून भुरगीं खळ्यांत नाचूंक लागलीं.

सर्द पिकलें. लुंवणी जाली. कुतल्लां बांदार मानो वयर काडूंक लागलीं. पुण वरसासारक्यो धिटायेन मानो उब्यो जाल्यो ना. मानायांचो बोवाळ आयकूंक आयलोना. मळणेचो गोंदळ कोळंबार जालो ना. सगळें जातालें पुण गती नाशिल्ले भाशेन. मुद्दम जिवार उबगून केल्ल्या सारकें.

तिनसांजच्या वेळार सद्चेवरी लोक तळयार येताले. पुण पयलिंच्या सारक्यो शेता-पाणयांच्यो खबरी चलनासल्यो. झडटाल्यो त्यो मिनाच्या वावराच्यो. दादाले गादयेरूय शेता वाठ्याच्यो मिनाच्योच झांकडी चलताल्यो.

सांज-सकाळ तळयावयल्यान मिनाचे खणीर वचपी लोकांची हार कोळंबा वयल्यान दिसताली. चडसो लोक पलतडीं वळवय सावन येतालो. तातूंत मानाय आसताले, बायलां आसतालीं आनी आटसाठ्या भुरग्यांचोय आसपाव आसतालो. पयलीं मिनाक वचपी वळवयकारांक पळोवन कोळंबकार म्हण :

' वळवळ्या गांवचो लोक. पोटाखातीर खंयूय वयता. '

पुण आतां कोळंबकारांक ते गजालिचो विसर पडटालो. सकाळीं वळवयकारांची हार तळयाकडल्यान झळकली म्हणटकीच कोळंबार ताकतीक जाताली मानांय-कामेऱ्यां आपणांले जेवणाचे डबे बांदतालीं. मानांय खांदार तुवालो वडयताले. पायांत व्हाणो चडयताले. कामेऱ्यां कासाटो खोयतालीं. ताजेर तुवालो बांदतालीं. चेडवां पायां मेरेनचो घागरो धिंपरां मेरेन कवळटालीं आनी ताजेर तसोच तुवालो गुटलायतालीं. कडण्याचे खांचितली चुंबळ काडटालीं आनी आंगणांतसून वतां

वतां पोरसांतलें फूलचामळ खुंटून माथ्यांत खोयतालीं. कोळंबा वयलो मुकादम पंडरी सकाळीं शाणूक, येशाक सादयत भायर सरतालो. मागीर सगळे भिरें वळ-वयकारांचे हारीक जोडटालें.

■ ■

प्राथना जातकच सावळ्या मास्तरान वर्गार नदर भोंवडायली. सदचे सारको तो निरशेलो. अर्दे सुमार भुरगे हाजीर आशिल्ले. भुरग्यांक एक नवें गणीत शिकोवपाचो रातीं ताणें बेत केल्लो. फळयार गणिताचे आंकडे उठूंक लागले. भुरग्यांनी पाटयांर उतरावन घेतलें. मानो बागोवन ते सोडोवंक लागले. सावळो मास्तर कपलाक आठयो घालीत मदल्यान पासयो मारूंक लागलो.

'आजून कोणाचें जावंना ? शंकर !'

'मास्तर, शंकर येवंना.'

मास्तर परत पासयो मारूंक लागलो. जायत्या वेळान एकलो पाटी घेवन उबो रावलो.

'मास्तर, काडलें उत्तर.'

'पळोवया. चूक.'

'चूक ?'

'हे अदीक काय उणें केल्यात ?'

'उणें.'

'ते अदीक करप.'

'अदीक केल्यार फुडलें चुकतलें.'

'पळोवया'

'तशें जाल्यार मास्तर, तुमचें सगळें गणितच चुकलें.'

'हय. चुकलेंच.'

मास्तराक आतां उगडास जालो. रातीं ताणें येवजिल्लें उत्तर आज प्रत्यक्षांत चूक आशिल्लें. भुरग्यां मुखार अशी हार खावप हें ताज्या मनाक लागलें. पुण

ताणें आपली चूक मान्य केली. तकली जाग्यार येयसर गणिताच्या गोंदळांत पडपाचें ना अशें ताणें थारायलें. आज शिकोवचें तरी किते असो प्रस्न ताका पडलो. यानआदीं अशी पाळी ताजेर केन्नाच आयलिना.

‘ मास्तर, काणी सांग. ’ मास्तराची नुरा पळोवन एकल्यान म्हळें.

‘ मास्तर, गणितां सोडोवंक शंकर आनी नानूय ना. ’

‘ काणी, काणी. ’

भुरग्यांनी पाटयो पुसल्यो. बोटव्यांत भल्ल्यो. अभ्यास चालू आसतना काणी सांग म्हणपाचें धाडस केन्नाच कोणें करूंक नासलें. पुण आज सगळें विपरितूच घडटालें.

‘ एक आसलो राजा.’

‘ मास्तर काणी सांगता, काणी सांगता. ’ भुरग्यांनी वांगडाच बोवाळ करून चौखी माथ्यार घेतली. मास्तरान आदीं सांगना सवरिनासतना अकस्मात काणयेक सुरवात केली म्हण कांय भुरगीं अजापलीं. पुण काणयेचे खोश्शेन कोणाक कांय लागलें ना. मास्तरान काणयेक सुरवात केली तेन्ना सगळी शांतताय चौखेर पांय सोडून बसली.

‘ राजाचें राज्य माणकुलेंच आसलें. तुमच्या कोळंबायेदें. राजा सगल्या राज्याक एकेच नदरेन पळयतालो. कोणाक उजवे नदरेन वो कोणाक दावे नदरेन पळयना आसलो. लोक सुखान नंदताले. आपणाले उद्येगधंदे बरे तरेन करताले. राजा सगल्यांच्या उद्येगांचेर नदर दवरतालो पुण कोणाचें मापभर घेयना आसलो. कोणाच्या कुस्कुटाक आफडिना आसलो. तो म्हणां : तुमी जोडात, तुमी खायात. तुमी घाम गळयात, तुमच्या भुरग्या-बाळांक पोसात. आपूण जरी राजा आसलों तरी आपूण तुमचेवरीच मनीस. म्हाकांय तुमच्यासारके देवान हात पांय दिल्यात. वावर करूंक बळगें दिलां. हांव तुमकां पोशिना तशे तुमीय म्हाका पोसूं नाकात. राजा लोकांक आनीक एक गजाल सांगतालो. तो म्हणटालो : जगप म्हटल्यार फकत वेंतभर पोटाची खळी भरप न्हू. तुमच्या भुरग्यांक भाटांतले कावये कशे वाडोवप. तेंकां बरे तरेचें शिकप दिवप. परकी राज्यांत गेल्यार थंयच्या लोकांनी तेंका उठबस करूंक जाय. राजा भुरग्यांखातीर इतकें सांगतालो. तो बायलां मनशांक म्हणां : अब्रू कंवचेच्या कांकणा भाशेन आसता. एकदां वाडवल्यार सांदूंक येयना. राजा सगल्यांक सांगतालो पुण राजाक राणी नासली. राजाक राजकुंवर

नासलो.'

'मागीर कसलो राजा?'

'राजाचें काळीज दोंगरायेदें आसलें.'

'फुडें कितें जालें?'

'मास्तर?'

'आं!'

'मास्तर, शंकर येयला.'

'शंकर कित्याक येयला? धांपेता कित्याक?'

'आबूचें चड जालां. तुका आपयला.'

■ ■

'मास्तर येयलो?'

'आबू, कितें जालें अकस्मात?'

'अकस्मात कांय ना. वयले रचणुकेप्रमाण सगळें घडटा. आमच्या सारकिल्ल्या पातक्यांच्या हातीन कितें आसता?'

'पातकी कित्याक?'

'मास्तर, पातकीच आमी. आदल्या जल्मांत कसलीं तरी पातकां केल्लीं तेजें पानवळ आतां भोगतां.'

'पुण कोळंबासारको गांव हांयें आनी खंय पळोवं ना.'

'कोळंबाच्या गांवची काणी सांगतां तुका. मांडवी न्हंयेन सामको वेटकाळो घातला कोळंबाक तेजी काणी. मांडवी न्हंय लकत लकत आनी मोडत मोडत वयताली. वाटेंत दिश्ट लागसारको माणुकुलोच कोळंब तिजे नदरेक पडलो. तिणें फाटफुडो पळयलोना. आवयच्या मोगान बाळक कशें उखल्लो आनी हांडीर धल्लो. न्हंयेचे हांडीर कळसो कसो कोळंब आसा. सारको भल्लेलो, बाराय म्हयने उदकाक मर ना. कोणेंय येवचें, ताळो ओलो करून वयचें.'

उलयतां उलयतां आबूचो ताळो कणकणलो. मास्तर बेगिबेगीन उठलो. आबूले

कुडींत ताणें हेवटेन तेंवटेन पळयलें. उदकाचें आयदन ताका खंयच दिश्टी पडलें ना. चुलीखुरार घस सारयल्लो मातयेचो बुडकुलो उमथो आशिल्लो. आली-मेनचे दोन-तीन तोप कडव्या खांचींत आशिल्ले. तांचेवयले फोड सारके दिसताले. चुलींतलो गोबोर विकट हांशावरी हांसतालो. दोनचार कांबी बोडकां जळून पडिल्ल्यो. चुलींत दोन-चार दीस उज्याचो धग ना हें स्पश्ट दिसतालें.

'आबू ?'

'मास्तर, तळ्याचें उदक आसासर म्हाकां चुलींत उजो करपाची गरज ना.'

'उदक तरी पी.'

'नाका. व्हदळ शंकराकडसून हाडून घेतलेलें.'

'हांव हाडटां.'

'मास्तर, म्हाजें मागीर. आदीं गांवाची काणी आयक. म्हाज्या उपरांत तुकां कोण सांगतलो ?'

'सोंपली न्हू ?'

'आनीक आसा. पांच पांडव खंय अज्ञातवासांत आशिल्ले तेन्ना कोळंबा येयल्ले. एके रातीन आनी एके वातीन तेंणीं तळें तयार केलें. तुयें पळोवंक ना, तळ्याचीं केदीं खडपां कातल्ल्यांत तीं. मनशांकडेन जावपाची बांदावळ न्हूच ती. पांच पांडव खंय मागीर मुखार गेले. आलतडसून तेंणीं पलतडचो गांव पळयलो आनी म्हणपाक लागले खंय 'तो गांव वळवळो. आमी थंय वयचें न्हू.' आनी परतले. ते खातीर वळवय गांवाक वळवय नांव पडलें. आमी वळवयकारांक हे गजालिचो उगडास करून सदांच चाळयताले. पुण मास्तर, आतां मात आमी दुसऱ्यांकडल्यान चाळोवन घेवपाचो वगत येयला.'

आबूचो ताळो भरून आयलो. तेसरशीं ताज्या हड्ड्यांत खोकली आयली. धांपीन ताज्या हड्ड्याच्या बोरिंचो सांपळो वयर सकयल जावंक लागलो.

'चड उलोवं नाकां आबू.'

'आतां उलोवन, ना उलोवन उपेग ना. कोणाक सांगनाय बी. फकत तुजेखातीर.'

'कोळंबार आतां बरे भुरगे जातले. रामविजय, हरिविजय वाचून अर्थ सांग सारके.'

'मास्तर, रामविजेय आनी हरिविजेय आतां नायेले खणीर वाचल्यार जायत.

पुण थंयतरी आयकोंक कोणा मसण्यांक फावत ! मास्तर, आतां भजनांक चौखेर कोण दिसता ? रामविजेय आनी हरिविजेय आयकोंक जमत ? आनी सांगतले कोण ? माथ्यार फातर घेवन मान कणयल्ले भांगरासारके भुरगे ? '

' आबू , तुकां....'

' काचाबूल जावं नाका मास्तर. म्हाका सगळें खबर आसा. शिगम्याचे पुनवे-दिसा नानूच्या माथ्यावयली दिवली कशी पडली जाणां हांव. सगल्यांनी दुशेणां मात तुकां दिलीं. पाड्याक फुंकता सोरोप पुण अपशरण मात राखण्याचेर तशें घडलें. म्हाका कळ्ळें पुण खूब उसरां कळ्ळें. नाजाल्यार तुकां जीं दुशेणां दिल्लीं—'

' दिवं. '

' कित्याक दिवं ? आमी भैज्ञवरे पातकी. तूं देवमनीस. '

' कोण म्हणत तुमकां पातकी ? '

' हांव सांगतां मास्तर. पातकीच आमी. नाजाल्यार सर्दाच्यो मळण्यो सोडून लोक मिनाचे खणीर कित्याक पासडी पडोंक वयतले आशिल्ले ? सायलासारको आंगा पांगान घटमूट घोव आसतना आमच्या बायलांक जिन्याचे खूंट कशे मरतु-कडे दादले कित्याक कुशीक घेवन न्हिदोंक जाय आशिल्लें ? '

' गांव आसा थंय म्हारवाडो आसाच न्हू ? '

' ना मास्तर. व्हान्यावयली अवतिकाय आमची. घरचें सोडून व्हान्यार पांखाटें जड करूंक वयतात आमी. '

' निवळटलें. '

' निवळपाक गिराणूय न्हू तें. सगळो भश्टकार. खावपांत भश्टकार, पिवपांत भश्टकार, कामां उद्येगांत भश्टकार. आतां कोणाचीं बियां कोणाच्या शेतांत किल्लत तें तो एक तळया वयल्लो जाणां. मास्तर, भश्टकाराचें म्हणटां तें फट न्हू. '

' आसत खरें. '

' आसाच. म्हणोन हांव असो धर्तरेक तेंकलां. तुकां म्हणोन सांगतां. आनीक सांगपाचे लायकिचो कोणूच ना दुसरो. लागीं यो. '

' सां. '

' बारशीक आसलो मरे तूं ? '

' हय. '

'बारस वरसा सारकी जाली ?'

'जाली अशें लोक म्हणटा.'

'लोक दिसता तें म्हणटा. बारस वरसासारकी सफळ जाल्ली जाल्यार हें अशें उरफाटें कित्याक घडपाचें ?'

'कितें विपरीत घडलें बारशीक ?'

'बारशी दिसा सांगणें केल्लो आमोणेचो घाडी—'

'तेका पिशें लागलां खंय !'

'लागपाचेंच. मोडभाशेचें सांगणें करपी येदो व्हडलो घाडी तो. सगल्या देवदेवतांक उबो करपी. तेणें दोळ्यांनी पळयलें तें पिशें लागपाचेंच. एकेवटयां पिशें लागलें तें बरेंच जालें. कोणांक सांगोंक पावचोना. तेज्या माथ्यारूच आसलें तें अरिश्ट.'

'बारशिचें शिताचें बावलें.'

'हय. तें उदकांत सोडपाचें आसलें. वाजंत्री आनी लोक न्हंयेथडेर रावले. वरसासारके घाडी आनी हांव बावल्याचो पांटलो घेवन उदकाकडेन गेले. हांयें घाडयाच्या माथ्या वयलो पांटलो सकयल दवल्लो. घाडी म्हण, 'कसली तरी घाण येता.' हांयें ताजेर लक्ष दिलें ना. कवदयाच्या उजवाडान आमी बावल्याक उखलूंक ओणंव घांतलो आनी—'

'आनी ?'

'आनी कितें पळयतलो ! बावल्याक हेऽऽयेदे शेपाडयाचे किडे हुसहुसताले.'



दुसरेदीस तळयार उदकाक सदच्या सारकी बायलांची गर्दी जाली. दादले मात कोणच नदरेक पडना जाले. दोडी भरता-उखलतना बायलो एकामेकांच्या कानांत फुतफुतूंक लागलीं. वाटेर मेळटा तांकां थांबोवन हातांतल्यो कळसुल्यो सकयल दवरून सांगूंक लागलीं.

'केन्ना गे ?'

‘ रातीं दिसता. ’

‘ काल बेस बरो आशिल्लो खंय ! ’

‘ वगी राव गे. कसलो बेस बरो ? बारस जायत पसून हांथूण धल्लेलें तें सोडूंक नाशिल्लें. ’

‘ कोण वाडटालो रांदून ? ’

‘ रांदून कोण वाडटालो ? ’

‘ मागीर गे ? ’

‘ रावतालो दिसता तळयाचें उदक पियेवन. ’

‘ तो त्या येशालो पोर शंकर दितालो व्हरोन उदीक. ’

‘ तेका बापायन असलेच धंदे करूंक काडला. ’

‘ कोण करतलो मर्ण तेजें ? ’

‘ निपुत्रीक. ’

‘ ह्या खातीर कोणाचें बरें करून येवंक जाय. निदान बरें तरी उलोवंक जाय. ’

‘ गाळीं बगर उलोवप नाशिल्लें. सोयरो ना धायरो. सगल्यांक एके पायलेन मेजपी. ’

‘ त्या बाबुशाक आनी अंदू मळणेर कसलें दिलें खंय ! ’

‘ सगल्या गांवाचें आपल्या माथ्यार. ’

‘ म्हण आतां खांद दिवंक कोण ना. ’

‘ सावळो मास्तर आसा न्हू गे. ’

‘ तो कित्याक ? ’

‘ कित्याक ? सावळ्या मास्तराचो खंड तो गाळी घालून सगल्यांकडल्यान पावतो करून घेयना आशिल्लो ? ’

‘ शिगम्या पुनयेंक त्या पोराचेर दिवली पडोन फाट भाजली तरी हेणें उण्या उतरान मास्तराक विचाल्लेंना. उरफाटें मास्तराक दुशणां दितल्याचो आवय बापूय काडलो. ’

‘ जावं गे. आतां उलोवन उपेग कितें ? कशी तरी घाण काडूं जाय न्हू गांवांतली. ’

‘ आमगेलो हो आनी सकाळींच खणीर गेलो. तेका खबरूच ना. ’

‘ वगी राव गे. सगल्या कोळंबाक फांत्यार खबर जाल्ली. त्या मास्तरान शंकराक

लावन सगळ्यांक पेरगांव घालूंक लायल्लें. '

' कोणाक पडलां कोणाचें ! मरतलो मरोन वयतलो. दिसावडो कोणें दिवंचो पडला ? '

' हय तर. जगतलो जाल्यार पोट आसा न्हू गे ? '

' फाटल्यान कांय जोडून दवरिना जाल्यार मागीर अशी गत. खांदो मारूंक कोण तयार ना. '

सकाळ उदेली तशी गेली. गांवांतलो एकलोय दादलो मनीस आबूचे खोपी-कडेन आयलोना. कांय बायलां आयलिशीं करून गेलीं. बेरटींच चुरचुरलीं.सुक्या पातकोडयांक पालव लावन गेलीं. सावळो मास्तर मर्दी मर्दी येत आशिल्लो. शाळेक सुटी दिल्ली. आज सावळ्या मास्तरान आपल्या बिराडार चूल पेटयलिना. आबूचे खोपीकडेन नदर लावन तो भायर तामरेतीर बसलो. हरशीं वाटेक जाग आसताली. पायणींतल्यान लोक येता वताले. पुण आज कोणच झळकनाशिल्ले. झिलिंच्या आडसून मात कोण मर्दी मर्दी आडो हुबतना दिसताले. सदां खणीर साकून दनपारां जेवणांक मानांय घरा येताले. आज पायणींतल्यान येतना-वतना कोण दिसलें ना. पायणींत वचपी भुरग्यांक आवयो दटायताल्यो, धेंगशेताल्यो.

आबूच्या मर्णाची खबर सक्काळीं झिळमिट्यार शंकराकडसून आयकनाफुडें मास्तराक धसको बसलो खरो पुण ' सुटलो ' म्हण ताणें समाधानाचो सुस्कारच सोडलो. आपल्या बिराडावयली पणटी आनी तेल व्हरून ताणें खोपींत वात पेटयली. दोन उजवातीय पेटयल्यो. शंकराक सगल्या गांवार सांगूंक धाडलो. शंकर धांवत गेलो तसो सगल्यांक कळीत करून धांवत आयलो. तिनसांज मेरेन कसोय करून इलो जायत अशें मास्तराक दिशिल्लें. पुण तिनसांज मेरेन कोणच झळकलोना. मास्तरान लापयांव पेटयलो. हातांत एक कोंण्याचो दांडो घेतलो आनी तो आबूचे खोपींत येवन बसलो. शंकर मास्तरा वांगडा रावंक सोदी पुण ताणेंच ताका मुद्दम घरा धाडलो. रातभर मास्तराच्या दोळ्याक दोळो लागलोना. मात पातकडी हाल्ली ना. पयल्या कोंब्यासादार तो उठलो. हातांत दांडो घेवन तसोच तळयार गेलो. परसाकडेन बसलो. तोंड धुलें आनी बिराडार आयलो. तळयारसून परततना ताणें दोग तीग जाणांक पळयले पुण ताणीं मास्तराक मुद्दम पळोवंक ना सो करून फुज्ज्यो काडल्यो. मास्तरान कोणाक हडकिलेनात. सकाळीं कालचीच गत जाली. ह्या कानाचें त्या कानाक कळनासतना सगले आपापल्या

कामाक गेले. तळयार उदक भरतल्यांच्या गजालींबगर आबूचें कोणाक पडलें ना.

‘ आगे, फांतोड्डीर आबू खंय तळयार गेल्लो. ’

‘ कितें गे ? ’

‘ हय गे. भूत तेजें. तो वचना आसलो तळयार पयल्या कोंब्यासादार ? दांडो वाजतालो तो हांयें आयकला म्हाज्या कानांनी. ’

‘ आगे बाये, भिरांत मुगे पोरातारांक. ’

‘ शी बाये, जितेपणी तशें सतायलें. आतां अशें भूत जावन. ’

‘ निपद्री अशेच खंय. ’

‘ देवस्पण करून दाळूंक जाय आसलो फाटल्या पुर्वांक. ’

‘ आदीं मडयाचो तरी इलो करूं नाकां गे ? ’

‘ अशे कितें गे बाये दादले हे ! मातूय मनीसपण ना. ’

‘ मागीर तुगेलो दादलो कित्याक गेलो ना माथें मारूंक ? ’

‘ तेणें एकल्यानूच वचपाचें ? पयलीं कोणय गेल्यार वयचो नासलो ? ’

‘ पयलीं कोणें खांद दिवप ? कोणें पोटलो खाल्ला तेजो ? ’

‘ आसूं गे, कोणाच्याच मनांत ना. हातीन कशें जातलें ? ’

सुर्या कांसरोभर वयर आयलो. सावळ्या मास्तरान शंकराक दादाले गादयेर धाडलो. शंकर धांवत गेलो तसो खरशेत परत आयलो.

‘ कोण आसा वळखिचो ? ’

‘ कोण ना. एकलोच आशिल्लो. पलतडचो बाबुसो. ’

‘ बाबुसो ? ’

‘ तेका पलतडसून जयदेवान धाडला दिसता, आबूच्या मणांक. पयशेय दिल्या खंय. पुण तो थंय पिता. ’

‘ तुकां कोणें सांगलें ? ’

‘ तोच पियोवन सांगतालो बाकिच्यांक. ’

‘ चल, हांयें आपयला म्हण सांग. ’

‘ तुकां गाळी मारता तो. ’

‘ मारूं. आपय, येतलो तो. ’

शंकर परत आयिल्ले वाटेन धांवलो. पुण बाबुसो तेका वाटेरूच पायणींत मेळ्ळो.

ताका हायशी दिसलें. बाबुशाक पळोवन मोटया प्रयासान तो हांसलो. काळच्यान तो पयलेच फावट असो हांसतालो. बाबुशान रगड्या आवाजान विचाल्लें.

'पुल्लो ?'

'कोण ना.'

'कोण जोडून दवल्ला राणग्याच्यान ?'

'तूं गाळी कित्याक मारता ?'

'म्हाका मारिना आशिल्लो जितो आसतना ?'

'सगळ्यांक मारतालो पुण तेज्या गाळिंनी कोण मरनासलो.'

'दुसरे कित्याक मरतले ? तोच मेलो.'

'मरों बावडो.'

'तुका पोटलो दिला काय कितें रे ? येशान पोसकी दिल्लो दिसता आबूक.'

बाबुसो आनी शंकर खोपीकडेन पावले तेन्ना शंकर वगी रावलो. बाबुसो सावळ्या मास्तराकडेन बडबडत रावलो.

'मास्तर, पुरुंया मरे म्हातुड्याक ?'

'हय. तुकांच रावलेलों.'

'हरशीं कोण रावता म्हाका ?'

'जावं रे. सगलेंच उरफाटें जालां.'

'खरें म्हटल्यार धर्मप्रमाण लासपाचो म्हाताऱ्याक.'

'कोळंबा वयलों धर्म सोंपलो तेज्या फाटल्यान.'

'लासल्यार बांगडो कसो हुलपोन वयतलो आशिल्लों. लाकडां सुद्दां नाका. नाजाल्यार मडें भितर दवरून असोच खोपीक उजो लावपाचो.'

'आसूं. कायच्या काय उलोवचें न्हू आमी.'

'हें कायच्या काय ? ह्या राणग्याच्याच्या तोंडाक सुवाद आसलो ? भर मयणीर म्हाका उजरोवना हेणें ?'

'खंय करुंया ?'

'थंय तळयावयले वाटेन मारचो फोण.'

'मागीर उशीर नाका. उखलुंया.'

'उखलुंया कसो ? पोतयेंत घालून ? मास्तर ?'

'अं !'

' म्हाज्यान बेश्टो मेल्ल्याचे घाणीकडेन वचों नजो. '

' घे रुपया. दादाले गादयेर बेगीन मारून यो. '

' आसूं. पयलीं एकदांचो पुरुंया. मागीर मारतों. नाजाल्यार हांगाच किडे पडटले राणग्याच्याक. '

' शंकर, तो कोणो हाड. '

' किरवड बेश्टी सादीच. दोगांक धरूंक जाता तितकी पुरो. बुडकुलो बीन कांय नाका. आंगार ती आसा तीच चादर वडोवची. '

तिगांयनी लागून किरवड केली. मास्तरान मड्याचे हातपांय नीट केले. पुण ते तशे जालेना. तोंडावयले मूस फापुडले. बाबुशान चादर उखल्ली.

' नाका. '

मास्तरान आपल्या आंगार वडयल्लें नवेंताळ्ळ पुडवें आबूची तकली ते पायां-मेरेन पातळ्ळें. बाबुशाचे दोळे कस्स जाले. शंकर पळयत रावलो.

सावळ्या मास्तरान आनी बाबुशान किरवडीक खांद माल्लो. शंकर खोरें आनी पिकास घेवन तांच्या फाटल्यान चलूंक लागलो. शंकराक आबूच्या उगडा-सान रडूंक आयलें. दोळ्यांत दुकां येवन तो दोनचार खेपो फातराक आदळ्ळो. बाबुसो मुखार लकत लकत चलतालो. आपूण पावलां चुकतालो आनी आबूच्या नांवान गाळी मारतालो. ताजो तोल घसरनाफुडें फाटल्यान मास्तर सांवरून धरतालो.

तिगांयनी लागून फोण खणलो. जांगडभर खोलाय घातली. मडें किरवडावयलें उखलून अचळय फोणकुलांत दवल्लें.

' सारकी माती उडय. रडटा कितें बापूय मेल्ल्यासारको. ' बाबुशान शंकराक धपकायत फर्मायलें.

' मास्तर, फुलां आनी किस्याक ! कमीक ? '

मास्तरान मोन्यानी फुलां घातलीं. माती ओडली.

' मास्तर, राव राव. '

' कितें ? '

' राणग्याच्याच्या कंबराक रुप्याची मूज आसा मरे ! '

' आसूं. '

' राव रे चेडयेच्या. '

मास्तरान मोन्यानी गाळ गिळ्ळी आनी सगलें बळगें एकठावन भराभर खोऱ्यांनी माती ओडली. कपलाची हूम मातयेर पडसर.

■ ■

'कसल्या भाताक बसला तूं रिणकारी कसो दारांत?' पंडरी तापलो. पुण म्हाल्यान सोप्यावयली थपकण सोडलिना. भेऱ्याचें सवंग घेवन तो बसलो.

'वायंगणाकूय म्हाका फटयलो आनी आतां सदांकूय.'

'भाटकाराभाशेन खंड सोदपाक लागलो मरे तूं?'

'खंड न्हू, भीक.'

'हांव म्हणना भीक. आरे, पुण आयकोन घे. आमी म्हालो दवल्लो कित्याक?'

'कापणेंक.'

'कापणी केली, तुकां पिकेचे पिकेक कुडव कुडव भात दिलें.'

'ह्या दोन पिकांक तुजो गोटो खातल्याचे हरकतीक पडों नाका.'

'ह्या दोन पिकांक कशें दितलों?'

'कशें म्हणचे? भटाक कशें दिलें?'

'भटाक दिलें. जाय पडटा भट. जल्मापासून तो मर्णमेरेन.'

'आनी हांव नाकां?'

'तूं आदीं जाय आशिल्लो. आरे, सादो वेव्हार पळय. पयलीं हांव आनी नानू कापणी करताले. आतां कोण करता? हांव नायेले कामांक वयतां थंयच फावल्या वेळार करून घेतां. तुज्या जाणटेपणांक लागून तूं खापयता म्हण नानू बळवय नाजाल्यार नायेल केंस मारता. सांग, ह्या दिसांनी केन्ना कापणी केल्या तुजेकडेन?'

'चार तरी फावटी माल्ल्यो. कोणूच नासले.'

'कशे आसतले? वावरा खातीर सगळे घराभायर. म्हणून म्हणटां—'

'आरे, कोळंबार सगळे अशेच म्हणपाक लागले जाल्यार म्हाल्यांनी करपाचें किते ?'

'तो आबूय म्हाका अशेंच विचारतालो. सगळे मिनाच्या वावराक गेल्यार शेतांनी करपाचें कितें ? आमी कशे जाप दितले ? कारण आमी हें थोडेंच घडलां ! कितें घडटा तेज्या फाटल्यान मोन्यांनी वचपाचें आमचें काम.'

'आमचो मर्णकाळ.'

'आगो, चल. म्हाल्याक नाल्लाचो बोणो आनी सुक्या मिरसांगाचीं चार फोकां हाडून दी. रित्या हातीन वचों नाका.'

रुक्मीण दरवटयावयली भितर गेली. केंसर आनी नानू पंडरी कुशीक आयलीं. म्हाल्यान पातळून दवल्लेलें आपणालें सामान बोटक्यांत भल्लें. तो निरशेलो. पुण नाल्ल आनी मिरसांगो तरी मेळटात हया सुपूर समाधानान ताणें कुलो बदल्लो. ताणें कानाचें शेंवट काडटकीच पंडरीन ताका नानू कडल्यान फक्स पावयलें. शेंवटाचो धुंवर सोडीत तो पावळेभायर पळोवपाक लागलो.

'मास्तर.' ताणे शेंवट पालयत म्हळें. पंडरीन भायर पळयलें.

'नानू, केंसर, भितर चलात.'

पंडरीन दोगांकय धुकलीत भितर धाडलीं. सावळों मास्तर आयलो तसो सोप्यार बसलो.

'बस मास्तर.'

'सांगचे आदींच बसलों.'

'आगो, मास्तराचें भात हाड.'

'कितें !'

'मागच्या आदींच दितां.'

'हांव भात केन्नाच्यान व्हरपाक येतालों !'

'हांव बिराडार पावयतालों. सदांच्यो मळण्यो जाल्यो. कोणांक फावलेंना. उशीर जालो म्हण तूं येयला, अशें दिसलें.'

'तुकां आतां कितें कितें दिसपाक लागलां जाणां हांव.' मास्तर तिडकलो.

'मास्तर, आमी रेडया गाणीनचे. तुजेसारके बुदवंत न्हू. आमचेकडेन उलयतना आमकां कयटा तेभाशेन उलय.'

'तुकां भास कळटा ती फकत पयशांची. मनशांची न्हू.'

‘ मास्तर, पयशांचो प्रस्न हांगा कित्याक येवचो ! ’

‘ भात नाका जाल्यार मास्तराक ते वाटयाचे पयशेच दियात. तेजी गरज भागतली कसलीय. ’ रुक्मीणीन म्हळें.

‘ रुक्मीणबाय, सावळयामास्तराक पयशांनीं मेजूं नाकां. ’

‘ तूं वगी राव गो. मास्तर, तुजें म्हणणें तरी कितें ? ’

‘ म्हाका कोळंबार कोणें हाडलो ? ’

‘ आबून. ’

‘ आबून एकल्यानूच ? बरे उपकार केल्ले तेणें म्हाजेर, म्हण म्हाका एकल्याकच इलो करचो पडलो तेजो असो भल्लेलो कोळंब आसतना. आनी हांव आबूच्या भुरग्यांक शिकयतालों ? ’

‘ ना. आमच्या. भात दिताले तुकां आमी पिकेक. ’

‘ विसरूं ना हांव, तुमच्या भुरग्यांक फुकट शिकयना म्हण. आतां शाळेक भुरगेच ना. म्हण म्हाकां भंय पडला कसलो जाणां ? भुरगे नाजाल्यार म्हाका कुडव कुडव भात कोण दितलो ? म्हाज्या भुरग्याबाळांक कोण पोसतलो ? म्हाजो संवसार कसो चलतलो ? ’

‘ सगळया कोळंबाचें माथ्यार घेवंक हांव आबू न्हू ! ’

‘ तुज्या तोडांतल्यान नांव काडूं नाका तेजें. भल्लेल्या कोळंबा वयलो निमाणो मनीस तो. रित्या पोटान गेलो. नवे पिळगेंतल्यान मनीस उबे करपाचो हावेस आसलो तेजो. ’

‘ कोणें आडायलो त्या म्हापुरसाक ? ’

‘ तुमच्या सारकिल्ल्यांनी. नवे पिळगेच्या माथ्यार मिनाचे फातर चडयले तुमी. ’

‘ मास्तर ! ’

‘ खंय आसता तुजो नानू ? खंय व्हरता तेका जोडूंक ? हे पिरायेर शिकपाचो तो. ’

‘ मास्तर, नानूचे आवय बापूय आमी न्हू ? ’

‘ हांवूय तेंच म्हणटां. नानूचे आवय-बापूय तुमी. हांव कोणूच न्हू. एक कुस्कूट कपर्देचो पगारी मास्तर. मागीर म्हाका तेज्या बऱ्याचें कळटा तें तुमकां कित्याक कळचें न्हू ? ’

‘ तोच शाळेंत वचपाक तयार ना. ’

‘ कोण सांगता ? हाड तेका म्हाज्या सामखार. हांव विचारतां. ’

‘ ना तो. ’

‘ ना तो ! घरांत हुडक्या हुडक्यांनी कोण रडटा नकळों हांव ? नाका हाडूंक तेका भायर. म्हाज्यान ताका पळों नजो जातलें. ’

‘ नानू शाळेक येयलोना तरी तुज भात वेळच्या वेळार पावतें करतकीर जालें.’

‘ पंडरी, तुजो गुन्यांव ना रे. कारण मनशाक वळखुवपाक मनिसूच जाय लागता. कोळंबार सावळ्या मास्तराक वळखुपी मनीस ना आतां. ’

‘ आमी वळखतां मनशांक. आतां तूं सामकोच जिबेक हाड नाशिल्ल्या सारको उलोवंक लागला न्हू. आयक, गरज पडल्यार तुज्यासारके धा मास्तर पोसपाची शक्त आसा म्हाका. पुण तुकां–’

‘ किंतें केलां तुजें हांवें ? ’

‘ किंतेंच करपाचें दवरुना तुंवें. आतां ह्या म्हाल्याहुजीर म्हाजी लज काडली ती न्हू ? नानूक दिवलेचो नाच शिकोवपी तूंच न्हू तो ? ’

‘ तुंवेंच याद काडली आतां. ’

‘ ती याद तूं खंयच्या तोंडान काडटलो ? शाळेक भुरगे ना हो आमचो गुन्यांव. आबूच्या मर्णाक कोण ना ही आमची चूक. आनी भरपुनवेक नानूच्या माथ्या-वयली दिवली निसरून पोरग्याची फाट भाजली ही कोणाची चूक ? कोणाचो गुन्यांव ? ’

‘ नाख धल्ल्यार तोंड उगडटा. कोणाचो गुन्यांव तो सांगोंक जाय मरे तुकां ? चल, आपय तुजे बायलेक भायर. चल, आपय कोळंबा वयल्या सगल्या लोकांक. सगल्यांचे हुजीर सांगतां आनी मागीर लोक कोणाच्या तोंडांत शेण घालता तें पळोवया. ’

‘ मास्तर ! ’

‘ नानू. ’

‘ मास्तर ! ’

नानू भितल्ल्यान बाण कसो आयलो आनी मास्तराच्या पांयार कोंसळ्ळो. ताज्या हुंडक्यांनी मास्तराचें काळीज हाल्लें. फाटोफाट रुक्मीण आयली. तिणे ताका भुजांक धरून भरभरीत ओडीत भितर व्हेलो. खरचटलें तें मास्तराच्या काळजाक. वतां वतां नानूचे ते निमाणे काकुळटयेणे नदरेन मास्तराक दिसलें

ताजें तें शिगम्या पुनवेचें चौखेवयलें रूप; आनी आयकूंक आयलीं तीं थरथरपी उतरां : ' तुका म्हाजो सोपूत आसा. कोणांक सांगों नाका. बाप्पा मारतलो. '

सावळो मास्तर मोन्यानी उबो रावलो. एकाच खिणांत सगळें वादळ शांत जालें. सोपणां देंवून चलत रावलो.

' कोणाच्या तोंडांत पडलें शेण ? ' पंडरी जायफाय उलयत रावलो. रुक्मीणीय वगी रावलिना. म्हालोय आपणालें दुख्ख विसरून मास्तराच्या नांवान बोटां मोडूंक लागलो.

सावळो मास्तर बिराडार गेलो. त्याच पावलांनी परतलो. हातांत फकत मुस्तायकेची पोती आशिल्ली. शंकराक सुलूस लागनाफुडें आबूच्या मर्णाची खबर जशी ताणें गांवभर घातिल्ली तशी सावळया मास्तराच्या वचपाची गजाल ताणें जणा एकल्यागेर पावयली. पुण मास्तराक कोणच आडावंक गेलो ना. आबूचें किरवड घरामुखावयल्यान वतना जशीं दारां धांपलेलीं तशीं आपशींच भर दनपरां दारां लागलीं. आनी सावळो मास्तर तळयाकडेन दिसनासो जातकीच लजेच्या झाडां सारकीं परतीं उकतावलीं.

* * *





मिनाचे खणीर सकाळच्या आठांचो घोंगो वाजलो तेन्ना केंसर केंस उगयतालें.

'बाय केंसर, उशीर जालो मुगो' हांतुणार पडलेली रुक्मीण तशीच ताकतिकेन उठली. पंरवत पंरवत चुलीकडेन गेली. चुलिच्या खूरार उमथो घातिल्लो करण तिणें काडलो. कोडत्या वयलो दवलो काडून बुडकुल्यांत घातलो आनी शीत उसपून ती करणांत भरूंक लागली.

'चड भरूं नाकां गे.'

केंसरान तट्टटून आयिल्ले चोळयेर पोलको घातलो. ताजी बोंबली उकती पडली. पावलांमेरेनचो घागरो ताणें धिंपरामेरेन कवळ्ळो. कंबराक खोयलो. दाणयेवयलो तुवालो काडून घागऱ्या भोंवतणयां गुटलायलो. पाखयाचे खांचीत दवल्लेली चुंबळ ताणें काडली.

'बाय, चुमळ तशीच बांदून दवरिना. रीण जाता खंय. सोडोवन दवरपाक जाय.'

'सोडोवपाक मेळना ती. सगल्या कामेऱ्यांनी तश्योच करून घेतल्या.'

रुक्मीण वगी रावली. चुलींत भाजत वडयल्लो बांगडो तिणें काडलो. चुलीखुरार आपटून गोबर फापुडलो. दाव्या हातान बोडूक मोडलें. खोल्याक गुटलायलो आनी तसोच करणांत शितांत मुंगरलो.

'भल्लो डबो!'

'हय. पोती हाड. केंसर, फाटल्यान पोलक्याचो बुतांव लागोना मुगो.'

'लागच ना तो.'

'धील शिवपाक जाय.'

'तसोच शिवल्लो. घट जालो.'

'कसली पाड पडलेली मोद! फाटल्यान बुतांव. सगळे बुतांव सुटले तरी

पत्तो लागपाचो आसा ? '

' सगळ्या कामेऱ्यांनी तशेंच शिवल्या. '

' तेंच. सगळीं शेण खाता म्हूण आपणेंय खावपाचें. '

' तूं अशें म्हणटा जाल्यार वचना हांव कामांक. '

रुक्मीण कांय वेळ उलयली ना. मोन्यानी डब्याची पोती तिणें केंसराच्या हातांत दिली. पायांत व्हाणो घालून केंसर भायर सल्लें. भायल्या दरवट्या मेरेन ती ताका पावोवपाक आयली. तळ्याकडल्या मोडणार मोडसर ताका तेळीत रावली.

केंसर मिनाच्या रस्त्यार पावलें. धुल्लार दंव पडून माती कालयल्ल्यासारकी जाल्ली. धुल्लांत पावल रोमतालें. पुण दनपारच्या सारको पावला फाटल्यान धुल्ल आंगार उसळनाशिल्लो. रस्त्याकुशीक हुस्केचीं, काजुचीं, कुंबयांचीं कितलिशींच झाडां आशिल्लीं. अनवळख्यांक वळखूंक येंवचिना अशे तरेन तांचेर धुल्ल माखिल्लो. त्यांच्या पाचव्या आंगार धुल्ल शिंपडलेलो आनी दंवाचे ओलसाणेन सगळ्या पानांक ओली तांबसाण मारताली. धुल्लाचो मारो बादूंक नाशिल्ल्या आंकऱ्यां-कोंबऱ्यांवयल्यान दंवाचे थेंबे म्होंव कशे गळटाले. कंवळीं पाना निस्ततालीं.

केंसराक सकाळींकुडें हूम आयली. हुमेचो एक थेंब ताजे कंवळे पोटकळे वयल्यान निस्तलो. खांके ओले जाले. पोलक्यांत गुजगुजूंक लागलें. ओलें कपल तुवाल्यान पुशीत ताणें मुखार नदर माल्ली. आजून बरीच वाट चलपाक जाय आशिल्ली. ताजेमुखार गेल्लीं कामेऱ्यां ताका मात्तुय दिश्टी पडलीं ना. दुबावान वगीच ताणें दोन चार खेपे फाटीं वळून पळयलें. पुण ताका कोण एक दिसलो ना. आपुण एकलेंच फाटीं उरिल्ल्याचें ताका कळ्ळें. मुखार गेल्ल्या कामेऱ्यांची पावलट धुल्लार उदेल्ली ताका दिसली. ताणें आतां पावलांत अदीक नेट हाडलो. बरोच वेळ तें त्याच दमान चल्लें पुण मागीर अकस्मात ताजी पोंवटां भरून आयलीं. जांगांनी गुळे चडिल्लेभाशेन जाले. तें थांबलें. घागरो वयर उखलून ताणें पोंवटांर नदर माल्ली. कुंबयाच्या पानावयले दोन दंवा थेंब वाऱ्या बराबर ताजे गोरे पोंवटेर शिंवडले. तें कोंब्याची आळ कशें शिरशिरलें.

आतां ताका प्लॉटावयलें चित्र येवजून आयलें. सगळीं कामेऱ्यां जमल्यांत.... जेवणाचे डबे कुंब्रयामुळांत दवरून सगळीं मालाचे राशीकडेन पावल्यांत. ....माथ्यार हॅट घालून मास्तर कामेऱ्यांक एक एक काम फर्मायता. कोणांक राशीवयलो मीन वेंचूंक सांगता...कोणांक सारको दाळूंक लायता...कोणांक चाळणीर पावडर

गाळपाक सांगता...पावडरिंच्यो राशी करता....मोडटा....एक आनी दोन अशी हज्जार कामां. कामेऱ्यां उबीं रावल्यार तो तिडकता. पुण ताजेकडेन उलोवंक गेल्यार, ताजीं फकाणां केल्यार मास्तर चळटा. मागीर पचपच सुरू जाता. ताज्यो नदरो मागीर खंयचे खंय पावपाक लागता. मागीर कायल भरताना सांबाळून ओणव घालचो पडटा. गरज नासतना मास्तर कायल उखलपाक आदार दिता तेन्ना हातभर पयस रावून कायल माथ्यार घेवंची लागता. ना जाल्यार चुकून मास्तराचो हात खंयचे खंय पडपाचो दुबाव आसता. मास्तराचें लक्ष कामार उरना. सवणें कशें भिरभिरता. भिंकरी कसो तो कामेऱ्यां भोंवतणयां भोंवत आसता. मागीर कामेऱ्यांकय वाज येता. कितलीं म्हण सांबाळटलीं, सांवरतलीं. कितली म्हण नदर चुकयतलीं. मागीर कोणांक कांय दिसना. दिसल्यारूय कोण लागून घेना, खुपून घेना. तशें लागून घेतल्यार मास्तर मागीर कामाच्या वेळार धारेर धरता. मागीर जेवणाक वर वर वगत मेळना. उदक पियपाक संद मेळना. मुतूंक वचपाक अर्द वर मेळना. मास्तराची मर्जी आसल्यार सकाळीं हाजीर जावंक अर्दवर न्हय, वराचो लेगीत कळाव जाल्यार उपकरता. मास्तराच्या बापायचें कांय सरना. कंपनीक लुकसाण. आनी एका कामेऱ्याच्या एका वराच्या वावरान कंपनी कितें दिवाळें काडूंक वचना.

पों ऽ ऽ क ऽ पों ऽ ऽ क.

केंसर भानार आयलें. तें रस्त्याच्या मदल्यान चलतालें आनी फाटल्यान ट्रक ताका सामको तेंकपाक आयिल्लो. तें काचाबूल जालें. ट्रकाचो ड्रायव्हर जास्ती मारीत म्हण ताका भिरांत दिसली. मान बागोवन तें वालेती कुशिच्यान चलूंक लागलें. ट्रक मुखार केन्ना वता अशें ताका जालें. पुण ट्रक ल्हवूल्हवू ताजे चाली-बराबर घरघरूंक लागलो. तशें तें नेटान चलूंक लागलें. ट्रकांत कोण आसा तें पळोवपाचें धाडस लेगीत ताका जालें ना.

'मोटार चड्टो आसलें मुगो तुजेर.'

केंसराक कांयच आयकूंक आयलें ना पुण ड्रायव्हर आपणांक कितेंतरी म्हणटा हाजो ताणें अदमास घेतलो. आतां ट्रकाचो घरघर ताज्या काळजांत जावपाक लागलो.

'पिडा वचोंक जाय आसली. पाव रे तळयावयल्या.' ताणें मनांतल्या मनांत देवाक उलो माल्लो.

'पायतांय मुगो.'

आतां केंसराक फाटीं वळून पळोवचेंच पडलें. ट्रक ताज्या प्लॉटावयले कंपनीचो आशिल्लो. केन्नाय कामेऱ्यां असल्या ट्रकांनी बसून येता–वेता तीं ताणें पळयल्लीं. पुण तें आजून बसूंक नाशिल्लें. आतांय ताका धीर जालो ना. पुण ट्रक आपणांक घेतले बगर मुखार वचचो ना, हाजी ताका खात्री जाली. ताजीं पावलां फाटी-फुडें जालीं.

'आमचे कोंपोनीचें मुगो चेडवा ? यो.'

तें दाराकडेन आयलें. वयर चडपाक खंय हात धरचो तें ताका कळ्ळें ना.

'चोडपाची संवय ना गो चेडवा ?'

ताणें ताका हात दिलो. ताज्या आंगार ओणव घालून दार माल्लें. केंसरान आंग चोल्लें. तें दाराकुशीक तेंकून बसलें.

'लोजताय गो ? लोजल्यार पेज मेवोना. चड लोजशी, सामकें उपाशीं पोडटलें. सामकी लोज सोडशी पोय, पोट येद्दें जातोलें.'

केंसराक कांय कळ्ळें ना. पुण तो हांसलो देखून तेंय हांसलें.

'लोजपाक शिकलांय गो ?'

केंसर मुसुरखें हांसलें आनी मान वळोवन लजलें.

'शिंकलां. शिंकलां. लोजपाक लागलां चेडूं.'

ड्रायव्हरान ताका बेसबरें पळोवन घेतलें. ताज्या पायांतल्यो व्हाणो तें माथ्या मेरेन. फाटल्यान पोलक्याचो सुटिल्लो बुतांव ताजे नदरेंतल्यान सुटलो ना.

'कोंकण्यालें मुगो चेडवा ?'

केंसरान मान हालयली.

'मागीर माथ्यांत फुलां ना मुगो. आमचेवरीं किरिस्तांव जाताय ?'

केंसरान हात माथ्यांत व्हेलो आनी ताका उगडास जालो. सकाळीं माळपाक खुंटिल्ली शंकरा फुलां सोप्यार दवल्लेलीं थंयच उरिल्लीं. फांती विणपाक लेगीत तें विसल्लें.

'विसोल्लें मिस्ता. फाल्यां घोवाक विसोरशी. फूंय सावन येताय गो वावराक ?'

'कोळंबा.' केंसराक केद्या वेळान आतां जाप फुटली.

'आं ! उलोयताय मुगो तूं. म्हाका दिसोलें मोनेंच काय म्हुण. केदोवेळ उलयीच ना. कोळंबार कोणालें गो तूं ?'

‘ पंडरी. ’
‘ पोंडरी ? ’
‘ मुकादम. ’
‘ मुकादम आसाय ? खुंय ? ’
‘ आर्दी आशिल्लो. ’
‘ आर्दी आसलेलोय ? खुंय गो ? ’
‘ शेनोरेर. ’
‘ आं आदल्या तेंवार. आता शेनोरेर तेजींना. मिनेरांनी हिंगा मानिफेस्तां माल्लीं. आमचे कोंपोनीन त्रोक्स, लाडीसां हाडलीं. ओरबीनां बांदली. तूं पयलीं सावन हिंगाच येतालें कामांक ? ’
‘ ना. ’
‘ खुंय वयतालें ? ’
‘ चिचें देवण्यार. ’
‘ कित्याक ? ’
‘ बार्जी भोरूंक. ’
‘ गोमलें. आर्दी जेटीर कामेऱ्या बार्जी भोत्ताली, आतां ओरबीनार बार्जी भोत्ताय. मांयपाय आसाय ? ’
‘ अं ? ’
‘ आवय आनी बापूय आसाय ? ’
‘ हय. ’
‘ तूंय एकलेंच घोरांत ? ’
‘ भाव आसा. ’
‘ कितोले ? ’
‘ एकलोच. ’
‘ तुज्या व्होड ? ’
‘ हय. ’
‘ खुंय वावुत्ताय ? ’
‘ ड्रायव्हर आसा. ’
‘ ड्रायव्हर आसाय ? खुंयचे कोंपोनींत ? ’

‘ खबर ना. ’

‘ कोंपोनी नाकाय. नांव सांग. ’

‘ नामदेव. ’

‘ नामदेव ? ’

‘ नानूच म्हणटा तेका. ’

‘ नानू ? आग्गो, मुगे इश्ट मुगो तो. ’ ड्रायव्हर सिटावयलो उसळ्ळो. ट्रकाचो वेग उणो जालो. केंसराक कच्च जालें. पुण येदोवेळ ड्रायव्हराची भिरांत दिसताली ती ना जाली. ड्रायव्हराच्या मुखावयली खोस पळोवन ताका धीर आयलो.

‘ मानुयेल म्हुटल्यार म्हाकां वडकोताय तो. आमी दोगूय सांगातान रावताले. पोयलीं एकेच कोंपानींत आसलोले आमी. हांये ती कोंपनी सोडून हिंतूत आयलों. आजून पासून पोयऱ्यान मेयटा म्हाका नानू. ’

‘ खंय ? ’

‘ खूंय ? आमी ड्रायव्हर दीसभोर खंयूय आसल्यार रातिचे बारांत एकठांय जातात. ’

‘ नानू पिता ? ’

‘ चेडवा, ड्रायव्होर म्हुटल्यार कितें सोंजमोलेंय तूं ? ड्रायव्हर म्हुणटा ते पिवपाक आनी–’ मुखावयलीं उतरां मानुयेलान गिळ्ळीं. ताणें केंसरावशीं पळयलें.

‘ पिवचें पोड्टा. नाजाल्यारी हो धुळ पोटांत रिगोन मुनीस मरोंक पोडटोले. पुण नानू चोड पिना आं. ’

‘ खंय आसा आतां ? ’

‘ खंयूय आसतलो. तूं मेवताय ? ’

‘ ना. ’

‘ कितें सांगताय ? ’

‘ आवय बरी ना म्हण सांग. ’

‘ मांय दुयेंत आसाय ? ’

‘ हय ’

‘ नानू येंवना ह्या दिसांनी घारा ? ’

‘ ना. ’

‘ सुस्पेद मुनीस. तूं भीं नाकाय. सारको धाडटां. आरो यो गो. ’

केंसराक तो कितें म्हणटा तें कळ्ळें ना. ताणें दोळ्यांनीं ताका लागीं आपयलें. तशें तें विस्वासान ताज्या म्हऱ्यांत गेलें.

'पोय. कितेंय जाय पोडल्यार म्हाका सांग. हांव हिंगाच आसां. मांयक वोखोद हाडलेंय ?'

' सादेंच दुयेंस तिजें. '

' कितेंय जांव. हांव आसांच. आगो, नानू हांव सारको. म्हज्या सामको गोपांतलो इश्ट तो. जाणा, आमी अशे खांदार हात घालून भोंवताले. एकेच कडें न्हिदताले. मानुयेलान सहजतायेन केसराच्या खांदार हात वडयलो. '

■ ■

तिनसांजचे कातरीर पंडरी आनी शाणू तळ्यार एक जाले. पंडरीक वाटेर थारपाचें नाशिल्लें. पुण शाणून सद्चेसारको विडयेक हात मुखार केलो. आतां पंडरीक रावचेंच पडलें. हातांतली पोती ताणें फातरार दवली. पोतयेंत पळयत शाणून ताका विचार्लें,

' खंय शेनोरेर आशिल्लो ?'

' आतां शेनोरेर कित्याक ?'

' कित्याक ? मिनाची सुरवात शेनोरेर न्हुरे ?'

'सुरवात जाली गा. सुरवातीक गाडयांनी भरताले माल. दुर्भाटकार कोठयांनी मुरगांवां बोटीर पावयताले. आतां पयलिंचे कितें उल्लां ! खटाऱ्यो गाडयो गेल्यो. ट्रक येयले. ट्रक भरूंक मानाय उपकारता ? शेवाळीं येयलीं. कोठये खंय कोठ्याक पडले देवाक खबर ! बार्जी येयल्यो. जेटीर कामेऱ्यां बार्जी भरतालीं. आतां जेटी बांदल्यो. ओर्बिना, पोटे बांदून आपशींच माल परायेवयलो बार्जीत. '

' मनशाची तकली खंय पावली रे !'

' आमीय मनीसूच. पुण ते मनीस आमचे सारके रेड्या गाणीचे न्हूं. '

' जांव रे, पुण आमी मात तरी सुतलायलें काय ना ?'

' कितें सुतलायलें रे ?'

‘ बगी राव रे पंडरी, आमी सांजेक नाशिल्ले रे, पुण तुजें ? तूं कसोय तरी मुकादम आशिल्लो, उलयलें म्हणटलो. ’

‘ तुकां उलयतल्याक कोण धरतलो ? ’

‘ पुण कितेंय जांव. फूल ना फुलाची पाखळी तुज्या पदरांत पडली. कशेंय जांव गांवांत वणटी–पान्यांक पयलीं शिमीट तुवें काडलें. नाजाल्यार बाकिच्यांनी जोडलें, सोन्या–कान्याक मोडलें. ’

‘ तें दिसता सगळ्यांक. ’

‘ जालें. शाणूच्यान पळोवं नजो म्हणटलो, पुण जगलोक उलयतात तेंच हांव उलयतां. सांग रे ! ’

‘ कितें ? ’

‘ आमच्या गांवांत ट्रक्साचो ड्रायवर पयलो कोण ? तुजो नानू न्हूं ? ड्रायवर कितेंय जोडूं रे पुण जोडटा. नाजाल्यार आमचे पोर आसात. धा वरसां जालीं मारता माथ्यार कायली ! ’

‘ जाणां मरे, घरच्यो भानगडी सांगच्यो न्हय कोणाक. नानून घरांत केन्ना पानदुड्ड हाडून दिल्यार सोंपूत. आपले ते नायक आनी आपले ते पायक असो वेव्हार. जोडकार कोण ? पांच वरसां जालीं बायल हांतरुणार न्हिदोन जोडटा. हांव असों ! म्हाज्यान उखल्लेली पारय कमरावयर काडूं नजो. ’

‘ केंसर बावडें कितें जोडटलें ? ’

‘ जोडटा तें; पुण आवयच्या दुयेंसाक काबार. अशी मिनाची जोड. रेवेंवयलें उदक कशें, कितलेंय ओत, खिणाभरयांत नाच्च जाता. ’

‘ तुजें अशें मागीर आमच्या सारक्याचें कितें रे ? शेतांवटयां शेत ना. मिना-वटयां मीन ना. इशी ! ह्या मीनाची जोड वयता खंय ? ’

‘ मिनाची जोड तशी मोड ! नाजाल्यार लोक भांगराचे नळे चडयतले आशिल्ले घरार.’

‘ जांव, तुंयेन सुलचे तरी घातले. आमच्या पारख्याचो कोलूय झडलोना. ’

‘ दुसरो झडयतलो. ’

‘ नारे. कितें करूं ? राटावळी करयोच आळाबंदा येयना. आदीं सगळें फकत शेतारूच कशें भागतालें तेच्चेंच आजाप दिसता. ’

‘ कालच्चें कोण सोदता ? आमी फायचें पळोवपाचें. ’

‘ कितें हाडलें रे पोतयेंत ? ’

‘ सामान. ’

‘ तुका खबर ना ? ’

‘ कसली रे बाबा ? ’

‘ थंय चिचेंदेवण्यार, मायणा रे. त्या प्लॉटार च्याचें लायता. ’

‘ दुकान रे ? ’

‘ दुकान ? आमी कोण नायेलेचे वाणी रे ? चार ड्रायव्हर आनी मानाय जमता थंय कडोवन दिवपाचो कडो. आतां म्हातारपणांत आनीक कितें जमत ? ’

‘ बाकी तुज्या फाटल्यान बुद्‌दी सोंपल्यो रे. ’

‘ ह्यो कितें बामणबुद्‌दी ? ’

‘ कोल्याच्यो बुद्‌दी तुज्यो. शेनोरेर पयलो खटारो तुयेंच लायलो. आतां चिचेंदेवण्यार च्यायेचें दुकान. पंडरी, लोकांच्या दोळ्यांनी कसता रे. वाचा लेगीत लागता तसल्या बत्तीस दातोळ्यांची.’

‘ आमी लोकांचें खाता ? ’

‘ ना. पुण थंय गाडी लायली, लोकांचे फुटले दोळे. जालें ! गाडी बंद. पाडे लेगीत मेले. आतां च्याचें दुकांन लायतलो म्हुण—’

‘ तळ्यावयल्याचेर भार सगळो. ’

‘ चलतलें रे. केन्ना सुरू करता ? ’

‘ फायच्यान. ’

‘ फायच्यान ? पुण—’

‘ कितें ? ’

‘ न्हूं रे, हांव आयज भटागेर गेल्लों . हायें ते चार पारे उबारून कितें घर शें केलां न्हूं खोपटाचे सुवातीर ? ’

‘ फाल्यां घर-पुरीस ? ’

‘ घरपुरीस कसलो ! बेस्टें शास्त्र करून भितर सरप. ’

‘ मागीर ? ’

‘ भट सांगपाक लागलो, फाल्यां बरी यॅळ ना. दिसाभरांत बरी अशी यॅळूच ना. ’

दुकानाक यॅळ कित्याक ? ’

'दुकान घर सारकेंच. मठी न्हूं ती.'
'म्हाजें सगळें थल्लां मरे फाल्यां.'
'थल्ल्यार हरकत नारे. पुण—'
'कितें ?'
जैपतीक येयना मठी.'

■ ■

वरसा सारकी संवसार पाडव्या दुसरेदीस तळ्यार सत्यनारायणाची पुजा जाली. तकलेफाटल्यान आठ आणे पटी फारीक करपाक कोणाचे हात अनमनलेनात. पयलीं सकाळधरयां सत्यनारायणाची तयारी सुरू जाताली. अंदूं तिनसांजा जाली. पुण त्याच नेटार. उसळ शिजयतल्यांक आनी केळम्या पानां हाडटल्या मनशांक दुड्ड दिवपाचें थारायिल्लें. तेखातीर थोडे आदेस वगडावन तळ्यार वावुरताले. हाड-व्हर, उखल-दवर करताले. आबू आसतना दर वरसा पलतडीं जयदेवागेर वेतालो. ताका मानान पुजेक रावयतालो. दनपारचें भुसकें थंयच मारतालो आनी तिनसांज मेरेन परततालो. अंदूं पलतडीं सांगून धाडपाक कोणाक उगडास उल्लोना. पंडरीन पलतडीं सावन कामांक येवपी मानायांकडेन सांगून धाडलें. जयदेवान येता म्हुण उतर दिलें. पुजेदिसा बायलेक घेवन तिनसांजमेरेन तो कोळंबा पावलो. पुजेक आयिल्ल्या सोयऱ्यांसारकोच ताका सगळ्यांनी दिसलो तसो हडकिलो. सगळे आपापल्या कामांत गुल्ल आसले. जणा एकल्यागेर सोयऱ्यांधाय-ऱ्यांचो बोवाळ पडलेलो. जयदेवान सगळ्यांक पळोवन घेतले. व्हडलेशे कोण वळखिचे ताका दिसलेना. सगळे खणी-प्लॉटावयले कोळंबाकारांचे इश्टमित्र आशिल्ले. विडकां-सिगारांची धुंवर जातालो. पानांचीं देटां आनी फस्कांच्यो काडयो कडव्यातल्यान भायर भिरकावताल्यो. पानां रंगतालीं. झांकडी वाडटाली. चुलींवयल्या आदनांक च्याच्या अर्कांचो कोर येतालो.

पंडरी चिंचेदेवण्या वयल्यान आपलें च्याचें दुकान बंद करून आयलो तेन्ना मनशाक मनीस दिश्टी पडनासलो. ताणें ताकतीक केली. व्हॉवराक तळ्यार घेवन

गेलो. तांकां भटामुखार पुजेक बसयलीं. खंय जाय, नाका ते आपूण पळोंवक लागलो.

' नरशिंव येवंक ना ? '

' ना. पणजेच आसा ह्या दिसांनी. '

' तेगेलें तें शिकप जालें पणजेचें ? '

' ना. अंदूंचें निमाणें वरस. मागीर कोलेजीचें शिकप सोंपलें. '

' कितलें पसून शिकतलो ? '

' शिकोनी. उमेद आसा. केंसर खंय दिसोंना. '

' आसलें घरा. '

' रुक्मिणबाय सांग, खंय तरी गेलां म्हुण. '

' गेलां दिसता. '

' कामांक ? '

' हें हें. कामांक खंय धाडिना तेका. जाली तयारी न्हूं ? हांव पुजेचें सामान हाडटां. '

भटान बेगिबेगीन पुजा केली. तळी पोतयेंत भल्ली. उदकाक लावन दक्षणा किरवटीक खोयली. पुराण सांगपाक ताणें पोथी उकती केली. आनी मुखार नदर माल्ली. वरसासारकी पुराण आयकूंक लोकांची गर्दी ताका दिसलिना. कोण बसलेलीं तीं जागो आडोंवक. पुराणाच्या मोगान कोणूच येवंक नाशिल्लो. तसो भक्ति-भाव कोणाच्याच मुखामळार दिसनाशिल्लो. भट बुचकळ्यांत पडलो. कितें करचें ताका कांयच येवजना जालें. ताणे जयदेवाकडेन पळयलें. जयदेवाकूय कांयच अंतपार लागलोना. ताणें एका वळखिच्या कोळंबाकाराक आपयलो.

' आरे, थंय मुखार कितें ? सगळे एकठांय जाल्यात. '

' थंय नाटक आसा. दशावतारी न्हू. '

' मागीर ? '

' पड्डे बीन लावन करता तसलें. '

' जाणां रे. म्हाका वळवयकाराक नाटकाचें तूं सांगता ? पुण आयक रे. तळ्यार असलीं नाटकां केन्नाच्यान जावपाक लागलीं ? '

जयदेवान भटाकडेन पळयलें. ते दोगूय अजापान हांसपाक लागले. इतल्यांत पंडरी पावलो.

' पंडरी, ह्या भटालें पुराण आयकूंक कोणूच ना पळय. सगळे ते माच्येर. '

‘ नाटक करतात कोळंबार. पयलेंच नाटक. ’

‘ कोण करता ? ’

‘ खाणीवयले ड्रायव्हर. ’

‘ मिनाखाणीवयले ड्रायव्हर ? शीत् ! चुट्टी लागली तुमच्या नाखाक. कोळंबार दांडगे दुंडगे भुरगे आसतना परक्यांक दिता नाटक करूंक ? आनी तें सुद्दां पयलें ? ’

‘ कोळंबार कोण आसा नाटकी ? ’

‘ नाटकी ? मोटे घाडी तुमी. बाकिचीं सगळीं घाडपणां कळपाक लागल्यांत तुमकां. पुण शेणटा तें कळना. आमचो नानू आसा मरे नाटकांत ? ’

‘ तो ना. ’

‘ ना कित्याक ? तो ड्रायव्हर न्हूं तर ? ’

‘ तो हांगा खंय आसता ? आज सुद्दां पावना तो. हे सगळे भायले ड्रायव्हर. एक किरिस्तांव सुद्दां आसा. ’

‘ किरिस्तांव ! आरे म्हाज्या बाबा ! फुडल्या वरसा आमकां येजमानपणा खातीर सांगोंक नाका. ’

‘ किरिस्तांव आसल्यार कितें जाता ? ’

‘ तळ्यावयले सत्यनारायणा पुजेक किरिस्तांव पासून नाचपाक लागले तर ! भटमाम, कवळ तुजें पुराण आता. तें कोण आयकुपाचो ना. कोळंबार तो आबू नांवाचो आशिल्लो एक म्हातारो. तेज्या फाटल्यान सोंपलें रे सगळें. ’

जयदेव धोतीर फांपडून उठलो. भटमामानूय पोथी धांपली. तांचें उलोवण चालू आसतनाच कुस माल्ली.

तळ्यावयल्या बोवाळाक एक वेगळोच वेग आशिल्लो. लोकांच्या न्हेसपांत—चलपांत नेट आशिल्लो. जयदेवाक बेश्टेंच खाकडूंक जाल्लेवरी जालें. पुडव्याच्या शेवान तोंड पुशीत तो मुखार गेलो. तसोच म्हेडीक तेंकून उबो रावलो. पावण्यो जावपाच्यो आशिल्ल्यो. आपल्या वरसावळिच्या विड्या—नाल्लाचेर ताजी नदर लागलेली. अंदू पावण्यो बऱ्योच म्हारग वयतल्यो आशिल्ल्यो. जयदेवाक सहज धा वरसांफाटलो उगडास आयलो....तेन्नाची पावणी आतां दुपेटीन न्हय, तिप्पे-टीन सा जातली आशिल्ली. लोकूय मात कुचमण नासतना व्हरतले आशिल्ले. धा वरसां आदीं आपणें विड्या—नाल्लाची पावणी फकत एकावन्न रुपयांक व्हेल्ली. तेन्नां

एकावन्न रुपया कच्च करून फारीक करप म्हटल्यार केदें ऑर आशिल्लें. पुण आज तेंच ऑर कितलें म्हारग जालां. पुण वरसाचो मान सोडूंक जाता ? नाजाल्यार जयदेवाक कोळंबार कस्पटाचेंय मोल उरचेंना. आबू ना आनी ह्या मनशांक मनशाची पर्वा दिसना जाल्या. मागीर जयदेवाक सुद्दां फुटके पायलेन मेजपाक हे मात कांचवेचेनात. तेखातीर कशेय परिस्थितींत निदान अंदू तरी विडोनाल्ल व्हरप. फुडलें कोणें पळयलां ?

'आरे, अंदू वळवयकार लांस घालिना ?' जयदेव भानार आयलो. विड्या–नाल्लाची पावणी वाजताली.

'कितले जाल्या ?'

'पंचवीस रुपया विडो–नाल्लऽऽ'

'पंचवीस रुपया !'

जयदेवाक कच्च जालें. लांस कोणें घातला ताका कळूंक नाशिल्लें. ताणें मुखार पळयलें. वरसाचें सुवातीर नावेलकार गांवकार ताका दिसलोना. तांचे सुवातेरूय कोण नाशिल्ले. नाटकाचे ड्रायव्हर लोक फकत माचयेर बोवाळटाले. पड्डे, तर्फो उबारतना तांचें भितर ते कितें कितें गुणगुणटाले.

'तोच तो. वग्गी आसा.'

'आनीक पांच रुपया चडोवंया. बसला थंय सुकतलो.'

'सारकें. तेसोच कोरोप.'

'पस्तीस रुपया.'

'पंचेचाळीस रुपया.'

'पंचावन्न रुपया.'

'सत्तर रुपया.'

'पंच्चास्तर रुपया.'

जयदेवान उकतें केल्लें तोंड तशेंच उल्लें. तो लांस घालूंक पावलोच ना. ड्रायव्हरांभितरूच सर्त लागली. एकामेकाच्या तेसांवान एक-दुसरे कंपनीचे ड्रायव्हर लांस घालपाक लागले. गर्दैतल्यान आंकड्यार आंकडे पडूंक लागले. जयदेव भितल्ल्यान हाललो. ताणें मनांतल्यान म्हळें, 'आज आमचो थरिल्लो मान ड्रायव्हरांनी व्हेलो. फाल्यां आमची सून व्हरत.'

'सा रे सा.'

पावणी कितल्यांक सा जाली तें लेगीत जयदेवाक समजून घेवपाचें नाशिल्लें. ताज्या मुखार एकूच प्रश्न आशिल्लो.... वरसाप्रमाण सगळे हडकितले. सकाळीं तारीन पलतडीं सरतना तारयो विचारतलो, 'अंदू कितल्याक पावयली रे पावणी ?' वाटे–तिटेक लोक तेंच विचारतले. आनी मागीर अशीच मान बागोवन घरा वचचें पडटलें.

तो तळ्याकुशीक आयलो. बायकुलांतलें उदक ताणें पोशांत घेवन घटा-घटा घोटलें. हाडलेलें सामान कवळलें. आपणाक आवियार केल्लो तुवालो आनी बायलेक दिल्लो खण–नाल्ल पोतयेंत घातलो. आनी रातोरात भाडयाचो पनेळ करून ताणें कोळंबाची शीम हुपली.

■ ■

मेजावयली फेणयेची बाटली अर्दी जाली. नानूक आनी मानुयेलाक तकली ल्हव दिसपाक लागली. ड्रायव्हींग करून तांचे हात–पांय गळसणूक आयिल्ले. आतां मातसो नेट आयलो. मानुयेलान सिगार काडलें. नानूक दिलें. बोल्सांतलो लायटर काडून पेटयलो. नानूच्या दोळ्यांमुखार कॅण पडलें.

'कसलो लायटर रे ? फोरेन ?'

'फॉरेन तोर. इंदियान दोयडीरो वेपार कोण घेताय रे ? आयज घेतल्यार फाल्यां कावार. सुबेज दुड्ड पोडोन लेगीत फॉरेन कि सेर्त माल. सामको हायग्रेड माल कसो. सिक्स्टीसेवन ग्रेडचो, सोंजमोंगनाय ?'

'सोजमोलें.'

'इंदियान ट्रक चोयनाय. आमचे कोंपोनीतल्यो लाकडी बॉडी सगल्यो इंडीयान. गिरोण कसो आवाज. नाजाल्यार फॉरेन गाडयो. इसुझू, निशाण, शॅवरलेट, बेडफोर्ड. हॉर्नी बोगर एका पार्टीचो आवाज ना. जाणाय, इंदियान म्हुटल्यार सामकी पन्नास वरसांची लाकडी बॉडी. सोंजमोंगनाय ?'

'समजलों.'

'गाण सोजमोलोय. लॉकडी बॉडी म्हुटल्यार सामकी काजारी बायल आनी

फॉरेन टिप्पर म्हुटल्यार पोय, ओसली. सारकें होड्डें. ट्रकाचो वयलो टॉप कशें. सोंजमोंगनाय ? '

' हय. '

' गांठवल सामको. टिप्पर म्हुटल्यार सामकें वीस वोरसांचे तन्नें चेड्डू. '

नानून सिगाराचो धुंवर सोडलो. दोगांयनीं ग्लासांत आनीक फेणी ओतली. वांगडा खावपाक मसाल्यांत काडिल्लीं मोसमी–भिकणां घेतलीं. एक एक गर तोंडांत वडयत झांकडींक कोर आयलो. ड्रायव्हर पिवपाक येत रावले. धुळ्ळान माखिल्ल्या पिंगश्या केंसांत हात भोंवडायत कदेल'र थपकण मारपाक लागले. वेटर मेजाकडेन गेनाफुडें व्हिस्की, ब्रॅन्डी ते काजुफेणी–काजेला मेरेन ऑर्डरी पडपाक लागल्यो. खोमसाचे वयले दोन तीन बुतांव सोडोवन ड्रायव्हर वारें घेवंक लागले. खोमसांच्या फाटीर खाक्यांत हुमेची ओलसाण दिसपाक लागली. हुमसाणेचो वास बारभर सुटलो. पुण कोणांच्या नाखांत कांय जालें ना. गल्ल्या वयल्या पात्रांवापासून ते वेटरामेरेन सगल्यांक ह्या वासाची संवय जाल्ली. एक वेळ हो वास नासल्यार कोणाकय गोंदळूंक जायत आशिल्लें.

गल्ल्यावयल्या पात्रांवान मानुयेल नानूच्या मेजार नदर माल्ली. तांची एक बोतल काबार जाल्ली. ताणें वेटराक फर्मायलें, 'मानुयेलाक पळय, कितें जाय तें, '

' कितें रे पात्रांव, आमकां सोकायीं फुडें न्हिदोयताय तुज्या बारींत ? '

' रातीं न्हिदुंना ? कोण नासलेलो मिस्ता फुड्यांत ! '

' पात्रांव, फोकाणां कोत्ताय ? तूं कितें सोजमोलोय. काजार जाल्ले बायले वांगडा न्हिदताय आनी आमी आंकवार —'

' आंकवार चेडवां कुशीक. '

मानुयेलाचें वाक्य पुराय करून पात्रांव आपल्या विनोदाचेर खळखळून हांसलो.

' आंकवार म्हुण सामकी टिप्परी भाशेन. कितें रे नानू, उलोय मुरे. '

' नानू कितें उलयतलो ? तो तुज्यासारकी टिप्पर खंय चलयता ? तो लाकडी बॉडी धुकलता. '

पात्रांव गल्ल्यार गिरायकांचे पयशे काडूंक लागलो. मानुयेल नानूवांगडा बडबडत रावलो.

' फटिंगा, दाणगो–दुणगो आनी लाकडी बॉडी फाटल्यान लागलाय ? तुमचे

खणीर चेडवां ना रे ? पोय असलीं. सामके मालदेस कशे दिसूंक जाय. पोय, बरो उगडास जालो आंकवार चेडवां वयल्यान.'

'कसलो ?'

नानू मातसो गोंदळ्ळो. मानुयेलान बरोच बोवाळ केलो. नेटा बराबर भरिल्लो ग्लास तोंडांत लंवडिलो.

'तुजी भोयण.'

'भयण ?'

'आंग काड्टाय ? हांये कांय कोरुंना रे. म्हाका मेवलोली तेदीस. सायबा बोगोस !'

'कितें घडलें ?'

'सांगलें न्हय. कांय कोना म्हुण. तिणें सांगलोलें रे. तुका सांग म्हुण. कितें जाणाय ? मांय दुयेंत आसा—'

'कळ्ळें म्हाका—गेल्लों हांव घरा.'

'गेलेलो ? आनी नाटकाको ?'

'आरे, तुजें नाटक कशें जालें ?'

'घांटवळ. तुजे गांवांत नाटक आनी म्हुजें नाटोक ? नाटकादीस तुजे भोयणीन—'

'तें आसूं, तुजें संवंग कशें जालें ?'

'लोजोय दिसोना इचारूंक ? तुज्या घोरा नाटोक आनी ते राती तूं कोणा-फुडयांत ?'

'संवंग ?'

'सोंवंगूच जालें. वायट धोन्नाकां. कोळंबा वयलो लोक बुर्र ऽ ऽ सामको. तुजी भोय —'

'कित्याक बुर्र ?'

'तेंकां गोमताय तेसलें नाटोक ? केदो व्हडल्यान इचारताय जाणां ? आरे, सोदांची मुस्तायकी घालून नाटोक कोत्ताय ?'

'तेंका 'दित्ता थोम तत्ता थोम' करता तसल्या दशावतारी नाटकांची संवय. नाजाल्यार हरहर महादेव आनी दीन ऽ ऽ दीन ऽ ऽ करून तरसादी घेवन नाच-तल्यांचो धोस्त.'

' सोदांच शिवाजी ? आमी किते सोदांच काजूफेणी मात्तांय ? केन्नाय व्हिस्की, ब्रँडी पोचोयनाय ? केन्नाय टिप्पर मेवोना जाल्यार लाकडी बॉडीचेर चोडोन खाज भागोयनाय ? तुमच्या गांवठी मामांक आमचे तियात्रबी कांय गोमपा ना. काजाराची मुस्तायकी घालून आयल्या म्हुणोन बोबो मात्तोले. '

' तुमच्या नाटकाक माह्लयो ? '

' म्हाकां खुंय, किरिस्तांव देखून मोराटी सारकी उलोंवक कोवोना ! हेरांक तोरी गोमताय ? स गले हेंगाडी. मोराटी नाटकांत आख्खी कोंकानी. तियात्रांभाशेन. आनी जाणांय. '

' सांग. '

' म्हाड्डोळची नोटी. सोंजमोंगनाय. '

' नोटी ? '

' नोटी दुडवांच्यो न्हय. घांटवल सामको. ॲक्त्रेस. पोय, बोरी आसली टिप्पर. किते जाले जाणां ? '

' किते ? '

' पोय, फॉर्मार आयलो तूं. तेदीस सोगले तशेच फॉर्मार आयले. नाटोक केन्ना काबार जाता आनी नोटयेक कोण ट्रक्सांत घालून पावोयता अशें जालें. पुण दोयडीरो नाटोक मास्तोर घेवन गेलो आपले वांगडा, तो खुंय आदल्या दिसाच्यान तिजेर हात भोंवडोवपाक लागलेलो. '

' तुमच्या तोंडाक पानां पुसलीं. '

' तुजे भोयणीन मोगान पान हाडून दिलोलें. मुखारूच बोसलोलें. '

' दनपार जाले, ट्रक उसपूंक जाय. '

' बोस रे. एक ट्रीप उणी जाल्यार तुज्या बापायचें किते सोत्ताय. लुकसाण कोंपोनीक. सोंजमोंगनाय. '

' समजलों. '

' किते सांगतालो जाणां, तुजें कोंपोनीन ही खोटारीं धुकलचे परस तूं आमचे कोंपानींत कित्याक येनाय ? '

कित्याक ? '

' चोय, हिंगा गोर लार्गी. चिचेदेवण्यार प्लॉटार तुज्या बापायचें दुकान. सोगलें आरो. सोंजमोंगनाय. '

' पयस बर. '

' पयस बोरें कित्याक जाणांय. जाता तितलो सोरो पिवपाक आनी भायले भायर झोंवपाक. कित्याय यो म्हुणटाय जाणांय ? '

' सांग. '

' तुजी भोयण खणीर येता वावराक. दोगांय एके कोंपोनींत आसल्यार बोरें. तूं जाणांय, खणीर चेडवां म्हुटल्यार मालाची रास कोशी. उखोलचें खोरें लावचें. भोयणीचेर नदोर आसची. '

' तूं आसाच. '

' कित्याक ? '

' म्हाजी भयण तशी तुजी भयण. '

' पिसो घांटवल सामको. तुजी माय ती मुजी माय न्हय. तुजी घरकान्न ती मुजी घरकान्न जांव नेजो. तेचवरी तुजी भोयण ती मुजी भोयण न्हय. पुण एक— '

' कितें ? '

' तुजी भोयण सारकी–'

' अं ? '

' पोय, ओ ऽऽ सली '

' या. चड जालें. '

' म्हाकां लागोना मात्तूय. '

■ ■

रस्त्यावयलो पावलटभर धुळ चिरीत नानूलो ट्रक घरघरूंक लागलो. रस्त्यावयल्या खळग्यांक लागून गाडयेच्या दर एका भागाचो आवाज जावंक लागलो. ट्रकाचीं हाडां खिळखिळ्ळेवरी जालीं. धांवत्या ट्रका फाटसून माड्डायल्लो धुळ भूत कसो फाटलाग करूंक लागलो आनी खशेंवन खशेंवन जमनीर थपकण मारूंक लागलो. कडेचीं झाडां–पेडां थरथरलीं. भंयान आनीक एक धुळाचो थर ताणीं

आंगार माखोवन घेतलो. वोतांत लासत रावलीं. सुर्या माथ्यार पाविल्लो. वोताचो रखरख किर्णाकिर्णांत वाडटालो. पयसुल्ल्यान दिसपी वाठार लाशिल्लेभाशेन रस-रसतालो. काळ्या काळ्या खडपांर उदकाचीं ल्हारां थरथरिल्लेभाशेन दोळ्यांक भासतालीं. वोतांत चवकुणां मारपी काळ्या कावळ्यांचो कर्कश आवाज रखरख-साणेंत अदीक भर घालतालो.

चडटेर पावतकीच नानून गिअर बदलें. खोमसाचो एकएक बुतांव तो सोडीत रावलो. हड्डें सामकें उकतें पडलें. हड्ड्यावयल्या काळ्या केंसांतल्यान घामाचो एकेक थेंब पोटकळेर गळूंक लागलो. बोंबले वयल्यान घामाची धार पॅन्टीत अरसूंक लागली. कपलाची हूम ताणें लेंसान पुसली. दोळ्यांच्या मलप्यांर शिरकल्ले धुल्लाचे कण ताणें अचळय पुसून काडले. घुमो ताणून ताणें मुखार नदर माल्ली. ताजे दोळे सामके बिलबिल्ले. बरें पयस ताणें हय न्हयशें कितें पळयलें. दोळ्यांचेर पेज घेवन ताणें बारीक तेळपाचो यत्न केलो. वोताच्या रखरखान पिसुडलेली धवी कोंबी कशिशी आकृताय ताका दिश्टी पडूंक लागली. आनी मागीर तीच आकृ-ताय धवे मुस्तायकेंतली एके बायल मनशेची दिसली. ना म्हळ्यार वगीच ताज्या मनांत दुबावाची पाल चुकचुकली.

भर दनपारच्या कडार हे वाटेर कसलीं तरी नवलां घडटालीं. आलवांतीण पुरपाची सुवात म्हण हो वाठार नावाजलेलो. केन्नाय कोणाकय अकस्मात बायल-मनीस दिश्टी पडटाली. कितेंतरी उलयताली. कोणाक दुबाव येना आसलो. पुण मुखार चलतां चलतां ती नाच्च जाताली. आनी मागीर पळयतल्याक शेळी हूम सुटटाली. असल्यो खबरी केन्नाय कोणाच्याय तोंडातसून बारांर आयकूंक मेळ-टाल्यो. पुण सोन्याचे धुंवळींत कोण गंभीरतायेन तांचेविशीं येवजिनासलो.

नानू कांचवेलो खरो पुण ताणें धीर सोडलो ना. गरज नासतना गिअर बदलून ताणें वेग वाडयलो. तापिल्लो धुल्ल चिरीत ट्रक धांवंक लागलो. चवताळिल्ले नागिणे भाशेन धुल्लाचे लोट फाटल्यान उसळूंक लागले. ट्रक ते आकृताये म्हऱ्यांत पावलो. नानून बारीकसाणेन पळयलें. ती काशेन णवारी कापड न्हेशिल्ली. पिरायेन तीस–पस्तीस वरसांची दिसताली. आंगार कापडा भाशेनूच धवो बिटको पोलको आशिल्लो. खाक्यांत कुडक्यांत गुटलायिल्ली पोटली सामकी आंवळून धरिल्ली. माथ्यांतले केंस पिसुडिल्लेभाशेन जाल्ले. ते खातीर ती अदीक भयांकृत दिसताली. पायांत व्हाणोंय नाशिल्ल्यो. रगत किणिल्लेभाशेन तिजी गोरी कात तांबशी जाल्ली.

ट्रकाक तिणें हात दाखयलो. पुण काचाबूल जावन ती दावे वटेनची उजवे वटयां उबी रावली. तिज्या घामशिल्लया मुखामळार असहायताय दमळ कशी दाट्टून आयिल्ली.

नानून ट्रक थांबयलो. जनेलांतल्यान हात भायर काडून ताणें तिका दावे वटयां येवपाचें शिनाल केलें. तशी ती दुडके चालीन दाराकडेन आयली. नानून दार उकतें केलें. कॅबीनांत पावल दवरनाफुडें तिका खीणभर उज्यांतल्यान उदकांत पावल दवरिल्लया सारकें दिसलें. पालवाक घाम पुशीत तिणें बावडे नदरेन नानूचे उपकार मानले. तिका कितें विचारचें नानूक कळ्ळें ना. ताणें तिजेवशीन नदर घुंवडायली. नानू कितें तरी विचारतलो अशें तिकाय दिशिल्लें. पुण नानूक जमलेंना.

'देव कसो पावलो तूं. नाजाल्यार उज्यांतली सुटोन वोतांत लासून मरतलीं आसली.'

'खंय सावन येयल्या ?'

'कितें सांगू सायबा, जल्माचे भोगस्थाळे! वयता थंय पावलाक थार ना. कोणतरी फाटीक लागला.'

'कोण लागला ?'

'कोणें खाल्यार तरी सुटटली आसलीं. पुण अशें हुलपोवन घेवप....'

'खंय उजो लागलो ?'

'खबर ना ? दिंगण्या गवळाक राती कोणें दुस्मनान संद सादून लायली काडी.'

'अशें ?'

'सगलें जळोन गोब्रोर. तरी बरें, तारा-पोरांसकट लोक सगले वाटावले. नाजाल्यार सुके बांगडे कशे हुलपतले आशिल्ले.'

'चड आशिल्लो लोक ?'

'शेंकड्या वयर! माथ्यार संवसार मारून बायल भुरग्यांक घेवन येयल्ले बावडे. आतां कंपनी कितेंय दिता जाल्यार तोंड वेंगावन हात फाफुडपाचे.'

'दितली कंपनी.'

'दिता तेन्ना दिता. पुण आता आंगा वयल्या वस्त्राशिवाय हातीन दमडीय ना तेणीं कितें खावप ? अशे तोंण घेवन हुंवाळून वचप म्हाज्यासारकी.'

'तूं एकलीच आशिल्ली ? तुजीं....'

'ना बाबा, आनीक कोण ना म्हाका. तळपाक जल्मली कशी आसां.'

नानून तिच्या कपलार नदर माल्ली. कपलार पिंजरीचें थीकशें दिसतालें. पुण घामाचो ताजो आकार अस्पश्ट जाल्लो. राडांव काय आयाव म्हणपाचें ताजे मतींत आयलेंना. तशें विचारपय ताका बरें दिसलें ना.

'तसो कपलाच्या तिव्या पुरतो नावांक घोव आसा.'

'खंय आसता ?'

'तो जाग्यार आसतो जाल्यार अशे वैदावास काडचीं नाशिल्लीं.'

'पयस आसता वावराक ?'

'चुडटी लागली वावर करतल्याच्या तोंडाक. हांयें बायल मनशेन हाडांचीं काडां करून पोसप हेका. पिवपाक पयशे दिवप आनी वयल्यान पियेवन हेणें म्हाकांच येतिश्ट मारप.'

'तुका सोडली ?'

'हांयेंच सोडलो तेका· जीव आसल्यार खंयूय भीक मागोन खायन म्हुण हुंबरो हुपून आयज सतरा वरसां जालीं. कपलाक लायतां इतल्याकच कि कोणें राडांव म्हण अपशकून करून घेवचो न्हू, हे खातीर.'

तिणें परतून दोळ्यांक पालव लायलो. मागीर कपलार ओडलो. तेसरशीं कपलाची तिकली पुसून गेली. तिणे एक सुस्कार सोडलो. आपली कर्मकाणी ती परत सांगूंक लागली.

'आवयल्या थंय जीव घडधाकट आशिल्लो म्हण मार सोंसलो. त्या खातीर हो मिनाचो वावर झेपता.'

'कसलो वावर करी ?'

'मिनाचो आनीक कसलो वावर कामेऱ्यांक ? बार्जी भल्यो, खडी वेंचली, पावडर गाळ्ळी. आतां दिंगण्या गवळांत आशिल्लीं तेन्ना हजेरेक धड्याक काम करी. हजेरेक तशे व्हडलेंशें कांय सुटना पुण बरें आपलें काम. जिवाक चड तकालस जायना.'

'आतां खंय ?'

नानूच्या प्रस्नाक तिणें जाप दिली ना. तोंडार पालव घेवन ती धळधळयां रडूंक लागली. नानूक कितें करचें कांय येवजलेना. ताणें गाडयेचो वेग उणो केलो. रस्त्यावयले खड्डे वाटायत तो गाडी चलोंवक लागलो. तिका कशी समजावचीं तें येवजून तो गोंदळ्ळो.

'वेळ पडल्यार ईख खावपाची पाळी येतली म्हाजेर. आवय ना बापूय. ना

घर ना धोव. गांठीक दमडीय ना. आतां बोतांत लासून वचोन म्हण तुज्या त्रक्सार चडली. खंय देवचें तें सुददां खबर ना. '

' भियेंव नाकां. ' नानून तिका धीर दिलो पुण ताची उतरां तिका आयकूंक आयलिंना.

' कितें कर जाणा मुगे, चिंचे देवण्यार म्हाज्या बापायचें च्याचें दुकान आसा. कुशीक बरी सुवात आसा. सामकी भितोड न्हूं. '

ती नानूच्या तोंडाक पळयत रावली.

' थंय राव तू. पुण बेस्टी रावोन कितें करतली ? ' तिवय वगी रावली. नानूय वगी पडलो. मुखार कितें उपाय, ताका येवजलोना.

' एक करूं येता. थंय बरेच ड्रायव्हर आसतात. दनपारचीं जेवणां रांदून वाडशी ? रांदपाक येता मुगे ? '

' तशी आवय बापायन बरी रीत शिकयल्या. कसलेंय जेवण रांदीन. पुण जेवणां दिवंक पयलीं हातीन कितेंय.....'

' भियेंव नाका. तुका सुवात मेळ्ळी. फायच्यान कर सुरवात. बाकिचें हाव पळयतां. '

' तूं चिंचे देवण्या वयल्या पुलोटार आसता ? '

' ना. पुण सगळे ड्रायव्हर वळखता म्हाका. हांव सांगतां तेंकां. तेंकांय दन-पारच्या जेवणाची सोय जाय. '

' देव बरें करूं तुकां. '

' आतां ट्रक उसपून पायतां तुका चिंचे देवण्यार. '

' आनी तूं ? '

' तुजें थान्यार पडसर रावता हांव तुज्या वांगडा. मागीर —'

' तूं खंय चलयता ट्रक ? '

' हांगा शेनोरेर. मातसो पयस. पुण परत येवपाचो आसा चिंचे देवण्या वयल्या प्लॉटार. '

' खऱ्यांनीच देव पावलो तुज्या रुपान. नाजाल्यार घोव आसून नासून सारको. '

नानूकय समाधान मेळ्ळें. उलयतां उलयतां ताका तें येवजलें. मानुयेलान एकदां ताका ही जेवणाची अडचण सांगिल्ली. तेन्ना उपाय कोणांक सुचूंक नाशिल्लो.

आज आयतीच संद चलून आयिल्ली.

ट्रक काट्यार पावलो. नानून सारको काट्यार उबो केलो. भितल्ल्या माकनां-तल्यान वजन जालें. जनेलांतल्यान काट्यावयल्या मास्तरान वजन करून स्लीप परत दिली. नानून नदर भोंवडायली. काट्या वयल्या मास्तराक ताणें म्हळें,

'सदचे परस चड जालो मरे लोड!'

'वजन चड आसा मुरे ट्रकांत. डबल लाकडी बॉडी.' उलयतना कांट्या वयलो मास्तर हांसलो. तसो नानूय. नानून तिजेवटेन पळयलें. तिका कांय कळ्ळें ना पुण तीवय हांसली. ट्रक चालू जालो.

'राती घरयां कितें खाल्लेलें तरी?'

'खावपाक सुमरती आसली कोणाक? रात सगळी जागोवन गेली. गवळ हुल्लताना कितें काळी–चोळी वाटावता काय म्हण उज्याकडेन झुजलीं.'

'मागीर?'

कितें गावतलें उज्याच्या तोडांतसून? चार बोंदरा वाटायलीं. आंग हुलपोन मात घेतलें.'

'आंग हुलपलें?'

'हें न्हू? पळय कश्यो काती सोलल्यो.' तिणें हडड्या वयलो पालव सकयल काडलो. पोलको कुशीक सारून पोटाकडलो उज्याचो एकेक फोड ती दाखोवंक लागली. नानू पळयत रावलो. तिजे गोरे काती वयलो फोड पळोवन ताजें मन चरचरलें. पुण तिज्या हड्ड्या वयली नदर ताज्यान काडूं नजो जाली. पोलक्या भितर तिणें चोळी घालूंक नाशिल्ली. नानूचो स्टेअरिंगा वयलो ताबो धील जालो. गाडी खड्ड्यांतल्यान वचूंक लागली. पड्ड्यार चिरपुटां मारतात तशी तिज्या पोलक्यार भितल्ल्यान थानां आदळूंक लागलीं. तिणें पालव आशिल्लो तसो केलो. नानू तिका अधाशी नदरेन तेळीत आशिल्लो. ट्रक सामको कडेच्यान चलूंक लागलो. ती भियेली. तिणें नानूक पळयलो. तसो भानार येवन ताणें कावो मारून घेतलो.

'तुजें नांव कितें?'

'देवकी.'

■ ■

'पासडी पडोंक येता आमोरेचो.' रुक्मीणीन दारांतल्यान पळोवन बोटां मोडलीं. लांब बळारी सारकी धेंपा मारीत बाबुसो येतालो. खोमसाक भुजांर बुराक पडलेले. तांतुतल्यान बावळ्याक पडिल्ल्यो मावो सारक्यो दिसताल्यो. कंबराचे चेड्डेक ज्युस्त कुल्यांर फाळे गेल्ले. बुराकांतल्यान दिसपी ताच्या कुल्यांचीं चिवणां पळयतल्याक वीट हाडटालीं. चिवणां भोंवतणयां घवशे खवळे आंग उखलापून राविल्ले. पणसाच्या आंगा वयलीं सुकीं साल्टां कशीं. पोल्यांनी सामकोच तळ गांठिल्लो. हाडांवयली कात सोलपिल्यार भितल्लीं घवशीं हाडां स्पश्ट दिसतलीं आशिल्लीं. जिन्याचो मरतुकडो खूंट कसो तो दारयां उबो जालो.

'रुक्मीणआका,'

'येयलो पोसूंक.' रुक्मीणीन ताका आयकूंक येत येद्‌यान म्हळें. ताणें आयकून आयकुनाशें केलें. दरवंट्या भितर हेंवाळ्यावरी मान बागयली आनी हांतुणावयले रुक्मीणीक परत विचाल्लें,

'कितें म्हण गो आका ?'

'बस थंय.'

'आं बसतां.'

'थंय कडश्या कडेन थुंकों नाकां आं. केंसराक वीट दिसता.'

'ना. ना. केंसर येवना आजून मिनाचें ?' आनी तो थुंकलो. कडव्या भायर धेरकेल भिरकांवक ताणें नेट केल्लो पुण तितलो दम ताच्या हड्ड्यांत नाशिल्लो. धेरकेल कडव्या भितरच पडलें. तसो बशिल्लेकडेन पांय ओडीत तो मुखार सल्लो आनी उजव्या हातान धेरकेल उखलून ताणें कडव्याक पांख कशें पाखयलें.

रुक्मीणीच्या पोटांत नाळ मळमळ्ळें. जिबेर दांताची माळ घसडून तिणें तोंडांतली थुंकी थुंकयेचे कट्टेंत वडयली. कट्टी आशिल्ली तशी उशा वयर दवरीत तिणें म्हळें,

'बुरशा कास्ताचो.'

'ह्या दिसांनी खबरेक पावलों ना तुजे. केंसर येवना आजून ?'

'खबरेक म्हाजे काय केंसराले येयला ?'

किडिल्ले दांत भायर काडून तो हांसलो. रुक्मीणीकडेन पळयत ताणें म्हळें,

'कसलें म्हणोन गो पाडपडलेलें दुयेंस तुजें! आतां कितलीं वरसां जालीं गो तुकां हांतुणार पडोन? कितलीं गो रुक्मीणआका?'

रुक्मीणीन जाप केली ना. काळखांत तिज्या तोंडा वयले भावय ताका कळ्ळे ना. बशिल्ले कडेन ताणें सांसपिलेशें केलें.

'थंय कोळ्यांत आसतली इडी.'

रुक्मीणीन बोट दाखयलें तसो तो उठलो. कुल्याच्या चिवणांक ताजी चेड्डी दसली. कोळ्यांतल्यो दोन विडयो ताणें काडल्यो. एक बोल्सांत घातली. बोल्साक पडिल्ल्या बुराकांतल्यान विडी भायर पडची ना हाजी जतनाय ताका घेवची पडली.

'सगल्यो काडूं ना मरे? तो मागीर आमचेर फोग काडटा.'

'ना. एकूच काडल्या. इडयो घेवपाक विसल्लों हांव.'

'सदांच विसरता तूं! भायर कितें फुंक्याक मेयटा?'

'पंडरीबाप्पा ना?'

'तूं घाटार साकून आतांच देंवला काय कितें? तो इतले तिनसाना घरा केन्नाच्यान येता? तरी पुण आज पावत ना पावत म्हण सांगलां तेणें.'

'नजो दिसता. जाणटेपण.'

'बाबुशा, जिबेक हाड आसा मरे? म्हातारपण म्हण थंयच सोडला तेका? आयज पगाराचो दीस. ड्रायव्हरांचीं च्यायेचीं बिलां वाशील करून घेवंक रावतलो.'

'हांव आनी पावोंकूच ना हालीं तेजेसरीं.'

'हांगा येता तो पुरोना? तेका आनी पोसूंक कित्याक वयता थंय.'

'तशे म्हाजे वळखिचे खूब जाण आसा थंय.'

'आतां तुकां पोसपाक जाये म्हण दवल्ल्या तुयें वळखी करून.' रुक्मीण वोठांत पुटपुटली. बाबुसो विडये शेंवट फुसकायत रावलो. ताज्या काळश्या वोठांक धग तेंवसर तो फुंकीत रावलो. ताज्या हड्डयाचो सांपळो वयर सकयल जावंक लागलो.

'नानू केन्ना येयल्लो?'

'शेगीत एका सुमनाक तुयें पयरो पडोंक दिवना. तुजे असवडयां काय येंव ना. कित्याक?'

'खूब दीस जाले पोराचेर नदर पडल्यार—'

'पोर कित्याक? बरो आवय–बापूय आसा तेका.'

‘ आसा तर. पुण तेका याद आसपाक जाय न्हू तेंची. ’

‘ कसली याद ? तूं कितें समजलो, सोडून गेलो तो आमकां ? म्हयनो म्हयनो घरा येयना म्हण ? घराक येयलो ना तरी जोडटा तो. तुज्यासारको दुसऱ्याच्य दारांत हेडना. आतां ना येवं, मेल्या उपरांत इल्याक तरी येतलोच. ’

रुक्मीणीच्या हड्डयार पेज आयलो. तिका खोकलेची उबळ आयली. हड्डयार हात दामीत ती खाकूंक लागली. उशावयली कट्टी भरून ओतपाक पावली. हड्डयांत दुखपाक लागलें. दोनय हातांर नेट लावन ती उकणयां बसली. वणटीक फाट तेंखोवन लेप कशी रावली. सोंशेवन सोशेवन खरस जिरोंवक लागली. तिज्या खरशीच्या ठेक्यार जोतीं वाजलीं. मान बागोवन तिणे भायर पळयलें. वाटेर बाबुसो बशिल्लो. ताजे जांगे पोंदच्यान तिका केंसर दिश्टी पडलें. आतां तिजो जीव सावशीत जालो.

जोतीं म्हेडीकडेन दवरून केंसर वळ्ळें. पोतयेंतली चुंबळ पाख्याचे खाचींत मुंगल्ली. तें भितर सर्ले.

‘ आजून दिवोय लांव ना गे ? वाटेर कोण ? ’

‘ हांव तो बाय, बाबुसोमामा. ’

‘ दिवो लावंक उठटालें इतल्यान हो दिवो उदेलो. बेश्टें तोंड वाजयलें आनी खर्शेलें. ’

‘ घरांत बसोन आनीक कितें जाता तुजेकडेन ? ’

रुक्मीण वगी रावली. केंसरान काळखांत सासपीत फस्क सोदलें. चिमणी पेटयली. एक आवय कुशीक दवल्ली. दुसरी भितर आनी तिसरी बाबुशाकुशीक दवल्ली. पोतयेंतलो डब्बो भायर काडून फळयेर दवल्लो. पोतयेंतलें आनीक कितेंशें ताणें आवयची नदर चुकोवन काडलें. पुण रुक्मीणीन सदचे नदरेन हेरलें.

‘ कितें गो बाय तें ? ’

‘ आं ? पोलक्याक कुडको. तोच घेवपाक रावल्लें. तेखातीर उशीर जालो. ’

‘ पोलक्याक तेदुस न्हुगो एक घेतला ? ’

‘ जालें ! आतां एक सुवेज हाडल्यार तोपलें बुडलें. ’

‘ बाय, तुकां जाय तें हाड. जोडकार तूं, मोडकार तूं. ’

‘ जोडून जोडून हांवच मोडटां. ’

‘ कोणें म्हटलां तशें ? आमी कितें तळ्याचें उदक पियेवन दीस सारिनात. नानू

आपलो तो नायक आपलो तो पायक. च्यायेच्या दुकानाची जोड थंय तेका आपणाल्या दुर्येसाक पुरो. तुजी जोड म्हाज्या दुर्येसाक आनी पोटाक. '

' तूं शींव एक. '

' म्हाकां आतां खंय सर्णार वचपाक नवो पोलको ? '

' तिनसानचे कातरीर कायचे काय उलोंव नाकां. एक दवरचो घरांत. '

' घरांत कित्याक ? शींव तूं दोनय. बरो दिसता. कसो वार ? '

' खबर ना. फुडल्या सुमनाचे पयशे पडटकीच दिवपाचे. '

' जांव गो. फुकट काय न्हू. '

' फुकट ? फुकट कोण दितात ? '

' दिवपी खूब जाण आसात बाय. पुण ते कसल्या मोगान दितात जाणा ? फायच्या न्हूं. माल पळोवन दुड्डू दितात तशेच दितात. कोणाचे लगाडीक पळोवन— '

' जालो. सद्चो शेरमांव सुरू जालो तुजो. थंय खणीर वावराच्या तरासांनीं तकलेक थार ना आनी हांगा ह्या तुज्या उपदेसांनीं. तशें जाल्यार कामांक वचना हांव. लोक म्हणटात न्हूं, लग्नाची घोडी जाली. करात लगीन. '

' कोण म्हणटा ? '

' नांवां सांगोक बसों आतां ? कोळंबाचें तोंड धांपपाक जमत तुकां ? '

' लोकांची तोंडां म्हणचे फोंत. लोकांचो तरी कितें गुन्यांव ! दिसता तें उलयतले. आमकां पोसूंक जाय म्हण तुकां आंकवार दवल्लां. '

केंसर वगीच रावलें. खांब्याच्या आडसाक रावून मुस्तायकी बदलूंक लागलें. रुक्मीणीन पळयत म्हळें,

' बाय. '

' कितें ? '

कमराचो तुवालो सोडीत ताणें विचाल्लें आनी तें फाटल्यान हात घालून पोलक्याचे बुतांव सोडोंवक लागलें.

' घागरो कापला तो ? '

' परत जाणवायो. घागरो न्हू, साय ती. '

' इतकी मोटयी ? '

' हेज्या परस मोटवी घालता बाकिचीं. '

‘ आनी बारो येतकीच काडून दवरता ? ’

‘ किड्डी वचना तुज्यो. वाऱ्यान हुबपाक कितें पांखें तें ? वयल्यान तुवालो आवळून बांदता तो कित्याक ? ’

‘ हँ....हँ....’ बाबुसो दांत काडून हांसलो तशें केंसर भितर गेलें.

‘ तूं कितें हांसता रे. ’ रुक्मीणीन बाबुशाचेर धेंकणो घातलो. तोंडाक गुड्डो लायिल्ले भाशेन तो वग्गी पडलो.

‘ ऊठ थंयचो दारावयलो. तें न्हावंक वयता. बाय, हांगाच न्हा गो. तळ्यार नाका इतके रातिचें. ’

‘ नाकां वयतां हांव. मेयटलो कोणाय वांगड. ’

‘ हांव येंव वांगडाक ? ’

‘ नालशिंबऱ्या, बस थंय वगी. बेश्टें शिताफुडें मीठ खांव नाकां. ’

रुक्मीण परत बाबुशाचेर तापली. बाबुसो काळखांत पळयत बसलो. केंसरान उमळपाची मुस्तायकी बालदेंत वडयली. फळये वयलो शाब्बाचो कुडको घेतलो. एका हातांत बालदी घेतली. चुंबळिचो साकाटो घेतलो. आंग पुसपाचो रिस्काद तुवालो, उमळिल्ली साय, पोलको आनी हेर खांदार वडयलीं. तें वचपाक भायर सर्ल्लें.

‘ बाय. ’

‘ कितें गे ? ’

‘ खांदार सारखी वडय मुस्तायकी. ’

केंसरान तुवाल्या भायर पडिल्लो चोळयेचो दसो सारको तुवाल्यापोंदा धांपलो.

‘ काळखांत कोण पळयता ? ’

‘ काळखाकूय दोळे आसतात बाय. काळोख घातकी. ’

‘ उजवाड घातकी न्हूं ? ’

‘ आतां काळोख उजवाड सारकोच. चल बेगीन वचोन यो. बाय. ’

‘ कितें गे झांकफळ खाल्ल्याभाशेन बा ऽ ऽ य बा ऽ ऽ करून वथरेकता ? ’

‘ आतां वथरेकणीच ही. ’

‘ सांग, कितें ? ’

‘ कांय न्हूं. चलताना कित्याक पेंगता काय म्हणां. ’

‘ पेंगतां ? ’

केंसर जाप दिना आसतना काळखांत चलत रावलें. रुक्मीण आनीक उलयलीना. बाबुसोय वगी रावलो. खीणभर घरांत कोणूच ना कशें दिसूंक लागलें. पेत्रोलाचे दिवे मात धुंवर ओंकीत रावले.

' पेंगता खरें. पायांत कितेंय भल्लां जायत. '

' तूं कित्याक पेंगता ? पायांत भरों नाजाल्यार जांगेंत भरों. '

' सोयरीगत पळोंवक जाय केंसराक. '

' तितकीच पळोवपाची उल्ल्या तुयें. तेका सोयरीगत पळोवपाची आनी मागीर तेज्या दारांत वचोन पडपाचें. नाजाल्यार आनीक उद्वेग जाता कितें तुजेकडेन ? '

बाबुसो वगी बसून चिंतीत बसलो. रुक्मीण तशीच उठून चुलीकडेन गेली. काडी-बडी लागीं करून तिणें चुलींत उजो पेटयलो. ओणव घालून परवंत परवंत आदनाक दवल्लें.

' येवन आंग फापुडलें नाजाल्यार उजो तरी केलो. '

' लायलो कोणें तरी. '

' कितें ? सपनेलो काय कितें रे ? '

' ना. दिंगण्या गवळाक गो. कोणेंतरी उजो लायलो फाटल्या दिसांनी. '

' दुसऱ्यांच्या संवसाराक उजो लावपी मनीस आसता ह्या संवसारांत.'

रुक्मीण परत भितर गेली. इतले म्हणसर केंसर न्हावन-धुवन आयलें. ओली मुस्तायकी ताणें बालदेंत पिळ्ळी आनी दाणयेर सुकत घातली. चुंबळिचो साकाटो दाणयेर वाळगत वडयलो. तो निस्तत रावलो. काळखांत वणटीक तेंकून बाबुसो केंसराक कावळ्याचे नदरेन तेळीत बसलो. पुण चिमणेच्या सिणसिणत्या उजवाडान आनी कुलपाद दोळ्यांतल्यान ताका स्पश्ट कांय दिसलें ना. केंसराचो आंगलोट ताका पंदराबीस वरसां आदिंचे रुक्मीणी सारको दिसलो. तो येवजीत रावलो. येवजितां येवजितां ताका उगडास आयलो. चवथी आदलेदीस तो रुक्मीणीक तळ्या वयलो हातो घेवन आयिल्लो. नाखाच्यो पुडयो फांकरून ताणें त्या वासाचो अणभव घेतलो.

' वास येता. कसलो गो बाय ? '

' पोतयेंत मोगऱ्यांची पटी आसा. '

' कोणें दिल्ली ? '

' नांव बरयलां तिजेर. फाती सुद्दां माळपाक मनाय. '

‘ खोप्यांत जाता तितकीं माळ. पुण फुलांक लागोन चेडूं मनशाचे पावल चुकता बाये. बासूच तो. त्याच नाखान घेवपाचो आनी तेंच नाख कापपाचो. ’

‘ ते खातीर पेटलांत घांपून दवरची आपले धुयेक. कोणाची नदर लागचिना. खंय पावल चुकचें ना. ’

‘ अणभवाचें सांगता गो बाय ! ’

‘ कित्याक, तुजें चुकलेलें पावल केन्ना ? आंकवारपणांत ? लगीन जावन ? ’

रुक्मीण आपलें आवयपण वळखून वगी रावली. केंसर पेज रांदपाक गेलें. रुक्मीण ताका जाता तितलो आदार दिवंक लागली. दोगांयनी पेज रांदली. पंडरी राती–कातिचो येत म्हण ताजो वांटो बुडकुल्यांतच दवल्लो. वयल्यान मांड घांस्ली. आलीमेनचे वाटलेंत सरसरीत पेज घालून ताणीं भायर बशिल्ल्या बाबुशा म्हऱ्यांत व्हरून दवल्ली. खोल्यार आंबलेची शीर दवल्ली. बाबुसो तसोच उठून बसलो. येदो वेळ कुल्याची चिवणां किचमीत राविल्ल्या हातान ताणें पेजेचे भुरके मारूंक सुरवात केली. दोन घांसासरशीं तोराचो कुडको खालो, घटघट निवळ घोटून तळाची पेज्ये–कुर्यां तो वेचूंक लागलो. फोड आयिल्ले आलीमेनचे वाटलेंत तायटाच्यो काती सोलसर ताणें हात भोंवडायलो.

‘ ही म्हणी उशाक घेवन थंय सोप्यार न्हीद. ’

‘ अं. ’

‘ खोंकली येयल्यार भायर थूंक. नाजाल्यार वणटीर रंगपंचम करशी. म्हाज्या जिवाच्यान नजों आतां शेण काडूंक. ’ रुक्मीणीन ताका भितल्ली म्हणी हाडून दिली. भायर येवन केंसराच्या हातार ती उदक घालूंक लागली. केंसरान कारयाच्यो दोनय वाटल्यो धुल्यो. कागदा वयलीं बांगड्यांचीं बोडकां कागदान गुटलावन कडव्याभायर भिरकाटायलीं. हात गोबरान धुतकीच ताणें हाताचो वास घेतलो आनी तें उठलें. उठपाक ताका स्रम पडले. पुण आवयचे नदरेक ताणें पडूंक दिलें ना.

‘ पडशी बाय, दार उकतेंच दवर. ’

‘ उकतेंच ? ’

‘ हो येयत घडये चिंचे देवण्यार साकून रातिचो. मर्दीं तुजी न्हीद पेड्ड्यार जावंक नाका. ’

उशाक म्हणी घेवन बाबुसो सोप्यार लवंडलो. मेल्ले घोटाली सारकी ताणें

गुटली केली. पुण ताका झेम आयलिना. रुक्मीण आपल्या हांतुणार पडली. तिणें दिवो वाडयलो. केंसरूय भितल्ले वटयां न्हिद्‌लें. पुण सदच्यासारकी ताका न्हीद पडलिना. तें कूस परतीत रावलें.

पंडरील्या घरांतलो दिवो वाडवलो तेन्ना कोळंबार शेकानशेक काळोख भल्लो-घरांचीं पांखीं आनी झाडांचे शेंडे एक जाले. गाड पाचवो कोर काळखांत भरसून सगळो वाठार किट्ट काळो जालो. गोठ्यांनी गोठोभर गोरवां नाशिल्लीं पुण आशिल्लीं तीं एकलेपणान बुजून वगी रावलीं. तांचो रवंथ लेगीत बंद जालो. सुणीं कोनशांक आंकडे करून पडलीं. चिंचेदेवण्या वयलो आनी शेनोरेच्या प्लॉटा वयलो गडगड्डय आज नाशिल्लो. नाजाल्यार मिर्गाच्या कुपांचो गडगड कसो आवाज बार्जी भरताना जातालो- त्या बोवाळाची थोड्यांक संवय जाल्ली. नवख्यांक मात दोळ्याक दोळो लागनाशिल्लो. कोळंबाचे जिणेच्या एका आंगाचो तो आवाज आशिल्लो. पुण आज राती तें कांयच नाशिल्लें. कोळंबार इतली शांतताय सामकीच म्हारग जाल्ली. कोळंब कोणें अचळय उखलून व्हेल्यार लेगीत कोणाक सुळूस लागची नाशिल्ली. कोणाची पातकडी हालची नाशिल्ली.

आनी भर मध्यान्ने पंडरील्या घरांत अकस्मात दिवो लागलो. पेटयिल्लो दिवो थरथरत्या हातात घेवन रुक्मीण उबी रावली.

‘ बाय....बाय, कित्याक किलांट माल्लो गो ? सपनेलें गो ? ’ रुक्मीण मोडल्या कंबरान भितर वळ्ळी. चिमणेच्या उजवाडान तिणें केंसराक पळयलें. हुमेन तें थरथपलेलें. ती आनीक मुखार गेली. केंसर उठून बसलें. ताजो पोलको गळ्या-कडेन आडलेलो. केंस फासपल्ले. कंबराची साय सकयल देंविल्ली. रुक्मीणीन ताज्या कंबरार चादर वडयली. तिकाय हूम सुटली. कितें घडलां तें कांयच होल-मलेंना. ‘ बाय...बाय ’ करीत ती केंसराक सासपूं लागली. आनी तिका दुबाव आयलो. तिणें हेवटेन तेवटेन पळयलें.

कडव्याचे खांचीक बाबुसो खूंट कसो उबो आशिल्लो. एक हात गळसणी लागिल्ले चेड्‌डेक आशिल्लो आनी दुसऱ्या हातान तो आपणाक जाता तितलो खांचींत ओडून घेतालो. ताका हूम सुटल्या काय आतांच तळयार न्हावन आयला म्हणपाचें कळनाशिल्लें. रुक्मीणीन कडव्याचे एके कांबीक हात घातलो. कच्च करून कांब ओडली ते सरशीं ती खूंट कशी उबी जाली. फाटफुडो पळय नासतना तिणें बाबुशाच्या हातार, पोटार, पांयार, जांगेर, फाटीर मेळत थंय

घाडावपाक सुरवात केली.

'भेझवऱ्या, झंवपिशें लागलां तुकां. म्हाका कुरार केल्या आनी अशी हांतुणार वडयल्या. कुसक्या कास्ताचो. कसली करवाद घेवन येयला. गाण कुसल्या. आण कुसला—'

'मेलों आका ऽऽ'

'आवयझवऱ्या, आका म्हटलें आनी आकाच्या फुडयान न्हिदलो. मामा म्हणोन आतां भाचयेच्या फुडयांत न्हिदोंक सोदता ?'

'पांय मोडलो ऽऽ'

'मोडोनी. बायल मीग करता थंय चल आनी लाय तिका तुजी करवाद. तिका दुसऱ्याच्या फुडयांत न्हिदयता आनी हांगा पासडी पडोंक येता...'

'वयतां गो ऽऽ'

'परतो हुंबरो चडशी जाल्यार फोणूच भरतां तुजो.'

* * *



चिंचेदेवण्याक जाग आयली ती कोंब्याच्या सादार न्हय. सकाळच्या स वरांर रातपाळयेची शिफ्ट सोंपली. तेसरशीं भोंगो वाजलो. रातपाळयेचे लोक दोळे चोळीत कामावयले पयसावले. सं क कामार रूजू जावपी हांतुणावयले उठले. रातीं दोळयांच्या पातकड्यांकडेन एकठांय जाल्लो धुल्ल ताणीं पुसलो. हाताक मेळटा त्या आयदनान उदक घेवन तोंड चोखाळलें. दोळयांर उदक माल्लें. धुल्लांत माखिल्ली पेंट कंबराक आंवुळली. खोमीस भुजांर चडयलें. पायांत व्हाणों घालून ते भायर सल्ले. पावडर गाळपाच्या पोटयार वळ्ळे.

स जांवचे आदीं पंडरी लापयांव घेवन बांदावयल्यान आयलो. कोळंबार सावन चिंचेदेवण्यार पावपाक ताका सारकें अर्दवर लागतालें. सदचे संवयेन तो उठिल्लो. कोंब्याच्या सादार उठपाची आतां कोणाक संवय नाशिल्ली. मिनाच्या गडगडान कोंबे तिनसांजा, मध्यान्ने, फांत्यार, खंयच्याय पारा साद घालताले. ताचेर आतां कोणाचो भरंवसो नाशिल्लो.

पंडरी प्लॉटार आपणाल्या च्यावेच्या दुकानार पावलो. दार म्हण नावांक केल्ल्या पिनिच्या फळयेचे ताणें कुलप काडलें. चावी तशीच मुजीक हुमकाळायली. तो भितर सल्लो. मल्लांच्या कडव्याक बुराक मारून जनेलां केल्लीं. तांचेर साकाचे कुडके लांबयल्ले. ते गुटलावन ताणे कडव्याचे कांबींत खोयले. मातसो झिळमिळो उजवाड भितर फांकलो. ताणे व्हाणों काडून कोनशाक दवल्ल्यो. त्यो धुल्लाचे गादयेर कश्यो उल्ल्यो. बोलसांतलें फस्क काडून ताणे उजवात पेटयली आनी माथ्यावयल्या पांयजेला भोंवतणयां हुंवाळून फास्केक खोयली. पांयजेलाचे फास्केंत कसलें चित्र आसा म्हणपाचें निखालूस दिसना आशिल्लें. हातान फडको घेवन ताणे बसपाच्या बांकार माल्लो. धुल्ल हुबलो. वयर गेलो. आनी आशिल्लो तसो बाकांर विसावलो.

पंडरी भितल्ले वटयां गेलो. चुलींत ताणे उजो केलो. काल शिजयिल्लो चावेचो पालो कोनशाच्या गोबरांत ओतलो. इतले म्हणसर मागीलदारची कवडी आपशींच उकती जाली. भायल्यान हांडीर दोड घेवन देवकी भितर आयली. रित्या कदयांत तिणे दोड वोतली. दुसरे दोडीन कदें उपाट भल्लें. देवकी आयली तशी रिती दोड घेवन परत गेली.

दुकाना कुशीक तिजी खोपटी आशिल्ली. च्यावेच्या दुकानासारकीच मल्लांनी शिंविल्ली. मल्लांचो कडवो आनी मल्लांची कवडी आशिल्ली. तिजेथंय वचपाचें जाल्यार चावेच्या दुकानांतल्यान वचचें पडटालें. नाजाल्यार भायले वटयो भोंवताडो मारून वचचें पडटालें.

चिंचेदेवण्यार पावलांची दाटी जाली. पलतडच्यान पयली तार आलतडीं लागली. ते सरशीं पलतडी रावन लोक तारयाक सादोवंक लागले. थार धरिनासतना एक्कार एक कुयो घालूंक लागले. तारींतलो लोक देंवलो. कोणेंच तारयाक पयशे फारीक केले ना. पयशे सुमनाचे सुमनाक दिवपाचे आशिल्ले. कामेन्यां सरळ वावराकडेन गेलीं. मानांय धड चडून वयर सल्ले आनी ओणंव घालून चावेच्या दुकानांत रिगले.

‘ बाप्पा, एक च्या कर गरमशी. ’

‘ एक कांकण दी. ’

‘ बाप्पा, साकर मात्शी उणी जाली मरे. ’

‘ साकर म्हारक जाली. म्हारकूय मेळना. ’

‘ कांकणांय भागलीं ? ’

‘ पीठ तरी खंय मेयटा ! ते फिरंगी गेले ते उंडेय गेले. ’

‘ बाप्पा, एक खुटी च्या कर रे. ’

‘ खुटी कित्याक रे ? दुदाचे च्यायेन दुदकें जायत म्हण भियेता ? ’

‘ बाप्पाले असले मुतके चायेन ? ’

‘ बोटीर सगल्या वस्तुंचें बिलॅक जाता. साकरेचें जायना ? ’

बोटीवयले लोक आंगावयल्यो घडयाळी, बानयानां, खोमसां विकून वयता. साकर पोतयांनी हाडची पडटली. ’

‘ तुकां कितें कयटा ब्लॅकांतलें ? ट्रक उसपुवपाचें तुजें काम. ’

‘ हे पळय बार्जिकार येयले. विचार तेंकां. ’

ओणंव घालून बार्जीवयले खलाशी भितर आयले, कोणें पेन्ट घातिल्ली, कोणें लुंगी बांदलेली. घागरो कशी पांयामेरेन सोडलेली, कोणें तुवालो कशी कवळ्ळेली.

च्यावेच्या मेजांर ग्लास एकामेकांक आदळूंक लागले. खिदळावन ग्लासांतले हुनहुनीत थेंबे मेजार सांडूंक लागले. लाकडी मेजांर ग्लासांच्या पोंदाचीं चक्रां उदेलीं. एकामेकांत आंग भरसूंक लागलीं. मनशांच्या आवाजान ग्लास, पिरयांचे आवाज मिसळून गेले. चावेचो घोंट पोटांत वचनाफुडें खणीवयल्या कामाक नेट आयलो. दुकानांतली गर्दी उणी उणी जायत रावली. पंडरीन पाटयेर गिरायकांची उदारी बरोवपाक सुरवात केली. उगडास करून करून आंकडया मुखार आंकडो तो घालूंक लागलो. मर्दीच वचून ताणे ग्लास धुले. पिरयांर फडको माल्लो. दुकानांत दोगांच गिरायकां बशिल्लीं.

'बाप्पा, तुज्या केंसराक कित्याक दवरिना दुकानार?'

'तेका आनीक कित्याक हांगा? म्हाजोच दिसावडो सुटना. सगळो उदारी वेपार. हातीर पडटा तेन्ना म्हाजें.'

बाप्पा भितर गेलो. दोगांयनी विडयो पेटयल्यो.

'केंसराक हांगा दवल्ल्यार गर्दी खूब जातली न्हू रे?'

'च्या पिवपाक काय केंसराक पळोंवक?'

'फळोंवक.'

दोगय हांसले. बाप्पा भायर आयलो. ताणे तांचेमुखार च्याव दवल्ली.

'बाप्पा, तुजो चेडो खंय रे?'

'तो ड्रायव्हर आसता खणीर.'

'धाडटा मरे तुकां कितें? जाण्टेपणांत तुकां आनीक आदार कोणाचो?'

'धाडटा.'

पंडरी पुताचेर चड उलोवपाक तयार नाशिल्लो. तो भितर वचून कामाक लागलो.

'चेडो धाडटा माती. तेका पिवपाक आनी नायकिणींक पुरो. शेजराची देवकी तेणें दवल्ल्या मरे.'

'नायकीण?'

'ड्रायव्हरांक रांदून वाडूंक खंय. हो खंय आसा ह्या प्लॉटार कामाक? पुण पयरो पडोंक दिना. खबरेक येता.'

‘ बापायचे ? ’

‘ बापायक फुटके पायलेन मेजता. देवकेक भेटोंक.’

‘ ती इतकी जाण्टी ? ’

‘ जाण्टी जायत पिरायेन. आंगान तन्नी आसा ती. आनी काळखांत पिराय किऱ्याक लागता ? ड्रायव्हर तो. गिअरान सारकें पडलें म्हणटकीच जालें.’

‘ पळय, सुपरवायझर देंवलो. ’

‘ च्यायेक येता दिसता. चल बेगीन. आमचेर तापय काडटलो. कामेऱ्यांक जाल्यार कांय करिना तो. ’

‘ करिना ? ’

‘ कांय उलयना. ’

‘ कामेऱ्यांक एक मुदी आनी दोन दुदी आसतात. आमकां कितें आसा ? ’

ताणीं कूस माल्ली. सुपरवायझर भितर सरून च्यावेक बसलो. माथ्यावयलें ॲलमेट ताणे मेजार दवल्लें. तकलेवयल्यान हात भोंवडायलो. हातांतले पटयेर हिशोब करतां करतां ताणे च्यावेची ऑर्डर सोडली. भितर दोणांत दोड रिती करताना ताणे देवकेक पळयली.

‘ बाप्पा. ’

‘ आनी कितें हाडूं ? ’

‘ हांगा योरे. ’

‘ कितें ? ’

‘ भितर बायल मनीस कोण रे ? कापड न्हेसलेली ? घराकान्न तुजी ? ’

‘ न्हूं. ’

‘ मागीर सून दिसता. ’

‘ पुताचें लगीन जांवचे आदींच ? चेड्यान दवल्ल्या. ’

‘ दवल्ल्या ? ’

‘ ड्रायव्हरांक रांदून वाडूंक. ’

पंडरी तणतणत भितर गेलो. केदो वेळ भायरच आयलो ना. पंडरी भायर येत म्हण सुपरवायझर तिश्टलो आनी ॲलमेट हातान हुमकाळायत शिळोणी घालीत भायर सल्लो.

खणीवयल्यान ट्रक धडधडत चिंचेदेवण्यावयले परायेर येवपाक लागले.

चडूणां–मोडूणां वयल्यान धुल्ल हुबयत प्लॉटार रावपाक लागले. लाकडी बॉडिंचे ट्रक मानाय उसपूंक लागले. तांकां टना फाटल्यान पयशे सुटटाले. टिप्परी आपशींच भोंकां वयर करून परायेर रित्यो जावंक लागल्यो. लाकडी बॉडिंचे ड्रायव्हर ट्रक उसपीसर वेळ सारूंक मेळटा ताजेकडेन चकाटां मारूंक लागले. कामेऱ्यां पावडर गाळटा ते सुवातेर वचून पचपचीत उलोवन तोंडाची खाज भागोंवक लागले. कटो करता, फातर दाळटा थंय बसून कामेऱ्यांक तेळूंक लागले. सुपरवायझराकडेन झांकडी वाडूंक लागल्यो.

'बो मास्तर, तुजी कामेऱ्यां करपाक कशीं रे? वावर रे मिनाचो.'

'कसलो मिणांचो? तुजें उतर गाड वयता काय कितें रे?'

'वस्ताद तूं मास्तर,'

'सांग, कितें चल्लां खणीर?'

'खणीर घटघट काळश्या फातरांशिवाय कांय ना. हांगा सगळें मोव.'

'खणीर कांयच ना?'

'आसून नाशिल्ल्या सारकें. सगळीं सारटीकारां मरे. तोंडाक पळयल्यार हागोंक जांवचेंना.'

'हो बरो दिसता गांवठी माल.'

'बरो तर. सामको सिक्स्टी फाय परसेंट आयनोर. मास्तर, तुजीं कामेऱ्या आकांत.'

'कित्याक?'

'पापया, हीं वावराक येयल्यां म्हणटलो कोण? आनी सगळीं आंकवार मरे! कितें नखरे! केसांचे आंबाडे.... विणयों.... कोंगऱ्यो पटयो आनी कपडयांच्यो कसल्यो मोदी! पणजे–मडगांव शारांत लेगीत असल्यो मोदी येवंक ना आजून.'

'सगळें हांगाच साकून ट्रान्सोर्ट करतांत न्हुरे आमी.'

'मास्तर, चान्स रे तुजो. पावसांत आनी हेंची ओलीं आंगां तुजो आण पेटयतलीं मरे!'

'कितें?'

'आंग रे.'

'वोतांत करपतलों काय चेडवांचीं फकांणां मारतलों! तितूत सगळीं तसलीं नासता. मर्दी मेदमिदूंय घेवचें लागता. तेदुसा दोगां जाणां काम सोडून गेलीं.'

‘ अशें ? आनी आतां काम तरी खंय उल्लां मानायां–कामेऱ्यांक ? सगळी मिशिनरी. फाल्यां खणीर साकून बद्द मुरगांव बॅल्ट लावन माल पासार करपाक मिनेर फार्टी नात. ’

‘ चल. जालो उसपून ट्रक तुजो. तुजे फाटल्यान कोण रे ?

‘ मानुयेल. हो पय, पावलो. दोफराय दोफराय दोफरायता. ’

मानुयेल टिप्पर घेवन प्लॉटार पावलो. रिव्हर्स घेवन परायेर थांबलो. तशें फाटलें भोंक उखलपाक लागलें. कुशिच्या कामेऱ्यांक पळोवन ताणे म्हळें,

‘ आगो चेडवांनो, कुशीक सोराय. म्हाजें उबें जालें. कुशीक सोराय. तुमच्यांत ओतत. मागीर वोखोद सोदीत कुण्ण्या–दिंगण्या धांवचें पोडटोलें. ’

माल ओतपाच्या बोवाळान कोणाक कांय सारकें आयकूंक आयलेंना. ट्रक रितो जालो. ट्रक दुकानाकुशीक थारोवन मानुयेल सकयल देंवलो. खोमसाचे बुतांव सोडोवन ताणे खोमीस भुजांर ओडलें. तो भितर सल्लो.

‘ ओ बाप्पा, केशी आसाय खोकली तुजी ? ’

‘ बरी आसा. ’

‘ बोरी आसाय ? खोंकली वचोंक जाय मुरे. एक कारेंगाद च्या कोर चोवया. सोंजमोंगनाय. ’

‘ करतां. ’

‘ बाप्पा, च्या करचे आदीं खोंकून घे. घेरकेल भायर उडोय आनी मागीर दूद घाल, गोमलेंय ? ’

‘ गोमलें. तू खंय वयता ? ’

‘ खुंय वचोना रे. तुजो धोवोळ पिवंक पावलोना जाल्यार दुड्ड पाग कोत्तांय. सोंजमोंगनाय. ’

‘ दुडवांक न्हू रे. ’

‘ दुडवांक न्हू कित्याक ? दुडवांक लागोन चालुना तुयें हॉटेल ? बाप्पा, दुडवांक लागोन कितें कितें घोडटा ह्या संवसारांत, जाणांय ? ’

‘ कितें घडटा ? ’

‘ चोयशी तूं तुज्याच घारांत. ’

पंडरी मोन्यानी च्याव घवळूंक लागलो. मानुयेलान भितर येवन ग्लास तोंडाक लायलो.

‘ बाप्पा, कोळंबार तोयावयल्या देवचाराक बोकरो माल्लाय खुंय मरे आयज. ’

‘ म्हाका खबर ना. ’

‘ खोबोर ना ? तूं राजा कसो आसलो न्हुरे कोळंबाचो. सोगल्यान गिरेस्त. ’

‘ सोंपलें तें आतां. चार दिसांचे राज्य आनी चार दिसांची गिरेस्तकाय ती. कित्याक बोकरो ? ’

‘ हांव जाणांय ? मिनाचे दुड्डू चोड मेवोना म्हुण मिस्ता.’

‘ तुका कोणें खबर पावयली ? ’

‘ आमकां कोसली गोजाल केन्ना लिपोन उल्लाय ? कोण कोणाचेर केन्ना चोडलाय तेजें लिस्ट आसता आमचे लागीं. तुज्या चेडवान—’

‘ कोणें सांगलें ? ’

‘ तुज्या चेडवान न्हू रे. कोळंबा वयल्या एकल्या चेड्यान सांगलें. ’

मानुयेलान चुकून जीब लाससर घोंट माल्लो. तोंड उकतें करून सूं सूं करूंक लागलो. रितो ग्लास ताणे मेजार आदळ्ळो. ताका अकस्मात उगडास आयलो तसो तो उठलो.

‘ बाप्पा– ’

‘ कितें ? ’

‘ देवकी कितें कोत्ता रे ? ’

‘ हांव पळोंवक गेलां ? ’

‘ कित्याक वचोंना ? तुकां वांगोड मुरे. तूं काजारी, ती काजारी. तुज्या पुतान सारकें केलां. ’

‘ म्हाका वांगड हाडला. ’

‘ मागीर कोणाक आपणांक ? आयज येतोलो तो. ’

‘ येतलो ? येतलोच तो. येंव दी. धारेर धरतां. ’

‘ चोय, तो धरून येता. सोंजमोंगनाय. ’

‘ तेगेर हांव जांवना. ’

‘ चोय, नाजाल्यार जाण्टेपोणांत मेर्दमिर्द घेवशी. ’

‘ अं. ’

मानुयेल उलयत उलयत दुकानांतल्या फाटल्या दारसून भितर गेलो. सामको देवके म्हन्यांत.

‘ हे देवकी, जालें जेवोण ? चोल झोवया. जेवया मुगे ?’

‘ येदे सकाळीं ?’

‘ केसो सोकाळ गे ?’

‘ बस.’

‘ फोकाण केलें गे. येदे सोकायीं कोणांक जेवंक जाय ? तुकां चोयत बोसल्यार तान लेगीत लागपा ना.’

देवकेन पालव सारको केलो आनी. ती फातरीर मिरसांग वाटूंक लागली. तिज्या फुडयांत तामरेतीर मानुयेल बसलो. मिरसांग वांट्टाना तिका बारीकसाणेन पळोंवक लागलो.

‘ मिरसांग वांट्टाना होड्डें वोयर सोकला जाताय न्हू ? ट्रक दोफरायताना लेगीत तोशेंच जाताय. एसो कालोर जाताय कि खोंमीस काड्टांय, येशें खांदार बोडोयतांय. देवकी,’

‘ आं.’

‘ तुकां कालोर जायना ? मिरसांग वांट्टानाय ? उज्याकोडेन रावतानाय ?’

‘ कितें करतलीं ? हूम गाळल्याशिवाय कितें मेयटा ?’

‘ सारकें. कोश्ट कोरचे लागता, तेन्ना तावो ओलो जाता.’

‘ खरें बाबा. नाजाल्यार घोव–बायल आसून फुकट.’

‘ देवकी, तुकां घोवाचो उगडास येयना ?’

‘ पुणं उगडास करून उपेग कितें आनी मुद्दम उगडास कित्याक करप ?’

‘ चोय गे. सामको रातिचो येयना उगडास ? सांग गे हांव कोण पोरकी ?’

‘ उगडास येता घोवाच्या कर्तुबांचो.’

‘ कत्तुपां ? केसो कोत्तुपां गे ? कितें कोत्तालो ?’

‘ तेणें कर्तुबां केल्यार कांय नाशिल्लें. घोवाक अधिकार तो. पुण हो चेडयेचो—’

‘ सांग गे.’

‘ परक्यांक हाडी. तेंचे कडल्यान दुड्डू घेय आनी म्हाका दिसा धवळ्या तेंच्या फुडयान न्हिदपाक लायतालो.’

‘ घाटवोल फोद्रेचो. हिंगा दिसल्यार चोय आणूच कापून काड्टा आसलों. देवकी, मागीर तूं कितें कोरी ?’

‘ कितें करतली ? हांयें जोडप. हेणें मोडप. सोरो पियेवन म्हाका येतिश्ट मारप. वयल्यान अशाय पाडया कर्तुबांनी जोडप. सोंसलें दोन तीन वरसां आनी एकदीस वैदासांक इटोन भायर सर्ली. शीळ होगडायचें पडल्यार खोश्येन जाय तेजेकडेन होगडायन पुण तूं सांगता तेजेकडेन न्हू. ’

‘ मोटी कापास मुगे. ’

‘ कितें करतलीं ? लज घल्यार पेज मेयटा ? ’

‘ सारकें तुजें. त्या चेडयेच्याक तोहेंच फावो. तुकां जाय तोहें तुवें कोरोप. आमी आशांच. तेका थंयच मोरोनी. खूंय आसता ? ’

‘ जाणों कोण खंयच्या फोणान आसता म्हण. ’

इतल्यान भायर पंडरीचो आवाज चडलो. तो कोणांक तरी तापयतालो. मानुयेल उठून भायर गेलो. पंडरी बाबुशाचेर खोवले फापुडटालो.

‘ बसता जाल्यार बस थंय वगी. ’

‘ बसलों बाप्पा. ’

‘ बुरसो. हजार बीज्या कास्ताचो. मेयटा थंय थुंकता. च्यायेचें दुकान म्हण कळना ? ’

पंडरी उलयतां उलयतां कडश्याचेर थुंकलो. इतल्यान बाबुशाची मानुयेलाचेर नदर पडली. पायान कुटत तो उठलो.

‘ मानुयेल मरे. वळखना ? ’

‘ बाबुशाक मानुयेल वोडकोना ? केसो जातोलें ? पांयान कित्याक कुड्टाय रे ? कोणें मोडलो ? ’

‘ पडलों. ’

‘ कोणाचेर चडलो मिस्ता. वडयलो सोकला. तेन्ना जाय तेजेर चोड्टालो; आतां तुकां कोण लागीं घेताय ? ’

‘ पळय मानुयेल, ’

‘ कितें ? ’

‘ कालच्यान जेवंना. ’

‘ चोल जेवोण घालतां. ’

‘ आयज एक दीस घालशी. ’

‘ मागीर हांव कितें खानावोल घातल्या ? तुकां सोद्दां फुकोट पोसपाक ? ’

' कसलीय शिर्वीस दी. '

' तूं सोगल्यांक चाकरी दिवपी. तुकां सिर्वीस जाय ?; चोय, मुजी कोंपोनी आसली जाल्यार कोदेलार बसोवन फोकोत इडयो-सिगार फुसकोवपाची तुकां चाकरी दितों आसलों. सोंजमोंगनाय. '

' मोडलेल्या खुरसाक कोण चेपें काडटा ? '

' मुजीं फोकाणां कोत्ताय ? चल, खूब दिसांनीं इश्ट मेवला तूं. एकामेकालें खाताले आमी. आयज तुकां जेवोण घालतां. '

' पयस चलोंक नजों म्हाज्यान. '

' चलोंक नेजो ? मागीर सिर्वीस केसो मॅनेजरासारकी जिपींनी भोवपाची कोत्तोलो ? यो हिंगा. '

मानुयेलान ताका भुजांक धरून भितर हाडलो. देवकी चुलीकडेन आशिल्ली. ताका तामरेतीर बसोवन मानुयेलान भितर उलो मारून सांगलें,

' देवकी, मुज्या इश्टाक जेवंक घाल. ते म्हणसोर हांव एक ट्रीप घेवन येतांय. '

बाबुसो उकणयां बसलो. ताका सामकी तान लागिल्ली. च्याव मागचे आदींच पंडरीन् धेंकणो घालून ताजें तोंड बंद केल्लें. हेवटेन तेवटेन पळयत ताणे म्हळें,

' पेज इल्ली आसल्यार पिवपाक... '

ग्लासांत निवळ घेवन देवकी भायर आयली. प्लॉटावयलो सद्‌चो एक सुणो जिब्ली चाटीत कवडेकडेन आयलो. आपणांक पेज घालीत म्हण आपणाल्या आयदना म्हऱ्यांत शेपडी हालयत रावलो. देवकेच्या हातांतलो ग्लास घेवपाक बाबुशान हात मुखार केलो. त्या ग्लासांतल्या निवळाबगर ताका आनीक कांयच दिश्टी पडना आशिल्लें. ताजी सगळी तान वोंठार एकठावलेली. देवकेन ग्लास मुखार केलो. बाबुशाच्या हातांत पावलो लेगीत...आनी चक्क करून तिजी नदर ताज्या तोंडार पडली. खीणभर ती सैमांक आयिल्लेवरी तशीच उल्ली. शिळा कशी. फाटफुडो पळय नासतना तिणे बाबुशाच्या हातांतलो ग्लास तसोच हिसकावन घेतलो. आनी सुण्याच्या आयदनांत रकयलो. ती भितर गेली. बाबुसो सुण्याक पळयत आंवडो गिळूंक लागलो.

■ ■

दनपारच्या जेवणाचो वगत जालो. प्लॉटावयल्या कामेऱ्यांनी मेणकुंबयाचे दाट सांवळेंत बसून डबे सोडले. मानांय पांय पातळून बसले. बसकेक माथ्याचो तुवालो घेतलो. एकामेकाच्या करणांतली आंबलेशीर, बांगड्याकुडको पासार जावपाक लागलो.

ट्रकांचो गडगड थांबलो तशी चिंचेदेवण्यार शांतताय पातळ्ळी. लागीं घर आशिल्ले तार काडून पलतडीं जेवणाक गेले. ड्रायव्हर देवकेले थंय भुसाक गेले. सद्‌चे संवयेन आपापले सुवातेर बसले. च्यावेच्या दुकानाक आतां खानावळीचें रूप आयलें. देवकी भितर ताटां धुवंक पुसूंक लागली. मानुयेल ट्रीप घेवन आयलो. देवकी ताटां भरता थंय तिका गजाली सांगपाक लागलो. भितोड्यां वणटीक तेंकून बाबुसो येतल्या वतल्याक पायांपासून तकलेमेरेन तेळीत बसलो.

आपले कंपनीचो ट्रक घेवन नानू चिंचेदेवण्यार आयलो. वेगळ्या ट्रकाचो आवाज आयकून कामेऱ्यां मानायांनी मानो वयर केल्यो. नानून बाकिच्या ट्रकां-कुशीक ट्रक उबो केलो. हेर ट्रकांपरस तो सामकोच वेगळो दिसूंक लागलो. वळखिचो आवाज आयकून देवकी बेश्टेंच निमित्त करून भायर आयली. तिणे नानूक पळयलोसो केलो आनी आयली तशी भितर गेली. वोताच्या खरखरांत एक थंड शितळ वावाचो झोत आंगावयल्यान गेल्लेवरी नानूक दिसलें. त्याच नेटार तो मुखार सल्लो. नानूची ही अवतीकाय दुकानाच्या दारार रावन ताका तेळपी पंडरीचे नदरेंतल्यान सुटली ना. वाल्याक हात पुशीत तो तसोच उबो रावलो. दनपारच्या वेळार तो इतलो वगत मेरेन केन्नाच थारनाशिल्लो. नानून लागीं पावनाफुडें बापायक हडकिलो,

‘ बरा वचोना आजून ? ’

‘ घर फकत म्हाकाच ? ’

नानू गोंदळ्ळो. बापायच्या उतरांतलें वेगळेपण ताका जाणवलें. शितळ भाशिल्लें ताका आता परत गुजगुजूंक लागलें. पंडरीचो आवाज देवूंक नाशिल्लो.

‘ घर फकत म्हाकांच ? ’

‘ म्हाकां जेवपाक येवंक मेळना न्हू बरा. ’

‘ काम नासतना तुजो ट्रक चिंचेदेवण्यार येता. तळ्यावयर थारना ? ’

‘ आयज येयलां हांगा. ’

‘ हांव जाणां केन्ना येता तो. ’

‘ केन्ना येता ? ’

नानूच्या प्रस्नाचो आवाज बदल्लो. हात आडवो करून चलतल्याची चाल आडायता तसो ताणे बापायक थांबयलो. ताज्या दोळ्यांत सोन्याची मस्ती पंडरीक स्पश्ट दिसली.

‘ केन्ना येता रे ? ’

‘ तूं तापता कोणाचेर ? शिंगां आदलीं काय कान आदले ? ’

‘ तसल्यो जाणवायो नाकां. ’

‘ हांव तुगेर जाल्लों रे नानू ? ’

‘ सांगलें न्हू. तसलीं शापोतां नाका. हांगा केन्ना येतां सांग. ’

‘ सांगों ? ते देवकेक हांगा हाडून दवरीत मेरेन. ’

भितर गळसणून पडिल्ल्या ताटाचो ‘ खण्ण ’ असो आवाज जालो.

‘ ती घाम गायटली, ती जोडटली. जमना वावरधंदो करूंक, वयतली तोंड घेवन. म्हाजेर कितें आसा ? ’

‘ तुजेर कितें आसा ? तुकां जाय म्हण दवल्ल्या तुयें. घरा आवयच्या आनी भयणीच्या हातचें नाका तुकां. कित्याक जाणां, घरा पिवपाक खंय मेयटा ? ’

‘ बाप्पा–’

‘ तूं कोणाचेर धेंगशेता रे, हांव पूत न्हू तुजो. ’

‘ म्हणोन तर हांव आयकोन घेतां. ’

‘ घेवचेंच पडटलें. जग उलयता तें आयकोन घेवचें पडटलें. ’

‘ जग माल्लें शेंटार. हांव जोडटलों हांव मोडटलों. ’

‘ तूं जोड आनी तूंच मोड. कोणाची ना ना. पुण बऱ्या कामांकडेन उपेग कर. रेस्पेदान पी. पिराय जाली तुजी लग्नाची. ’

‘ लग्नाचो विशय हांवें काडला ? लगीन जातां म्हटलां ? ’

‘ कित्याक म्हणटलो ? हांगा तुजी खाज भागता न्हू. ’

‘ पुताकडेन अशें उलोवपाक लज दिसना तुकां ? ’

‘ लजकाड्याकडेन खंयचें लजेन उलयतलों ? सगले प्लॉटावयले लोक म्हणटात. म्हाका हांगा बसोन आयकोचें पडटा. ’

‘ सांग, चेंडयेचे कितें म्हणटात ? ’

‘ तेंका गाळी मारता ? ते कितें म्हणटा तें सांगचे आदीं हांव सांगतां

तशें कर.'

'कितें ?'

'ही फाटल्यान अवदिसा हाडून दवलया ती वाटेक लाय. चूड दावोवन म्हारू हाडला हो घरांत.'

'ती थंय हाडांची काडां करून पोटापाणयाचें सोडटा. तुकां जाग्याचें फारीक करतली. उदक भरतली.'

'म्हाका तिणें कसलो आदाव केल्लो नाकां. दुकान बंद करचें पडल्यार उपकारता. पुण तिका लागोन आयकोंक येता तें–'

'कोणा राणग्याचें नांव तरी सांग.'

'तेंचीं नांवां कित्याक तुकां ? ते चेडयेक घांवडाय.'

'बाप्पा, कोण चेडी ?'

'ही देवकी चेडी. तुयें आंकवार पुतान दवल्लेली लगीन जाल्ली नायकीण.'

'बाप्पा ऽऽ'

नानून थापटा सरशीं पंडरीक पावळे भायर भिरकाटायलो. कानसूल चोळीत पंडरी व्हालेतींत न्हिन्नळ्ळो.भितर जेवपी ड्रायव्हर उरटयांनीच भायर धांवन आयले. देवकीय आयली. दोगांनी नानूक भितर ओडलो. एकल्यान खाक्यांत हात घालून पंडरीक उखल्लो. कोळंबाचे वाटेक लागपाक लायलो. नानू परत दारार आयलो.

'आयक, देवकी हांगाच रावतली. चड करशी जाल्यार दुकानाक पेटयतलों उजो. देवकेक दवलया हांयें–नायकीण. कोण राणग्याचे विचारता तेंकां सांग अशें आनी सगळ्या कोळंबार पेरगांव घाल.'

नानू सोंशेत भितर आयलो. मानुयेलान ताका बांकार बसयलो. एका ड्राय व्हरान म्हळें.

'जांवरे, बापूय न्हू ! जल्म दिला.'

'तूं कितें सांगोता रे ?'

'तशें न्हूरे मानुयेल.'

'तेशें न्हू कितें ? नानूक जल्म दिला म्हुटल्यार उपकार केले ? सोंजमोंगनाय.'

'उपकार केले ना ?'

‘ केसो उपकार ? नानू जायच म्हण पोंडोरीन कास्तीक घेतलोली ? आपले खाजीक केलां. नानू जालो. भुरगीं जावपाक जाय म्हण केलोलें जाल्यार बापूय तेंका कांयच करूंक दिंवचे नासिल्ले. नानून केलें तें सारकें. बापायन आपल्या रेस्पेदान रावोंक जाय. नाजाल्यार भोंकार फोंट. ’

मानुयेलान नानूक थंड केलो. ताका भितर देवकेचे खोपींत व्हेलो. कोनशाची फेणयेची बाटली काडली. ग्लास भरून दिलो. देवकेन मानुयेलाक शिनाल करून थोडीच ओतपाक सांगलें. पुण मानुयेलान ताजेपरस चड दिली.

ड्रायव्हरांची जेवणां जालीं तसो मातसो विसव घेवन सगल्यांनी ट्रक स्टार्ट माल्ले. मानुयेलूय जेवन गेलो. देवकेन नानूक भितर आपोवन व्हेलो. पयलीं तो काळखांत भितर सरपाक अनमनलो.

‘ भितर कित्याक ? ’

‘ तुकां खेरीत रांदलां. ’

देवकेन शाकोतेचें ताट ताज्या मुखार दवल्लें. कुशीक दोन गंवाच्यो रोटयो दवल्लयो.

‘ मटण ? कोणें हाडलेलें ? ’

‘ कोळंबार तळ्यावयल्या देवचाराक बोकडो माल्लेलो खंय मानायां-कामे-ऱ्यांनी. ’

‘ बोकडो ? कित्याक ? ’

‘ देवाक सांगणें करूंक. ’

‘ कसलें सांगणें ? ’

‘ हांव सारकें नकळों. मिनाच्या वावरा खातीर आशिल्ले खंय. मिनांक वयता तेणें पटी काडून बोकडो हाडलेलो. हांयेंय दिल्ले पयशे. त्या वाटयाच्यो चार फोडी–’

‘ हांव विचारतां कसलें सांगणें ? ’

‘ मिनाच्या वावराक माकनां हाडून लोकांक आदलेवरी काम मेळना. ’

‘ मागीर ? ’

‘ मागीर कितें ? जेटी, शेवाळीं, ट्रक सगळीं माकनां मोडूं म्हण सांगणें करून बोकडो कापलेलो. ’

‘ मिनाचेर जोडून वयल्यान असलें कर्तुब ? पाड पडों ह्या मटणांक. ’

नानून ताटाचेर खोंट शेंवटून ताट कडव्याभायर भिरकाटायलें. शाकोतेचो वास खोंपभर भल्लो. भितोडेच्यान बाबुशान आंवडो गिळ्ळो. देवकेक कितें घडलें कांयच कळ्ळें ना. ती थरथरत उठली. बेगिबेगीन तिणे दुसरें ताट काडलें. तातूंत शीत उसपिलें. कडी घातली आनी ताज्या मुखार दवल्लें. पुण नानून कालयल्ली उंडी ताज्या वोंठामेरेन पावचना जाली. देवकी ताज्या म्हऱ्यांत बसली. पांय सोडून तिणे ताजी तकली आपले पोंवटेर दवल्ली आनी ताका उंडी उंडी भरोंवक लागली. तिजे जांगेर हात भोंवडायत नानून दोन उंडयो घेतल्यो. ताका लकणी आयली. तसोच तो न्हिदलो. देवकेन तकले खाला उशें दवल्लें. ताजे उश्टे हात करणांत झंजळ्ळे. ती जेवलिना. ताटांतलें तश्शें शीत तिणे भायर व्हरून बाबुशा-मुखार दवल्लें.

सांजवेळा पंडरी च्यावेच्या दुकानार आयलो ना. गिरायकां येवन येवन पंडरीच्या नांवान आरड मारून गेलीं. स च्या भोंग्यार हजेरेच्चीं कामेऱ्यां सुटलीं. तारी भरून लोक पलतडीं पावले. ड्रायव्हरांनी आपणाले ट्रक फाव ते सुवातेर दवल्ले. नानूचो ट्रक दनपारां दवल्लेलो थंयच उल्लो. ट्रक चिंचेदेवण्यार दवरून नानू कोळंबा गेला जायत असो तर्क कांय जाणांनीं केलो. देवकेन ताजें जोतें कोणाक दिसना तशें कोनशाक मुंगल्लें.

आमोरेचो काळोख पाख्याचे खांचींतल्यात खोंपींत रिगलो. देवकेन दिवो पेटयलो. नानूच्या उशावयर दवल्लो. चुलीवयली उदकाची थाली खोंपीभायर व्हरून ती न्हावंक लागली. चिमणेच्या उजवाडान नानूक जाग आयली. दोळे चोळीत तो उठलो. आपूण खंय न्हिदलां म्हणपाचे येवजणेंत तो खीणभर पडलो. ताजो ताळो सुकून आयलो. आशिकुशीक ताणे नदर भोंवडायली. पिवपाक ताका कांयच दिसलें ना. माथ्यावयल्या कोनशाक दनपारां मानुयेलान दवल्लेले बाटलेचेर ताजी नदर पडली. ताणे बाटली उखल्ली. सारकी अर्दी आशिल्ली. फाट-फुडो पळय नासतना तोंडाक लायली. उदक कशें घोटीत रावलो. भायल्यान देवकेन आवाज आयकलो. सडसडीत आंग पुशीत ती भितर आयली. तिणे बाटलेक हात घालो. पुण तेन्ना बाटली सामकी रिती जाल्ली. ती रागान नानूक पळयत रावली. तिजे पोले तांबडे जाले. पोल्यांवयल्यान उदका थेंबे गळूंक लागले. तिज्या आंगार ओलेंच कापड आशिल्लें. आंगाक सारकें दशिल्लें. कापडाक

मिरयो पडिल्ल्यो. हड्ड्यावयलो पालव चिप्प भिजून थानांक दशिल्लो. थानावयलीं दोनय काळीं थिकां स्पश्ट दिसतालीं. तिज्या स्वासासरशीं हड्डें वयर सकयल जातालें. नानूक आपणालो विसर पडलो. ताणें न्हिदला थंयच रावन हात लांब यलो. देवकी कुशीक सल्ली. तशीच आडसाक गेली. आंगावयलें ओलें कापड बदलूंक लागली. नानू उठलो. ताजीं पावलां सारकीं पडनाशिल्लीं. झिडपतूच तो आडसाक गेलो. ताणें हात घातलो. तो तिज्या मिरयांक पडलो.

'सोड. हें कितें करतां ?'

'म्हाका जाय तें करता.'

'तुकां सोबना.'

'म्हाकां सगळें सोबता. सोबना तें हांव सोबोवन घेतां.'

'आजून भुरगो आसा तूं.'

'भुरगो ? कितलिशींच जांगेंत घालून चिड्डिल्यां फोकां कशीं.'

'हांव खंय, तूं खंय !'

'म्हाका तशें कांय लागना. तूं आजून आंकवार कशी तन्नी आसा.'

नानून तिज्यो मिरयो सोडल्योना. ती आडसाची भायर आयलिना. वाऱ्याचो एक झोत भितर आयलो आनी खोपिची कवडी आपशींच लागली. बरोच वेळ असो किण्ण शांततायेन गेलो. नानूको कैफ चडत गेलो.

'तूं घोवाक सोडून आसा. चेडयेपणां करता जगलोक जाणां. हांयें तुकां नायकीण दवल्ल्या म्हण सगळे उलयतात. पुण उलयले-ना उलयले म्हाका सोयर-सुतक ना. तूं दिना ? हांव चल्लों. म्हाका हज्जार आसात. भावणीच्या कासाट्याचीं.'

देवकी तरी वगी रावली.

'चेडी ती चेडी, मिजास केदी !'

नानून मिरयो सोडल्यो.

'यो, हांव चेडीच. शंबर न्हू हजार जाणां फुड्यान न्हिदलां. तुकां जाय मरे ? यो. पळय, सोडलें कापड. यो. उब्यांनी उब्यांनी. तुजी नायकिणूच हांव. म्हाका कसली लज तुजे मुखार ? मार वेंग. आतां हातींक गळसणी कित्याक लागली ? खंय गेलो नेट ?'

नानू तोल वचून लवंडपाक पावलो. देवकेन ताका घट घल्लो. तिणे आंगा आडसाक घल्लेलें कापड पायांकडेन गळ्ळें. ताजी कूड तिका सावछिना. घेयमान गळसणून तो तिज्या थानावयल्यान कोंसळ्ळो. पोटावयल्यान निसरत पायांकडेन पावलो. भितोडसून कडव्याच्या बुराकांतल्यान बाबुसो केदो वेळ पासून पळयत आशिल्लो. ताणे आंवडो गिळ्ळो.

* * *



'आवय, तुज्यान नजों जाल्यार येवं नाका गे तूं.'

'अं?'

'हांव वचन एकलें नायेले.'

'ना बाय, सारकें सांगोंक जाय तें.'

रुक्मीणीन माथ्यार फणी भोंवडयलिशी केली. मूठभर केंसाक गांठ मारून आंबाडो बांदलो. भितर वचून घडी करून दवल्लेलो एक पोलको काडलो. तिका तो सामकोच सदळ जालो.

'तुकां वोताचो त्रास जावचो ना?'

'म्हाज्या जिवाची काळजी नाकां तुकां. घा सरोन पांच उल्लया.'

'सोंपलें आता तुजें!'

'आसा तेंच नाका जालां. आनीक कितें कितें पळोवपाचें आसा ह्या दोळ्यांनी परमेस्वराक खबर.'

'हांव येयना तुजे वांगडा नायेले.'

'अशा वेळार वांगड आवयचोच आसता.'

'हांयें तुकां सांगलें न्हू.'

'चल भायर सर. वोत येंवचे आदीं नायेले पावपाक जाय.'

रुक्मीणीन केंसराक बळयां मुखार काडलें. आपल्या जिवाच्यान नजो आसून ताजो घागरो पोलको ताज्या आंगार हाडून वडयलो. कंबराक बाग घालून कडव्याचे खांचींत तिणें आपल्यो व्हाणो सोद सोद सोदल्यो.

'पाड पडों. खंय कोनशाक पडल्या पोटण्याच्यो.'

'कसल्यो गाळी मारता गे?'

रुक्मीणीन चितेल्ल्यो व्हाणो काडल्यो. एका हातान पुशीत केंसराकडेन

पळयलें. घागऱ्याचे दशे पोटाकडेन आंवळून तें निसरगांठ मारतालें. ओणग्यानीच ती पुटपुटली.

‘ गाळीसुद्दां फाव तश्यो मारूंक जाय. ’

दाराक चावी करून आवय-धूव भायर सर्लीं. पायांतल्यो व्हाणो काडून रुक्मीणीन आंगणांतले तुळशीमुखार नमस्कार घातलो. उजवे दावे वटेन वळून दोनचार देवांची नांवां घेतलीं. ती चलूंक लागली. वातावरण शियाळ आशिल्लें. तिणे पालव भुजांर आंवळून घेतलो. सगळयाक धुंवटी पडिल्ली. घरा सकयल्या शेतांत सगळो धुंवरच कसो दिसतालो. तळयाकडली धुंवटी च्यावेंतली साकर कशी ल्हवू ल्हवू विरगळटाली. तळयार येता वता ते कोण दिसनाशिल्ले. कोणाक दिसचे आदीं तळयाकडल्यान पासार जांवचे म्हण रुक्मीणीन पावलांत गत हाडली. तळयाकडलो वाठार ताणीं माडिलो. निमण्यां झिलींक कुशीक सारून तीं नावेलेचे वाटेक लागचीं. इतल्यांत तेच झिलींतल्यान बेगिबेगीन तांबयो रकोवन एक बायलमनीस भायर आयली. न्हेसणांक हात पुशीत आनी कुल्या बयली मिरी सोडीत ती वाटेर आयली.

‘ आगे रुक्मीण, खंय येदे फांतोडची ? ’

‘ नायेले. ’

‘ आनी धुयेक घेवन ? ’

‘ रवळनाथाच्या देवळांत वयतां. ’

‘ प्रसादांक ? ’

‘ सांगणें करून तिर्थ हाडटां इल्लें. ’

‘ केंसरा खातीर गे ? ’

‘ येयल्ल्या दिसा सगळयांकूच जैपत ना. ’

‘ केंसराचें कशें आसा ? ’

‘ तशें कसलें दुयेंस न्हू गे तेका. ’

‘ न्हिदोन आसतालें न्हू गे घरा ? ’

‘ हांवूच बळयां दवरतालें. सद्दां काम झेपना तेका. बरें गे. ’

‘ रुक्मीण, रवळनाथाच्या देवळाकुशीक तो पोरोब बरी गांवठी वखदां दिता. ’

‘ घरा हाडल्यां तींच सोंपना. ’

‘ रुक्मीण, तुगेली शेजाऱ्न पार्वतीले सुनेक अडेच काय तीन म्हयने गे ? ’

‘ कोणांक खबर ! ’

‘ पुण लगनांक भर चारूय म्हयने जावंक ना मगे. चल्ली ? ’

केंसर आवयच्या मुखार चलत रावलें. तशी फाटोफाट रुक्मीण. ती मान बागोवन बागोवन पळयत रावली. पुण केंसराचो फुडो तिका मात लेगीत दिसलोना.

धुंवटी विरत वताली. तरी वाट ओली आशिल्ली. वाटेवयलें करड थिंपरभर वाडिल्लें. दंवान बागवल्लें. धव्या सुण्याच्या आंगावयली ल्हंव कशें मर्दी मर्दी पिसुडिल्ले भाशेन जाल्लें. सुर्याच्या किरणार चकचकतालें. कड्डावयलो दंव पांयार सांडटालो. कड्डाचे भाले घागऱ्याक आनी कापडाक कुचकुच करून तोंपताले. तशेच रोमून बसताले. तुसां पांयार सांडटालीं. थेंब्यावांगडा पावलावयल्यान गळटालीं. वाटेकुशीक हांसाळेची गाड पाचवी पानां किडयाल्लीं. हांसाळ्यांचे तुकतुकीत घोंस दंवांत निसतताले.

नावेलेच्या मड्डांतलीं शेतां सामकीं करपल्लीं. थिंपरभर लेगीत वाडूंक पावूं नाशिल्लीं. पोटांत पोट्टर येवंक आनी पावसान घात मारिल्लो. आखलें नखेत्र सुकें सडसडीत गेल्लें. मड्डाचो पाचवो कोर वोतांत बावून हळडुवो जाल्लो. आनी कांय काळान मरड करपून गेल्लें. पोटांतलो आंगूर भायर येंवचे आदींच भितल्ले भितर करपून गेल्लो.

चलपाची वाट सोडून अडेचे वाटेन केंसर त्या मड्डांतल्यान माड्डीत गेलें. रुक्मीणीक मोन्यानी ताजे फाटोफाट वचचेंच पडलें.

■ ■

रवळनाथाच्या देवळांतल्यान तीं दोगांय पोरोबाल्या घराकडेन वळ्ळीं. बाजारांतल्या लोकांच्यो नदरो चुकच्यो म्हुण घराच्या मोडणार रुक्मीणीन केंसराक धुकलितूच मुखार व्हेलें.

‘ नानू, चोयली तुयें. ’

‘ कोण रे ? ’

‘ चोवंना ? घाटवोल सामको. ’

हातांतलो ग्लास मानुयेलान मुखावयल्या बांकार दवल्लो. आनी कडव्याच्या जनेलांतल्यान कांसवासारकी भायर मान घातली. नानूनय भायर पळयलें. तशीं च्यावेच्या दुकाना वयलीं चार पांच गिरायकां दरवळ्यार गेलीं. च्याव घवळपाची थंयच सांडून दुकानाचो मालकय चेड्डेक हात पुशीत चाटो उबारून भायर पळों· वंक लागलो. पुण कोणांक कांयच दिसलें ना. सगले निरशेवन मानुयेलाच्या तोंडाक पळयत रावले.

‘ कोण रे मानुयेल ? ’

‘ सोंजमोंगनाय ? कोणेंच चोवना तर बोरें जालें. चल नानू या. ’

च्यावेचो निमाणो घोंट मारून ताणे ग्लास बाकार आपटिलो. बोलसांत हात घालून पयशे फारीक केले.

‘ खंय सांखळे वयता पेत्रोल घालूंक ? ’ पयशे मेजाच्या खणांत वडयत मालकान विचाल्लें.

‘ व्होय. नायेले पेत्रोल घालूंक मेवोना. हिंगा भल्लोलें पेत्रोल भायर वडोवपाक वैज आसाय खुंय मुरे ? सोंजमोंगनाय. ’

‘ कोण सांग रे ? ’

‘ येशो गोजाली सांगोंक जाय ? मटक्याचो नुम्र केसो पुब्लीकार जाताय ? देखून लोक हिंगा सोकार्यीं सोकार्यीं पावताय. ’

मानुयेल आनी नानू भायर सल्ले. ट्रकां म्हऱ्यांत पावले.

‘ येदोळ कोणांक पळयतालो मानुयेल ? ’

‘ तुजी मांय मुरे. ’

‘ हें. ’

‘ हांव फोट मात्तांय ? सायबिणीऱ्यान. आनी सांगात कोण जाणांय ? सोंजमोंगनाय.’

‘ कोण ? ’

‘ ती ऽ ऽ रे. तुजी भोयण. ’

‘ रवळनाथाच्या देवळांत येयल्लीं दिसता. ’

‘ दिसताय ? तुकां खोबोर ना ? ’

‘ येता केन्नांय ती. तिर्थाक, प्रसादाक, सांगणें करूंक. ’

‘ चोरा, म्हाका फोटी मात्ताय ?’

‘ फट कसली ?’

‘आरे, हिंगा रोवोलनाथाक भेटूंक लोक येद्या सोकायीं येता. कित्याक जाणांय ?’

‘ कित्याक ?’

‘ कोंकणे मोटे वाडी तुमी. रोवोलनाथाक पायें पोडोंक येताय आनी सोकला पोरोबोच्या घोरांत वचोन तिर्थ हाडटाय.’

‘ कोण पोरोब ?’

‘ चोरा, आतां फोटें कांबुत्ताय ? नायेलेच्या पोरोबोक तू वोडकोना ? फोकोत कुंण्णे–दिंगणेच्या वैजांकूच वोडकोता ?’

‘ पोरोब दिता तसलें वखद ?’

‘ आनी, तुजे भोयणीक कोसलें दितलो ?’

‘ मानुयेल,’

‘ तापताय ? सोत् सांगताय म्हण ?’

‘ अशें केन्नाच जांवचेना.’

‘ मुजे मुखार हें सांगताय ? तुजी भोयण जाली म्हण. चेडूंच मुरे तें. हेर कामेन्यां तोहें तें. हेर कामेन्यां गुरवार जायना ? सोंजमोंगनाय.’

‘ मानुयेल, वायट जातलें.’

‘ पोयज मात्ताय ? हांव सांगता तें फाल्सीयाद जालें जाल्यार तुजो गू खातां. जालें ?’

‘ हय.’

‘ चल, सांखळे पावपाक कळाव जाल्यार जांव.’ मानुयेलान उकतें केल्लें कॅबिनाचें दार धडायंच करून माल्लें. नानू रागान तांबडोगुंज जालो. ताजीं दाढमणां तणतणटालीं. नदरेमुखावयलें किरणां–वोत ताका रखरखिल्ले भाशेन भासूंक लागलें. वारो खंयचे खंय नाच्च जालो. फकत ताच्या स्वासांचोच आवाज ताजे भोंवतणीं वादळी वारें कसो सोंशेतालो. कपलार घामाचे थेब पुंजी जाले. माथ्यांतल्या घामाची धार सळकन पोल्या वयल्यान खोमसार गळ्ळी. पोरोबोल्या घराचे कुशीक ताजी नदर बाणांभाशेन खिळून रावली.

‘ चोय, सारकें चोय. कोनशाच्यान आतां पासार जालीं तीं कोण ? सोत मुरे ? मांयन पालवापोंदा कितें धोल्लेलें तें चोयलें तुयें ? ना चोंवंक. राव, मातसो

राव. तांकां पोयस पावुंदी. चल, आतां यो मुजे सांगात.' नानू मोन्यानी मानुयेला फाटोफाट गेलो. मानुयेल व्हदळच्या हॉटेलांत गेलो. फळयेर आशिल्ली दुदाची एक रिती बाटली ताणे काडली. मालका कडल्यान बरी धुवन घेतली. ताणे 'कित्याक' 'कित्याक' म्हण हज्जारफावट विचाल्लें पुण मानुयेलान जाप केली ना. बाटली पर्थी करून ताणे निस्तयली आनी तशीच पेन्टिच्या बोलसांत सोडली.

'चोय, तुयें पोरोबाल्या घराच्या कोनशार रावोप. फकत कान दिवन आयकोप. सोजमोलोय ?'

नानून मान हालयली. दोगय चलूंक लागले. हॉटेलांतल्या लोकांक दुबाव नाका म्हण आडसाकसून वळ्ळे. पोरोबाल्या घराकुशीक पावतकीच मानुयेलान ताका थंयच कोनशार थारपाचें शिनाल केलें. नानू मान सकयल घालून देड पायांर उबो रावलो.

पोरोबाल्या आंगणांत पावनाफुडें मानुयेलान पावलां नेटान वडयलीं. मातसो खशेंल्लेवरी घामेल्लेवरी केलें. सोपाणां हुपून पडवेर पावलो. जाणटेलो पोरोब सोप्यार बसून विडयो वळटालो. विडी वळून ताणे बांदली. दोरो तोडलो आनी फोलिणांत वडयली. पावलांचे जागीन ताणे मान वयर केली. मलप्यो ताणून ताणे मानुयेलाक पायांपासून केंसामेरेन नियाळून घेतलो. ताजे नदरेंतूच प्रस्न आशिल्लो.

'आतां दोगांजाणां वखद घेवन गेल्लीं न्हुय.'

'अं.'

'त्रक्सार चडटाना शिंसो आदळून फुटलो.'

'वोतलें ?'

'हय. दुसरो शिंसो हाडला. पयशे कितले ते ?'

'तूं आयला'....

'ते जाणटेच्यान नेजो चलपाक.'

मानुयेलान एका हातान बाटली आनी दुसऱ्या हातांत पयशे धरिल्ले. पोरोबान फकत बाटलेक हात घातलो. भितर वचून ताणें बाटली भरून हाडली. कोळयांतली एक भेंडयेची गुड्डी मारून बंद केली.

'कितले पोयशे ?' मानुयेलान पांच रुपयांची नोट मुखार केली. पोरोबान मोन्यानी बाटली ताज्या हातांत दवरून पांच रुपया उखल्ले.

' किरिस्तांव रे ? '

पोरोबान फाट करुनच ताका विचाल्लें. ताजे भाशेवयल्यान ताका दुबाव आयलो. पुण ताजो प्रस्न आयकुवपाक मानुयेल थंय नाशिल्लोच. कोनशावयल्या नानूक बळयां ओडीत घेवन तो ट्रका म्हऱ्यांत आयलो. बोल्सांतली बाटली ताणे काडली. नानूचे हात थरथरताले. ताणे तशीच ताज्या हातांत रिगयली.

' चोय. दोये फोडून चोय. कोसलें वोखोद ? रोबोलनाथाचें तिर्थ ? आरे, ओमलें वोखोद अडेच–तीन म्हुयन्यांच्या गुरवार चेडवांक तुयें कितल्या फावट दिलांय. '

नानूच्या हातांक गळसणी लागली. वखदाचो शिंसो जमनीर पडलो. फातरार पडून फुटलो. कंवची कंवची उसळ्ळी. तांतुतलें वखद रगत कशें शिंवरलें. ताजो उग्र वास सगल्याक भल्लो. स्वासाबराबर नानूच्या शिरंत्रांत रिगलो. ताजी तकली कणकणली.

■ ■

च्िंचेदेवण्यार तिनसांजचो सं चो भोंगो जालो. लोक कामाचे सुटले. मानायांनीं कामेऱ्यांचीं निमाणीं फकाणां मारून घेतलीं. घाम पुशीत आनी धुळ फापडीत सगळेजाण आपापले वाटेक लागले. पलतडीं वचप्यांनी तारीधडेर गर्दी केली. सकाळच्यावरी तारयाक कुकारपाक लागले.

आज शेनवार आशिल्लो. फाल्यां आयताराची सुटी आशिल्ली. ड्रायव्हरांनी आज सांजे शाकोतेचो बेत करपाक देवकेक फर्मायिल्लें. ट्रक प्लॉटार दवरून ते खानावळींत आयले. आजून शाकोतेक कळाव आशिल्लो. जेवणां आदीं पिवपाक तांचो तळ पडलो. जेवणाच्या मेजार मानुयेलान बाटलेची गुड्डी काडली. सगळ्यांनी कोपां वोठांक लायलीं. मागीर एकामेकांचीं उतरां एकामेकांत धुस्पूंक लागलीं.

' मानुयेल, आयज नानू खंय ? इश्ट मरे तुजो. '

‘ नानू इश्ट मुजो पुण हांव सोत् सांगतांय देखून ताका नाका. ’

‘ कितें सोत् सांगलें तुवें ? ’

‘ सांगों ? नाकां. देवकी बायलमुनीस. ’

‘ तूं आनी देवकेची लज धरता ? तिका सगळें खबर आसा. सद्दां घडटा तेजी लज धरूंक उपकारता ? कितें देवके ? ’

‘ आयकोंक येवना रे बाब. ’

‘ तुकां आमचें आयकोंक येयना. नानूचें सारकें येता. ’

‘ आरे, तो सामकें भितूंर...कानांत घालून सांगता. ’

‘ हाऽऽ हाऽऽ ’

‘ देवके, नानू येंवचो ना आयज ? ’

‘ खबर ना. ’

‘ खबर ना ? म्हणटकच सांजे आमी तळ ठोकल्यार बरो तर. ’

‘ देवकेक सांगाती ? ’

‘ आनी व्हडे रातीर नानू येयल्यार ? देवकी कितें टिप्पर रे दोगांयचो लोड ओढूंक ? ’

‘ तिका केली लाकडी बॉडी नानून. मानुयेल, तूं इश्ट आसून फुकट. ’

‘ फुकट कित्याक काय मुणटांय. मातसे रावात. मागीर गोमतेलें. ’

इतल्यांत धांपिल्लें दार लोटून नानू भितर आयलो. पायांतल्यो व्हाणो हुंबऱ्या-भितर दवरून ताणे आशिल्लें तशें दार लोटून दिलें. तें धडांयच्च करून आदळ्ळें. तशी देवकी कोण आयला तें पळोवपाक कपलाचो घाम पुशीत भायर आयली. नानूक पळोवन भितर गेली आनी नेटान वावराक लागली. नानू कदेला म्हऱ्यांत आयलो. एका ड्रायव्हरान ताका कदेल मेजा लागीं ओडून दिलें. पुण कदेल वेंतभर फाटीं घेवनच तो बसलो. मानुयेलान मोन्यानी एक ग्लास काडलो. खीण-भर पातळिल्ले शांततायेक एका ड्रायव्हरान बोट लायलें.

‘ नानू, ट्रकाचो आवाज येयलो ना मरे ? ’

‘ ट्रक कोळंबा तळ्यावयर दवल्ला. ’

‘ तळ्यार ? केन्नाच्यान ? ’

‘ आजूच. ’

‘ थंय साकून चलत येयलो ? ’

' अजाप मरे ! '

' आयज सोगलेंच ओजाप. '

मानुयेलान सोऱ्याची बाटली नानूच्या ग्लासार वांकडी केली. तशें नानून हात मुखार करून बाटली आशिल्ली तशी उबी केली. मान वळोवन ताणे म्हळें,

' हांव पियेना. '

' आवयस ! नानू , केन्नाच्यान रे ? '

' आयच्यान. '

' अजापांर अजाप मरे. '

नानूची नुरा मात्तूय बदल्लिना. अचकीत वारो थांबून सगळो वाठार शान्त जाल्लेवरी जालो. ड्रायव्हर आपल्या ग्लासांकडेन खेळत रावले. कोणांक जाप फुटना जाली. भितल्ल्यान आयदना–कायदनाचो आवाज बंद जालो. नानून घेतिल्लया अचकीत मोड्णान सगळेंच बदलून गेल्लें. सगळे मानो बागोवन रावले. देवकेनूय भितरसून मान बागयली. रावूं नजो जावन, सुको आंवडो गिळीत तिणे म्हळें,

' मातसो भितर यो. '

पुण नानू मात्तूय हाल्लो ना. ताणे आयकुंकच नाशिल्लेवरी केलें.

' हांव सांगतां तें आयकशात ? '

तरी सगळे वगी रावले. मात मानो उबारून नानूक तेळूंक लागले. नानू उलयत रावलो.

' हांव तुमकां सगळ्या ड्रायव्हरांक सांगतां. खरें म्हटल्यार तुमकां सांगपाची म्हाजी लायकी ना. पुण मनशाक खंय अणभव शिकयता. हांयें तो अणभव घेतला त्या आदारान सांगतां. '

' कि....तें....? '

' आमचीं ड्रायव्हरांची व्यसनां हिसपाभायर. मिनाचे खणीर, निदान प्लॉटार तरी कोण मानाय आमचे इतले जोडिना. दोनशें अडेचशें रुपया पागामेंत. ओव्हरटायम, ड्रायव्हर युनियनान वेळावेळ संप करून मेळयल्लो बोनस. वाटेर मेळटा त्या पॅसेंजरांची जोड. मिनांक अशी चारूय वाटांनी जोड आशिल्लो खंयचो मनीस आसा ? '

' दुसऱ्यांचें आमकां नाका. '

' आमचेंच पळोंवया. इतलें आमी जोडटां पुण खंयच्या ड्रायव्हरान आपले जोडिचें कितें केल्लें आसा ? '

' मिनाची जोड तशी मोड. '

' आमची मोड चड, व्यसनांखातीर. '

' तू कितें म्हणटा नानू ? '

' कित्याक आमकां ही व्यसनां ? पिवपाचीं. झोवपाचीं. '

' हें तूंच सांगता ? '

' पयलींच सांगलां न्हू. लायकी नासली तरी अणभव आसा. '

नानू सगळें कळवळ्यान उलयतालो. आपली गजाल दर एकल्यान मानून घेंवची अशी आस्त ताज्या उतरा उतरांत उकती जाताली.

' तशें न्हू तें नानू. हीं व्यसनां कोणें मुद्दम लावन घेतल्यांत ? गरज म्हण एकदां केलां तें गरज म्हण सदां खातीर उल्लां. आमी खूब खातां. चाळीस–पन्नास रुपयां म्हयन्याची च्यायेचीं बिलां जातात. खावचें पडटा. नाजाल्यार अशक्त जावन तूं मरतलो. हिसपाभायर पितां. पिवचें पडटा. दिसाभराचो शीण निवळांवक नाकां ? ही धुल्लाची जीण खंयतरी बुडोवचीच पडटा. नाजाल्यार फायचो दीस कसो येत सांगू नजो. नायकिणी करतां करच्यो पडटात. हो सगळो कुडिचो शीण आनी शिणिल्ल्यो कुडिच्यो वासना भागयतलो खंय ? म्हणून म्हणटां ही व्यसनां न्हू. ड्रायव्हरांच्यो गरजो. '

ताणे उलोवन जातकीच कोप तोंडाक लायलें. आनी घटघट घोटलें. सगळ्यांनी नानूचें म्हणणें घुंवडावन लायलें. नानूचे गंभीरतायेची फकाणां जावपाचो वगत आयलो. नानू निरशेल्लेवरी जालो पुण ताणे नेट सोडलो ना.

' पुण आमचे वासने खातीर आमी आंकवार चेडवांची वाट लायतां. '

' ताळी केन्ना एका हातीन वाजता ? '

' तीं कित्याक वाट लावन घेतात ? '

' पुण हें आमचे खातीर घडटा न्हू ? '

' मागीर आमी चोटलेची पोतां मुणावचीं पडलीं. '

' हाऽऽहाऽऽ '

' आयकोरे नानू, आंकवार चेडवांची वाट लावंक जायना. बोरें आसा. म्हुणटोकीर सोगल्यांनी काजार जाल्ल्या कोणाच्या तोरी बायलांक घेवन नाचचें

पोडलें. तूं कसो देवकेक वेवन आसा.’

‘ मानुँयेल –’

‘ मानुयेल ? आतां मुजेर तापलाय ? केसो शापोतां सांगताय रे ? गुंवान पायों भोळेल्या मुनशान नितोळकायेचे शेरमांव सांगले म्हुणोन उपकाला ?’

‘ तूं वगी राव.’

‘ कित्याक वोगो राव ? ’

‘ हांव सांगतां न्हू आयज देवकेक. देवके, देवके ऽऽ’

‘ कितें ?’

‘ भायर यो अशी. सांगतां तें आयक. हांयेंच तुकां दवल्लेली हांगा. रांदून वाडूंक म्हण आनीक कित्याकय म्हण. पुण हांवच आतां तुकां सांगतां. पिये नासतना. तूं आपली आतां खंयूय वाट धर. तुजो म्हजो संबंद यानफुडें कांयच ना.’

‘ चोय, केसलो पोडमूर ? तिज्यान आतां तुजी खाज भागोंव नेजो देखून आतां ती नाकाय.’

‘ मानुयेल, तोंड फोडटलों चेडयेच्या.’

‘ कोणांक गाळ माल्ली ? पोत्ती मार.’

‘ आसूं रे मानुयेल. नानू, कुशीक सर.’

‘ कितें आडायलां तुमी आयज ?’

‘ आयको नानू, हांव मानुयेल तुकां सांगतां. देवकी हिंगाच रावतेली. तिजें कितें कोरपाचें तें आमी चोयतले. ही सुवात तुजी मुरे ? हात लावन चोय एके कोंड्याचे कांबीक.’

‘ उजो लायतलों खाणावळीक.’

‘ तुज्या शेंटांक पेटोय. आतां जाग्यार येयलाय तूं. इतले दीस सोरो पिवप बोरें आसलें. चेडवांक फुसलोप वायट नासलें. आंकवार चेडवांची वाट लायतोना तुकां गोमोना आसलें हेंकांय कोणतरी भाव आसतोलो म्हुणोन ? तुजे भोयणींक कोणे तरी कुरार केल्या उपरांत –’

‘ राणग्याच्या –’ नानून मेजावयलें रिकामें कोप मानुयेलावटेन भिरकायलें. मान बागोवन मानुयेलान तीर चुकयलो. कोप वणटीर आदळून फुटलें. तेसरशीं सगळे उठोन उबे रावले. मानुयेल नानूच्या आंगार झुडोन गेलो. देवकीं मर्दी

आयली. तिणे नानूक कुशीक ओडपाचो यत्न केलो पुण नानून कोपर मारून तिका झिडपिली. कडव्यार आदळून ती न्हिन्नळ्ळी. थंयच रावली. दोगांकय सांबाळटाना मेजाक धसको लागून कोपांचो खुर्दो जालो. अंदाधुंदयेंत कोणांक कितें लागता कांयच कळना जालें.

इतल्यान दार उकतें करून पंडरी भितर आयलो. लापयांव उबारून ताणे पळयलें आनी तो काचाबूल जालो. नानूच्या हुसक्यान तो ताका तळ्यारसून सोदीत चिंचेदेवण्यार पाविल्लो. 'नानू' 'नानू' करीत ताणे ताका भायर येवपाक सांगलें. पंडरी आयला तें पळोवन बाकिच्यांनी नानूक भायर काडपाचें थारायलें. सगळ्यांनी ताका सरपट उखल्लो. तसोच आडवो घल्लो. निमाणे संदिचो लाव घेवन दांत-वोंठ किल्लून ताणे मानुयेलाच्या हड्ड्यार खोंट शेडायली.

'भैझवऱ्या–'

'भैझोवऱ्या मुरे, बोरें आसाय.'



रातच्या आठांच्या सुमाराक सदच्यासारकी तळ्यार झुंडी पडली. उदक भर, आयदनां धास, झंजळून काड असलीं कामां जावंक लागलीं. मदींच कोण फातरार बोंदरां धोपटूंक लागलीं. कोण पोंवटार धरून कपड्याक शाबू चोळूंक लागलीं. उदक घेवन तोंड चोळपाक, पांय झंजाळपाक गती आयली. झिळमिळ्या उजवाडांत कोण कोणाक वळखूंक पावना जालीं.

'हें ऽ तें तळ्यार कितें गे हयडुळेशें दिसता?'

'हातो दिसता.'

'तळ्यावयलो हातो माळपी जाग्यार आसा मगे?'

'तो त्रक्स न्हूगे. नानून दवल्ला.'

'खंयच्यान उजवाडलें? चिंचेदेवण्यार जागे भल्ले दिसता.'

'जांव गे. घराक तरी येयलो.'

'घराक खंय गे ? वस्त्र हांगा दवरून धांवलो चिंचेदेवण्यार.'

'आगे बाये !'

'थंय देवकेच्या कुल्याक कुलो कोण तेखयतलो ?'

'बापूय गेला मगो लापयांव घेवन पुताचे सोदीक.'

'जाण्टेपणांत आनीक एक थापट घेवपाचें येवजलें दिसता म्हातान्याक.'

'मागीर जल्मांकूय घालुना तर तेका ? पोशिना जालों म्हूण कितें जाता ?'

'तुमी पोसता गे म्हाज्या बापायक ?' येदोवेळ केंसर न्हातना आयकत बशिल्लें. ताणे जाप केली. काळखांत सगळ्यांनी ते वटेन पळयलें. कुशीक आशिल्ल्यांनी ल्हवूच चांटो उखल्ल्यो. उतराक सांपडलेली थंयच गणयत रावली.

'सगळ्यांचे धवळे कित्याक तुमच्या माथ्यार ?'

'बरें चणचणटा मगो तूं.'

'कोणाचें खांवना.'

'आमी खावयतलीं कोण बाये. खावोवपी दुसरे आसात. आनी खाता तेंचें सरता भायर.'

'भश्टयांनी न्हाता मगो तूं ? मातशें कुशीक तरी बसोन न्हा.'

'तुमी मात जाय थंय पासडी पडोवन न्हाल्यार जाता दिसता.'

'जांव गे, न्हांव तेका. तळ्यावयल्याचे दयेन म्हयन्याच्या म्हयन्याक न्हाण-तरी जाता. नाजाल्यार पोटां जाल्ल्यांक खंय न्हावंक मेयटा ?'

'खरें बाये. मागीर बुरनूस कांबरून न्हिदपाचें आनी एक दीस सकाळीं नायेले वचोन तिर्थ हाडपाचें.'

'पोरोबालें काय रवळनाथाचें गे ?'

'सांगणें रवळनाथाक करपाचें आनी तिर्थ पोरोबालें हाडपाचें.'

'पयलीं फकत चवथीकूच गणपती पुजताले. तेवूय कोंकण्याच्या हातीन.'

'आतां चवथी आदींच पुजतात. कोंकण्याच्या न्हू, किरिस्तावांच्या हातीन सुद्दां.'

केंसराच्या आंगावयलें उदक पुसच्या आदींच अरसून गेलें. काळखांत तें मोन्यानी जळत रावलें. ताजें मुखामळ कोणाक दिसलें ना. मनांतल्या मनांत ताणे काळखाचे उपकार मानले.

त्याच वेळार पंडरी नानूक घेवन चिंचेदेवण्यार साकून आयलो. तळ्यार बोवाळ

आयकून ताणीं गणयलेशें केलें. केंसराचो ताळो आयकून लापयांवाची वात बारीक केली. कान दिवन बापायन आनी पुतान उतरान उतर आयकलें. काळखांत कोणांचीं तोंडां तांकां वळखूंक आयलिंना. वात व्हड करून ते मुखार सल्ले. तळ्यावयल्यान पासार जाले. केंसरान बापाय- भावाक वळखलें. सगळें उलोवप ताणीं आयकलां म्हणपाच्या दुबावान ताका हुसको पडलो. तळ्यार शांतताय पातळ्ळी. एकलें एकलें मनीस वचून तळ्याकडलो वाठार केन्ना मनीस भायरो जालो तें कोणाक कळ्ळेंय ना.

'आवय, फायच्यान केंसराक कामांक धाडूं नाकां.'

'फाल्यां कितें पयशे पडपाचे आसा दिसता पुता.'

'पयशे घेवन यो म्हणचे. फायच्यान काम बंद तेजें.'

'ते कामांक गेल्लें कोणांक जाय ?'

'पुरो जोडलें तें.'

नानू सोप्यार बसलो. केंसर तळ्यार सावन पायणींतल्यान येतना ताणे पळयलें. तसो आदींच तो फाट वळोवन रावलो.

'हांवूय फाल्यांच वळवय वचोन येतां.'

'जयदेवागेर ?'

'हय. आनीक वगत नाकां ?'

रातचीं जेवणां जालीं. नानू कितलेशाच तेंपान घराक आयिल्लो. पुण सगळ्यांनींच मोन्यांचे एकवत आपणायिल्लें. दिवे वाडवले. नानू कूस परतीत रावलो. केंसराक सवनरात दोळो लागलो ना. पंडरीन खोकीत खोकीत रात सारली. रुक्मीण परवतां परवतां मात्तूय झापडेलिना.

■ ■

पंडरी वळवयसून आलतडीं पावलो तेन्ना दीस धारेक गेल्लो. तारी धडेवयलो वयर सरून तो चिंचेपोंदा रावलो. तसोच च्यावेच्या दुकानाकुशीक आयलो. आज

दीसभर वळवय उरिल्लयान दुकान बंद आशिल्लें. सकाळी उठच्या उठून तो वळवय गेल्लो. आतां दार उकतें करून भितर एक नदर भोंवडावची अशें ताका आलतडीं येनाफुडें दिसलें .पुण कोणें गिरायकान ताका इल्लो च्याय कडोवपाचो आग्रो केलो ना. आदींच निरशेल्लो तातूंत आनीक गोंदळ नाका अशें थारावन तो चलूंक लागलो. केन्ना एकदां जीव घरा घालून घेता अशें ताका जालें. जाणटे-पणाची खरी जाणवीक ताका आयचे घडयेक जाली.

तो मोन्यांनी चलत रावलो. सदचे सगळे तोंडावयले ताका भेट्टाले. पळयले नाशें करून कूस मारताले. कोण उलोवपाचे वा हुडकूपाचे भानगडीक पडना आशिल्ले. सकाळीं जाणीं ' बाप्पा ' ' बाप्पा ' म्हण उलो केल्ले ते मोन्यांनी पासार जाताले. ताकाय आज तेंच जाय आशिल्लें. कोणे आपणांक हुडकुवचो अशें ताकाय दिसलें ना.

तो तळयार पावतकीच तळ्यावयलीं बायलां एकामेकांच्या कानांत फुतफुतलीं आनी सगळ्यांच्या तोंडाक गुड्डे बसले. थंय मात लेगीत थारनासतना तो मुखार सल्लो. घायेक धेंपार पावनाफुडें फाटसून आशिल्लें तशें फुतफुतप आनी मागीर बोवाळ सुरू जालो. पुण पंडरीन फाटी वळून पळयलें ना वा फाटल्यान कान दिलो ना. तळयार साकून आपल्या घराकडलें एका उल्याचे अंतर केन्ना सोंपता काय ताका जालें.

तो भितर सल्लो. हुंबऱ्या कुशीक रुक्मीण तोंडार पालव ओडून एकलीच बशिल्ली. पंडरीक अजाप दिसलें ना. ताणे मनांतूच म्हळें, काम सादलें ना म्हण हिका आदींच सुलूस लागिल्ली तर. नाजाल्यार येनाफुडें विचारतली आशिल्ली. बरोच वेळ कोण एक उलयलीं ना. घरांत दोगां बगर कोण नाशिल्लो. ताणे जोंतें काडलें. आंगावयली मुस्तायकी देवयताना तो सांगूक लागलो.

' बऽरें जाणट्यांनी थारायलें म्हण आतांच्या भुरग्यांक तें मान्य आसूं नाका ? आतां मनांक फाटीफुडें खावंक नाका म्हण विचारपाचें. तशें जयदेवान कांय म्हटलें ना. कितलोय जाल्यार सारके पिरायेचो. पुण नरशिंव....आतां एप्रेंगाद काय कोण जाला न्हू. जांव बावडो ! जाच्या नशिबाचो तो. पुण सरळ सांगचें न्हू ? आमी तरी कितें नेयी सोयरीक जुळोवंक येयल्या ? मामा-भाच्याचें नातें. पिळगेन पिळगी चलत येयलां. आमी तोडलें अशें नाका. त्याभायर ल्हान-पणांत थारायल्लें म्हणटकच आवय-बापायक एक ओड. तेखातीर गेल्लों विचार-

पाक. तर हो नरशिंव भितर रावन म्हणटा, ‘ हय, आपणांक कितें ड्रायव्हर समजलो ? ’ वयल्यान जाय फाय–‘ खंयच्या ड्रायव्हराकडेन जमना केंसराचें ? ’ तें हेणें कालच्या पोरान सांगोंक जाय आमकां ? ’

‘ हूं ऽऽ ’

‘ तूं रडटा कित्याक ? असलो मिजासी भाचो जांवय म्हण जाय कोणांक ? धूव वाडली म्हण कोणाच्याय गळ्याक बांदप ? ’

‘ काळें लायलें आमच्या तोंडाक. ’

‘ कोणें ? ’

‘ धुयेन आमचे. ’

‘ कितें जालें ? ’

‘ ही ऽऽ गांवभर फाम पडल्या दनपारच्यान. ’

‘ कसली ? ’

‘ पळून गेलें केंसर. ’

‘ आं ! ’

‘ त्या किरिस्तांव मानयेला वांगडा. ’

* * *



एका सप्तका उपरांत पंडरी चिंचेदेवण्यार वचपाक भायर सल्लो. बांदावयल्यान चलतना ताजीं पावलां आतां अदीक थरथरतालीं. पांच-धा धेंपांच्या अंतरावयलें लेगीत अस्पश्ट दिसतालें. पयस एकाच जाग्यार नदर खिळावन दवल्लयार सगळी काळखीच काळखी फांकताली. दोळे खोलायेक गेल्ले. कानांच्यो पाळयो मुद्दम दसयिल्लेभाशेन हालताल्यो. चामणी मरून गेल्ली. आंगार पिठयाळ्ळीं खरवडां पडिल्लीं. दुकानाकडें पावलो तेन्ना सुर्या माड-देडमाड उबारेचेर पावल्लो. पुण सदच्या सारकी वोताची रखरखसाण ताका जाणवलिना. बांदावयल्या व्हाळाची आडी हुपून पंडरी प्लॉटार आयलो. कुशीक पावडरिच्यो चाळणी लागिल्लयो. धा बारा कामेऱ्यां पावडर भरून गाळटालीं. दोन-चार मानाय. कायली भरताले. खाक्यांत हॅलमेट घेवन सुपरवायझर खितखितताली. आडवे वयल्यान पासार जातना सुपरवायझरान पंडरीक पळयलो. खाक्यांतलें हॅलमेट माथ्यावयर उबारून ताणें पंडरीक सादयलो.

'ओ बाप्पा, खंयरे ? कितल्या तेंपान ?'

'सगळया कामदाऱ्यांचें लक्ष पंडरी वटयां गेलें. पंडरीक आयकूंक येवचें इतल्या अदमासान सुपरवायझरान विनोद केलो.

'आमकां दिसलें, तुंवूय कोणा बराबर पळोन गेलो म्हण.' कामेऱ्यां मुरगुटून हांसलीं. सुपरवायझर खोशेलो. भुरकुटलो. पंडरी कांय एक जाप करिनासतना दुकाना दारांत पावलो.

'खंय पावलो मानुयेल काय ?' एका कामेऱ्यान दुसऱ्याक विचाल्लें. पुण सुपरवायझरान तोंड घालें

'तूं कितें समजलें, तो हांगसून परत येवपाक गेला ? तेणीं खंयची तिकेट

काडली देवाक खबर !'

'आनी येयना परत ?'

'कित्याक ? तुमकां कोणांक उमेद आसा तेज्या वांगडा पळपाची ? '

'आमकां कित्याक ? '

'केंसराचें कितें ?'

आनीक कितें ? जावपाचें जालें. एकदां तुटलेलें फळ जमनीभर्वण जालें अशें मानपाचें. '

'बाप्याक आनीक ताकद आसा दुसरें केंसर करपाची ? '

'आनी तो बाबुसोय दिसना हालीं. '

'दिसना कित्याक ? '

पंडरीन कंबराची चावी काडून कुलपाक लायली. दार धुकलचे आदीं आपशींच पयस जालें. दारांतल्यान उजवाड फांकलो. ते सरशीं बांकावयले आनी इस्रांतले जल्ले सुर सुर करून कुशीक सल्ले. वणटीवयल्या कॅलेंडराफाटसून कण्णेंत रिगले. सगळ्याक धुळ्ळ माखल्लो. बांक तांबशे हळडुवे दिसताले. पायांक माती दसताली. खांदावयल्या तुवाल्यान पंडरीन बांक झाडले. धुळ्ळ वयर हुबलो; आशिल्लो तसो तळार आयलो. दोन तीन आंचावांचीं धांपणीं धुंवडावन ताणें उकतीं केलीं. खंयच्या तरी बुराकांतल्यान जल्ले वचून ताणीं फांती बिस्कुत्यांक बुराक केल्ले. फोलिणांतल्या चावेच्या पाल्याक चितो दाटिल्लो. तांतूंत गुळटां गुळटां जावन घोंटेल्लेवरी जाल्लो. वासूय एके तरेचोच मारतालो. लातांत आशिल्ली कार्तभर साकर तेयोवन मॅल जाल्ली. तांतूंत मुयो, दोमळे पडून मेल्ले. उकतीं केल्लीं आयदनां ताणें परत धांपलीं. दोणलेंतल्या उदकार शेळो दाटिल्लो. दोणलेंत उदक कोण भरतलो हो ताका प्रस्न पडलो. देवकेकडेन आदलेवरी बरेंपण आशिल्लें जाल्यार पंडरीची जाग आयकून भल्लेली दोड घेवन ती येतली आशिल्ली. फाटल्या दारार मारून कवडी उकती करून घेतली आशिल्ली. दोणलेंत हात घालून झंजळटली आशिल्ली. पातें उदक भायर रकोवन दोड दोंडलेंत वोततली आशिल्ली. पुण पंडरी येवन अर्दवर पासार जालें तरी अशें कांयच घडलें ना. कुशिच्यान गिरायकांचो आवाज मात ताका स्पश्ट आयकूंक येतालो. लोकांची वाडटी पावलट आवाजावयल्यान कळटाली आनी मर्दीं मर्दीं उतरांय कानांर पडटालीं.

'देवके, वयर हाविसांत व्हरपाक चार च्या कर. गलास रोखडे हाडून दितां. '

' देवके, हे आयचे आनी कालचे च्यावेचे पयशे. '

पंडरी तामरेतीर बसून आयकत रावलो. खिणांत ताणें सगळे परिस्थितिचो अदमास घेतलो. एका लांब सुस्कारा सयत ताणें पांय मातशे सैल सोडले.

' बाप्पा, च्याव ना रे आयज ? ' एक मुकादम भितर सल्लो. धुल्लाच्या बांकार तो तसोच बसलो. कानाचें विडये शेंवट ताणें पेटयलें आनी फुसकांवक लागलो.

' बाप्पा, सामकें तडार वडयलें तुयें, च्याव नासून. '

' फाटल्यान मेळना ? '

' थंय कोण वयता ? ताळो सुक्कोन खणखणलो म्हण म्हाज्यासारको पांयो दियत ते घाणींत. '

' आतां सगळें सगळें मेळपाक लागलें मरे थंय. '

' मेळों. घेवपी आसा ते घेतले. सगळ्यांक एकेच पायलेन मेजले म्हण उपकारता ? '

' तूं आयज वयर सो ? '

' बेकार रावचो पडलो मरे आयज. '

' कित्याक ? '

' कामेऱ्यां नासून. पावडर गाळूंक खंडितान रास केल्या. कामेऱ्यांनीं घात माल्लो. वळवयचीं कोणूच आयलिंना. '

कित्याक ? '

' वळवय वयल्या वाड्यार कोण मेला खंय. '

' कोण रे ? '

' कोण म्हातारो खंय. सावळो मास्तर काय कोण ! '

' सावळो मास्तर ? '

' हय. सावळोच नांव. मिनाचो मास्तर काय शाळामास्तर देवाक खबर. '

' केन्ना ? '

' रातीं मध्यान्नेर दिसता. चल, दवर पळोवया च्यायेक इल्लें. ताळो सराटून आयला. '

' ना. ना. आयज दुकान बंद. '

' कित्याक रे ? '

'सावळ्या मास्तराच्या मणादीस म्हजें दुकान उकतें आसूंक फावना. म्हाका तेज्या मर्णाक वचपाक जाय. चल तूं. चल्लो हांव. दुकान बंद. दुकान बंद. सावळ्या मास्तराच्या मणाखातीर.'

पंडरी तामरेती वयलो उठलो. ताजे हातपांय चड थरथरूंक लागले. ताणें म्हेडिचो आदार घेतलो. ताज्या दोळ्यांमुखार काळखी फांकली. पोटांतल्यान गुळोसो वयर आयलो. आनी तेसरशीं खोंकलेची एक उबळ आयली. तो खोकीत रावलो. उबो रावून, भेंड बागोवन. शिरंत्रो शिणून आयलीं तसो तो खोकीत खोकीत दुकानाच्या दरवंट्यार येवन बसलो. एक हात हड्ड्यार आनी एक हात पोटकळेर दामून खोंकूंक लागलो. पोटांतल्यो आंतकडयो तुटून भायर पडटारयो ताका दिसलें. घेयभानाचो विसर पडलो तरी खोकलेन ताजी फाट सोडलिना. दरवट्या कुशीक घेरकेलांच्यो राशी पडल्यो. कालवां कशीं घेरकेलां... तांतयांच्या बोळासारकीं धवशीं....मुंडळेसारकीं हळडुवीं...आनी दर एका घेरकेलाच्या पोटांत रगताचें एक एक खत आशिल्लें. कपलाक लायिल्ले तांबडे गुंज पिंजरी भाशेन. 'रगत पडटा. बाप्पाचें बारीक जोराचेर पडलें.' वाटेन येवपी-वचपी फुतफुतूंक लागले.

तिनसांज जाली. पलतडसून कांय जाण सावळ्या मास्तराच्या इल्याक वचून आयले. पंडरी मात पावलोना तो पावलोच ना.

■ ■

• तळ्यार पावतकीच तो थाल्लो. ताणें लेंग्या वयलो धुल्ल फापुडलो. खांदावयलो बोटवो तळपार दवल्लो. धव्या खोमसाचे वयले दोनय बुतांव सोडले. वाळू पेंचून बानयानांत फूंक माल्ली. लेंगो घेंपरा वयर ओढून तो तळ्यांत देंवलो. पांय झंजळ्ळे. ओणंव घालपाक ताणें कंबराक बाग हाडली पुण अकस्मात ताजी ताने वयली वान्साच गेल्ले भाशेन जाली. ओले हात लेसाक पुशीत तो उदका भायर आयलो. लेस खडपार पातळावन तसोच सांवळेक बसून रावलो.

सुर्या माथ्यार आयिल्लो. ताजी नदर चारी वटयां भोंवली. सगळ्यांत पयली आबूच्या फोणा कुशीक. थंय फक्त वेंत देड वेंत उबारसो वणणो आनी ताजेर ल्हान मोटे धा बारा फातर आशिल्ले. मर्दी फोणार आबूच्या पिकिल्ल्या खाडा-सारकेंच करड मातिल्लें. खिणांत ताज्यो पातकड्यो ओल्यो जाल्यो. ताज्या दोळ्यां मुखार धा वरसां आदिंचो आबूच्या मर्णाचो देखाव चित्रावरी उबो रावलो. आबूचे खोपींतल्यान भायर सरिल्लें आबूचें किरवड....फुडें सावळो मास्तर....फाटल्यान झिडपत पावलां वडोवपी बेब्रदो बाबुसो.... आनी फाटसून खोरें पिकास घेवन दिडक्या पायांर धांवपी आपूण.... कोळंबार दोळ्यांच्यो मल्प्यो कश्यो धांपिल्लीं घरांचीं कवाडां....

खिणांत ताका दिसलें, आपूण कित्याक आयलां कोळंबार ? गाड येवजणेंत तो पडलो. मुखावयली आंबुल्ली मरून तिजी नांवनिशाणी लेगीत उरूंक नाशिल्ली. कांटयान्यो केगदी बेणून वडयिल्ल्यो. तांचीं फकत मुळां दिसतालीं. तळ्याचे सकयले वटेन एक हळडुवोच ट्रक तळ्याधडेर अजस्त्र बेबो कसो उबो आशिल्लो. दोगजाण ताजेर उदक शिंपडावन धुताले. धुल्लाचें उदक तळ्यांत देंवतालें. ऑयल, डिझेलाचीं चक्रां उदकार चकचकतालीं. ताज्यान तें पळोवं नजो जालें. ताणें नदर फाटीं घेतली. तो आतां उठून चलपाक लागतलो आशिल्लो इतल्यान ताजी नदर मुखावयल्या सांतोणाचेर पडली सांतोणाचें ऊंच उबार माथें तशेंच मळबाक भिडिल्लें आशिल्लें. पुण तांतूंत आदिंचो नेट नाशिल्लो. कात झडिल्लेवरी तो रूख दिसतालो. कोळंबाचेर ताजी नदर पडटाली पुण आदींसारको तो आंग आंग पालोवंक नाशिल्लो. तटस्ततायेन सगळें मोन्यानी पळयतालो. कोळंबाच्या सुखदुख्खांकडेन ताजो आतां कसलोच संबंद उरूंक नाशिल्लो. ती कांगलिणीची वालूय आतां ताज्या गळ्यांत नाशिल्ली. इतलो सांतोण मुक्त आशिल्लो. सांतो-णाचें तें रूप पळोवन ताका खोस जाली. आपलो रुपकारूच सांतोणान पळयि-ल्ल्याचें ताका समाधान जालें.

'कोण रे ? ' कंबर वयर करून शाणून ताका हडकिलो. आपल्या खोल गेल्ल्या दोळ्यांनी ताका नियाळलो. पुण शाणूक ताजी चट्ट करून वळख पटली ना. तळयार येवपी-वचपी बरेच जाण ताजेकडेन व्हदळच्यान अजापान पळयताले. पुण कोण- खंयचो, कित्याक बसला हें आजून कोणाकच कळूंक नाशिल्लें.

'वळखुना शाणूदाद ? '

‘ दोळ्यांक पडल्या पाड. ’

‘ हांव शंकर. येशालो. ’

‘ येशालो शंकर रे ? कितल्या वरसांनी उदेला ! कोण वळखतले तुकां ? ’

‘ धा–बारा वरसां जालीं. ’

‘ चड जातलीं दिसता. पोरा, खंय शिकपाक म्हण गेलो आनी येयलोच ना परत. ’

‘ हय. ’

‘ येशाच्या मर्णांकय येयलोना. ’

‘ कळ्ळें ना म्हाकां. ’

‘ खंय म्हण सोदपाचो तुकां ? अखेरेक तेणें खूब याद काडली तुजी. मागीर आपुणूच म्हणपाक लागालो, ‘ आपणें पुता खातीर कितें दवल्लां फाटल्यान म्हण येतलो पूत मर्णांक....जोडलें आनी सोन्याक मोडलें... ’ आनीक पांच–स वरसां कांय जांवचेना आशिल्लें तेका. म्हाज्या परस ल्हान तो. पुण मिनाचो वावर करी आनी सोरो पी. पोटाक वळवळे काड. असल्यांनी फरकताय जाली. पंडरी सारकें बारीक जोरार पडलें तेजें. तूं केन्ना येयल्लो ? ’

‘ काल. वळवय येयल्लों सावळ्या मास्तराच्या मर्णांक. ’ शाणून मान सकयल घातली. ’

‘ म्हाकां आनी वचपाक जाय आशिल्लें. पुण मळणेंक लागोन पावलोंना. ’

‘ मळ्ळें ? ’

‘ कपलाचें मळ्ळें ! तणसुद्दां किल्लना शेतांत. ’

कशें ? ’

‘ हें पळयना ? पावसांत हो ऽऽ उदकाचो लोट येता तळ्यांत. तो मिनाचो रस्तो शेनोरेर वयता. पावसांत रस्त्यावयलें उदक व्हावोंन तळ्यांत येयता. धुळ्ळाचें आनी मिनाच्या फातरांचे उदक. हांगा तूं बसला थंय कंबरा वयर उदक जाता. तळ्याचें उदकूय वळखूंक येयना. वणटीक सारोवपाचो रेंघो कशें तांबडेगुंज जाता. तळ्यांतसून मागीर तशेंच व्हांवता शेतांत. मातये सकट. हे मातयेन शेतां जाता निसू. मागीर शेण लागना. सारेंय लागना. सुल्ला गांवच्या भोंवतणी अशे मातयेन शेतांक पडली पाड. आतां एकदीस कोळंबाच्या शेतांक पाड पडपाची आसा. ’

‘ कोण ना हांगा ? सरपंच– ’

' ना कित्याक ! खूब आसा. पळय, तो त्रक्स सरपंचालो. कसो सुतलायला देवाक खबर. त्रक्स तळ्यांत धुता. तेजी वयली माती आनी तेल उदकांत. मागीर तशेंच शेतांत. सांजेक नाशिल्लो. सरपंच जातकूच घरां बांदलीं. त्रक्स घेवन मिनांक लायले. मत्तांच्या वेळार शींव वाग नाचयतात हाडून. सरपंच सांगता तेका दिवपाची मत्तां. हें दितले आनी तें दितले म्हण आड्डतात. दिता तें कोण घेवन खाता, तळ्या वयल्याक खबर ! पुण तळ्या वयलो तरी खंय जाग्यार आसा ? '

खिणभर दोगय वगी रावले. शाणून एक लांब सुस्कार सोडलो.

' हो मीन काबार जातकूच कोळंबकार खातले कोणांक ? सरपंचाच्या हाती-पायांक पडोन त्या मिनेरांक तरी सांग म्हण सांगलें. '

' मागीर ? '

' ते राणग्याचे म्हणटात खंय, शेतां पाड पडल्यार आमी विकती घेतांत. आतां शेतां विकून दुडू घेवन कितें आमच्या फोणार दाळपाचे आसात ? तुमी शिकलेले. '

' अं ? '

' पुण सारके शिकले तरी खंय ! शिकप सोडून तेन्ना माथ्यार कायली माल्लयो.'

' आनी कितें....'

' त्या कागदांचेर कितें घाला तरी. सगळ्या लोकाक कळूं दी. '

' सगले पेपर मिनेरूच छापतात. '

' छापूं. '

' आपल्याचेरूच वायट ते कशे छापतले ? '

' मागीर हें भारत काय कितें जालां तें फकत कुकमाक आदार ! तूं वगी कित्याक ? '

शंकर फकत मिश्यांनीं हांसत रावलो. शून्य नदरेन मुखावयल्या सांतोणाक पळयत.

' जांव, आमी कुसले हितूर. तूं भायर वचोन मातसो जिवान तरी जावन येयलो. '

शंकर परत हांसत रावलो. शाणूच्या मूळ सभावाक लागून. सगळें बदल्लें पुण शाणूचो सभाव तसोच आशिल्लो.

' हांगा बसोन कितें करतलो ? घर तरी उल्लां ? चल, आमगेर येता मरे ? '

' ना. '

'मागीर?'

बोटवो खांकेक मारून शंकर शाणू फाटोफाट चलूंक लागलो. शाणू कितें कितें सांगतालो. शंकर चलतना फकत मोन्यांनी आयकतालो.

■ ■

आबूचे खोपिच्यो चार वणटी फकत मार्थेभर उरिल्लयो. बाकिचो भाग भूंय-भरवण जाल्लो. मदली पारेत कंबरभर तिगिल्ली. शंकरान भितर पावल दवल्लें आनी भितल्ली आडखळ भायर वडोवपाक सुरवात केली. कर्मे वांशे आनी कण्णेच्यो कोंड्या–कांबी ताणें भायर भिरकाटायल्यो. चुड्टांचो कोलव तूस जावन पडिल्लो तो पोशांनी भरून भायर वोतलो. चारूय कोनशे निवळ केले. थंयचोच एक सान्नी-खुंटारो घेवन सरपटून सान्न माल्ली. तळ्या वयलें उदक हाडून भितर शिंपडायलें. तसो हुबिल्लो धुल्ल जमनीक पांखोवन बसलो.

सांजचो आदेसभर ताजें काम चलिल्लें. पायणींतल्यान येतो–वेतो ताका पळयत वतालो. मेळटा ताचेकडेन वासपूस करताले. येन्ना मेरेन ताजी वळख सगळ्यांनी भायलेभायर करून घेतिल्ली पुण ताका तोंडार वळखुपी थोडेच आशिल्ले. भुरगीं तर ताज्या तोंडाकडेन अजापान तिकितिकी करून पळयतालीं, तो नेमकें कितें करता तें कोणाकच कळूंक नाशिल्लें. कोणेंय हडकिल्यार जाप दिवपा बगर एक उणें उतर तो कोणाकडेन काडिनाशिल्लो. पुण ताका पिशें-पणांत काडपाचें धाडसूय कोणाक जालें ना. सगळे तोंड धांपून ताजी करणी पळयत रावले.

वणटी वयलीं वोतां बावलीं तेन्ना ताणें कुशिचीं चार मल्लां उखलून हाडलीं. मल्लां उबारता म्हण कोणें मालकान ताका हटकिलोना. दोन मल्लां मोडक्या पान्यांर घालून पांखें करों केलें. उरिल्लीं दोन सकयल हांथुल्लीं. चुलिच्या कुरांचो उपेग ताणें लवंडपाक उशाभारोन केलो.

आमोरी जावन काळोख फांकलो. बोटव्यांतली मेणवात काडून ताणें पेटयली,

उ जवाडान बोटव्यांतलें सगळें सामान भायर काडलें. चित्रकलेचे कोरे कागद, पेन्सिली, रंगांच्यो डबयो, पिशोलीं मुखार मांडलीं. एक एक कागद घेवन तो चितारूंक लागलो. भोंवतणचो ताका पुराय विसर पडलो.

'शंकर!' नानूच्या पयल्या उल्याक शंकराची तनरी भंगली ना. नानून दारा भितर सरून दुसरो उलो मारलो.

'शंकर!'

शंकरान पायांवयल्यान नदर वयर काडली. नदरेक नदर मेळटकीच खिणभर दोगय एकामेकांक पळयत उरले. नानू तसोच बागवलो. ताजे कुशीक मल्लाचेर बसलो.

'वळखूं नारे?' ताजे पोंवटेर हात भोंवडायत नानून विचारलें. 'कितल्या तेंपान रे शंकर?'

'हांव काय तूं?'

'दोगय,' दोगय खळखळून हांसले. पुण घडयेंत शंकर आशिल्लो तसो गंभीर जालो. एकामेकांक पळयत रावले. कितें उलोवचें दोगांकय येवजलेंना.

'कितल्या वरसांनी तूं कोळंबा येयला रे!' असो प्रस्न नानूच्या वोंठार आयलो. पुण ताणें तो विचारलोना.

'केन्ना येयलो?'

'काल. वळवय सावळ्या मास्तराच्या मर्णाक.'

नानू परत तोंडाक गुड्डी बशिल्लेवरी वग्गी जालो.

'म्हाकांय वचपाचें आशिल्लें रे पुण काल खूब उसरां कळ्ळें. सामकें आमोरेर.' नानूच्यो पातकडयो ओल्यो जाल्यो. आनीक मात्रयान ताका रडूंक कोसळटाशें जालें.

'सावळ्या मास्तराक आमी केन्नाच वळखलेना रे. शंकर.'

'अं.'

'आनी आमच्या आबूक सुद्दां.'

'कशें?'

'जाणां रे. तूं फकाणां करता माजीं. आबूच्या मर्णाक तूं आशिल्लो आनी काल सावळ्या मास्तराच्या. हांव मात दोनय फावटीं मिनांक.'

'आतां मेकळो हांव.'

‘ खंय आसता ? ’

‘ असोच भोंवत आसतां. फकत पळयतां. त्या तळ्यावयल्या सांतोणा भाशेन.’

‘ असो उमाण्यांनी उलयतासो. करता कितें ? ’

‘ आतां हीं सपनां रंगयतां. आबूचीं.

‘ पळोवया. आरे, चित्रां काडपाक लागलो. ’

‘ पोटाखातीर न्हय. ’

‘ मागीर ? ’

‘ चित्रां रोकडीं पुसपाक मेयटात. ’

‘ परतो लागलो कुवाडयांनी उलोवपाक. आदीं कसो गाळिनीं उलयतालो ’

‘ आदलें सगळें मनशाकडेन खंय उरता ? कांय कांय गजाली कळनासतना शेणटात. दोळ्यां हुजीर. ’

‘ तूं शेणलेलो तसो ? ’

‘ अं ? हं. तसोच. सामको देठांत तुटिल्लें फळ कशें. मागीर फकत वयल्यादाराक देठाकडेन नातें सांगपाचें. दसोवप शक्य नासता. ’

‘ आमी दसयतात बाबा. ’

‘ कितें ? ’

‘ लोखणां. व्हेल्डींग करून. ’

‘ म्हणून माकनां आनी मनशां वेगळीं. ’

‘ म्हाका कळना. चित्रां दाखय. ’

‘ घे. ’

‘ आदीं पाटयेर पितारतालो. तळ्यार मातयेंत चित्रायतालो. आतां असो चित्रकार जायत म्हण चितूंक नाशिल्लें. कोळंबावयलो पयलो चित्रकार तूं. ’

‘ फट. ’

‘ फट कित्याक ?

‘ पयलो आबू. पळय ताजे कल्पनेंतलीं चित्रां. ’

‘ ही आमची चौखी मरे. दोशींवशीं पाटयो घेवन बसल्यात तें भुरगे. मदीं उबो सावळो मास्तर. सारकें तश्शें. ’

‘ हें पळय. ’

‘ तीच चौखी. पुण आतां पखवाज, पेटी. मदीं तोच सावळो मास्तर. भजनी.

खऱ्यानींच माज्या कानांत तो गजर आनी ताळांचो आवाज घुमूंक लागलो.

‘ हें चित्र पळय. कितले लोक बसल्या तेच चौखेर. आतां बायलां सुद्दां. चौरंगार पुस्तक कसलें जाणां ? रामविजय. वाचपी भुरगे. लोंकांक अर्थ विस्कटावन सांगपी भुरगेच. फाटलो फेटेवालो आबू. ’

‘ शंकर, आनी हें बैलांचे चित्र ? ’

‘ ही बैलांची मळणी. पळय केदी भाताची आनी तणाची रास. मुडयांच्यो थडयो. ’

‘ आनी ही बायलमनीस ? ’

‘ ती कोळंबाकान्न. कोळंबा वयली एक बायल. वारो झणझणटाना जिवाच्या आकांतान हड्डयार पाळव सांवरून रावपी. ’

‘ सोंपलीं ? ’

‘ अं. ’

‘ कितलीं सुंदर चित्रां ! ’

‘ सपनां. ’

‘ फास्केन भरून लावचीं. ’

‘ नाकां. हीं अश्शीं...’ ’

शंकरान काळ्या रंगान चित्रांचेर चर्रचर्र करून पिशोलां भोंवडायलीं. काळ्या रिस्कांनी विद्रूप करून वडयलीं. नानू ‘ आं ’ करून अजापान पळयत रावलो.

‘ आदलो पाडो सभाव वचोना तुजो. ’

‘ फास्केन भरतात चित्रां. सपनां न्हय. ’

‘ पुण आसू आसलीं तीं. ’

‘ गरज ना तांची. ’

कित्याक ? ’

धा वरसां आदिच्चीं सपनां तीं. आता हांव कोळबाचें चित्र काडटलों. पन्नास वरसां फुडलें. ’

‘ अशें इब्राडूंक ? ’

‘ ना. फास्केन भरूंक. ’

‘ कोण भरतलो ? ’

‘ तूं भरशीत ? ’

‘ केन्नाय. ’

‘ दर एकल्या कोळंबकाराक तें फास्केंत भरचेंच पडटलें. ’

‘ केन्ना काडटा ? ’

‘ आतां- ’

‘ केन्ना जातलें पुरतें ? ’

‘ फाल्यां सकाळ मेरेन. ’

‘ रातचें काडटलो ? ’

‘ आख्खी रात. ’

‘ जेवपाक यो आमगेर. ’

‘ रातचो जेवना हांव. ’

‘ हांगा सगळो देंव. ’

‘ मागीर ? ’

‘ आमगेर येवन न्हिदतार. ’

‘ ना. ’

‘ कित्याक ? ’

‘ हांगा आबुच्या आत्म्याक तें दिसूंक जाय. ’

‘ हांव वचों तर ? ’

‘ चल. ’

‘ फाल्यां दनपारां कामार सावन येता पळोवंक. ’

‘ सवकास आयल्यार जाता. ’

‘ कित्याक ? धांवत येतलों. ’

‘ यो. ’

■ ■

नानू केन्ना न्हय तो फांत्यारूच जागो जालो. रुक्मीणीक खोंकून खोंकून

मध्यान्नेर दोळो लागिल्लो. ती सुस्त न्हिदिल्ली. पडवे वयल्या सोप्यार कांबळ कांबरून पंडरीन आंकडो केल्लो. नानू तसोच भायर आयलो. सोंपणां देवून ताणें आंगणांत पावल दवल्लें. कितल्या वरसांनी तो इतल्या फांत्यार उठटालो.

ताका आपलें भुरगेपण येवजलें. सावळ्या मास्तरान ताका सद्दां फांतोडेर उठपाक फर्मायिल्लें. नित्यनेमान तो उठटालो. पाठांतर करतालो. एके फांतोडेर पुस्तक वाचतां वाचतां लकण आयली. इतल्यांत आबू दांडो घेवन दत्त म्हण हाजीर.

ताणें आबूल्या घरावशीन नदर माल्ली. मेणवात आजून जळटाली. शंकर आजून चित्र पितारतालो. थंय वचून शंकराची खबर घेवची अशें ताका दिसलें. पुण ताज्या मोलाच्या कामांत आडखळ नाका म्हण तो खळ्यांतच रावलो.

तळ्यावशी ताणें नदर माल्ली. उबार सांतोण धुंवटेंत बुडिल्लो. उदेंतेकडेन तांबसाण मारताली. धुंवटी ल्हवू ल्हवू विरगळटाली. तो खूब धादोसलो. कितलो-सोच वेळ पळयत रावलो. जिणेंत फांतोडेची उदेंत पळोवपातूंय एक सूख आसता हाजो दिश्टावो ताका पयलेच्च खेप जालो. अश्यो कितल्योश्योच फांतोडी ताजे जिणेंत येवन गेल्ल्यो पुण तांची केन्ना ताका सुलुसय लागलिना. ताच्या मनांत आयलें, अशी जिणेंतली पयलीच फांतोड; तिजो येवकार न्हावन धुवन करचो.

तो भितर गेलो. झिळमिटें जाल्लें पुण घरांत उजवाड फाकूंक नाशिल्लो. फस्काची काडी मारून ताणें दिवो पेटयलो. कळसुली घेतली. कोळ्यांत हात घालून शाब्बाचें फोलीण काडलें. तुवालो खांदार वडयलो. उमळी चेड्डी घेतली. भायर सरूंक आनी ताका राजवाची याद जाली. ताणें घरांत, पडवेर सगळ्याक सोदलो. खंयच हाताक गावलोना. ताज्या पावलांचे जागीन रुक्मीण जागी जाली.

'बाब, कितें सोदता रे ?'

'राजू.'

'कित्याक ?'

'तळ्यार न्हांवंक वयतां.'

'तळ्यार राजू कित्याक रे ?'

आतां ताजे तकलेंत चक्क करून उजवाड पडलो. ताका लजिल्लेभाशेन जालें. तो तसोच भायर सल्लो

'बाब, शेळें उदक न्हाता ?'

' कांय जायना. '

' आयजूचशें कित्याक रे ? '

' बेश्टें. न्हायन दिसलें. '

' राव, माथ्याक आनी आंगाक तेल सारय. नाजाल्यार बादतलें तुकां उदक. '

' तूं उठों नाकां. हांव हाडटां. '

' नाकां. तुकां मेळचेंना. खंय काय तेलाचें पंचपात्र ? '

' केंसरान खंय दवल्लां दिसता !'

रुक्मीण मोन्यानी सोदीत रावली. नानूक उलयतकीच उगडास आयलो. अकस्मात तोवूय वगी जालो.

' यो, हांव थापतां माथ्यार. '

' नाकां गे. त्रास जातलो तुकां '

' कांय जायना ! बस. '

नानू उणकर्‍यां बसलो. वणटीक तेंकून रुक्मीण उबी रावली. दोनय तायटांर पोळयांनीं तेल ओतून घेतलें आनी ' चपा ' ' चपा ' करून ताळयेर घांसलें. नानूक परतें एकदां आपलें भुरगेंपण येवजलें. नकळटाना भुरग्यासारके पांय सोडून तो बसलो. ताका आपणाली तकली ल्हव ल्हव दिसपाक लागली.

' आवय ! '

' कितें ? '

' तो आबूले थंय उजवाड दिसना ? '

' कोण रे बाबा थंय ? '

' येशालो शंकर येयला. '

' केन्ना ? '

' काल. मुद्दम थंय रावला. '

' आजून अवचित्रपणा वचोना तेजीं ? '

' काय बरीं चित्रां काडटां ! पुण पाडो सभाव तसोच. काडटा आनी इबाडटा.'

' आतां रातभर जागो ? '

' हय. कोळंबाचे चित्र काडटा तो. म्हाका फास्केंत भरूंक दितां म्हण सांगलां. आयज सकाळमेरेन पुरतें करतलो. हांव दनपारां वचोन घेवन येतलों. '

' यो. '

‘ फाल्यां वचतय बडये तो. आयज दनपारां जेवणाक आपयतां. ’

‘ आपय. ’

‘ पयलीं तिगांय आमी वांगडा खेळटालीं. हांव, तो आनी–’

‘ वयता मरे न्हांवक ? ’

‘ हय. आवय ? ’

‘ कितें ? ’

‘ चार फुलां खुंटून दवर आं. न्हावन येवन तुळशिची पुजा करतां. ’

‘ कर रे पुता. ’

■ ■

सुर्या माडभर वयर पावलो तेन्ना शेनोरेवयली ती खबर कोळंबा पावचे आदीं चिंचे देवण्यावयल्या प्लॉटार पावली. तेन्ना मिनाचो वावर सारको सुरू जावंक नाशिल्लो. एकलो एकलो प्लॉटार जमत आशिल्लो. वाऱ्या सारकी ती खबर सगळयांच्या कानार पडली. शेनोरेर सावन निकतोच ट्रक घेवन आयिल्ल्या ड्रायव्हरान ती खबर हाडिल्ली फोन करून कंपनींक आनी पुलीशेक कळोवपाखातीर तो ड्रायव्हर चिंचे देवण्यावयल्या ऑफिसांत आयिल्लो.

देवकी भरकाव दोड घेवन भितर सरतानाच कोणा कामेऱ्यान तिज्या कानार घातलें. आपूण कितें आयकता तेंच तिका कळना जालें. तिज्या हातांक गळसणी लागली. कळसुली गळ्ळी. तिजेर थब्बांयच करून कळसोय सुटून पडलो. तिजी चिनारी गेली. कडव्याक धरून ती कितलोसोच वेळ उबी रावली. घेयभानार येतकीच तिणें एक लांब सुस्कार सोडलो. फुडले सगळे स्वास तिणें दामून धल्ले. दोनय भुजां उबाल्लीं. आनी तणतण कळशार मनगटां आदळून सगळीं कांकणां फोडून वडयलीं.

इतले म्हणसर कोपां–पिरयो धुयत बशिल्लो बाबुसो पायांच्यो किल्लयो दामीत धांवत आयलो. तो फुड्यांत पावचे आदींच तिणें उजवो हात कपलार ओडलो

आनी पिंजरिचो कुकूम पुसून वडयलो. बाबुशान मुखार येवन तिज्या हाताक धल्लें. ताजी आख्खी कूड रागान थरथरताली.

'चड जालें तुजें. दिंगण्या गवळांत कामाच्या निमतान रावली. मानायांच्या फुडयांत न्हिदली. म्हणोन गवळाक उजो पेटयलो हांयें. हांगा खानावळ काडली, ड्रायव्हरांच्या फुडयांत न्हिदली. तरी कांय म्हटलें ना. आज घोव आसतना तो थंय मेला म्हण तेज्या नांवान कांकणां फोडून कुकूम पुसून राडांव जाता ? हांव तुजो लग्नाचो घोव हांगा तुज्या मुखार जितो आसतना ?

बाबुशाची उत्तरां तिज्या कानार पडचे आदींच तिजी दुसरी चिनारी गेली.



कोळंबार खबर पावली तेन्ना मिनाक वचपी मानांय-कामेऱ्यां तळयार पावल्लीं. जेवणाच्यो भुतयो तश्योच तळयार आपटून सगळयांनी शेनोरेर धांव माल्ली. पयलीं कोणाक सारकी खबर कळ्ळी ताका कळ्ळी. बाकिचे एका फाटोफाट धावूंक लागले. तारां-पोरां करंदाय करीत आवय बापाय फाटल्यान धांवलीं. गोरवां वासरां कान ताणून आनी शेंपडयो उबारून रावलीं. तळयाचें उदक साय दाटिल्लेवरी थीर जालें. बेबकां खोरवो तळाक मांडून बसल्यो. सांतोण मात लेगीत हाल्लो ना. पुण ताजीं दोन पानां नकळटाना गळ्ळीं, भिरभिरलीं, आनी तळयांत अचळय दुकां कशीं पडलीं.

शेनोरेर प्लॉटार पावडरीचेर चुडत हांथरून नानूचें मडें पातळिल्लें. हात पांय तायट करून दवल्लेले. आंगाक सगळी काळशी निळशी पावडर दसलेली. दोळयांच्या धव्या मुंडोळयांतय पावडर गेल्ली. माथ्यांतय तशीच. कानांत आनी नाखांतूय. गळयाभोंवतणी रगताचीच पट्टी दिसताली.

कुशीक कोसळिल्ली पावडरिची रास पडिल्ली. ताजे कुशीक दांतयाळें शेवाळें. शेवाळयाच्या दातऱ्यांक ताज्या रगताचे दाग लागिल्ले आनी ते वोतांत चकचकताले.

नानू सकाळीफुडें दिंगण्या सावन मिनाची ट्रीप घेवन आयिल्लो. फ्लॉटार ट्रक दवल्लेलो. मानांय उसपिताले. ट्रकांत उज्जो जाता म्हण तो कॅबिनांतल्यान भायर सल्लो. भायर किर्नाचें वोत सोसूंक जायना म्हण सावळेक रावपाचें ताणें थारायलें. माड तर न्हंये घडेर, आनी आशिकुशीक झाडांपेडां नाशिल्लीं. कुशीक पावडरिची माडभर उबार रास आशिल्ली. असतेंते वटेन तिजी सांवळी पडटाली. तो थंय राशीमुळांत रावलो.

आनी अकस्मात कॅपूच कोसळ्ळें ताज्या माथ्यार. आवाजा सरशीं ट्रक उसपोवपी मानांयानी तेवटेन पळयलें. नानूक तिकडेन वतना ताणीं पळयिल्लो. ताणीं तोंडावयल्यो बोबो माल्ल्यो. कुशिच्या हॉटेलांतले लोक धांवत आयले. सकयल बार्जीवयले मद्रासीय लुंगेक गांठ मारीत थंय पावले. कितें करचें कोणाक कांयच येवजलेंना. अखेरेक कुशीक आशिल्ल्या शेवाळ्याचेर कोणाची तरी नदर गेली. ड्रायव्हर शेवाळें मारपाक तयार नाशिल्लो. नानू नेमको खंय पडला म्हणपाचें ताका खबर नाशिल्लें. पुण बाकिच्यानीं बळयां ताका शेवाळ्यार बसयलो. पयलीं दोन बॉकेटां मारताना ताजेर आकांत आयलो. तिसरें तेखयलें.

'फुडें आनी मातशें फुडें.' मानाय आड्डले. ताणें बॉकेट तशेंच धुकळ्ळें आनी....'म्हाज्या पूता रेऽऽ' अशी हालेट घालून लोकांचें कंवडाळें मोडून रुक्मीणीन भितर उडी माल्ली. तिका आडोवपाक एका मानायान धाल्लून घेतलें. पुण रुक्मीणीन झोपय घालून नानूच्या माथ्याकच वेंग माल्ली. मानायान तिका तशीच फाटीं ओडून काडली.

...आनी सगल्यांनी एकदम किलांट मारून आंगां शिरशिरायलीं. रुक्मीणीचे वेंगेंत नानूचें फकत मस्तक आयिल्लें. तिणें सकाळीं तेल थापिल्लें.

■ ■

कोळंबार सगळ्यांत निमाणें ही खबर शंकराक कळ्ळी. तेदयावेळार तो आपणाल्या चित्रार निमाणें पिशोल भोंवडायतालो. ताणें काडिल्ल्या चित्रांत एक कोळंबकार माथ्यार साटली पोटली घेवन आबूच्या फोणावयल्यान कोळंबाची शीम हुपताना दिसतालो.

नानूची खबर आयकनाफुडें ताणें चित्रकलेचें सामान बोटव्यांत भल्लें. बोटवो खांदार लांबयलो. तें चित्र आबूले वणटीर दसयलें. आनी माकना सारको निर्विकार मुखान तो शेनोरवशीन चलूंक लागलो.



'जागा' चीं फुडलीं उजवाडावपां

कथाशिल्प
तीन अेके तीन
गोंयची अस्मिताय
खण खण माती
वास्कोयन
सांगाती
विराट